Price ₹ 50/-

मासिक
बिम्ब
कोंकणी समाजाचें पडबिम्ब

जुलय २०१४



पावस दुयेंसां हाडिना दुयेंसांक जापसालदार मनीसूच देखुनूच भलायकेचो धंदो जाला!

Buy a Luxury Villa with its Own Private Plot

PLOT SIZE
280 TO 425
Sq. Mts

The Highland Villas

PORVORIM - GOA

The Highland Villas is a residential enclave that is unique in its very concept of private, independent plots within a secure complex with all amenities. The beautifully designed villas, combined with our very central location and the concept of plot ownership assures you of lasting asset value.

Design Combinations

- 3BHK + Car Porch + Open Terrace
- 3BHK + Car Porch + Open Terrace + Maid's Quarters
- 4BHK + Car Porch + Open Terrace + Maid's Quarters
- 4BHK + Family Lounge + Car Porch + Open Terrace + Maid's Quarters

MEMBER OF CREDAI GOA

Club House

Classy Streetscape

Well-equipped Gym

Tennis Court

Children's Park

Basketball Half-Court

Project approved by leading Housing Finance Institutions

Construction work in full swing and some villas nearly ready for possession

HIGHLAND CONSTRUCTIONS PVT. LTD.

www.highlandvillasgoa.com

501, Citicentre, Patto Plaza, Panjim, Goa 403 001 INDIA.Tel/Fax: +91-832-2437296
Mobile: +91 99234 12021 & +91 80077 42020 E-mail: highlandvillasgoa@gmail.com

NATIONAL AWARD WINNER FOR **BEST HOLIDAY HOMES 2010**

SavoirFaire

कृषी संचालनालय
गोंय सरकार

भात लागवडीची पद्दत श्री

घसघशीत भात पिका पासत अर्विल्ली श्री पद्दत वापरात आनी ३५ ते ५० टक्के चड उत्पन्नाची हमी घेयात

लागवडीचें तंत्र

- लागवडी खातीर ८ ते १२ दिसांचें एक भात रोप घेयात

- दोन रोपां मदीं २५×२५ सेंमि अंतर दवरात

- नेमान नडणी करात
- सेंद्रीय साऱ्याचो वापर वाडयात

- उदकाचो अतिरिक्त वापर टाळात

अदीक म्हायती पासत तालुक्याच्या विभागीय कृषी कार्यालया कडेन संपर्क करात

प्रसृती: कृषी संचालनालय, गोंय सरकार
कृषी भवन, टोंका, करंजाळें, गोंय
फोन: (०८३२) २४६५४४३ फॅक्स: (०८३२) २४६५४४१
Email: dir_agri.goa@nic.in

कोंकणी मासिक

बिम्ब

१३ वें वर्स

HINDU PHARMACY
हिन्दु फार्मासी
पणजी
फोन : २२२३११७३

वर्स: १३ अंक: ६
◆
जुलय २०१४
◆
मोल ५० रुपया
◆
मुखेल संपादक
दिलीप बोरकार
◆
मुद्रक आनी प्रकाशक
दिलीप बोरकार
◆
छापणावळ
इम्प्रेशन्स, बेळगांव
◆
वेवस्थापक
कामिनी किणी
◆
अक्षर जुळवणी आनी मांडावळ
श्वेता नायक
◆
वर्गणीचे दर
वर्सुकी ३५०रु./३ वर्सां १००० रु
खंयच्याय म्हयन्या सावन वर्गणीदार
जावं येता. वर्गणीचो चेक 'BIMB
MONTHLY' ह्या नांवान धाडचो
◆
संपादकीय पत्रवेव्हाराचो पत्तो
'धर्म लक्ष्मी', सांत लॉरेन्स,
आगशीं-गोंय ४०३२०४
दूरध्वनी: ०८३२ २४३८३५५
Email:bimbkonkani@yahoo.co.in

संपादकीय / ३
प्रतिबिम्ब / ४
कादंबरी - नं. ध. बोरकार / १३
भुतकाळांतले बिदिंतल्यान - रमेश वेळुस्कार / १९
पोसो - काश्मिरी पावसकार / २३
परमळ - अपर्णा गारुडी / २७
पडवेर - कुसूम अगरवाल / २८
इंद्रधोणू - आशा शानभाग / ३१
आंकरी - जॉन एम. आल्फोन्सो कार्मेलीत / ३२
दिका - विन्सी क्वाद्रूस / ४४
तेफळां - रुपा कोसंबे/ ४८
उस्तवारी - आयुष्य आवडे / ५१
कथिका - उषा ज. कामत / ५४
ओह माय गोंय - गजानन जोग / ५६
गरनाल - कृ. म. सुखठणकार / ५९
वोंवळां - शर्मिला प्रभू / ६३
उमाळे - सुमेधा कामत-देसाय / ६४
अथ्रेकणी - रेखा रामनाथ नायक / ६८
फुडार - रतीकांत मांद्रेंकार / ७०
भलायकी - राज वैद्य / ७२
रवीन्द्र विचार - रवीन्द्र केळेकार / ७३
प्रियदर्शन - दिलीप बोरकार / ७४
उतरकुवाडें - संतोष हळर्णकार / ७८

५
शीर्षकथा
पावस दुयेंसां हाडिना
दुयेंसांक जापसालदार मनीसूच
देखुनूच भलायकेचो धंदो जाला!
◆दिलीप बोरकार

३३
मनसंवेदना
◆निलबा खांडेकार
◆कृ. म. सुखठणकार
◆शैला धुमटकार
◆इंद्रजीत गणपत घुले
◆स्मिता तिंबले
◆स्मिता दारशेतकर
◆आर. रामनाथ

३६
शुरग्यांचें आंगण
◆माया खरंगटे
◆जयमाला दणायत
◆श्रीपाद (मंथन) अजित प्रभुदेसाय
◆प्रकाश पाडगांवकार
◆हर्षा शेटये
◆ रजनी भेंब्रे
◆ भिकाजी घाणेकार

ह्या अंकांत उक्तायिल्ले विचार त्या त्या बरोवप्याचे आसात. संपादक मंडळ ताचे कडेन सहमत आसतच अशें ना.

LG
Life's Good
EXCLUSIVE LG SHOWROOM
ESSENTIAL ELECTRONICS
India's No.1
CONSUMER DURABLES
Cinema 3D / LED / Plasma | Home Theatre
Washing Machines | Refrigerators
Microwave Ovens | Dish Washers
Air Conditioners | Air Purifiers
Vacuum Cleaners | Water Purifiers
Finance Available Special Offers on All Products

Kamat Arcade, Opp. Animal Shelter, Near Madhuban Complex, Near Ganesh Temple, St. Inez, Panjim.
Tel: 2421219 Mob: 9552926876 Email: essential_electronics@rediffmail.com

संपादकीय

कोंकणीचें खच्चीकरण चल्लां... भान आसा व्हय आमकां?

कोणाकूय दिसतलें गोंयचे सदरेर आयलां तें कोंकणीचें सरकार! कोंकणीचो फुडार आतां परजळीत आसा. केन्ना घडूंक ना ती घडणूक गोंयांत घडटली आनी गोंय हें कोंकणी राज्य म्हूण पुराय संवसारार मिरयतलें.

हें अशें दिसपाकूय साबार कारणां आसात.

भारतीय जनता पक्षाचें जें सरकार सदरेर आयलां तो पक्ष हिन्दुत्ववादी हातूंत कसलोच दुभाव ना. हेर राज्यां परस ह्या पक्षाचे गोंयचे जाळवणदार हे थोडेभोव वेगळे कालेतीचे आसूं येतात! गोंयचे खाशेले संस्कृतायेच्या प्रभावाक लागून ते खर हिन्दुत्ववादा परस मातशे गोंयवादी विचारसरणेकडेन लागीं आसूं येतात! देशांतल्या उर्वरीत राज्यांत जसो कट्टर धर्मवाद, कट्टर जातीयवाद मूळ धरून आसा तसो प्रकार गोंयांत ना. गोंयांत अजुनूय हिन्दू, क्रिस्तांव, मुसलमान हे गोंयकार कशे वागतात आनी तांचे मदीं तसो धर्मवाद दिश्टी पडना पूण हालींसराक तो हाडपाचे नदरेन यत्न चल्ला आनी जण एकलो आपापल्या धर्माक वेंग मारून घटसाण हाडपाचो यत्न करतात. खुटी हालोवन मठी घट करपाची ही एक सर्त.

तरी लेगीत गोंयकारांचो मूळ सभाव सोसणिकायेचो जाल्ल्यान जाका सर्वधर्मसमभाव म्हणू येता तो गोंयांत वसता. गोंयकार एकचाराक म्हत्व दिता आनी कोणेंय धर्माधर्मा भितर फूट घालपाचो यत्न केलो जाल्यार ताका विरोध करतात.

अशें आसलें तरी भाजप म्हळ्यार राष्ट्रवाद, भाजप म्हळ्यार हिन्दुत्ववाद, भाजप म्हळ्यार भारतीयत्व हें समिकरण पयस जावंक शकना आनी पक्षाचे संघवादी दोणांत करमेल्ले फुडारी ह्या तत्वा पासून पयस रावंक शकनात. हीं पक्षाचीं मुळावीं तत्वां समाजांत रिगोवप म्हळ्यारूच भगवीकरण अशी पक्षाची विचारसरणी आनी धारणां आसा.

राष्ट्रवाद, हिन्दुत्ववाद, भारतीयत्व बी जी कितें संकल्पना भाजप रूजोवंक सोदता ती पुर्णायेक वतली जाल्यार एक देशी भाशेचीय गरज आसा. मोदी सदरेर आयले बराबर हिन्दीचो पाखो घेवपाक आरंब केला. ताका अपेक्षेप्रमाण विरोध जावंक लागला आनी वाडटो विरोध पळोवन केंद्रान यू टर्न घेतला. हिन्दीची सक्ती वा वापर फक्त हिन्दी बेल्टांत अशी मखलाशी सरकारान केली. हिंदी ही राष्ट्रभाशा बी सगळें खरें आसलें आनी आमच्या राष्ट्राक एक सर्वसमावेशक भास जाय आसली तरी दक्षिण भारत हिन्दीक खंयचेच परिस्थितींत आपल्या माथ्यार लादून घेवपाचो ना. लादल्यार रक्ताचे पाट व्हांवतले म्हणपाचें मोदीक बेस बरें खबर आसा. म्हणटकच मोदी सरकाराक हिन्दू राष्ट्रा खातीर जी एक कुकमाक आधार म्हूण भास जाय ती भास आमच्या देशांत आसुनूय नाशिल्लेवरी. तरी लेगीत ताणीं एक फातर मारून थाव पळोवपाचो प्रयत्न केल्लो ताची बेबकी जाली.

थळाव्या स्तरारूय गोंयांत तोच प्रकार आसा. भाशेचो अभ्यासक आनी बुदवंत आयज कोंकणी ही भास न्हय अशें म्हणूंक शकनात. जे कोण म्हणपाचो यत्न करतात तांचें हांशें जाता. म्हणटकच गोंयच्या भाजपाक कोंकणी बगर दुसरो पर्याय ना. म्हणटकच ज्या गोंय राज्याचेर भाजपचो शेक आसा तें गोंय हिन्दुत्ववादी वो राष्ट्रवादी तत्वांत बसोवपा पासत भाजपाक कोंकणी जाय. विधानसभेचो कारभार कोंकणीमय करपा फाटलो होच उद्देश्य आसा आनी जाणीं देखलें कालू त्या कोंकणिवाद्यांनीं सभापतीक देव देव करून माथ्यार घेतलो.

गोंयांत राजभास संचालनालय आसा. ताचे संचालक डॉ. प्रकाश वजरीकार एक ध्येयनिश्ठ, तत्वनिश्ठ कोंकणी मनीस. शासकीय वेव्हार जुलाय पासून कोंकणींतल्यानूच जातलो अशें ताणीं सुतोवाच्य केलां. ही कोंकणीमनशाची खूब आदली मागणी. ज्या लोकांक, लोकांनीं वेंचून दिल्यात ते आपले प्रतिनिधी कितें करतात हें लोकांक कळपाक लोकांचेच भाशेंतल्यान राजकारभार चलपाची गरज आशिल्ली. तिका आरंभ जाता जाल्यार ते घडणुकेक येवकार दिवपा वांगडाच दरेक कोंकणी मनशान पुराय तेंको दिवपाची गरज आसा. तरी पूण हें सगळें दोळ्यांक तेल लावपाक, आंगार राष्ट्रीयत्वाचो झगो चडोवपाक बी न्हय मू? असो दुभाव मारल्या बगर रावना.

जर गोंय कोंकणी राज्य जातलें जाल्यार फुडली पिळगी कोंकणीच जावप गरजेची आसा. राजकारभार कोंकणींतल्यान केलो, विधानसभेंत कोंकणी वापरली म्हूण हें वखद मुळामेरेन पावपाचें ना. इतलीं वर्सां कितें घडत आयलां ताचो आमकां अणभव आसा. हो सगळो प्रकार आंगाक सारयिल्लो लेपोड. ताणें आत्म्या मेरेन वखद पावपाचें ना आनी जर मनीस स्वाभिमानी जायना जाल्यार माथ्याक माळिल्लीं फुलां फकत भुलोवपाकूच आनी दोळ्यांक उदक लावपा पुरतींच आसात हाचें भान आमी दवरपाची गरज आसा.

मुळाव्या शिक्षणाच्या माध्यमाचो प्रस्न सरकारान कावलाक काडला. दर पावसांत, निदान अठरा जूनाक कोंकणी भक्त निशेध करताले तेंय बंद जालां, म्हणटकच कोंकणी आत्म्या मेरेन वो मुळा मेरेन पावोवपाची जी आस्त आशिल्ली ती कोंकणी माध्यमाचें खच्चीकरण करून सरकारान नानपयत केल्या.

सरकार आतां तोंडाक पानां पुसपाक वयलेतराक लेपोड काडटा. राजभास संचालनालयान कोंकणी नेमाळ्यांक दर म्हयन्याक पंचवीस हजार रूपया अनुदान दिवपाची येवजण आखल्या. ताची लाव घेवप्यांक सरकारी जायरातींचो लाव मेळचोना. पंचवीस हजार रुपयांत एखाद्रया अंकाचें कव्हर तरी छापप शक्य आसा काय कितें हाचें भान सरकाराक ना. सरकारूच जर जायराती दिना जाल्यार इंग्रजीमय जायत वचपी गोंयांत खासगी तरी जायराती कोण दितलो? आनी कित्याक दिवंच्यो?

कोंकणी जर तळागळांत पावतली जाल्यार नेमाळ्यांचो, साहित्याचो प्रसार जावप गरजेचें. जें सरकार लाखांनी रुपयांचो इबाड करून मंत्री-आमदारांक विदेशांत भोंवडायता, विद्यार्थ्यांक कोट्यानी रुपया खर्चून लॅपटॉप, आयपॅड दिता थंय नेमान येवपी कोंकणी नेमाळ्यां पासत जायरात रूपान हात सदळ करपाक हरकत ना. नमो: नमो: करपाक हालींच दरेक दिसाळ्यांक पयल्या पानार जायरात आयल्या. म्हणकटच अशी जायरात मेळत जाल्यार कोंकणी नेमाळीं चार लोकांकडेन पावूं येता. पूण तेंच जाल्लें सरकाराक नाका जाल्यार आमी कितें म्हूण अपेक्षा बाळगुपाच्यो?

सद्या बिम्ब हें एकूच मासिक देवनागरी कोंकणीत चलता. एकूच दिसाळें सुनापरान्त चलता. बरोवप्यांचो आंकडो मात दिसान दीस वाडटा. तांचें साहित्य आसपावन घेवप शक्य ना. देखून हालींसराक भोवतेक कोंकणी मनीस मराठींतल्यान बरोवंक लागल्यात. मराठी दिसाळ्यांक साहित्याची गरज आसा तशी बरोवप्यांक बरयल्या बराबर छापून येवपाची गरज आसा. तांची गरज कोंकणी पुराय करूंक शकना. देखून तांकां मराठींत बरयले बगर दुसरो पर्याय ना. आपूण बरयतां तें छापून येवपाक मराठी दिसाळ्यांचो पर्याय उपलब्ध आसा म्हणपाची जर ह्या बरोवप्यांक लागण जायत जाल्यार जे कोण कोंकणी बरोवपाक लागल्यात ते बंद जाल्यार अजाप करपाची गरज ना. तेच दिकेन सद्या हालचाली चल्ल्यात.

कोंकणीचें हें खच्चीकरण चल्लां म्हणपाचें कोणाक होलमता व्हय? ■

प्रतिबिम्ब

संपादक 'बिम्ब'

हांव तुमच्या बिम्बाचो एक वाचक. म्हजें पुराय आयुश्य विदेशांत सरलां. दुबय, अमेरिका, पुराय युरोप करतां करतां म्हजें पुराय आयुश्य सरलें. जोड खूब जोडली. पूण ह्या सगळ्या राठावळींत हांवें खूब वगडायलेंय बी. म्हाका गोंयचो मोग मेळ्ळो ना. कोंकणी भास उलोवंक, आयकूंक मेळ्ळी ना. भुरग्यांची भासूय अमेरिकनूच जाली. कित्याक घराभायर तीच तांची संपर्क भास. घराकडेन थोडो वेळ सांगाताक आसतनाय तीच भास उलोवप जाता. आवय-बापूय कोंकणींत उलयतात जाल्यार भुरग्यांकडल्यान जापो इंग्लीशींत. कितें भोगतालें आमकां ताची कल्पना तुमकां येवची ना.

आतां गोंयांत स्थायीक जालां. पन्नास वर्सांचो कोंकणीचो विरह आतां पयस जाला. दर म्हयन्याक स्टॉलार वचून बिम्ब हाडटां. केन्ना वाचून सोंपता तें कळना. तुमकां सांगपाक हरकत ना. हांव एकदम पांच अंक हाडटां. चार म्हज्या इश्टांक धाडटां. म्हजेपरीन कोंकणीची हांव सेवा करतां.

हें कोंकणीचें अवमुल्यन जाता

हांगा एक गजाल म्हाका विचारीन दिसता. जाय जाल्यार तक्रार म्हणात, तुमी लागीं लागीं ९४ पानांचो अंक २० रुपयांनी कशे विकूंक शकतात? तुमी वापरतात तो कागद, छपाई आनी रंगीत पानां हाचो हिशेब करीत जाल्यार वीस रुपया म्हळ्यार फकाणां दिसतात. असलोच अंक हेर भासांनीं ५० रुपया सकयल मेळना. तुमकां जायरातीचे बी दुडू मेळटात ते तुमी वाचप्यांक सवाय भितर अंक मेळचो म्हूण सब्सीडी टायप वापरतात जावं येता. पूण हें समा न्हय. अशें केल्ल्यान वावराचें अवमुल्यन जाता. जांकां अंक विकतो घेवंक तांकना तांकां तुमी फुकट दियात. पूण म्हज्या सारख्यांक योग्य मोलान अंक विकतो घेवंक मेळूंदी. कोंकणी म्हळ्यार कुंडे कुस्कूर अशें जावंक फावना.

फुडल्या अंकाचें मोल निदान ५० रु. करतले अशी आस्त आसा.

एक बरें मागपी

(फोनावेली गजाल नांव न छापपाचे अटीर मान्यताय घेवन)

(तुमची गजाल खरी आसा. अंक चडांत चड लोकांकडेन पावचो देखून आम्ही उण्या दरान दिताले. आमकां एक अंक ६० रुपयांक पडटा. ह्या अंका सावन आम्ही अंकाचें मोल रु. ५० करतात - वेवस्थापक.)

डॉ. केदारनाथ सिंहाचें अभिनंदन...!

संपादक बिम्ब,

कांय वर्सांफाटीं बिम्बान हिंदींतल्या एका व्हड साहित्यिकाक बिम्बातर्फे तुज्या घराकडें जेवण दिल्लें. ताचें नांव डॉ. केदारनाथ सिंह. हो साहित्यिक चडशी कविताच बरयता. तो साहित्य अकादेमीच्या एका कार्यक्रमा निमतान गोंयां, पणजे आसलो. त्याच वेळार साहित्य अकादेमीन आपली फेलोशीप बहाल केल्ली. ताचे आदले दीस *गोवापुरी*च्या म्हज्या संपादनासकल येतल्या नव्या संस्करणाचें प्रकाशन आसलें. गोवा विश्व विद्यालयाचे तत्कालीन उप-कुलपती डॉ. देवबागकर प्रकाशक म्हूण आसले. हांवें डॉ. केदारनाथ सिंह हांकां तांच्या भोवमाना खातीर परबीं दिवन तांकां उद्घाटनाक आपयले. आनी तेय मुजरत आयले. आमी तांचो फुलां दिवन भोवमानूय केलो. तांकां कांय दिसां पयलीं २०१३ चो ज्ञानपीठ पुरस्कार घोशीत जाला. ते खाती तांकां म्हजेतर्फे तशेंच बिम्बातर्फे अभिनंदन. बिम्ब अशा गुणी मनशांक एकठांय करुन तांचें आपले परीन थातो माथो करता ही तुस्त करपासारकी गजाल. ते दीस डॉ. रोहिताश्व, त आनी हांव मेळून गिरेस्त साहित्यिक वातावरण उबें जावन आयल्लें. कविता आनी कवितेसंबंधान खूब चर्चा जाली. *गोवापुरी*चें अंकूय तांकां आवडलेल्याचें तांणी सांगिल्लें. हे खीण पळोवपाक ल्हान दिसतात पूण तांतल्यान जबरदस्त निर्मिती शक्त निर्माण जाता. अशें तरेन एकठांय आयिल्ल्या ल्हान ल्हान ग्रुपांतल्यान साहित्याचें संवर्धन बरे तरेन जावंक पावता. बिम्बाक ते खातीर परबीं.

सस्नेह



डॉ. केदारनाथ सिंह हांचे वांगडा रमेश वेळुस्कार आनी दिलीप बोरकार

– रमेश भगवंत वेळुस्कार, रायबरेली.

- दिलीप बोरकार

पावस दुयेंसां हाडिना दुयेंसांक जापसालदार मनीसूच देखुनूच भलायकेचो धंदो जाला!

उदकाक जीवन अशें आनीक एक नांव आसा. उदकाबगर जीवन तगूंक शकना. आमचे हे धतरिं जिवीत अस्तित्वात उरूंक जाय जाल्यार उदकाची नितांत गरज आसता आनी हें उदक आमकां मेळटा तें पावसा रुपान.

आमच्या देशांत पावसाळ्याचे चार म्हयने मानतात. पूण मनशान स्वताच्या सुखा पासत जो सांवार मांडला, त्या सांवाराक लागून सैमाचेर हावळ आयल्या आनी ताका लागून सैमीक चक्राचें संतुलन इबाडलां. देखून एका काळार धतरिचेर ऋतुचक्र वेवस्तीत चलतालें तातूंत इबाड जावन आतां एक्कूय ऋतू सारको चलना.

वर्षाऋतू म्हळ्यार पावसाळो जो चार म्हयने आसतालो तो आतां आपलें रूप बदलून आपल्याक जाय तेन्ना चार दडको रकयता. हाका लागून धतरिचेर उदकाचें दुर्भीक्ष निर्माण जावपाकडेन पावलां आनी ताका जापसालदार थारला ह्या धतरिवेल्या सजीवां मदलो मनीस हो प्राणी.

मनशाक ह्या ब्रह्मांडांतले रचणुकेचो अर्थ केन्नाच उमगलो ना. हे सृश्टींत जें जें कितें रचलां तें सगलें आपल्या सुखा खातीर असो समज करून घेवन, जे गतीन ताणें तीं सुखां भोगपाक आरंभ केलो ती गतीच ताका मारक थारली आनी हे सृश्टीचें पुराय पर्यावरणीय संतुलन ताणें इबाडलें. तांच्या ह्या कर्मकट्टेपणाक लागून पुराय धर्तर आनी ते धतरिवेली पुराय जीवसृश्ट आयज संकश्टांत सांपडल्या. मनशान हे सृश्टीचें आनी पर्यायान पर्यावरणाचें इतलें लुकसाण करून उडयलां, जें आतां पर्थून पूर्वपदार येवप शक्य ना. म्हणटकच जें कितें आतां आमच्या नशिबांत आसा तें भोगचें पडटलें अशेंच एकंदर परिस्थिती पळोवन म्हणले बगर रावंक जायना.

आमी चड फाटीं वचचें न्हय, फकत पन्नास वर्सां आदलोच काळ घेवया. गोंयांत सैमीक अवर्शणां आयल्यांत म्हणपाचें विशेश अशें कोणाच्या कानार पडऽ नाशिल्लें. पावसाळो सुरू जालो म्हणटकच मिर्गाक आरंब जातालो. पावसाचें पडप थारिल्ले प्रमाण टप्प्याटप्प्यान जातालें. जूनांत म्हळ्यार ज्येश्ठाच्या मध्यार पावस पुराय धर्तर भिजयतालो. मनीस ह्या पावसाक येवकार दिवपा खातीर सगळी तयारी करतालो. आपली घराभोंवतण झाडून, कोयर कचरो ल्हासून, पोरसांत शाकभाजी रोवपाक मशागत बी करून दवरतालो. शेतकार शेतांतूय असोच वावर करतालो. शेतांतलो कोयर शेतांतूच ल्हासून त्या गोबराचें सारें शेताकूच वापरतालो. ताचो चड भर आसतालो शेतांतल्यो खळयो आनी ओंडे उसपून पावसाच्या उदकाक खेळपाक वाट करून दिवप. एक उत्सवूच कसो आसतालो हो. ह्या ज्येश्ठांतल्या पावसांत तांचें रोवन बी जातालें.

मागीर आषाढांतलो घसघसश्यांचो पावस, तो सरलो काय मागीर शिरवणाचो आनी मागीर भाद्रपदांतलो तडवो पावस. त्या त्या वगतार तसो तसो पावस पडून मनीस जिणेचें संतुलन सांबाळटालो. आतांचे वरी दोन दीस घसघश्यांनी पडून पंदरा दीस नाच्च जाय नाशिल्लो. अशें जावप म्हळ्यार जळामळाक दुयेंसां पसरावप. असलें वातावरण निर्माण करपाक मनीसूच जापसालदार. मनशान मीना खातीर दोंगर पोखरले. रानां बोडकीं केलीं. न्हंयो पुरयल्यो. शेतां पुरोवन थंय सिमेंट काँक्रिटाचीं रानां उबीं केलीं. प्लास्टीकचो म्हारू नाचयलो. सगळ्यो खळयो, झरी बी ह्या प्लास्टिकान गुड्डो मारून चोंदून उडयल्यात. पावसा पयलीं धतरिर उदक खेळूंक जी वाट करून दवरूंक जाय आशिल्ली ती करपाक कसलीच यंत्रणां आमी निर्माण करूंक ना. जो वारो येता तो आडावंक दोंगर, रूखां नांत. आसा तो फक्त दुडू. तोच वापरून आमी सैमीक अवर्शणाच्या नांवार जीं कितें

दुयेंसां तयार जातात तांचेर उपाय करतात. तात्पुरतो इलाज करप आनी दुडवांचो इबाड करप हीच प्रवृत्ती आयज समाजांत बळावता.

आयचे पिळगेन पावस म्हणटात तो तसो पळोवंक ना. पावस कसो आसता हें आदले पिळगेन पळयलां. एकदां मीर्ग लागलो काय मागीर बद्द शिरवणांत उगडीप जाताली. सगळी चिकचिक, कुबट वास, चोंदलेलें वातावरण आनी तातूंत दुयेंसां. हीं दुयेंसांय आयचेवरी आकांताळीं न्हय. भोवतेक लोकांचे पांय गायंडोळ वो माती खाताले. मातयेन पांय खातकच जी खाज सुट्टाली ती सोसपाभायली. बुड्डून बुड्डून रगत काडटाले लोक. मागीर तेच पांय घेवन पर्थून शेतांत वावराक. वखद कितें काय म्हळ्यार रातचो मेथये पालो वाटून लावप ना जाल्यार तांबडें तिंतूर लावप.

पावसांतलीं हेर दुयेंसां म्हळ्यार ग्रीप, थंडी, खोकली, जोर बी असलीं. हाचेर जणएकलो घरगुतीच वखदां करतालो. घरांतलीं जाण्टीं मनशां दायजान चलून आयिल्लें वखद करतालीं. सोणबियां, पुनर्नवो हांचो कसाय, मेथयां पेज बी अशें करून घालें काय एक दोन दिसांत मनीस सडसडीत जातालो. ल्हान ल्हान गजालींक लागून आयचेवरी उठलो सुटलो दोतोराकडेन धांवप जाय नाशिल्लें. तशी कोणाक गरजूय दिसनाशिल्ली आनी दोतोराक दिवपाक लोकांकडेन पयसोय नासतालो. दोतोर तेन्नाच घरा येतालो, वो दोतोराकडेन वचप जातालें जेन्ना दुयेंस सामकेंच हाताभायर गेलां अशें दिसतालें तेन्ना आनी दोतोराचो हात लागलो काय दुयेंत रोकडोच बरो जातालो. वखदां परस लोकांचो दोतोराच्या हातगुणांचेर चड विस्वास आसतालो. दोतोराक लोक देवाच्या रूपांत पळयतालो. खंयचोच दोतोर आपली फी केन्ना सांगनाशिल्लो. पेशन्ट पयशे हातांतूय दिना आशिल्लो. जें कितें आसात तें सेर्व्हपणान दोतोराच्या बोल्सांत दवरतालो आनी दोतोर ते कितले आसात हें पळोवंक मेजीय नासलो. कोणें आपली फी दिलीना म्हूण मागपाक रावनासलो. तो मनीसपणाचो काळ आशिल्लो. आयचेवरी वैजकी सेवा धंदो जावंक नाशिल्लो. आपूण दोतोर जालां, वैजकी शिक्षण घेतलां तें लोकांची सेवा करूंक ही भावना दरेक वैजाच्या मनांत वसताली. आयज वैजकी शिक्षण घेवपी दरेक विद्यार्थी केन्ना आपल्याक डिग्री मेळटली आनी केन्ना पेशन्टाच्या बोल्साक कातर लायतलों हेच विचारांनी शिक्षण घेतात.

भलायकी हीच खरी संपत्ती म्हणपाची इंग्रजींत 'हेल्थ इज वेल्थ' म्हूण एक म्हणणी आसा. आयज फक्त गिरेस्तूच न्हय तर सामान्यांतलो सामान्य मनीस लेगीत भलायकेचे बाबतींत जागृत जाल्लो आसा. ही जागृताय आदले काळार नाशिल्ली अशें न्हय. पूण आयज जी एक दुयेंसाची, मरणाची भिरांत लोकांमदीं उप्रासल्या ती आदीं नाशिल्ली. ताचें कारण म्हळ्यार लोक कश्टी आशिल्लो. आयज लोकांक कश्टाविणें पयशे जोडपाची संवय लागल्या. सरकारूय नव्यो नव्यो येवजण्यो आखून असल्या गजालींक प्रोत्साहन दिता. तेच पासत आयतें खावपाची संवय बळावत आसा.

आयज जीवन गतीमान जायत आसा. दुडू करप आनी सुखां भोगप हेंच जीवनमूल्य थारिल्ल्यान मनीस सतत धांवत सुटला. भोगवादी जिवीत म्हळ्यारूच सूख अशी सुखाची संकल्पना करून घेतिल्ल्यान आज कुटूंब वेवस्ताच कोसळ्ळ्या. आवय-बापूय जोडी फाटल्यान लागल्यात. घरांतलीं जाण्टेलीं वृध्दाश्रमात जावं मूळच्या घरांत. भुरगीं बोल्सांत पयसो आशिल्ल्या मेळटा तें खावन कूड जगयतात. तांच्या हुस्क्यान आवय-बापूय माथ्या ताण घेवन भोंवतात. हाकाच लागून गोडेमूत, प्रेसांव, तरातरांचे कांक्र पिडा भुरगेपणारूच लागिल्ल्यान जोडिल्ली जोड ह्या दुयेंसांक घालच पडटा. पयलींच्या काळार एकत्र कुटूंब पध्दत आशिल्ली. एकमेकाच काळजी घेवप जातालें, घरांत वेवस्तीत जेवण जातालें. जाण्ट्या मनशांच आदार आशिल्ल्यान भुरग्यांचेर लक्ष उरतालें. तांचेर संस्कार जातालें प्रत्येकजाण ताणां विरयत जियेतालो. हाका लागून पिडा-दुयेंसां मनशांव आफडुपाक भियेतालीं. आयज मनशान चुकीचे जीवनपध्दतीक लागू आनी सुखाचे भ्रामक कल्पनेक लागून दुयेंस पिडेक येवकार दिल्ल आसा. आयज आपली कूड म्हळ्यार सुखां भोगपाचें एक साधन आन वखदांच्या आधारान तें तगोवपाचें इतलेंच जीवनाचें सार्थक असो कि समज जाल्लो आसा.

अशें आसलें तरी कांय गांवांनीं भलायकेविशीं जागृताय घडोवन हाडपाच कार्य कांय जाणकार लोक करतात. हालींच पेडणे म्हालांत मामलेदा सभाघरांत पावसाळी दुयेंसांचेर मार्गदर्शन करपी एक कार्यावळ जाली उपजिल्होधीकारी नारायण गाड, पेडण्यांतले सरपंच तशेंच भलायकी अधिकारी बी एकठांय येवन पावसाळ्यांत उद्‌भवपी मलेरिया, फायलेरिया डेंग्यु, चिकुनगुनिया बी रोगांचेर भासाभास केली. सरपंचानीं गांवपातळीचे दरेक पंचायत क्षेत्रांत भलायकी समित्यो करूंक वावरूंक जाय, विद्यार्थ्यांची शिक्षकांची मजत घेवपाक जाय, भलायकी खात्या कडल्यान उपलब्ध आशिल्लो निधी हे खातीर वापरूंक जाय बी गजालींचेर चर्चा जाली अशीच एक जागृती कार्यावळ दिवचलेय जाल्ली. दरेक पंचायतीन ज अशी जागृताय मोहीम राबयली जाल्यार लोकांमदीं भलायकेविशींचें गिन्यान उत्पन्न जावं येता. आयज वखदां आनी दोतोरांक जो विनाकारण दुड घालतात ताचेर असल्या कार्याक लागून नियंत्रण येवं येता.

पावसाक आरंभ जालो काय सगळे कडेन चर्चा चलता ती मलेरियाची मेलेरियाक पावसाळो जायच अशें ना. गोंयांतले वर्साचे बाराय म्हयने मलेरियाचे लागणीचे म्हणपाचें वाडट्या मलेरिया रूग्णांकडेन पळोवन कळटा. पावसाळ्यांत जळामळाक उदक चड प्रमाणांत साठवता आनी तातूंत मलेरियाच्या जळारांची पैदास जाल्ल्यान पावसाचो संबंद मलेरियाकडेन जोडटात.

खरें पळोवंक गेल्यार पावसाळो हें मलेरियाचें खरें कारण न्हय. मलेरिया स्वाईन फ्लू, डेंग्यू, चिकुन गुनिया बी जीं कितें दुयेंसां आसात ताचे फाटले मूळ कारण प्रदुशण, लालफितींत घुस्पल्ली नोकरशाय, भ्रश्टाचारी राजकारण, कचऱ्याच्यो राशी, म्हारगाय, अज्ञान, आळस, अंधविस्वास आनी असलींच जायतीं कारणां जावन आसात.

जनतेक शासनाकडल्यान हेर सगळ्यो सोयी जसो हक्क म्हूण मेळटा तशीच भलायकी सुविधा दिवपाचेंय शासनाचें कर्तव्य थारता. पूण जे सग लोक आपल्या भलायकेची काळजी आपूण स्वता जावन घेनांत, स्वताक निरोगी दवरपा खातीर नियोजन करिनात जाल्यार वैजांनी कितलोय यत्न केलो तरी तो फळादीक जायतसो दिसना.

दुयेंस जावंक फावना म्हूण जतनाय घेयात

- डॉ. अनील घार्से,
आगशी.

गीम सोंपून पावस सुरू जातकच दोतोराच्या कन्सल्टींग रूमाच्या भायर पेशंटांची आनी फार्माशी भायर गिरायकांची रांक लागता. लोक हाका म्हणटात जोरी पडल्या.

ही जोरी म्हळ्यार कितें, ती कशी पडटा, ती पडल्यार कितें करप!

ती जावंची न्हय म्हूण कितें जतनाय घेवप तें पळयात.

जोरी म्हळ्यार जोर जो एकट्याक येतकच सगळ्या घरच्यांक तशेंच गांवांत आनी लागसारच्या गांवांनीं येता. जाका आमी ग्रीप आयल्या अशें म्हणटात.

पावसाच्या दिसांनी खूबशीं दुयेंसां जातात. पावसांत भिजल्यार, दुशीत उदक पिल्यार, दुशीत फळां, भाजी बी खाल्यार ताचो परिणाम ह्या दुयेंसांत जाता. ताचें कारण व्हायरस, बॅक्टेरिया, फंगस ह्या जंतूंचो प्रादुभाव तशेंच जळारां चाबप हेंय एक कारण आसता.

पावसा दिसांनीं तापमान देंवता, उदक साठून उरता. तशेंच फळां, पानां, मेल्लीं जनावरां, शेवणीं बी कुसतात. हाका लागून हे जंतू वाडटात. पावसा दिसांनीं जावपी दुयेंसां म्हळ्यार जोर, खोंकली, नाक, व्हांवप, शिंको येवप, ताळो (घसो) दुखप, पातळ परसाकडेन जावप, मोडशी बी पडप, पोटांत घास मारून येवप, कॉलरा, कामीण, दिसां जोर (टायफॉयड) ह्या सारकीं दुयेंसां पावसांत भिजिल्ल्यान, दुशीत उदक पियेल्ल्यान, खाण खाल्ल्यान जातात. तर मलेरिया, डेंग्यू, चिकुनगुनिया हीं दुयेंसां जळारां चाबून जातात. पावसा दिसांनीं कातीचीं आनी दोळ्यांचींय दुयेंसां जातात.

हीं दुयेंसां जावंचीं न्हय म्हूण आमी पावस पडचे आदीं घर, घराची सरभोंवतण साफ करपाक जाय. घरांत वावजड येवंक दिवंक फावना. बांयचेर जाळी घालूंक जाय. पोरणीं आयदनां, टायर, व्हाज, कट्ट्यो बी घराभायर पडून आसल्यार तांचो विलो लावंक जाय. मच्छरदाणी, जळारां पयस करपी वखदां घरांत हाडून दवरूंक जाय. चडांत चड म्हत्वाचें म्हळ्यार संडासाचे टाकयेक बी बुराक आसल्यार तें बंद करूंक जाय.

पावसांत भिजपाचें टाळपाक जाय. भिजल्यार घरा येवन दुगदुगीत उदक न्हावन, आंग पुसून नितळ, सुके कपडे घालूंक जाय. भिजल्यार चड वेळ आंगार कपडे दवरूंक फावना.

रस्त्यावेलें, गाड्यांवेलें, उगड्यार आशिल्लें खाण, उदक बी पोटांत वचूंक दिवंक फावना. भाजयो बऱ्यो धुवन, शिजोवन खावंक जाय. उदक सदांच तापोवन पिवंक जाय.

पावसा दिसांनीं खूब उदक पिवप, व्यायाम करप, जोर आयल्यार संसर्ग टाळप, सुशेग घेवप गरजेचें.

आमी दुयेंत जावन वखद विर्सद करचे परस तीं जावंचिना हाची जतनाय घेवंक जाय. भुरग्यांक असलीं दुयेंसां रोखडींच जातात देखून तांचेकडेन चड लक्ष दिवंक जाय.

भलायकेचो प्रस्न हो सुटावो न जावपा सारकी एक चालंत समस्या. आज ह्या मळावेलें संशोधन दिसानदीस इतलें प्रगत जायत वता आनी शास्त्रिय, विज्ञानीक, अध्यात्मीक नदरेन अभ्यास करून नवे नवे जितले उपाय अस्तित्वांत येतात तितल्याच जोमान नवेनवे रोग अस्तित्वांत येतात. कितलेंय प्रखर आनी सशक्त वखद तयार केलें तरी त्या वखदाक दाद न दिवपी विशाणूय तयार जायत रावतात.

भलायकेचे बाबतींत आयुर्वेद सांगता जर एखाद्रया मनशाक धर्म, अर्थ, काम आनी मोक्ष हे चारपुरूशार्थ जोडपाचे आसत जाल्यार त्या मनशान पयलीं भलायकेन संपन्न अशें शरीर धारण करूंक जाय. रोग ह्या चारूय पुरूशार्थां पासून मनशाक वंचीत करता.

मनशाचें शरीर हें सुमार ७५ हजार अब्ज पेशींची एक वसाहत जावन आसा. तातूंत निरंतर कितल्योतरी पदार्थविज्ञानीक आनी रासायनीक प्रक्रिया घडत आसतात. ह्या सगळ्या प्रक्रियांची गोळा-बेरीज म्हळ्यार मनशाची वैचारीक, सामाजिक, मानसीक आनी शारिरीक भलायकी.

ही आमची पृथ्वी सतत आपले भोंवतणी घुंवत घुंवत सूर्या भोंवतणी घुंवता. पृथ्वी आपले भोंवतणची एक फेरी पुराय करता ताका एक दीस आनी सूर्या भोंवतणी फेरी पुराय करता ताका एक वर्स म्हणटात हें आमी शिकल्यात वो आयकलां. तेच प्रमाण पृथ्वीचें आपले भोंवतणीं भोंवप आनी सूर्या भोंवतणीचें भ्रमण हांच्या आसां मदीं फरक आसता आनी ह्या फरकाक लागून ऋतूचक्र निर्माण जालां आनी एक विविधताय निर्माण जाल्या. हे विविधतायेचो मनशाक जितलो फायदो जाता तितलें लुकसाणूय आसा. गीम, पावस आनी शिंयाळो हाका लागून वातावरणांत जावपी बदल तरातरांचीं दुयेंसां घेवन येता. ह्या दुयेंसांमदीं कांय दुयेंसां ह्या ऋतूबदलांक लागून न्हय तर तरातरांच्या विशाणूंक आनी जिवाणूंक लागून फाफसतात. हे कांय रोगजंतू इतले सुक्षीम आसतात, जे साद्या सुक्षीमदर्शक यंत्रांतल्यान लेगीत नदरेक पडनात. ते पासत खाशेलें अती सुक्षीमदर्शक यंत्र वापरचें पडटा. हे विषाणू खंयच्याय मनशाची प्रतिकार शक्ती उणी आसल्यार ताच्या शरिरांत शिरून ताका इन्फ्लुएन्झा, स्वाईन फ्लू, गालगुंडां, मलेरिया,

फुगांव बी रोग जातात. हे विषाणू फक्त जिवीत पेशीं भितरूच रोगजंतूंची निर्मिती करूंक शकतात. ह्या रोगजंतूंक लागून मनीस मेलो तर मनशां वांगडाच रोगजंतूंचो नाश जाता. पूण मनीस दुयेंत जाला आनी हे दुयेंतीचो दुसरे व्यक्तीकडेन संपर्क आयलो वा ताचें रक्त जळारां बी किटकांनी घास मारून दुसऱ्यांचे कुडींत घालें आनी ताची रोग प्रतिकारशक्त उणी आसल्यार ती व्यक्ती रोगाचो बळी थारता. मलेरिया हो हातुंतलोच प्रकार.

मलेरिया हो संवसारांतल्या मुखेल घातक रोगां पयकी एक जावन आसा. मलेरियाक लागून संवसारभर जीं मरणां जातात तांचो आंकडो नदरेक भरपा सारको आसा. संवसारांतले ३.३ बिलीयन लोक मलेरियाचो संभव आशिल्ल्या वाठारांत रावतात. जागतीक मलेरिया रिपोर्टा प्रमाण दर वर्सा संवसारांत २४३ दशलक्ष मलेरियाचे रूग्ण सांपडटात. तर लागीं लागीं ८,६३,००० रूग्ण मलेरियान मरतात. मलेरियाक लागून दरवर्सा धा हजारां परस चड बाळंतिणी आनी दोन लाखां परस चड नवींच जल्मल्लीं भुरगीं मरतात अशें जागतिक भलायकी संघटना सांगता. मलेरिया जातकच रूग्णाक ५ ते २० दीस मेरेन न्हिदून रावचें पडटा आनी इतल्या मोठ्या प्रमाणांत मनीसबळ वापराविना उरल्यार देशाचे उत्पादन शक्तीचेर मोठो परिणाम जाता. मलेरियाक लागून संवसारभर ०.५ ते १.०० बिलियन डॉलर इतलें लुकसाण जाता.

आमच्या भारतांत दर वर्सा १७ ते २० लाख लोक मलेरियाच्या चोपक्यांत सांपडटात. एक हजार परस चड लोक मरतात. भारत सरकारच्या भलायकी खात्याच्या अर्थ संकल्पांतलो सुमार ४० टक्के वांटो मलेरिया निर्मुलना खातीरूच आसता.

मलेरिया निर्मुलन हें केन्नाच पुराय न जावपा सारकें मिशन. मलेरियाचे जंतू हे इतले शक्तीमान आसतात की ते खंयच्याच वखदाक जुमानिनांत. जितलें चड खर वखद मारतात तितले हे रोगाणू आपली शक्त वाडयतात. जर मलेरिया निर्मुलन करपाचें आसत जाल्यार मलेरियाचो फैलाव करपी जळारांचें पयलीं निर्मुलन करपाची गरज

प्लास्टीक पोतयांक कोणूच ना म्हणना. दुयेंसांक अशे तरेन हातभार लायतात.

आसा आनी ते पासत स्वच्छताय मोहीम राबोवपा पासत समाजाक शिक्षित करपाची गरज आसा.

आमी पुर्तुगेज राजवटीक गाळी घालतात. कित्याक ती परकी राजवट आनी ते राजवटीन आमकां गुलाम केल्ले. सगळें बरें आसा, पूण लिपेजी पासत आनी सावुदी पासत पुर्तुगेज शासन तत्पर आसतालें. तेन्नाचें देलीगाद दे सावूद सगळेकडेन बारीक नदर दवरून आसतालें. देलेगाद सावुदाचो दिरेतोराक लोक वचकून आसताले. पुर्तुगेज सरकारान सावूद पयलीं मागीर बाकीचें असो एक दंडकूच दवरिल्लो. तेच वांगडा जनतेक भलायकी सेवा उपलब्द जावंची म्हूण गांवांगांवांनी भलायकी केंद्रां आनी अधिकारी आशिल्ले, जांकां लोक भिताले. हाका लागून लिपेजीची एक संस्कृताय निर्माण जाल्ली.

पणजे शारांतली भलायकी सेवाच लक्षांत घेयात. व्हडलें उस्पितल इतलें प्रचंड आनी ऐसपैस आशिल्लें, हवेशीर आशिल्लें की थंयच्या वातावरणानूच मनशाची सावूद बरी उरताली. ते भायर पणजे शारांतलें आनी रायबंदरचें दोनूय उस्पितलां न्हंयचे देगेक. रस्त्यावेली येरादारी बंद आसली, तशेंच कितेंय युध्दजन्य परिस्थिती उप्रासली जाल्यार दुयेंतीक उदकांतल्यान तरी व्हरपाक मेळूंक जाय ही तजवीज! पूण आयज आमच्या उस्पितलांची गत कितें जाल्या? ताचेर मागीर येवया. पयलीं आमची रासवळ लिपेज.

आमचो लोक घरांतलो कोयर आय प्लास्टिकच्या पोतयांनी घालून जळामळा उडयतात. सामान हाडूंक बाजारांत गेल्लेकडे पोतयो आनी घराकडेन पावलीं काय घरांत कचरो घालून भायर उडोवपाक त्यो पोतयं प्लास्टिकच्या पोतयांचो हो दुपेटी फायदो. पू लुकसाण केदें? कोयर असोच भायर उडय जाल्यार मातयेंत ताचें विघटन सहज आनी रोख जाता. पूण प्लास्टिकच्या पोतयांनी हो कच घालो म्हणटकच प्लास्टिकचें सैमीक विघट जायना, पोतयांतलो कचरो मातयेकडेन संप येवंक नाशिल्ल्यान तसोच कुसत उरता. ताव घाण पडटा आनी ताचेर तरातरांचे रोगजंतू आन जळारां सारके किटक निर्माण जातात. हो प्रक घडचो न्हय म्हूण आमचे लोक कितें करतात गांवचे लोक खोपट्यांनी रावपी आपल्य पोरसांतल्या भाजयेक सारें म्हूण तो कच पुरतात. पूण शिकिल्ले, चार पयशे गांठी जाल्ले लोक प्लास्टिक पोतयांनी ही हळशी माजयतात. खरे ब्रूत ते हे लोक. रोगांचो, दुयेंसाच फैलाव जावपाक हेच लोक खरे जापसालदार.

आतां गोंयांत प्रचंड संख्येन स्थलांतरी भितर सरतात. तांकां गोंयचेंय पडिल्लें ना आन गोंयचे भलायकेचेंय. ते येतात पोट भरूंक. इमार बांधकाम हो ताचो येणावळ स्त्रोत. थंय तांच गलिच्छ लोकवस्ती, कोयराच्यो राशी

जिनस रद्दींत घालून विकूंक कडक बंदी घालची

- गुरूनाथ केळेकार
मडगांव.

गोंयकार निवळसाणीचो भोक्तो. त्या काळर्ग 'कांतोनेर' नांवाचे सरकारी कामदार सांबाळटाले. बाकीचे मार्ग पावस सांबाळटालो. पावसाचे एक दडकेन मार्ग चक्क जाताले.

हांवें आतां मेरेन एकूय गोंयकार मार्गार मदीं थुकतना पळोवंक ना. तेन्ना बाजारांत पानपट्ट्यो मेळनाशिल्ल्यो. घरांत बायलेन घोवाक विडो दिल्यारूच पान खावप जातालें. परिणामी, आयज मार्गार जें तांबडें पेंटींग दिसता तें तेन्ना नासतालें. आयज झाडुवाली मार्गार सान्न मारता थंय आसा, पचक करून पानपट्टेची रगत कशी पीक मार्गार सोडटना कोणाक कांय दिसना. पयर एका नव्या लिफ्टांतल्यान वतालों. ह्या नव्या लिफ्टांत एका हैवानान थुकून घाण केल्ली. म्हजो जीव घुस्मटलो. त्या काळार पावस गांव निर्मळ दवरतालो. व्हाळाच्या एका हुंवारांत सगळें व्हांवन वतालें आनी शारांनी कामराचे मनीस फिनेल घेवन घरां फाटल्यान पावताले.

त्या काळचे दोतोर गांवांनी पांयांनी भोंवताले वायटकारांक तपासूंक. शारांनी कांय दोतोर सायकलींनी पेशंटागेर वताले. मडगांवां दोतोर शांताराम नायक सायकलीन वतना हांवें पळयला. आयच्या वैजकी व्यापारा संबंदान बरयना तितलें बरें!

एक दीस पुर्तुगेज सरकारान हुकूम काडलो. कसलेंय शिजयल्लें खाण धव्या आनी बटर पेपरांत घालूनच विकचें. पुर्तुगेजाचो हुकूम मोडपाची छाती कोणाक? गोंयांतलीं हॉटेलां धव्या पेपरान पार्सल सर्वीस दिवंक लागलीं. आयज मडगांवांत बॉम्बे काफे, दिलखूश, वसंत, कोहिनूर अशीं कितलींशींच तेन्नाचीं हॉटेलां खाणा-जिनस धव्या पेपरांत पॅक करून दितात. तांचें कौतूक करीत तितलें थोडें. आंगवळणी पडप म्हणटात तें हाका.

नाजाल्यार गाड्यां कडेन वचात. आयज गोंयांत हजारांनी गाडे लाखांनी रुपये जोडटात. बटाट वडे, सामोसा, भजीं, मिरसांगो, बटाट-कापां थंयचें थंय तळून विकतात. कित्यांत घालून? बोलेतिनांत, रद्दींत घालून. ह्या गाड्यां मुखार लोक सांजचे साडेपांचांक गर्दी करतात आनी तळिल्लें तेल ओडपी रद्दी पेपरांत तें घेवन बकबक खातात. रद्दी पेपर घरांतल्यान धुल्ल आनी जल्ले घेवन येता.

फेस्त आनी जात्रा-दिसांनीं खाजें धुल्लाक उक्तें दवरून विकतात.

मुख्यमंत्री पर्रीकार हांकां म्हजी विनंती, तांणीं भलायकी खात्याक फतवो काडूंक लावन खाणाचे जिनस रद्दींत घालून विकूंक कडक बंदी घालची. हें एकूच काम गोंयची एक खाशेली इमेज तयार करूंक पुरो.

जायतें बरोवं येत. तेन्ना कांय बऱ्यो गजाली आशिल्ल्यो, वायटूय आशिल्ल्यो हें सांगापाची गरज ना. पुर्तुगेजाचे गूण गावंक हांव बसूंक ना. पूण बरें तें बरें म्हणूंकच जाय. ■

रस्त्यावेले फोंड, लोकांचीं बुरशेपणां! रोग आनी दुयेंसां जावंचीं न्हय म्हूण कोणाची तकलीच चलना. तकली चलता ती फकत दुडू करूंक. ह्या दुडवांतले थोडो दुडू मागीर दोतोरांक घालचे पडले जाल्यार तांकां विशेश खंत ना. हेंच मानसशास्त्र खबर आशिल्ल्यान वैजांचें, खासगी रूग्णालयांचें फावलां.

भलायकी हीच खरी संपत्त हें ब्रीदवाक्य नदरे मुखार दवरून सरकारान खरें म्हळ्यार कडक कायदो करूंक जाय. अणभवान शासनाक कल्पना आयल्या आसतली, गोंयच्या लोकांक दुडवांची मस्ती मारल्या. चरबी दाटल्या अशें म्हणपाक हरकत ना. हालींच एक बायलमनीस पणजेच्या काफे रियल मुखार रस्त्यार गाडी थारावन उबी आसा. गाडी मारूती ८००. भोवतेक तिणें रियलांत पार्सल सांगलां आसुये! तिका गाडी काड म्हूण ट्राफीक पोलीसांनी सांगलें. एकदां न्हय. तीन रावंड मारून सांगलें. शेवटाक ताणीं मोटर सायकली वेल्यान देंवून तिका तालांव बरोवंक आरंब केलो. हांवें म्हळें, 'गाडी काड. तालांव दिता तुका.' ती बायल म्हणूंक लागली 'दिवं, हांव भरतलीं.' चेहरो तसोच मख्ख. तिका दोनशीं रूपया कांयच न्हय! (तिचेकडेन बिम्ब मासिकाची वर्सांची वर्गणी तिनशें रूपया मागल्यार मेळचिना)

प्लास्टिक पोतयांनी केळीं, फळां विकपी नावशीची भाजीवाली. एका काळावेले नमळ लोक. 'बाबा, आपोलां बरीं ना. तुका न्हू तीं' म्हणपी. आयज पोपाय, आंबे वखदां मारून पिकयतात. हें भलायकेक वायट हें तांकां खबर आसा. हें कितें विकतात काय विचारल्यार चेहरो मख्ख. चडूच विचारल्यार 'जाय जाल्यार व्हर' ही जाप. मख्खपणान. प्लास्टिकच्या पोतयांनी भाजी, फळां, नुस्तें विकता म्हूण धाड घालीत जाल्यार मोन्यानी, मख्खपणान किरवटीचे पांचशीं रुपया दंड भरतात. तो भरतनाच दुसऱ्या हातान फळां प्लास्टिकच्या पोतयांनी घालून गिरायक करतात. केदी व्हडली मस्ती! असल्या लोकांकडल्यान रासवळ भलायकेची कसली अपेक्षा बाळगुपाची?

दुयेंसां हीं असल्याच कचऱ्याक लागून तयार जातात हाचें कोणाक भान ना.

तरी पूण ही समाज वेवस्ता, सामाजीक मानसिकता आनी विचारसरणी समाजाचे भलायकेविशीं सकारात्मक ना. आयकनांत तांचेर कडक कृती जाय. एकाचें मस्तेंपण आनी मदांधपण दुसऱ्याक मारक थारता हाची जाण सरकारान आनी भलायकी खात्यान दवरून रासवळ भलायके कडेन विशेश लक्ष दिवंक जाय. पूण आमचें भलायकी खातें, भलायकी मंत्रालय म्हळ्यार एक फकाणाचो विशय थारला.

भलायकीच्या मळार वावुरपी नर्स, दोतोर, संचालक, मंत्री हे सगळेच सेवाभावी वृत्तीचे आसूंक जाय आनी कर्तव्यकठोरूय आसूंक जाय. आयज रासवळ भलायकी मळाक धंदेवाईक स्वरूप आयलां. भलायकी मळान आपलें पावित्र्य वगडायलां. शिस्त वगडायल्या. कर्तव्यदक्षतेचो अभाव, बेशिस्तीचो कहर हाका लागून खासगी वेवसायाक उधाण आयलां. दर दिसा गोंयांत नवीं नवीं खासगी हॉस्पिटलां आनी लॅबोरेटरी येतात. तांचो दर पळयत जाल्यार कोणाचेंच दराचेर नियंत्रण ना. हीं हॉस्पिटलां आनी गैरेजी हातूंत फरक ना. कोणूय बरो ना जालो काय ताच्या कुटूंबांनीं हॉस्पिटलांत पयशे भरपाचे. मागीर पेशन्ट दिवपाचो. हॉस्पिटल ताका रिपेअर करून, बील फारीक करून जातकच कुटुंबियांकडेन दितात. गाडी गैरजंत सर्व्हीसिंगाक दितात तशी! हो सगळो दुडू करपाचो प्रचंड उद्योग. त्या उद्योगाक बळकटी हाडपाचें, प्रोत्साहन दिवपाचें काम सरकारूच करता. नातर इतलो दुडू खर्च करून तयार केल्ली सरकारी भलायकी सेवा यंत्रणां मरणा धडेर कित्याक पावल्या?

हालींच हांव गोंय वैजकी म्हाविद्यालयांत बांबोळे गेल्लों. पावस पडून गेल्या उप्रांतची जी उबाळ पडली, तिचो परिणाम म्हजेय कुडीचेर जाल्लो. गोंय वैजकी म्हाविद्यालय म्हळ्यार व्हडलें उस्पितल. पणजेचें बांबोळे स्थलांतरीत करचे आदींचें वैजकी म्हाविद्यालय हें व्हडलें उस्पितल म्हणूनच प्रसिध्द आशिल्लें आनी आतांय बांबोळेचें विद्यालय हें मेडिकल कॉलेज उणें आनी व्हडलें उस्पितल चड.

पुर्तुगेज काळांतलें पणजे उबारिल्लें हें व्हडलें उस्पितल पुराय आशिया खंडांत पयल्या दर्जाचें आशिल्लें आनी पणजेच्यान ताचें बांबो स्थलांतर केलें आनी ताका राजी गांधी वैज म्हाविद्यालय अशें नांव दिलें. तरी ता लागिल्लो व्हडल्या उस्पितलाचो दर्जो तस सांबाळचो, आशिया खंडांतलें एक दर्जे हॉस्पिटल असो जो ताचो मान आशिल्लो ता वेर वचूंक दिवंची न्हय असो ताचें स्थल करतना सरकारचो हावेस आसलो. स्थलांतरीत उस्पितलाचो आदलो आब प्रकल्पाक नासलो तरी, गोंयचेच न्हय तर गो भायलेय दुयेंत हांगा येवन सेवा घेता भारतांतल्या हेर राज्यांत खंयच असली सुवि ना म्हणपाचें आयकूंक येतालें. पूण उस्पितलाक कॉंग्रेस सरकारान लुटलें अशें हाल सद्याचे भलायकी मंत्री लक्ष्मिकांत पार्सेकार हा जाहीर आरप केलो. हाचे वेल्यान गोंयचें संवसारभर नामनेक पाविल्लें आ देशविदेशांतले रूग्ण मोठ्या विस्वासान ज उस्पितलांत वखद विसर्द करूंक येतात तें लुट सारकेंच आसा म्हणपाचें कळून आयलें. प कोणें लुटलें, कशें लुटलें आनी त्या लुटारूं आपलें सरकार कितें ख्यास्त करतलें हें म सांगपाक भलायकी मंत्री अडचले.

गोंय सरकारचें भलायकी खातें हें अत्य म्हत्वाचें खातें. गोंयच्या लोकांची भलाय बरी उरतली जाल्यार तांकां तत्परतेन भलाय सेवा मेळूंक जाय. आयज लोकांचें जिवी गतीमान जाल्ल्यान ताणतणाव वाडल्यात. ता लागून दुयेंसां वाडल्यांत. दुयेंसां जितलीं वाडल्य तशीं खासगी दोतोरांची आनी उस्पितलांची जो वाडल्या. आतां आदलीं सारके मनीसपणा



आशिया खंडांतलें पुर्तुगेज काळावेलें सगळ्यांत व्हडलें हॉस्पिटल

गोंयकारांक उत्कृश्ट दर्जाची भलायकी सेवा दिवपाचें सपन बाळगिल्ले डॉ. चंद्रकांत शेटये

म्हत्व दिवपी सेवाभावी वैज उरूंक नांत तर दुडवांक पळोवन तशी सेवा दिवपी तज्ज्ञ जळामळाक निर्माण जाल्यात. तांचीय म्हूण चूक ना. ताणीं तशें शिक्षण घेवपाक, खाशेली अर्विल्ली यंत्रसामुग्री हाडपाक दुडू खर्चिल्ले आसात. ते भरून काडपा खातीर तांकां दुर्येतीच्या खिशाकूय कातर ही लावचीच पडटा. वाघान हरणा कडेन वो गायेन तणांकडेन इश्टागत केली जाल्यार तांचें पोट भरप शक्य ना. देखून सरकारान गोंयची भलायकी सेवा गांभिर्यान हाताळपाक जाय आशिल्ली.

सरकार भलायकेचेर हिसपाभायर दुडू खर्चिता. पूण व्हडल्या उस्पितलाची, गांवांगांवांतल्या वैजकी केंद्रांची जी अवतिकाय जाल्या ती पळोवपा सारकी ना, इमारतींची काळजी घेवप जायना, यंत्रसामुग्रीचेर लक्ष ना, वीज, उदक हाचो पुरवठो सारको ना. स्वच्छताय ना, कर्मचारी बेशिस्त. वैजांक सेवाभावी वृत्ती म्हळ्यार कितें कांयच खबर ना. जे फक्त नोकरी म्हूण जोडपा खातीर येतात तांचें हांगा फावता. पूण जे कोण सेवेचें व्रत घेवन येतात तांचें मरण जाता. थोडे भितर सांगपाचें जाल्यार गोंय वैजकी म्हाविद्यालय म्हळ्यार व्हडलें उस्पितल आनी गोंयच्या गांवांगांवांनी उभारिल्लीं वैजकी उपकेंद्रा म्हळ्यार भजभजपुरी जाल्यांत. वेवस्थापनांत जी एक कडकसाण आसूंक जाय आशिल्ली तीच ना जाल्ल्यान गोंय वैजकी म्हाविद्यालय दिसान दीस आपली भलायकी वगडायत आसा.

हाचोच फायदो घेवन आयज गोंयांत कितलीं तरी अत्याधुनीक यंत्रणां आशिल्लीं हॉस्पिटलां तयार जायत आसात. तांच्यो जायराती, तांचो प्रचार पळयत जाल्यार गोंयकारांच्या जिवाचेर ताणीं धंदो उगडला काय कितें अशेंच दिसले बगर रावना. प्रत्येकाक आपलो रूग्ण हो प्रिय आसता. ताचें कितेंय बरें वायट जावंचें न्हय, ताका बऱ्यांतले बरे उपचार मेळचे म्हूण रूग्णाचे घरचे, आशिल्लें नाशिल्लें हॉस्पिटलाच्या आनी दोतोरांच्या हड्ड्यार घालतात. प्रसंगी रिणूय काडटात. बरी सेवा मेळटली जाल्यार दुडू खर्च केल्या बगर पर्याय नासता. तरी लेगीत सरकारान अशीच सेवा दिवन रूग्णांकडल्यान अर्दे पयशे घेवं येतात. सरकारी सेवा म्हणटकच रूग्ण निश्चिंत आसता. पूण आयज सरकारी भलायकी सेवेचेर लोकांचो विस्वास ना. देखून ते खासगी भलायकी सेवा दिवप्यांकडेन गर्दी करतात. तांची गरज पळोवन हे खासगी गैरजवाले रूग्णांची कात काडटात. तेच पासत ताणीं गोंयचे भूंयेचेर कोट्यावधी रूपयांची गुंतवणूक केल्ली आसता.

पूण ह्या धंदेकारांमदीं कांय सेवाभावी वृत्तीचेय, मनीसपण आशिल्लेय वैज आसात. पणजे पाट्यार फाटले म्हयन्यांत विजन केअर म्हूण दोळे तपासणी केंद्र गेरा एम्पोरिअमांत सुरू

डॉ. चंद्रकांत शेटये ह्या व्हिजनऱ्याचें सपन 'व्हिजन हॉस्पीटल'



डॉ. चंद्रकांत शेटये एका रुग्णाचे दोळे तपासतना.

जालें. मुख्यमंत्री, आमदार, मंत्री बी उक्तावणाक आशिल्ले. म्हाकाय निमंत्रण आशिल्लें. जेन्ना राजकारण्यांक बी आपोवन असल्या उच्च तंत्रगिन्यानाचो, म्हारगेल्या यंत्र सामुग्रीचो बी आसपाव आशिल्ल्या भलायकी आस्थापनाच्या उक्तावणाचो सुवाळो जाता तेन्ना मनांत एक दुभाव निर्माण जाताच, आनीक एक आस्थापन आयलें गोंयांत गोंयकारांक मामा करून कात काडपाचें!

पूण हें निमंत्रण म्हाका आशिल्लें तें म्हजी एक दोतोर इश्टीण डॉ. शीला गुप्ते हिचे कडल्यान. डॉ. शीला गुप्ते ही एक सेवाभावी, सामाजीक बांधीलकी मानपी वैजकी मळावेली जाणकार. ताची भयण स्मिताय दोळ्यांची दोतोर. दोळ्यांची तज्ज्ञ म्हळ्यार जाता. तीच ह्या नव्या आस्थापनांत दोळ्यांची काळजी सेवा दिवपाची आशिल्ली. म्हणटकच 'कात काडपाचें केंद्र' असो म्हजे तकलेंत विचार आयिल्लो तो गेलो. हांगा सेवा मेळटली ती उत्कृश्ट आनी माफक दरांत हाची खात्री हांव दिवंक शकतालों आतां आनी डॉ. शीला गुप्तेक लागुनूच म्हजी वळख जाली डॉ. चंद्रकांत शेटये हांचे कडेन.

डॉ. चंद्रकांत शेटये लागीं वळख जाली आनी फक्त दुडू करपाच्या हावेसानूच गोंयांत लोक वैजकी सेवेचो धंदो करिनात तर गोंयच्या लोकांक, तांकां परवडटा त्या माफक दरांत सेवा दिवन भलायकेची काळजी घेवपीय लोक आसात म्हणपाची जाणवाय मेळ्ळी. गोंयच्या लोकांक बरी सेवा दिवपाचो बिचार फकत गोंयकारूच करूंक शकता आनी ते नदरेन वावुरता म्हणपाचें डॉ. चंद्रकांत शेटयेकडेन उलयतना कल्पना आयली.

डॉ. चंद्रकांत शेटये गोंयचो. मेणकुरें गांवचो. मनान, विचारान आनी कर्तृत्वान पुरायपणान गोंयकार. म्हापशां धुळेर हांगा ताणें 'व्हिजन मल्टीस्पेशीयलीटी हॉस्पिटल' उबारलां. एकाच पाख्याखाला गोंयकारांक भलायके विशींच्यो सगळ्यो समश्या आनी तक्रारी निवारण करपा खातीर, गोंयच्याच न्हय तर धाय दिकांतल्यान भलायकेच्यो समस्या घेवन येवपी सगळ्या तरांच्या पिडेस्तांक रास्त आनी माफक खर्चांत बऱ्यांतली बरी वैजकी सेवा मेळची देखून तांचें हें सपन, व्हिजन!

डॉ. चंद्रकांत शेटये हो स्वता नेत्ररोग तज्ज्ञ. गोंयच्या मेणकुरें ह्या एका खेड्यांतलो. दोतोर, इंजिनेर बी वेवसायीक फांटे आसात ते सुखवस्तू घराण्यां खातीर ही गोंयची परंपरा. पूण चंद्रकांत शेटयेन आपले मुखार ध्येय दवरलें. आपलें मुळावें शिक्षण पुराय करतना शाळा ते घर मे कितलो तरी चलून प्रवास केलो. मागीरचें शिक्षण पणजे शारांत, वैज शिक्षण गोंयच्या वैजकी म्हाविद्यालयांत पुराय केलें.

कठीण परिस्थितींत शिक्षण घेवन चंद्रकांत शेटये एम्एस जालो अ आपलें शिक्षण फुडले पिळगेक दिवपा पासत गोंय वैजकी म्हाविद्याल मदुरायच्या अरवींद आय हॉस्पिटल बी म्हाविद्यालयांनी ग्रॅज्युएट अ पोस्टग्रॅज्युएट विद्यार्थ्यांक शिकयलेंय बी. ह्या सगळ्या प्रवासांत ता वेगवेगळे भोवमान आनी पुरस्कार लाभले. पूण ताचो सगळ्यांत व्हड पुरस्कार म्हळ्यार ताणें आपल्या गोंयच्या लोकां खातीर सगळ्या तरां भलायकी सेवा आलायती आनी माफक दरांत उपलब्ध करून दि रूग्णाकडल्यान मेळयल्ले आशिर्वाद.

आयज ताच्या म्हापशेंच्या धुळेर वाठारांतल्या व्हिजन मल्टिस्पेशियली हॉस्पिटलांत सगळ्या तरेचे उपचार करपी तज्ज्ञ वैजाची फौज आस बऱ्यांतली बरी यंत्र सामुग्री आसा. सेवाभावी वैज आनी कर्मचारी आसा ताणें आपल्या 'व्हिजन' हॉस्पिटलाचे फांटे सिंधूदूर्गांत दोन कडेन आ पणजे पाटो हांगा उभारल्यात. हें सगळें करपा फाटलो ताचो उद्देश धं न्हय तर आपणें घेतिल्ल्या वैजकी शिक्षणाचो लाव सर्व सामान्याक जावंच तो ज्या मळावेलो तज्ज्ञ आसा तो दोळ्यांचो फांटो म्हळ्यार एक उच दर्जाचें उपचार केंद्र. दोळ्यांचो पड्डो (रेटिना) दोळ्यांची काळी मंडो बदलप, प्रेशर, काचबिंदू, भुरग्यांच्या दोळ्यांच्या मलप्यांविशीं उपच पध्दत बी अश्या दरेक विभागा खातीर खाशेले तज्ज्ञ आसात आनी गो वैजकी विद्यालयांतल्यो केसींचेर लेगीत हांगा उपचार जाता. पयलीं रूग्णां मदुराई दोळ्यांच्या हॉस्पिटलांत व्हरचो पडटालो. पूण आतां सगळे उपच ह्या व्हिजन केअरांत जातात. डॉ. शेटयेचें हेंच व्हिजन आशिल्लें.

हें सगळें सांगपाचें कारण म्हळ्यार भलायकी सेवेचो धंदो करपा मानसिकतेन गोंयांत ह्या मळाचेर जे व्हडले व्हडले प्रकल्प येतात तांच जाळवणदारांनी असल्या लोकांच्या वावराकडेन पळोवंक जाय. गोंयां अजून कांय दोतोर आसात ते ह्या वेवसायाकडेन धंदो हे नदरेन पळयनात पळोवंक फावनाय बी. गोंयांत जे कोण धंदो करपाचे नदरेन भलाय संबंधी उद्योग उभारतात तांचेर सरकारचो वचक आसूंक जाय.

हालींच गोंय राज्याचे भलायकीमंत्री लक्ष्मीकांत पार्सेकार हाणीं गोंयां खाजगी मेडिकल कॉलेजांक मान्यताय दिवंक कायदो करपाचे आसा अशें सांगलां. गोंयांत खाजगी कॉलेजां घालपा खातीर गोंय सरकाराकडे प्रस्ताव आयल्यात. गोंय वैजकी म्हाविद्यालयांत दोनशें सुवातो करून आनीक कॉलेजांची गरज आसा हाचोच अर्थ हो एक खूब व्हडलो धं म्हणपाचें भलायकी उद्योजकांनी पारखिलां. गोंयांत एका काळार वोडीतला खाजगी मेडिकल कॉलेज घालपाचो प्रयत्न केल्लो. तेन्ना ताका आम धांवडावन घाल्लो. आतां पर्थून खूब जाण तसो यत्न करतात पूण गोंय हीत सांबाळनासतना जर हो धंदो करूंक मान्यताय दिली जाल्यार मा ताका विरोध हो जातलोच.

- नं. ध. बोरकार

सपन

गुरवार आशिल्लें नातलू दिसान दीस सोबीत दिसतालें. ताचे नखरे चडूच वाडटाले. सिमांव ताका पळोवन खुशालभरीत जातालो. ताचो जाता तितलो मोग करचो अशें ताका दिसतालें. पूण तो आपल्याचेर नियंत्रण दवरतालो. कित्याक तर ताका बल्कावांतल्यान भायर नदर मारता तेन्ना गांवचीं भुरगीं भाटांत बोवाळटना दिसतालीं. तांच्या मुखार ताका असलीं भुरगेपणां करपाचीं नासलीं. मात्सो पयसूच बसून ताणें आपल्या भुरग्यांचो फुडार नातलू मुखार दवरलो. सिमांवाचीं सपनां पळोवन नातलून ताका सांगलें आपूण आपल्या भुरग्यांक कशेंच शेतांत वावरंक धाडचें ना... आतां फुडें....

सैमाच्या नेमाप्रमाण ते ते वेळार तें तें घडून येता. मनीस सैमाच्या नेमा आड गेल्यार ताचे वायट परिणाम ताका भोगचे पडटात आनी सैमूय सट्ट करून जिवांच्या हिता आड वचना.

आतां फाल्गून म्हयनो लागिल्लो. शिगम्याचे दीस सुरू जाल्ले. लागसारच्या दोंगरा वयल्यो काजू फोकांनीं, बिब्यांनीं, पांचव्याचार तुरमणानी आनी तांबड्या-हळदुव्या मुट्ठ्यांनी भारावन गेल्लो.

गांव शेता-भाटांचो. तरी ल्हान-ल्हान दोंगुल्ल्यांनी जोडिल्लो. काजू झोपांनीं नटिल्ल्यो ह्यो दोंगुल्ल्यो, हुसके गोंडे माळून शिगमो सोबयताल्यो.

हेर गांव कसोय आसूं, पूण सिमांवल्या ताब्यांत आशिल्लें दोंगुल्लेसयत शेत-भाट सैमीक गिरेस्तकायेन समृध्द आशिल्लें.

सिमांव शेता-भाटाचो आनी दोंगराचोय धनी नासलो. तरी दीस-रात कश्ट करून आखखें भाट आपलेंच मानून रसरशीत करून दवरिल्लें ताणें.

गिमाळ्यांत ताच्या मुखार एक व्हडलो प्रस्न आशिल्लो. तो म्हणल्यार उदकाचो. घराभोंवतण पांचवीचार दवरपा खातीर बांयचें उदक ओडटालो. बांय सुकली म्हणटकीर कळशांनी खंयचेंय तरी भायलें उदक हाडून फळझाडांची राखण करतालोच. फळ-फूल झाडां म्हणल्यार ताचीं भुरगीं कशीं!

ताच्या शेताचो प्रस्न ताका व्हडलो-सो सतायनासलो. शेत रेताळ आशिल्ल्यान, गर्भांत वर्सभर उदकाचो सांठो आसतालो. शेतांत होंडे मारून दवरिल्ले आसताले. माया म्हयन्यांत लेगीत चार खोरीं माती काडून वयर मारल्यार घसघशीत उदक मेळटालें.

उदक मेळटालें अशें हे खातीर म्हणपाचें, की एका तेंपार शेतां-भाटांतले उदका सांठे, कश्टकारांचे पायें धुवंक तत्पर आसताले. आतां ते मनशांच्या आवाजानूच खिणांत आटून वतात.

ही गजाल सिमांवचे बाबतींत न्हय तर हेर शेतकारांचे बाबतींत.

जे सुवातेर सिमांवाच्या पावलांनी धर्तरी तरतरताली, तीच आयज हेरांच्या पावलांचो

आवाज आयकून थरथरताली आनी कलकलताली.

सिमांव गांवांतल्या शेतां-भाटांच्या आपल्या वांट्याचो राखणदार आशिल्लो. गांवांक लागून आशिल्ल्या दोंगराच्या वांट्याचोय तो ताबेदार आशिल्लो. आपल्या कश्टांनी शेत-भाट फुलोवप-फळोवप सिमांवच्या हातांत आशिल्लें. पूण दोंगराचें कितें? दोंगरार गिमांत उदक खंयच्यान हाडटलो आशिल्लो तो? दोंगर शिंपून पीक काडप ताच्या हातांत नाशिल्लें. तरी ताच्या वांट्याचो दोंगर देव शिंपतालो. सारेंय देवूच घालतालो. ताका लागून हेर गांवकारांले दोंगर जेन्ना झेमताले, जळवा खातीर झाडां कापिल्ल्यान बोडके जाताले, तेन्ना रखरखत्या वतांत लेगीत सिमांवालो दोंगर पालेवन ताजो टवटवीत जातालो.

हे वर्सा तर सिमांवालें पालसण चडच फुलिल्लें. तरेकतरेच्या बुटक्या झाडांक पालय फुटिल्ल्यान तीं, नटून थटून, लजेन मान खाला घालून, व्हंकलो कश्यो उब्यो राविल्ल्याचो भास जातालो.

पालसण सोंपलें म्हणटकच लागताली ती सिमांवांली मठी आनी तिचो सोबीत परीसर. हो परीसर म्हणल्यार धर्तरेवेलो सर्गूच कसो! सैमान हांगा तरेक तरेचीं झाडां रुजयल्यांत, वाडयल्यांत, फुलयल्यांत, सजयल्यांत आनी फळयल्यांतय बी.

हांगा काफयेचीं बुटकीं झाडां फुलपाचे तयारेन कोणाची तरी वाट पळेतात. कांय जाणां आपल्या आंगावेलीं पानां झडोवन कळेल्यांत, तर बरींच-शीं पुराय फुलून आपल्या धव्याफुल्ल फुलांभारान पिशीं कशीं हांसतात.

थोड्याच दिसांनीं पावसाळो लागपाचो आसता तेन्ना आपलीं पिशेपणां सोडून तीं फळटात, जुनेतात आनी फुडें फळां पिकोवन आपलो कार्यकाळ पुराय करून एकदांचीं मेकळीं जातात.

सिमांवल्या घरा लागसाराक एक-दोन जगमी झाडांय आसात. माया म्हयन्यांत सैमाच्या आदेशान तांकांय फुलचींच पडटात. आंगभर पांचव्या पांचव्या पानां वांगडा ह्यो जगमिणीय फुलांनी खचाखच भरिल्ल्यो आसतात. ज्येश्ठ म्हयन्यांत तांकां सानुलीं फळुलां धरतात. आशाढ-शिरवाण म्हयन्यांत तीं मोटीं जावन जुनेतात आनी आश्विनात तीं पिकून आपलें जिवीतकार्य तात्पुरतें सोंपोवन फुडले तयारेक लागतात.

जी गजाल जगमिणीची, तीच चुन्निणींची आनी काण्णिनींचीय बी! सगळ्यांचें कार्य एकूच, फुलपाचें आनी फळपाचें. मात कार्यकाळ मात्सो वेगळो. चुन्निणी चैत्रांतूच आपलें कार्य सोंपोवन मेकळ्यो जातात. कारण, ह्यो वांकड्या काट्यांच्यो चुन्निणी सदांच उतावळ्यो आसतात. त्यो जाता तितल्या वेगीं पाखलिणी जल्माक घालतात. ह्यो पाखलिणी म्हणल्यार धवीं-धवीं चुन्नां. ह्या चुन्नांक पिकतकच गोरसो आनी शेंदुरी रंग फाव जाता. ह्या रंगाक लागून चुन्निणीचें झाड हें गोऱ्या हुमल्यांक आपलेंच तेर्र-शें दिसता आनी कोणाचोच परवानो घेनासतना थंय ते घोंटेर बांदतात. तरी त्या हुमल्याचें कोंत करिनासतना सुकणी चुन्नां खावन फस्त करताच.

अशे तरेन, चुन्नांचें ते वर्साचें जिवीतकार्य केन्ना सोंपता, हाचो कोणाक पत्तोच लागना.

आनी काण्णिनी? त्यो तर खापरिणी! सुर्वेक तांबसो-पांचवो रंग घेवन आयिल्लीं हीं काण्णुलां, पिकच्या वेळार काळींकिट्ट रूप धारण करतात. चुन्नाभशेन हीं पिकतकच रोखडींच नश्ट जायनात. माया म्हयनो सोंपलो तरी, एक तर तीं आपले जल्मदाते मातेक चिकटून रावतात, ना तर सुकून गळून पडटात. जगपाची कितलीय आस बाळगून रावलीं तरी तांकां केन्ना ना केन्ना आपलें जिवितकार्य सोंपोवचेंच पडटा.

खरें म्हणल्यार कणेर आनी चुन्नीण हीं दोनूय कांटयारीं झाडां. पूण तांच्या फळपाचो वेळ मात एक न्हय. कणेरां कार्तिकांत पिकतात आनी चुन्नां चैत्रांत. पिकिल्ल्या कणेरांचो रंग काळो, तर चुन्नांचो धवो. चुन्नीणीचीं पानां मात्शीं लांबट-रूंदट तर कणेरीचीं मोटवीं आनी वांटकुळीं. कणेरांच्यो बियो घट्ट तर चुन्नांच्यो मोव. तरी ह्या दोनूय कांटयाच्या झाडांचें कार्य एक, आनी तें म्हणल्यार कसलोच भेद-भाव करिनासतना सजीवांक जगोवप, तांचें पोशण करप.

हांतलीं कांय तरेचीं रानफळां, गांवांपसून, मनशांपसून पयस वसतात. कारण तांचें रोवप मुजरत मनशांकडसून जायना. तें देवाकडसून जाता. तांकां सारेंय देवूच घालता. ताका लागून रानफळांचेर मनशांचो कसलोच अधि नासना. देवान तीं रानफळां किडी-मूयां खात सवण्या पिपुशां पासत मुजरत निर्मिल आसतात. पिकल्या उपरांत तांचेर मनीसजात धाड पडची न्हय म्हूण, झाडांच्या सर्वांगार दे कांट्यांची रचणूक केल्ली आसता. कांट्या सांगाताक हुमले आनी हुरणां आपापल्या घोटे बसून, सैमदेवतेच्या आदेशा प्रमाण फळ राखण करतात.

रानफळांचे बाबतींत हुमल्यांक आनी हुरण पुरायेन खबर आसता, की मनीसजात ही आप दुस्मान. केन्ना ना केन्ना आपल्याचेर घालतलीच. ताका लागून चुन्नीणीवेले हु आनी आनी काण्णिनी वयलीं हुरणां सद सादूर रावन लडायेक सज्ज आसतात. करून तांची मोख काश्टेकार आनी वाले आसता. तांच्या मदल्या एकल्यान तरी फळ हात घालो, तर चड करून हुरणां खिण चाळवतात आनी दुस्मानाचेर तुटून पडटा पिसावलेले हुमले आनी तिडकल्लीं हुर आपल्या दुस्मानाचेर अशे तरेन हल्लो करता की तांकां इल्लो तरी वगत मेळ्ळो जाल्य तांणीं काश्टीवाल्याचो ताबो घेतलो म्हूण समजु आनी एकदां ताबो घेतलो रे घेतलो, माग तांकां रान मेकळें! काश्टेंतलो आ वाल्याभितरलो अचूक मोलादीक म्हाल सो काडून ताका घास मारतकच मनशाक दिसत आंगावेलें थंयच सोडून नग्नावस्थेंत पळ काडच

बायलां मात साडी न्हेसून हुरणांचे वाटे चडशीं वचनात आनी गेलींच जाल्यार, तां गत कितें जातली, हाची कल्पनाच न केल्ल बरी.

अजापाची गजाल म्हणल्यार, सजीवां राखणे खातीर, तांकां जगोवपा खातीर, ईश्वर फाव तशी येवजण करून दवरल्या. ते पास ताणें आपली कल्पना वापरल्याच. ते भा सताचो आनी विविधतायेचोय आदार घेतल तशें नासलें जाल्यार दोंगराचेर वर्सूयभर चुन्नां काण्णांच खावन जगचें पडटलें आशिल्लें. गीम पावस सदांकाळ आंबे-पणसांच्या वासा आख्खो गांव आनी दोंगर घमघमून वचपाचें

हेर फळांक आपलें अस्तित्व दाखोवपाची संदूच मेळची नासली. तेंच-तेंच खावन प्राणीमात्र उबगतले आशिल्ले.

पूण हांगा तशें घडनासलें. कांय फळांचो आडवाद सोडलो जाल्यार, ते-ते वेळारूच तीं-तीं फळां पिकतालीं. शीं पडलें बगर आंबे-काजू चंवरनासले. आंबे चड करून डिसेंबरांत फुलताले, जानेराक कणेताले, मार्चाक तोरेताले, एप्रिलांत जुनेताले आनी चड करून मायांत पिकून झडटाले आनी जर ते पावसांत उरले, तर किडेतात, सिगरेतात आनी चव सोडून बसतात. खावपाचे लायकेचे उरनात.

जी गजाल आंब्यांची, तीच हेर फळांचीय बी! शीं आनी गरमेचो लाव घेवन, सिमांवाल्या ताब्यांतली दोंगुल्ली आनी तिचें पालसण फळां-फुलांनी भारावन वतालें.

दोंगुल्लेचेर काजू, पणस, आंबे, भिरंडां बी आसतालींच, ते भायर जांबळांसयत सगळ्या तरेचीं रानफळां आपूण-आपूण म्हूण मिरयतालीं. तांकां पळोवनूच सजीवांच्या पोटाक थाकाय मेळटाली आनी तांचो जीव धादोशी जातालो.

सिमांव कश्टकारी आनी अशिक्षीत आशिल्लो खरो, पूण तो रसीक आनी व्हडलो कलाकारूय आशिल्लो. आपल्या घराची सरभोंवतण सुंदर, रेखीव आनी सुसोबीत सदांकाळ उरची अशें सिमांवाक दिसतालें. ते पासत ताणें मुजरत गुलमोहर, चाफे, चमेल्यो बी ह्या सारकीं फूल रुखावळ वाडयल्ली!

इतलें करुनूय सिमांव थांबू नासलो. आपली घर भोंवतण ताणें गुलाब, सदाफुली, शब्दुली तरेक तरेच्यो शेंवत्यो-आबोल्यो बी लावन सजयल्ली. तीं फुलझाडां ते-ते वेळार कळेतालीं आनी फुलतालीं.

फुलां वांगडाच तरेक तरेचीं सवणीं आनी जिवाणीं हांगा बिनधास्त वावुरतालीं. कोणाक कोणाचोच हांगा भंय म्हूण नासलो. गांवांभायर खंयी तरी, पोटाभुकेन वणवणपी कोले रात जातांच सिमांवाले दोंगुल्लेर घुसताले. हेरांल्या घुडांतल्यो कोंबयो खाताले, पूण सिमांवल्या एका कुकडाक दोळे उक्ते करून पळेनासले. सिमांवाले कोंबे फांतोडेर साद घालताले आनी कोले दोंगुल्ली सोडून, हुयेली मारून पळ काडटाले.

सिमांवागेर भुरगींबाळां आनी खातींपितीं नाशिल्ल्यान ताणें फाव तितली संपत गांठावन दवरिल्ली. ताचेकडेन पयसोआडको, भांगरांशिंगरां आशिल्लीं, पूण सिमांवचे दिश्टीन असले संपत्तेक कांयच मोल नाशिल्लें. नातलूच्या मनांत कितेंय घोळूं पूण सिमांवाचो मात आपल्या ताब्यांतले दोंगुल्लेचेर आनी शेतांचेर चड जीव आशिल्लो. आपल्या वाडवडिलांनी, व्हडा कश्टांनीं आयज मेरेन सांबाळून दवरिल्ली सैमीक संपत, हे फुडेंय राखून दवरूंक ताका वारसाची गरज आशिल्ली आनी त्याच वारसाची तो व्हडा उमेदीन वाट पळेतालो.

७

आतां नोव्हेंबर सोंपून डिसेंबर लागिल्लो. दिसान दीस सैमांतली थंडी इल्ली इल्ली वाडत आशिल्ली. फांत्या पारार मळब थेंब्यांनी रडटालें. मळबांतलीं धवशीं कुपां खाला देवन शेताचें पांगरूण जाल्लीं. शेताधडेवेली आनी शेतापसून पयस आशिल्ली रुखावळ, चड करून सकाळचीं आठ मेरेन धुक्यांत बुडून आसताली. उपरांत मात सुर्याम्हाराज ल्हवू ल्हवू वयर येवन, आपल्या किरणांनी सैमदेवतेक सुकोवन-पसून काडटालो. तेन्ना दंव थांबतालो, धुकें पयसावतालें आनी शीं इल्लें इल्लें करून पळून नाच्च जातालें. हो दंवान ओलेल्लो, धुक्यान कापशेल्लो वाठार सुर्याच्या प्रसन्न हांशान भांगराळून वतालो.

सुर्याचो हो भांगराळो हांसो गांवांतल्या नवशिक्षीत बाबू लोकांक उपभोगूंक मेळटालो. पूण फांतोडेर शेतांत देंवन कश्टपी शेतकारांक ताचें चडशें सोयरसुतक लागनासलें. हे बाबतींत आडवाद आशिल्लो तो फकत सिमांवचो. सिमांव झिळमिळट्यार शेतांत देंवतालो तो बद्द पेजेक घरा येतालो. वाट संवकळीची आशिल्ल्यान, घरा येतना सिमांवाक पांयांकडें नदर मारीत चलपाची गरज पडनासली. ताच्या बदलाक तो रुखावळीच्यो भांगराळ्यो तेमक्यो नियाळीत चलतालो. काळखांतल्यान वयर सरतां सरतां, सुर्यदेवान स्वांगांतलो सुवर्णरस रुखतेमक्यांचेर शिंपडावन, वाठारांतले वट्ट रूख सुवर्णमय करून सोडिल्ले.

सिमांवाक हो देखावो पळेन-पळेनसो दिसतालो. पूण तो ह्या दिसांनीं वाटेर गणयनासतना घरा वतालो. कारण ताका

नातलूचो हुसको जातालो. नातलूले सुटपाचे दीस लागीं पाविल्ले. तें केन्ना सुटत हाचो नेम नाशिल्लो. ताका लागून सिमांवचें शिंतीद नातलूचेर आसतालें. तशें ताणें नातलूच्या आदाराक आपले मावस भयणीक हाडून घरांत दवरिल्ली. पुणून ती मात्शी कुड्डी आशिल्ली. नाका परस मोतीं जड थारताली सिमांवाक! तरी कोणूच नाशिल्ल्या परस नात्या-गोत्यांतल्या कुड्ड्या-भयऱ्यांचो उपेग करून घेवचोच पडटा मनशांक अडे अडचणेच्या वेळार.

सिमांवची मावसभयण साश्टीकान्न. नांव कातारीन. सभावान मायेस्त, कुड्डी आसली तरी उलोवप भेऱ्यांभशेन मोट्यान. फुडले दोन दांत पडल्यात तरी बिनधास्त हांसताली. भुरगेपणांत सावन तिचेर पुर्तुगेज संस्कृतायेचो प्रभाव. गरीब आसली म्हूण कितें जालें, आंगार कापडाफाळी केन्नाच उडोवची ना. व्हिस्तीद घालुनूच भायर-भितर वावुरताली. कितलोय म्हेळो आनी पिंजको जाल्यार उपकारता. पूण व्हिस्तीद सोडची ना. ताका लागून गांवांतले आनी तिच्या वाड्यावेले लोक तिका व्हिस्तिदकान्न म्हणटाले. मावशेपरस तिका कोणेंय माना म्हणलें जाल्यार ती खोशेन भरताली, तांतले तातूंत व्हडलें माना ना तर बाय!

आयज सिमांव सदांभशेन झिळमिळट्यार शेतांत गेलो. ह्या दिसांनी घरा येवंक कळाव करूं नाका, अशें ताका नातलून सांगून दवरिल्लें.

सिमांव गेल्या उपरांत कातारीनान पेज्जे बुडकुलो चुलीर दवरलो. ताणें रातीकडेंच तांदूळ आसडून आनी वेंचून दवरूंक लायिल्ले सिमांवाक.

पेजेक खतखतो ये म्हणसर कातारीन चुलीकडें बसून रावलें. पेज शिजली ती पळोवन, कातारीन कुडकुडत वचून आपल्या बिछान्यार गोजडी पांगरून पडलें आनी खिणांत घोरेवंक लागलें.

नातलूक मात आयज फांतोडे सावन कशीच झेम लागली ना. भायर कडक शीं आसून लेगीत गरमे दिसां तळमळे लागिल्ले ताका. ताका दिशिल्लें, सिमांवाक शेतांत धाडचो न्हय, पूण काटक नातलू धीर धरून तशेंच पडून रावलें.

नातलू केन्ना केन्नाय बरें ना जातालें. जोरान फणफणटालें. दोतोराक दाखयनासतना, फारमासेंतलें वखद हाडिनासतना, कसायबिसाय घेवन जोर आंगार काडपाची संवंय आशिल्ली ताका. तकली उसळप, आंग फडप, तोंडाक रूच ना जावप असल्या दुखण्याचो अणभव आसलो नातलूक. पूण हे भोग सामके नवे आसले ताका. अकस्मात पोटांत सणसणें मारप, काळजांत कलकलप, फुगासांव जावप ह्या सारक्यो गजाली नातलूक भिवयताल्यो. तरी देवाच्यो म्हणा वो सैमाच्यो म्हणा मदीं मदीं वेगळ्योच करण्यो घडटाल्यो. मदींच दुखणें पयस जावन ताका मदेंच बरें दिसतालें.

आतांय तशेंच घडलें. दीस उदेवन जसो जसो उजवाड चारूय वाटांनीं फाकूं लागलो, सुर्या किरणां मेळत त्या वाटांनीं नातलूले मठयेंत घुसून, नातलूल्या सर्वांगाक स्पर्श करूंक लागलीं. हो स्पर्शखेळ हेर दिसांनींय घडटालो. पूण आयज तो नातलूक इल्लो चडच जाणवलो. ह्या ईश्वरदत्त किरणस्पर्शान नातलू सुखावलें आनी ताका खिणभराक दोळो लागलो. पूण ताचें हें सूख चड वगत तिगलें ना. अकस्मात ताच्या पोटांत धसको बशिल्लेवरी भोगलें ताका. तें फटफटीत जागें जालें. पोटांतली कळ ताच्यान सोसूंक जायना जावन ताणें एकूच कर्कश किळांच मारली - ''माँय जे, मोत्तां जे! धांवाय रे कोणूय तोरी! सिमांवाक आपोयाय रे!'' अशें म्हणून नातलू आपले दोनूय हात फाटल्यान जमनीक तेंकोवन पोट फुडें काडून व्हडल्यान बोबो मारूंक लागलें.

ताची बोब आयकून कातारीनाक जाग आयली. तें सांसपत उठलें. ताणें धडपडत उबें रावपाचो येत्न केलो. ताणें आकांतान म्हणलें, ''बाये, नातलू, कितें जालें गो. सुडोलें कितगो बाये! देवा सायबा, कोण आहाय रे भायल्यानु, धांवाय रे, पावाय रे! सिमांव येयलो ना रे? सामको येण्णो येसो. बायले म्हूण तेक कांयींऽ पोडलो ना.''

हें आयकना फुडें नातलून आनी एक रस्तीन किळांच मारली. हात-पायें फांकारून, पोट वाऱ्यार सोडून तें धतरिर उदारें पडलें.

नातलूली आतांची किळांच चड खर आशिल्ली. ती आयकून घरापसून बरेंच पयस आशिल्लें मोगरू खोपटेंतल्यान भायर आयलें. ताणें चिंतलें, ही किळांच नातलूचीच आसूंक जाय. ताणें आनी वगत केलो ना. आंबीली बुडकु तसोच रांदनीर सोडून ताणें सिमांवाल्या दिकेन एकूच धांव मारली. धांपेत, खर्शेत घरा पाव जाल्यार कितें पळेतलें! घरांत दोग आसात, नातलू आनी कातारीन. नातलू कशें पडून आसा. तें मेलां काय जितें आस कळना. कातारिनान थोडीच बोब मारली, त ताकती प्रमाण. तरी ताचो ताळो बसला. ता लागून तें उलयता काय रडटा, हें समजूंक नाशिल्ली.

मोगरू धिटायेची बायल. तरी नातलूची स्थि पळोवन ताचेर आकांत आयलो. कितें क तें कांयच समजना जालें ताका. ताच्या मुख आतां एकूच उपाय आशिल्लो आनी म्हणल्यार किंवाट्यान बोब मारून लोक आपोवपाचो आनी मोगरून सगळें सोडून तें केलें. पयलीं तें बोबो मारीत लागसारच्या घर गेलें. पळेल्यार सगळीं दारां बंद आसात. घरक शेतांनीं गेल्यांत. तो वेळच आशिल्लो रोप्य उदक घालपाचो.

लागसारच्या घरांनी कोण ना तें पळोव मोगरू तशेंच आड्डेत फुडें गेलें आतां म ताचे यत्न फळाक आयले. ताच्यो आड्ड सालूच्या कानार पडल्यो. सालू वायंग्यांचें प माथ्यार घेवन शेतांतल्यान घरा येतालो. त पाटें थंयच आपटीलें. धांवून मोगरू म्हऱ्य आयलो.

मोगरूक सालूच्या रुपान देवूच दिसलो.

''सालूबाबा, सालूबाबा, माझ्या वांग मात्सो नातलूगेर यो रे!'' मोगरून काकुळ विनयलें.

''कितें जालां गो मोगरू, ओहें आकांज्य कित्याक जालां?'' सालून मोगरूक भियेत भिये प्रस्न केलो.

''सालूबाबा, तूं मात्सो माझ्या वांगडा पळोवया. सगळें सांगोंक म्हाका आतां वोगो ना.'' अशें म्हणून मोगरू सालूच्या हाताक धरू नेटान ओडूंक लागलें. सालूक तें मानवलें न तो काचाबूल जालो. तो मोगरूचेर ताणशेलो

''कोहलीं पिशेपोणां कोत्ता गो मोगरू! आमजेलो तियात्र कोणेय चोयलो जाल्यार कि



म्होण्टोलो गो आमहां.''अशें म्हणून मोगरूल्या हातांतलो हात झटकून फाटीं काडलो.

सालूली ही करणी मोगरूक मानवली ना. तें चाळवलें. सालूलो आपल्याविशीं कितेंय तरी गैरसमज जाला अशें नितळ मनाच्या मोगरुच्या लक्षांत आयलें. ते भायर, माडाच्या कळवांत बसून गुपचूप सूर काडपाच्या कामांत दंग आशिल्ल्या रेंदेराच्या लक्षांत आयलें, सालू आनी मोगरू हांचे मदें उक्तो-उक्तो मोग चल्ला जावंये! रेंदेराचीय चूक नाशिल्ली. असले तरेचे मोग पळोवपाची ताका संवय आशिल्ली. खूबशा तरणाट्यांच्या मोगाचो रिकॉर्ड रेंदेरांकडे आसतालो आदल्या तेंपार. जंय जंय रेंदेर उरल्यात, थंय थंय आतांय असल्यो गजाली पळोवंक मेळटात.

रेंदेरांचें एक बरें आसता. ते आसतात पाद्री सारके. भक्त पाद्रींकडे कुमसार जातात. पूण पाद्री भक्तांलीं पातकां आपलेकडे गुपीत दवरून देवभक्तांक सुदरपाची संद दिता.

रेंदेरांचेंय तशेंच आसता. मोग्यांनीं भाटांतल्या खंयच्याय एका झाडामुंदांत बसून चोरयां केल्लो मोग रेंदेर माडा कळवांत बसून पळेता. पूण तें गुपीत तो आपलेकडेंच दवरता. एक मात, तो मोग्यांचें गुपीत आपल्याक खबर आसा हें मोग्यांक दाखोवन दिवपाक, सगळें पळोवन जातकच निमणे वगतार मोट्यान कुलो घालता. हो कुलो मोग्यांक दाखोवन दिवपाक की, तुमचें गुपीत आपणाक खबर आसा, पूण आपूण तें आपल्याकडेंच दवरतलों.

पूण मोगरूचे बाबतींत रेंदेरान जें पळेल्लें तें खोटें आशिल्लें. सगळ्यांच्याच गैरसमजांतल्यान निर्माण जाल्लें.

मोगरून सुर्वेकच नातलूची गजाल सालूक सांगिल्ली जाल्यार, अशें जावंक पावचें नाशिल्लें. मोगरूक आतां आपली चूक कळ्ळी. आतां ताणें कळाव करिनासतना नातलूची सगळी गजाल सालूक सांगली. मोगरूलें सांगणें पुराय आयकनासतना आपूण बेटोच नाचलों हाचें ताका पिकासांव जालें.

सालू सिमांवाचो इश्ट. तशें पळोवंक गेल्यार गांवांतले चडशे सगळेच शेतकार आनी हेर लोक सिमांवाले इश्ट आशिल्ले. आपल्या एका इश्टाची बायल अडचणींत आसा आनी आपूण तिचे मजतीक धांवून वचचें सोडून, मोगरू वांगडा गरजे भायली भासाभास करीत रावलां हाची सालूक लज जाली.

ताणें माडावयल्या रेंदेराक उलो मारलो. ताका सकयल देंवपाक खूण केली. रेंदेर काती आनी मोगें कळवांतूच सोडून खाला देंवलो. ताकाय आतां प्रसंगाची गंभिरताय कळून आयली.

मोगरू सालूक आनी रेंदेराक घेवन सिमांवगेर गेलें. पळे जाल्यार एक-दोन दादले आनी तीन-चार बायलो दारांत बसून आसात. तांचे चेरे चिंतेस्त आसात. एक बायल नातलू म्हऱ्यांत बसून ताका थातारता. ती गांवांतली नामनेची वैजीण आशिल्ली.

कशी पावली ती वैजीण अकस्मात? तें जालें अशें, मोगरू बोबो-हुयेली मारीत हांगा थंय भोंवतासतना फाटल्यान रोकडोच सिमांव आयलो. सकाळीं शेतांत वचूंक भायर सरला तेन्ना ताका नातलूचें सितुअसांव बरेंऽ लागू नाशिल्लें. तो शेतांत गेल्लो खरो, पूण ताचें शिंतीद घराकडेन आशिल्लें. ताका दिसतालें आपूण घराकडेन नासलों आनी नातलूच्या पोटांत दुखूंक लागलें जाल्यार? दोतोरांनी सांगून दवरलां, नातलू जाण्टेपणांत गुरवार जालां. कोम्प्लिकासांव जावंक शकता. तरी भिवपाची गरज ना. पेशंटाक एकटी मात सोडूं नाकात.

सिमांवालें घर अडचणेचे सुवातेर आशिल्लें. दारांत गाडी पावनासली. नातलू इस्पितळांत रावंक तयार नासलें. ताचो गांवचे वैजिणीचेर भावार्थ. ताका लागून सिमांव एक सारको गांवांतले वैजिणीकडें संपर्क दवरून आशिल्लो.

आयज ताणें चिंतलें, नातलू सुटऽमेरेन वैजिणीक ताच्या म्हऱ्यांत हाडून दवरची. ताणें शेतांतलें काम जाता तितलें वेगीं आटापून घेतलें. झपाझप पावलां मारीत वैजिणीगेर वचून तो तिका घेवन आयलो.

आतां सकाळ टळून गेल्ली. सुर्या बरोच वयर येवन मळबांत चकचकतालो. सक्काळीं फुडें शेतांत देविल्ले शेतकामती घरा येताले. सिमांव वैजिणीक घेवन येता तें कोणाचे तरी एकल्याचे नदरेक पडलें. ही गजाल सिमांवाल्या इश्टमित्रांक बऱ्याची आशिल्ली आनी दुखखाचीय बी. ही गजाल एकान दुसऱ्याक सांगली आनी दुसऱ्यान तिसऱ्याक. करतां करतां सिमांवाल्या दारांत दादल्या-बायलांची गर्दी वाडली. चार मनशां एकठांय जालीं म्हणटकच तांच्या तकल्यांनी तरेक तरेचे विचार उप्रासतात. कोण

'अ' म्हणल्यार कोण 'ब' म्हणटा. कोण कितेंय म्हणूं, पूण सगळ्यांचें देवाकडें एकूच मागणें आशिल्लें, की नातलू एकदांचें बरे भशेन सुटूं. भुरगें गेल्यार वचूं पूण नातलू सगळ्यांक जाय आशिल्लें.

तशें पळोवंक गेल्यार हो प्रसंग भिवपाचो नाशिल्लो. गांवांत इस्पितळांत वचनासतना जायत्यो बायलो बाळंत जाताल्यो. गांवच्या लोकांचो, देवाचेर आनी दोतोरांचेर भावार्त नाशिल्लो, पूण गांवचे वैजिणीचेर आशिल्लो. वैजिणीन आपल्या हातांत घेतिल्ली केस आयज लेगीत फेल अशी जावंक नाशिल्ली.

पूण आयज वैजिण गडबडली. तिचो स्वतावेलो विश्वास आतां केन्नाच उडून गेल्लो. आतां केस देवाकडें सोंपयले बगर दुसरो पर्याय नाशिल्लो तिचेकडेन.

''बाबा सिमांव!'' वैजिणीन धीर सोडून उलो मारलो.

''कितें जे वोयजिणमांय! म्होजें नातलू बोरें आहा मिजे?'' ताणें भियेत भियेत प्रस्न केलो. ताच्या हाता-पायांक कडकडो भरलो.

''ओहो धीर सोडूं नाहा रे बाबा. देवाचेर पातियेवन राव. सोगलें बोरें जातोलें.'' वैजीण हें सगळें काचाबूल जावन उलयताली.

''बाबा सिमांव, आल्तारार देवाफुडें आती लाय बाबा! भाटांतल्या खुर्साकूय आती पेटोवन यो.''

सिमांवान आल्तारावेले सायबिणमांय मुखार वाती पेटयल्यो. एका इश्टाक खुर्साक वाती पेटोवंक धाडलो. हांगा सगळ्यांनी दिमयो घालून रोजार करूंक कोमेस केलें.

येदोवेळ कसलीच हालचाल करिनासतना निपचीत पडून आशिल्ल्या नातलूच्या कानार प्रार्थनेचे सूर आदळ्ळे आनी तें शिंतिदार आयलें. ताणें एकार एक अशो तीन किळच्यो मारल्यो आनी चवथी किळांच मारचे पयलीं भुरग्यान ट्यॉंव केलें. तें करुनूच तें थांबलें ना. 'हुंगा हुंगा' करून ताणें आख्खें घर माथ्यार घेतलें. वैजिणीच्या अणभवा प्रमाण ही बरी खूण आशिल्ली. तिणें कपलाक आनी हड्ड्याक खुरीस काडून देवाचे उपकार मानले. तिणें सिमांवाक बाबा जाला म्हणपाचें जाहीर केलें. सिमांवाल्या घरा-दाराचेर उजवाड पडलो तो पडलोच, ते भायर सिमांवान तीन माराण पेटोवन, आपल्याक पूत जाला म्हूण गांवाक आनी सैमाक गवाय दिली.

सिमांवाक पूत जालो आनी आख्खो गांव खोशेलो. सिमांवालो पूत गांवाचें बरें करतलो म्हूण गांव खुशालकायेन भरूंक नाशिल्लो. गांवांतल्या हेर पुतांनीं गांवांत आयज मेरेन कितें उजवाड घाला, हें लोक जाणा आशिल्लो. सिमांवलो पूत, सिमांवा सारको सज्जन जातलो काय हेरांभशेन गूंड जातलो, हें फुडलो काळून थारायतलो. एक मात खरें, आयज गांवकार खोशेन भरल्यात ते नातलू-सिमांवच्या जोडप्याचे पुण्यायेन.

(चलता...)

– नं. ध. बोरकार

मास्करेन्यस वाडो, गोवा वेल्हा. फोन : ०८३२-२२१८१४७

A MUST FOR EVERY STUDENT

COMPREHENSION GRAMMAR & WRITING SKILLS SERIES
V to XII

These books are based on Goa Board Syllabus. They guide children in knowing their Language Grammar well. Oral activities are given in which students train for correct pronunciation and articulation in Konkani, Marathi, French, Hindi & English.

MASTER WRITING SERIES
V to VII

These books are the foundation for mastering Konkani, Marathi, Hindi & English languages. They help young learners increase vocabulary. Topics like essays, letter & story writing, comprehension, and so on are covered.

NOW ON THE STANDS

MANY MORE TO COME...

Publisher : RAJHAUNS VITARAN
1-Meenakshi Bldg., Dr. Wolfango da Silva Marg, Panaji 403 001 Ph.: 2220320 / 2232177,
E-mail: rajhaunsvitaran@dataone.in
www.rajhauns.com | www.facebook.com/rajhauns

राजहंस

भुतकाळाचे बिदींतल्यान- ६

- रमेश भगवंत वेळुस्कार

मनीस रुखांभशेन कित्याक जियेनात?

म्हज्या घरा शेजरा एक आंब्याचो रुख आसलो. चारपांच जाणांची वेंग पावचिना इतल्या व्हडल्या कांडाचो घेर आसलेलो. ताच्या पोंदा एक गडद सांवळेचें रान वसतालें. सांवळी, वारें, दोळ्यांक स्वास्थ्य आनी थाकाय दिवपी. पांचवीचार सासाय आनी वांगडाच गिमाच्या दिसांनी एक अप्रदुशीत आनी स्वास्थ्य दिवपी थंडाय. सुमार एका शतमानापरस चड वर्सांचे पावसाळे पळयल्लो हो आम्ररुख म्हजो भुरगेपणासावनचो इश्ट आसलो. कांय दिसांफाटीं थंय रावतल्या मनशान ती सुवात विकती घेवन घर बांदपा खातीर म्हण हो आंबो मारलो. आतां तो ना. पूण म्हज्या काळजांत तो थीर उबो आसा. तशीं जिणेंत आनीकूय झाडां म्हज्या काळजांत वसतात. म्हाकां दिसता की दर एका मनशाच्या काळजांत एक तरी रुख कळत नकळत वाडतूच आसता. हें झाड ताचे जिणेचो एक अविभाज्य भाग जावन वयता. आनी तो कळत नकळत ताच्या जिणेच्या मार्गांत ताका खूब वांगड करता. हें सगळें म्हाकां, हांव आमच्या भांगीबाबांची कविता वाचतां वाचतां येवजलें.

आयज सकाळफुडें हांव तांचो *अदृश्टाचे कळे* हो काव्यसंग्रह घेवन बसलेलों. एकेक कविता वाचीत गेलों. आनी हांवें तांचो संग्रह वाचून सोंपयलो तेन्ना म्हज्या लक्षांत आयलें की हांवें पुस्तक बंद केलां खरें, पूण कविता मात म्हज्या मनांत उक्त्योच आसात. त्यो बंदूच जावंक नात. आनी तांच्या ह्या पुस्तकांतलें झाड कवी मनांत कितल्या अगत्यान वसता तें कळटा. तांचे एके कवितेंत ते एकेकडें म्हणटात,

रुखांभशेन
मनीस कित्याक जियेनात?
फुलांभशेन कित्याक चंवरनात?
फळांभशेन कित्याक ओंपिनात?

म्हाकां खंयचेय कवितेंतलो खंयचो भाग कितलो बरो कळटा तें हांव पयलीं पळयतां. मनीस रुखाभशेन कित्याक जियेनात काय, हो कवीचो प्रश्न सट्ट करुन कळपाक कठीण दिसूं येता. कारण मनीस तर हालतो भोंवतो जीव. तो आत्तां हांगा म्हटल्यार आत्तां थंय, हें आमकां सगळ्यांक बेस बरें खबर आसा. आनी झाड बाबडें आपलीं मुळां घट्ट जमनींत रोवन उबें, स्थीर. जीणभर वत, पावस, वारो सोंशीत. कोण्णाची पर्वा करिनासतना. आपल्यातळा सांवळेक आयिल्ल्या दर एकाक सांवळी दीत, तेखातीर वर्सांचीं वर्सां सूर्याचीं जळटीं वतां आपल्या पर्णसंभारांत लिपोवन सूर्याकूच मोव करुन उडोवपी झाड, आपल्या ताळ्यांचे आयणे करुन ताका वारो घालपी झाड, ताचे भुकेक ताका फळांचो सुग्रास दिवपी झाड, ताचें जेवण करपाक ताका आपलीं सुकीं जाल्लीं शिरपुटां दिवन ताचे चुलींतलो अग्नी फुलोवपी झाड, ताचें आंग धांकपाक वल्कल दिवपी झाड, ताची खोंप शिंवपाक पानां, चुडटां दिवपी झाड, राती इती भोंवपाक ताची मशाल जावन ताका काळखांत वाट दाखोवपी झाड, ताच्या घरांतलो काळोख पयस करपाक ताका तेलाचें देणें दिवन ताचे रातींत उजवाडाचें सपन फुलोवपी झाड, आपल्या आंगार फुलांचो भार फुलोवन सौंदर्याचो दर्या वसोवपी झाड आनी आपल्या आंगार फळांची बाग पिकोवन आनंदाची, चैतन्याची आकाशगंगा केळयत, खेळयत वचपी झाड पळयतकूच तें खऱ्यानीच स्थीर आसता अशें म्हणप बरोबर कशें जावंक शकता? तें आपले अचल स्थितींतल्यान आपल्याक केन्ना चल स्थितींत व्हरुन सोडटा आनी आपल्याक जाय तें करुन घेता, तें चिंतल्यार एक अजापांचें विश्व आमचे मुखार उबें जायत वयता. आनी

भांगीबाब आपल्या कवितेच्या माध्यमांतल्यान आमचे मुखार शक्यतायांचें केदें मोटें साहित्यिक दायज उबें करता पळयात. कोंकणीक एक नवें वळण ही कविता आनी हे कवितेंतलें झाड दिता अशें म्हटल्यार अतिताय जावंची ना.

अदृश्टाचे कळे हो भांगीबाबांचो दुसरो काव्यसंग्रह. तांचे कवितेंतल्यान ते अदृश्टाक कशे स्पर्श करतात तें आमी तांच्या झाडाविशीं ताणीं जें कवितेंत विधान केलां ताचेवयल्यान समजूंक शकतात. मुळांत कवितेचो आत्मो हो दिश्टी खंय पडटा? तो समजुंचो पडटा. जें संवेदनशील मन कविता वा सृजनशील रचनेक पळयता ताका आपल्या अणभवाचे तांकींचेर ते रचनेंतलें काव्य वा त्या काव्याचो आत्मो कळूंक लागता. अदृश्ट दिसता म्हणटात तें अशें. कविता संग्रहाच्या ह्या शिर्शकावयल्यान तांचे फिशाल नदरेची आनी एक आयट लक्षांत येता. तांचे मुखार अदृश्टाचें चित्र कळ्यांच्या रुपान उबें जाता. अक्षरांच्या आदारान हें सगळें चित्र काडप खूब कठीण. अक्षरांतलें चित्र अक्षरांत पूर्ण जावप तशें सोपें आसना. कारण उतरांची बैठकूच अशी की तांकां नेमकेंपण खबर नासता. सुंदर हेंच उतर पळयात, ही संकल्पनाच नेमक्या आकारांत, नेमक्या रंगांत, नेमक्या आयामांत दखोंवकूच शक्य जायना. न्हंय सुंदर. झाड सुंदर. दर्या सुंदर. तळय सुंदर. फुल सुंदर. कीड सुंदर. फुलपाकुलेंय सुंदर. चली सुंदर, तिची आवय सुंदर, तिचे आजयेचें चित्र सुंदर. दर एका नामावांगडा सुंदर हें उतर येता पूण त्या सुंदर शब्दाचो निश्चित अर्थ मात करपाक खूब कठीण जाता. पूण तो सुचीत जाता वा सुचीत करुं येता. सुजाण कवी वा लेखकूच हें काम फिशालपणान करुंक शकता. तांचे मार्फत ही सुचना जेन्ना आमच्या मनामेरेन येता तेन्ना मनूच तिका आपल्या मनांत पूर्ण रुप दिता. आनी दर एकले वस्तींतली सुंदरताय आमच्या मनांत पुराय जाल्ली आमकां दिसता. वाचका बगर कवितेक वा निर्मितीक पुर्णताय ना. जितलो वाचक परिपूर्ण तितलीच ती कृती, कलाकृती, निर्मिती परिपूर्ण जाता. संग्रहांतल्या कवितांक शिर्शकां नात. आसा ते फकत नंबर. तांची पयलीच कविता पळयात, जातूंत झाडाची प्रतिमा कवितेचो एक अहंम भाग जावन येता.

धुळवड भेटे
फुल्लट वेळ
तळ्याचे देगे
कस्टावता केळ

कस्टवतां केळ
पानेली माया
तळ्यान झेल्ली
मळबाची काया

(ही कविता पान नः १चेर आसा)

ही कविता एक सुंदर चित्र आसा. सांजवेळचें. ह्या चित्रांत तळ्याचें पाणी आसा आनी त्या पाणयांत ती धुळवड, ती फुल्लट वेळ, ती कस्टवतली केळ आनी मळब आसा. पयलेच कवितेंत झाड (केळ) हें आपलें रुप पळयत आनी दाखयत येता. उतरां एकठांय येतात. आनी आपापलो जागो घेतात. पयल्या कडव्यांतलीं उतरां आठ. पूण हांगा एक अद्भुत शब्द-शिल्प निर्माण जाता. केळीची कश्टवणी ह्या चित्रांत एक जिवंतताय भरता. ही

जिवंतताय तें चित्र पळयतल्याच्या अ
वाचतल्याच्या मनार परिणाम करता. हांगा
जाता ती भांगीबाबान कविता संग्रहाचे सु
फेर्नांदु पेस्सोआ ह्या पुर्तुगेज कविचें एक इंग्ली
उद्धृत (कोटेशन) दिलां ताची. हो क
पुर्तुगेजीवांगडा इंगलीशिंतल्यानूय बरयता
पेस्सोअ म्हणटा I loved to admire t
beauty of things, to trace in t
imperceptible through the minu
the poetic soul of the universe.
वाचतकूच पेस्सोऊय वस्तुभितर आसलेल
सौंदर्याचो फाटलाव करताच आनी वांगड
तातूंत जें कितें इंपर्सेप्टिबल म्हटल्यार अदृ
आसा ताच्या सुक्षिम काव्यात्म्याच्या विश्वां
झांकून ताचो सुगावो घेता. हांगासरुच कविते
सार्थकताय सिद्ध जावंक लागता. ह
सगळ्याच्या अभ्यासांतल्यान एक गजा
जाणवता की भांगीबाबांचेर पेस्सोआंचो बरो
परिणाम आसा. तांच्या *दिश्टावो* ह्या तांच
पयल्याच संग्रहांतूय फेर्नांदु पेस्सोआचेंच ए
उद्धृत आसा.

कवितेच्या पयल्या कडव्यांत फुल्लट
उतर आयलां. लग्न जाल्ले अस्तुरेक पयलो
गुरवचार येता तेन्ना तिका फुल्लट अशें म्हणटा
दुसऱ्या गुरवचाराक ती फुल्लट उरना. फुल्ल
हें तिचे जिणेंतले बदलते अवस्थेचें नां
म्हटल्यारुय उपकरता. पूण अस्तुरेचे जिणेंतल
गर्भ धरपाची आनी तिच्या शरिरांतल्या सृज
पर्वाक लागून जातल्या अनंत संक्रमणाच्यो तर
संवेदना जाणवून घेवपाची ही अवस्था. अस्तुरे
जिणेतलें हें एके तरेचें क्रांती पर्व. हें ते अस्तुरे
उर्वरा-शक्तिचें आकलन स्पंदन. भांगीबाब
दाखयता, तें सुचयता. पूण प्रत्यक्षांत तिच्
मनांत जाणिवांचें आनंद-आंदोलन चल्लां
हांगा दाखोवंक कशेंच गावना. तें आसत
अकस्मात मनाक दिसतल्या नूतन जाणिवांच्
उत्सवाचें पर्व. तशें हें अदृश्ट, मनाक दिसतले
दोळ्यांक दिसना तसलें. दुसऱ्याक दाखोवं
गावना तसलें. शिवाय ही वेळ फुल्लट. ह

खिणाचीय ही नवी जाणीव. नवें हें कळटा. पूण नवें म्हणचें नेमकें कितें तें मात कळना. हें जें कळना तें अदृश्ट. आमच्या कवीक ह्या अदृश्टांत झांकपाक आवडटा. कवितेंतली केळय फुल्लट. कारण केळीक एकूच वेळा गाब वयता. केळीक वायट जाता हें कळटा. पूण वायट जावप म्हटल्यार अस्तुरेच्या आंगांत निर्माण जावन आयल्ली नवनिर्मिती मुक्त जावपाचो वा करपाचो वेदनांकीत आनंदोत्सव. केळीच्यो कस्ट-कळा आनी तिच्यांतलें स्पंदन-सौंदर्य जाणा जावपाचो अणभव जण एकल्यान आपापले पद्धतीन मनाच्या आदारानूच घेंवचो आसता. भांगीबाब आमकां ह्या अदृश्टाचें लक्षण दाखयता. हें झाड नकसूद कालेतीचें. मृदु, मोगाळ, कंवळे अवस्थेंतलें. हेंय एके तरेचें लक्षणूच. म्हटल्यार कळेच. पुराय फुल्लेलें फुल जण एकल्याकूच पळोवंचें आसा. आनी हें सगळें एका तळ्याचे देगेर, तळ्याचे फाटभुंयेर घडटा. म्हटल्यार उदकाचे फाटभुंयेर हें घडटा आसल्यान ह्या सवन चित्राक एक चिरंतन आशय प्राप्त जाता. उदक हें जीवन अशें म्हणटात. संवसाराच्या ह्या सगळ्या सौंदर्याचो गाभो उदकांतल्यान पसवता अशें विद्वानांचें मत आसाच. हे उदकाचे फाटभुंयेर,

कस्टवतां केळ
पानेली माया

ह्या उतरांक एक आगळें ओज येता. आनी पानेली माया ह्या उतरांत तर हें सगळें पाणयांतल्यान कशें पानेवन आयलां आसतलें हाची एक लख्ख झलक आमच्या मनांत उदेवन वयता. भुरग्याचो जन्म जातांच आवयच्या हड्ड्यांत माया तर पानेताच, सांगाताक तिच्याच आंगार दुदाचो स्त्रोत पानेवन येता. सैमाच्या निर्मितीचें आनी तिच्या सातत्याचें हुमाणें सोडोवपी एक तत्वूच हांगा ही कविता आमकां उकतें करुन वयता. ल्हानांतूच म्हान कशें भरलेलें आसता ताची गवाय ही कविता जाता. भांग्यांची एक सुंदर कविता. ही कविता घडये सकाळीं वा सांजवेळा, फिशाल चित्रिकाच्या तैल रंगांतल्यान आकारुन आयल्याशी दिसता. सकाळ आनी सांजवेळ, हे दोनूय काळ संधीकाळ. हे दोनूय समय गर्भार समय. फुल्लट, धुळवड ह्या उतरांतल्यान तें कळटाच. धुळवड म्हटल्यार धुल्लट. शिगम्याच्या शेवटाक जो रंग खेळटात ती धुळवड. वा ताचे पोन्ने अवस्थेंत ही उमेद मातयेंत खेळून जाताली. ते वेळार मातीच रंग जावन उबताली. ती कार्य संपन्न करपी, उमेद व्यक्त कपी, आनंद निर्माण करपी ही धुळवड.

तळ्यान झेल्ली
मळबाची काया

ह्याय उतरांतल्यान ज्या अंतरिक्षाच्या पोकळेभितर हें सगळें विश्व नियंत्रीत आसा तें जेन्ना तळ्याचें पाणी आपल्यांत आंगोवन घेता तेन्ना तर ही कविता विश्वात्मक जाणिवेचे अनेक पदरी तरंग आमकां सर्वांगांतल्यान स्पर्शून वयता. ही तांची एक सुंदर कविता आनी कोंकणी साहित्यांतली एक व्हड कविता.

तांचे वयले कवितेंत जशें झाड एक महत्वपूर्ण भुमिका घेता तशेंच तांच्या ह्या अदृश्टाच्या कळ्यांतल्या सुमार ८० टक्क्यां परस चड कवितांनी झाड वेग वेगळ्या आंगांनी येता आनी आपलें अस्तित्व दाखयता. पान दोनावयले २ नं. चे कवितेंत पळयातः

दोळ्यांत प्राणांचीं गोठलां
रुख निकतोच येता चंवरा
पिकून अळार जाले मळे

हांगा कवीक रुख कसो कसो भावता तें आमकां कळटा. तो ताच्या दोळ्यांत प्राणांचीं फुलां म्हटल्यार गोठलांचीं फुलां जावन आयल्लीं ताका दिसता. चंवराक आयल्ल्या झाडाचें दर्शन ही एक आनंदोत्सवी गजाल. सवन चंवरुन आयल्लो आंबो, हें एक अद्भुत सौंदर्यशिल्प. भांगीबाबांचें हें वर्णन तर सामकें कंवळें, देखून ते म्हणटात 'रुख निकतोच येता चंवरा.' निकतोच ह्या उतरांतल्यान हें अद्भुत सौंदर्यशिल्प आनीक कंवळें जावन येता. जेन्ना कविता कमीत कमी उतरांनी आकाराक येता तेन्ना कवितेंतल्या दर एका उतराचें अस्तित्व सामकें मेजून मापूनच आयल्लें आसपाक जाय. तें तशें नासलें जाल्यार कवितेच्या शिल्पाक बाध येतलो. आनी भांगीबाब तशें करीनात. ते तांतलें जुस्ताजुस्तपण काटेकोरपणान राखीत फुडें वयतात. तिसरी ओळ 'पिकून अळार जाले मळे' हांतली सोबीतकाय पळयात, मनशाची आनंद समृद्धताय सयभोंवतणची रुखावळ कशी घेवन येता तें पळयात. रुख हीच मनशाची खरी समृध्दताय. 'पिकून अळार जाले मळे' हें दृश्य पळोवन मनीस आपलें अस्तित्वूच विसरला हाची जाणीव

जाता. कारण ह्या वक्तव्यांत तो आपलें अस्तित्व खंयच दृश्य करुंक शकूंक ना. पूण ताका जाणवल्ल्या काव्याचो आत्मो व्यक्त करपाक मात तो पूर्णपणान यशस्वी जाला हातूंत दुभाव ना. कवी आपल्या प्राक्तनाकूच रुख म्हणटा. कवीन ही संकल्पना आपल्या दोन तीन कवितांनी मांडल्या. नं.१० चे कवितेंत कवी आपल्या प्राक्तनाच्या रुखाक पालंवच आयलें ना अशें म्हण्टा. जाल्यार प्राक्तनाच्या रुखा आतां / फुटलीं संचिताचीं पाखां अशें तो ३० नं. चे कवितेंत म्हण्टा.

एक दीस सांजवेळां हांव पणजे मळ्यांत भांगीबाबांच्या घरा बसलेलों. तांच्या बल्कांवांत हांव आनी तो दोगूच आसले. हांवें तांकां तेन्ना हे कवितेसंबंदान सांगलें. वयल्यो सगळ्यो गजाली तांणीं शांतपणान आयकल्यो. थंय ते वेळार हांवें तांचे *चांफेल्ले सांजे* विशींय तांकां सांगलें (तांच्या *चांफेल्ले सांजेच्या* प्रकाशना वेळार हांव उलयल्लों.) उपरांत तें लिखाण सुनापरान्तांत आयताराचे पुरवणेंत छापून आयल्लें. हांव खूब फावटीं उलोवपाचीं भाशणां बरोवन काडटां. ताचें कारण म्हटल्यार बरयतकूच एक गजाल घडटा की उलयतना जें विशयाचें अघळपघळपण विस्तारत वयता तें नेमक्या बरपान टाळूं येता. मागीर तांकां तांचे दिस्टाव्यांतले पयलेच कवितेविशीं सांगलें. तांकां हें सगळें संधीकाळारुच आकळून येता, हेंय हांवें तांकां सांगलें. गंभीरपणान तांणी सगळें आयकून घेतलें. म्हाकां सांगलें की तांणीं म्हजें उलोवप आनी बरोवपूय वाचलां. तांणीं म्हाकां सांगलें की पंडिताक दिसतालें की हांवें ताचेर म्हटल्यार पंडितांचे कवितेचेर बरोवंक जायशें. म्हज्यांत कवितेची जाण बरी आसा, हेंय खंय पंडितान तांकां सांगल्लें. कोंकणींत समीक्षा जावपाक खूब कठीण आसा अशेंय ताणीं म्हाकां सांगलें. हांवें तांकां कारण विचारलें. तर ताणीं सांगलें की गोंयांत कोंकणी मनीस एकामेकाच्या इतले लागीं आसात की ताका लागून तांकां एकामेकाक कुशीन काडून दुसऱ्याचें साहित्य

पळोवप आनी मागीर तटस्थपणान ताचेर बरोवप, अति कठीण जाता. कारण आजून गोंयचे साहित्यिक खऱ्या अर्थान साहित्यिक जावंकूच नात. हांगां चडांत चड लोक एकामेकाक शाली घालपाचेंच काम करतात. आनी हाका लागून बरयतना जें समीक्षात्मक आंग जाय तें तर कोंकणी लेखकांकडल्यान सोलोन गेलां. आनी समीक्षा म्हण्टा ती जावंक जाय सारकी जायच नासल्या कारणान कालांतरान कोंकणी साहित्याचो व्हड घात जावंचो आसा. तसो हो घात सुरुय जाला, अशेंय ताणीं सांगलें. बाकीच्या भारतीय भासांच्या साहित्याक जी व्हडली बैठक आसा ती कोंकणीक नासल्या कारणान इल्लें इल्लें हें वातावरण शालबंद जायत वयतलें आनी निर्माण जातलें साहित्य मुट्टेंत वयतलें. तें तांचें गंभीर उलोवप म्हाकां मातशें डिस्टर्ब करुन गेल्लें. पूण म्हजें मन वास्तवांत जें कितें चल्लां तें तेळून पळोवपाचोय वावर करपाक लागलें. आयज तर दर खिणाक तांचें म्हण्णें खरें जायत चल्लां तें दिसपाक लागलां. आनी म्हजे सयभोंवतणीं मनशान खिणाच्या सुखाखातीर आनी सुवार्थाखातीर रुखावळीचेर जी हावळ हाडल्या तें दृश्य म्हाकां कोंचूंक लागलें. मनीस रुख हें ताचे जिणेतलें आदिम तथ्य तो कशें नकळत चल्ला तें जाणा जावन म्हाकां भय दिसपाक लागता. मनीस आपणा भोंवतणचें सैम इबाडीत चल्ला. आनी आपलोच घात करीत चल्ला. स्वताक चड प्रगत समजतलो मनीसूच पांचवे संपन्नतायेचो चड ऱ्हास करीत चल्ला. स्वता भोवतणी अरिश्टाची आका करीत वचपी मनीस सैमाच्या प्रतिनिधी म्हटल्यार झाडाक कसो समजना तेंच ह कळटा. पूण भांगीबाबांसारके जायते क लेखक, कलाकार आपापले पद्दतीन मनश समजांवचो प्रयत्न करीत आसतात. साम लोकांक हें कळना. सृजनशील कलाकार आपले कृतीच्या माध्यमांतल्यान हो ल समजाचो वावर करतात. भांगीबाब झाडाक व पळयतात आनी ताका कितें म्हण समजत आनी लोकांक ते कशे समजायतात तें तां कवितेंतल्यान पळयातः

झाड योग्यांची मठी
समाधेची समाधी
झाड उडलें गा मळबां
झाड रिगलें गा पाताळां

झाडां त्रिकाळाचे खांबे
कोटी सुर्याचे दोळे
पाना पानांच्या जोगलांनी
लक्ष ब्रह्मांडांचे फेरे

झाड वाटारो, वाटारो
झाड बंडाचो उलो
पिडिल्ल्यांचो पडिल्ल्यांचो
झाड दिस्टाव्यांचो खांबो

अशें प्रज्ञाकांत झाडु
सोंशी कल्लोळांची विजु
चंडी जाली गा शांता
झाड अमृताची गंगा

(कविता न. ३३. पान ३४)

कविता वाचून जातकूच मनीस रुखाभशे कित्याक जियेनात काय, हो प्रश्न मनांत ए नवें विचारपर्व आकारत वचूंक लागता.

– रमेश भगवंत वेळुस्का
रायबरेली, यु. पी. मो.: ९४२०६८८४६

पोसो

इति खाद्यसंस्कृती

- काश्मिरी पावसकार

त्याभायर थंयच्या थंड प्रदेशांतल्या 'याक' ह्या दुदाळ जनावराच्या दुदा च्यावेन पोट भरलें. ह्या दुदा वासान आमच्यांतल्या खूब जाणांक मळमळून आयलें. पूण आनीक दुसरो पर्याय नाशिल्ल्यान तांकां खुटे च्यावेचेर निबोवचें पडलें. चुरचुरे बाबड्यांचें!

पयशेकार लोकूच भोवूंक वतात अशें ना. कारण प्रवास करपाक पयशांबरोबर उमेद आनी इत्साशक्तिचीय जोड आसची पडटा आनी म्हाका दिसता ह्याच उमेदीच्या मालवजार आमी आतां मेरेन जायत्यो ल्हान-व्हड भोंवड्यो केल्यात. मुखार वचून म्हज्यान अशेंय म्हणूं येता, जाका कोणाक सुटयांचो सदुपेग करूंक कळटा तोच मनीस भोंवडे आनंद उपभोगूंक पावता.

तशें पळयल्यार भुरगेपणांत दिवाळी, ख्रिसमस आनी गिमाची अशा कितल्याशाच सुटयांचो आमचेर शिंवर पडटा. पूण बेठ्यो बेकार बसून ह्यो सुटयो घालयल्यार त्यो उदकांत वतात, देखून जण एकल्यान ह्या सुटयां निमतान चोवसश्ट कलांतल्यो कांय कला शिकून घेवंच्यो आसतात. नाच जाल्यार एखाद्री भोंवडी मारून ते सुटयेचो एक वेगळो आनंद घेवं येता. तातूंत हांव आतां एक शिक्षक आशिल्ल्यान ह्या शिक्षकी पेशाचे म्हजेर जायते उपकार आसात. कारण विद्यार्थ्यां सांगातान सगल्यांत चड सुटयांचो उपभोग आमकां घेवंक मेळटा. ताचे जोडयेक मनांत भोंवपाची उपाट उमेद आनी हातांत चार पयशे घोळिल्ल्यान दरवर्सा आमी अश्यो एक-दोन भोंवड्यो मारून येतात. त्या निमतान काय जायना सदचें रूटीन लायफ सोडून खंयतरी पयस वचून आयिल्ल्याचें समाधान तर मेळटाच वांगडा प्रवासांतले अणभव आनी तरेकवार खाणांजेवणांचो रसास्वाद गांठीक मारूंक मेळटा हें खाशेलें!

हांगा म्हाका आनीक एक गजाल सांगीन दिसता. जो मेरेन आमचो राबितो गोंयांत आसता तो मेरेन आमी गोंयच्या पारंपारीक जेवणा खाणाकडेन प्रामाणीक रावूंक जाय. पूण भोंवडेक लागून चार दिसांखातीर गोंयांभायर वतात तेन्ना त्या-त्या प्रादेशीक अन्न सफरीचो आस्वाद घेवंक शिकूंक जाय. तशें पळयल्यार हांवूंय 'नीज गोंयकार' पूण भोंवडेक वतना गोंयकारपण कडेक दवरून 'कितेंय खावन पळयले बगर ना म्हणचें न्हय.' तशेंच 'व्हेन इन रोम, डू ॲज द रोमन्स डू.' ह्या दोन तत्वांक पाळो दिवन कितेंय खावन पचयतां.

आतां तुमीच पळयात. आमी कितें खातात, कशें खातात हाच्या फाटल्यान एक व्हडलो इतिहास आसता आनी हो इतिहास वाचल्यार जायत्यो मजेशीर गजाली लक्षांत येतात. देखीक कांय गोंयकार भोंवडेक पसून गेल्यार गोंयच्या जेवणांक आशेतात. वाटेर खंयचें शीत-हुमण मेळ्ळें ना म्हूण शिणत रावतात. हाचेर उपाय म्हूण वतना खाऱ्या कुडको वा लोणच्या बाटली गुटलावन व्हरूंक मात कशेच विसरनात. कांय जाणांक तर बशिल्ले सुवातेर इंड्डां, बांगडे, करबट, भोपशें दोळ्यांमुखार दसमसूंक लागता. पूण ह्या बोवाळांत आपूण बाबा भोंवडेक आयला हें विसरून निर्शेवणी पदरांत घेतात. वयल्यान 'भायर जेवन गांठ विटली.' 'खंयची तोंडाची रुचूच गेली.' म्हूण पिरंगण करीत बसतात. हे गजालीक आमचो घराबो आडवाद आसा. कारण चार दिसांक आमी जेन्ना गोंय सोडून खंयूय पयस वतात तेन्ना थंयच्या वातावरणांत एकरूप जावन वतात. इतलेंच न्हय तर 'अन्नासाठी दाही दिशा' म्हणीत कितें तरी नवें चाखपाचो यत्न करतात. अशें नाविन्याचें इल्लें चड आकर्शण आशिल्ल्यान नवेनवे प्रयोग करूंक आमकां खूब आवडटात.

आमच्या शास्त्रांत लेगीत अन्नाक पूर्णब्रह्म मानलां देखून 'जेवण' तें मागीर पॉश हॉटेलांतलें, खानावळींतलें वा ढाब्यांवयलें खंयचेंय आसूं तें जेवचे पयलीं 'जीवन करी जिवित्वा अन्न हे

पूर्णब्रह्म उदरभरण नोहे, जाणिजे यज्ञकर्म' ह्या श्लोकान पेटपुजा सुरू करची आसता. पूण आयज काळ बदलिल्ल्यान आमची मुळावी खाद्य संस्कृतींत बदल जायत चल्ला. देखून केन्ना केन्ना चायनीज वा कॉन्टिनेंटल पदार्थ आमच्या ताटांत पावपाक लागल्यात, पूण तशें म्हूण आमच्यांनी आमच्या पारंपारीक खाणांजेवणां कडेन पडमूर जावं येता व्हय? आमच्या देशाची खाद्यसंस्कृती तर सामकी गिरेस्त आनी ह्या गिरेस्त खाद्यसंस्कृतीच्या इतिहासांत ब्रिटिशांचो आनी मुगलांचो व्हड वांटो आसा. आमचें गोंयचें जेवण घेतल्यार ताचेर पुर्तुगेज आनी कदंब राजवटीचो प्रभाव पडिल्लो आसा. सुरवेक जेन्ना ब्रिटीश भारतांत आयले तेन्ना खंय ते आमच्या तिखफोग मसाल्याक थार भियेले, पूण उपरांत ह्याच जेवणान तांकां पिशें लायलें.

अशे कितलेशेच कोडूगोड भोंवडे अणभव हांवें काळजा कुरकुटांत सांबाळून दवरल्यात. तांतलीच एक भोंवडी म्हळ्यार 'गॉड्स ओन कन्ट्री'ची म्हळ्यार केरळची भोंवडी. हे भोंवडेवेळार आमी खास साउथ इंडियन जेवणाचो पोटभर आस्वाद घेतलो. देखीक केळी खोल्यांत गुटलावन वाफोवन तयार केल्लो 'पुट्ट' हो स्पेशल रायस केक उश्टायलो. त्या भायर खोबरेल तेलांत तळशिल्लो केरळीयन हालवो आनी केळ्या चिप्सांचेर बरोच ताव मारलो. गोंयांत फकत शिवराक जेवण तितलें केळी खोल्यार जेवतात पूण थंय आमी नुस्तें धरून चिकना मेरेनचो आस्वाद केळी खोल्यार घेतलो. आयजूय खंयूय प्रदर्शनांत हे जिन्नस दिसल्यार आमी मुजरत विकते घेवन खातात. तितलोच केरळीयन फील अणभवूंक मेळटा.

केरळा उपरांत आमी रामेश्वरम, तिरूपती, कन्याकुमारी, बेंगलोर, उटी, म्हैसूरची सफर केली. त्या वेळार तरेकवार तामीळ पक्वांना चाखून पळयलीं. गोंयांत आमी जशीं सुंगटांची सोयरीक मुळो, सांगो, बिमलांकडेन करतात तशे थंयचे लोक तेंडलीं, दुदी वा वायंगीं हांचे कडेन ह्या सुंगटांची सोयरीक करून मेकळे जातात. इडली, डोसा, उतप्पा, मेदू वडा हें तर तांचें स्टेपल फूड. ते भायर दालफ्राय आनी शिताराशींचेरूय ते ताव मारून जेवतात. तें पळोवन हेर भारतीयांवरी हेवूय लोक खावपा खातीर जगतात अशें म्हाका दिसलें. हांगा लॉजींगबोर्डींग धरून जेवणा खाणाचो सामको उणो खर्च येता देखून उण्या खर्चाची भोंवडी म्हळ्यार साऊथ इंडियाची भोंवडी अशेंय आमच्यांनी म्हणूं येता.

अशीच दोन वर्सां पयलीं आंध्राचे भोंवडे वेळार आमी हैद्राबाद वचून आयलीं. ही भोंवडी म्हळ्यार आमकां एक शाही दावत शी दिसली. कारण हांगा येवन आमी तरेकवार शाही तंदूर कबाब टेस्ट केले. त्यावेळार कबाबांनी भरिल्लो प्लॅटर तुमच्या फुड्यांत केन्ना येता आनी तो केन्ना गट्टम जाता तेंच कळना. त्या भायर चुगर गोश्त, तलावा गोश्त, पत्थर का गोश्त, मुर्ग दो पियाझा अशे चिकनाचे आनी मटणाचे पदार्थ तुमची आमची बाट पळयतात. ताच्या सांगातान पसंदे, कद्दू का दालचा ह्या सारक्यो सुक्यो मिरसांगो, खोबरें, चिच आनी तीळ घालून तयार केल्ल्यो खास आंध्रा स्पेशल डिश आमचे जिबेर उरल्यो. हांगा एक नविदाद पळयली. चडसो लोक हैद्राबादी बिर्याणी खावन जातकच इराणी च्याची ऑर्द दितात. ताचें कुवाडें म्हाका सुटना जालें. विचारतकच बिर्याणीचें तेल

वा तूप जिरोवंक ही च्या घेवचेली चाल आसा म्हूण कोणेतरी आमकां सांगलें. अशी ही आठ-धा दिसांची ट्रीप 'निजामी जेवणांचो' आस्वाद घेतां घेतां केन्नाच सोंपता.

उपरांत थंड प्रदेशाची भोंवडी करूंक आमी कुल्लू-मनाली, सिमलाचो टूर केलो. वतना पुराय वाटेर मेळपी बटर आनी चीज घालून तयार केल्ले आलू-गोबीचे पराठे खावन पोटपुजा केली. त्याभायर थंयच्या थंड प्रदेशांतल्या 'याक' ह्या दुदाळ जनावराच्या दुदा च्यावेन पोट भरलें. ह्या दुदा वासान आमच्यांतल्या खूब जाणांक मळमळून आयलें. पूण आनीक दुसरो पर्याय नाशिल्ल्यान तांकां खुटे च्यावेचेर निबोवचें पडलें. चुरचुरे बाबड्यांचें! ह्या लोकांक 'देस तसो भेस' हें घडये खबर नाशिल्लें जावंक जाय. भोंवडे वेळावयलें आनीक एक तत्व आसा. भोंवडेक वतना आमी सणापरबांचो, दिसावारांचो पातसो सोडून दिवन पोटभर खावचें आसता. कारण आमी मनाली पाविल्लीं तेन्ना दिवाळी आशिल्ली. पूण दिवाळे दिसा शून्य डिग्री तापमानाक लागून आमी आंगार उदक घेवचें धाडस केलें ना. हांगच्यान येतना वाटेर आमचो चंदिगड आनी दिल्ली हांगा हॉल्ट आशिल्लो. त्या वेळार मक्केदी रोटी, सरसोंदा साग, छोले, बटुरे ह्या सारक्या पंजाबी जिन्नसांचेर घुरी घाली.

दिल्लीक पावलीं तेन्ना थंयच्या 'कुछ मिठा खावो' हो हॉटेलवाल्यांचो आग्रो आमकां न्हयकारूंक जालो ना. मागीर आग्र्याचो पेठा, गाजरका हलवा, खानदानी जिलबी, मलाईदार धंय ह्या बादशाही मिठायेची अन्नसफर केली. 'पुरे भारत में हमारे जैसा मिठा खाने को नहीं मिलेगा.' म्हणीत एक-एक जिन्नस फुड्यांत हाडून दवरपाची तांची तराच वेगळी. वयल्यान खावन पिवन जातकीर 'भगवान भला करे खानेवालेका' म्हणीत पोटभर आशिर्वाद मेळटा तो वेगळो!

पोरूंची आमची जम्मू-कश्मिराची भोंवडी तर सामकी अवर्णनीय अशी! हे भोंवडेन तनमन दोनूय तृप्त जाता. हांगा वच्चे पयलीं आमी थंय कितें कितें खावपाचें हाचें लिस्टूच करून व्हेल्लें. तातूंत काहवा च्या, गुश्तबा, रोगन जोश, कुलछा अशे जायते प्रकार आशिल्ले. देखून थंय पावनाफुडें पयल्यान पयलीं खास काश्मिरी जेवणाची दरखास्त केली. सगल्यांत पयलीं फुड्यांत आयली 'काहवा च्या' हे चावेंत च्या खेरीज दालचिनी, केशर बदाम ह्यो गजाली आसतात. ही स्पेशल च्या पितकच आंगांत उष्णता निर्माण जावन शीं पयस वता. च्या उपरांत सुग्रास जेवणाची सुरवात जाता. तेन्ना ताटांत राजमा, तरेकवार चटण्यो आनी सॅलेडां तशेंच तंदुर रोटये वांगडा गुश्ताबा (शिजयल्ल्या मटणा खिम्याच्यो गुळयो) रोगन जोश ह्या सारके जिन्नस खावंक मेळटात. जम्मूक आनी वैष्णवदेवीक मागीर आमी चडशे शिवराक पदार्थूच उश्टायले. कारण त्या-त्या प्रदेशाची अमकीच अशी खाशियत आसता देखून अमके एके सुवातेर वचून अमकेंच मागोवचें आसता. हो नेम फोलो करून आमी कारवार गेल्यार 'च्या' सोडून थंयचो फामाद 'कसाय' मागयतात. मडेकेरी वा मुन्नार ह्या सारक्या हिलस्टेशनार गेल्यार कुर्गी वा मुन्नार कॉफी मागयतात.

महाराष्ट्राच्या भोंवडेवेळार विशालगडार भोंवडी मारतना थंयच्यो स्थानीक बायलो ताक, मठ्ठा, पिठलें वा झुणका भाकर सारके जिन्नस विकूंक बसतात तेन्ना हरशिल्ले कॉमन डिश सोडून आमी झुणको खावन पळयलो. आयजूय ती रूच, तो स्वाद जिबेर घोळटा. मुंबयच्या स्ट्रीट फुडाचें वर्णन तर तुमकां सांगपाचेंच ना. हांगा जे स्टायलीन एक-एक डिश सर्व्ह करतात तें पळयल्यार अजापशें दिसता. खंयचे सिजलर्स, मटण कोफता, देशी पिझा, पानपट्टी फ्लेवर आयस्क्रिम आदी. फुड्यांत दवरिल्ले जिन्नस पळयल्यारूच पोट भरता अशे! फाटल्या दिसांनी हांव रॉजर मूराचो 'ऑक्टोपसी' नांवाचो पिक्चर पळयतालें. तातूंत एक बरो सीन आसलो. कमाल खान नांवाचो अफगाणी राजपूत्र जेम्स बॉन्डाक अटक करता. रातच्या जेवणा वेळार टेबलाचेर ताच्या फुड्यांत बोकड्याची स्टफ केल्ली बोडकी हाडून दवरता. तेन्ना जेम्स बॉन्ड आपले सदचे स्टायलीन म्हणटा, 'आय लूज माय अॅपेटायट व्हेन माय फूड स्टेअर्स अॅट मी.' खरेंच, आयज जे तरेन आनी जे स्टायलीन जिन्नस सर्व्ह करतात तें पळयल्यार आमचोय जेम्स बॉन्ड जावं येता.

अश्यो भोंवडे वेळावयल्यो खाणाजेवणाच्यो जायत्यो यादी आसात. फकत ह्यो यादी उगडास केल्यार तोंडाक उदक सुट्टा अश्यो. दर एके यादींची खाशियत अशी की पंदरावीस वर्सां उपरांतूय त्या-त्या गोड अणभवांची आगळी-वेगळी खुशालकाय अणभवूंक मेळटा आनी पुराय भोंवडी दोळ्यां सामकार उबी रावता. एकूण हे भोंवडे पुराणाचें तात्पर्य एकूच, भोंवडेक वतना 'जगतात म्हूण खावं नाकात तर खावपा खातीर जगात!' वांगडाच खाद्य संस्कृतायेची म्हायतीय पुंजायात. जाल्यारूच तुमची भोंवडी सार्थकी लागतली ना जाल्यार फुकट वतली.

■

– काश्मिरी पावसकार
बामण वाडो, शिवोले – गोंय.
मो. : ९४२११९२८५८

असोय एक स्नेहमेळावो

- अपर्णा गारुडी

हरिशाच्या ह्या माटवांत सगलो भेदभाव विसरून
स्वताच्या हातांनीं रांधिल्लें जेवण सगलीं जाणां एकत्र
घेवन जेवतालीं. कसलीच औपचारीकता नाशिल्ली
सगलीं स्वताच्या घरचें कार्य कशें वावुरिल्लीं. खऱ
अर्थान सर्वधर्म समभाव हांगा पळोवपाक मेळलो.

१४ एप्रीलची सोबीत सकाळ. थिवीच्या मांगिरीश कॉलनींतलो हरिश कामतीचो 'महामाया' बंगलो. भोंवतणी सोबीत झाडांपेडां आनी फुलांची बाग. अयस पयस जागो, तरेकवार शेवण्यांचीं मधूर गीतां. कुशीक पांचवोचार दोंगर. थंय पावनाफुडें प्रसन्नतायेन येवकार दीत सैमसंगीत सुरू जालें. आयज थंय सामकें उमेदिचें वातावरण आशिल्लें. कला, क्रिडा, साहित्य संस्कृताय आनी शिक्षणीक मळावयले कितलेशेच मानेस्त आपलें सामाजीक व्हडपण आनी औपचारिकताय भायर दवरून हरिशाच्या ह्या सैमसुंदर माटवांत सामान्य मनशांवरी भितर सरताले. फकत मनीसपणाच्या नात्यान. एक मनीस म्हूण जाती-धर्माची, औपचारिकतायेचीं, चिंता हुस्क्यांचीं सगळीं बंधनां तोडून एक दीस सैमा आंगणांत आनंदान जगपाखातीर सगळीं एकठांय आयिल्लीं. दर वर्सा हरिश कामत हो दीस व्हडा उमेदीन मनयता आनी संविधानाच्या निर्मात्याक खेरीत आर्गा ओंपता. तांची सर्वधर्मसमभावाची शिकवण लोकांमेरेन पावयता. मानेस्तां वांगडा विद्यार्थ्यांकय वांगडा घेवन देशाकडेन आशिल्ली आमची लागणूक समजायता. ताची 'उदेंते दर्पण' ही संस्था तरणाट्यांची नवी साहित्यीक पिळगी घडयता. तांचे खातीर तरेकवार कार्यावळींचें आयोजन करता. साहित्यीक कार्यावळीं वांगडाच सामाजिक आनी सांस्कृतिक कर्तव्यांची जाणीव करून दिता. ह्या कामांत ताका साथ दिता ताचो इश्ट प्राध्यापक भगवान म्हामल आनी आमी सगळीं. हरिशाचे तकलेंत जगावेगळ्यो, नवनव्यो, उपेगी अश्यो जायत्यो कल्पना आसतात. त्यो प्रत्यक्षांत हाडपाक तो सदांच धडपडटा. ह्या कार्या फाटल्यान खंबीरपणान उबी आसता ताची घरकान्न, शिक्षिका अभया कामत. 'महामायेची' सासाय आशिल्ल्या ह्या आंगणांत आयजमेरेन जायत्यो सांस्कृतिक आनी साहित्यिक कार्यावळी संपन्न जाल्यो. दरेक कार्यावळ म्हळ्यार हरिशाच्या विचारांतल्यान जल्मल्ली नाविन्यपूर्ण आनी आगळी वेगळी कलाकृतीच आसता. हरिशाकडेन म्होंवाळ भास आनी आपले विचार दुसऱ्याक पटोवन दिवपाची कला आसा. ताका लागून ताचें उतर मोडप कोणाकूच शक्य जायना. आनी ताची दरेक कार्यावळ जैतिवंत जाता. ताच्या उदेंते दर्पणान विद्यार्थ्यांक आनी तरणाट्यांक 'व्यासपीठ' दिवपाचें व्हड काम केलां.

हरिश कामत वाळपयच्या 'अवर लेडी ऑफ लूर्डस्' हायस्कुलांत शिकयता. हरिश आनी अभया ह्या शिक्षक जोडप्याचे तालमींत-श्रीया आनी दीपकृष्ण हीं तांचीं दोन अपुरबायेचीं भुरगीं संस्कार आनी संस्कृती संपन्न वातावरणांत तयार जातात. हरिशाक बाबासाहेब आंबेडकराविशीं आनी ताच्या वावराविशीं खूब मोग. फाटलीं कितलींशींच वर्सां तो आंबेडकर जयंती मनयता. योगायोग असो की अभया ताचे जिणेंत आयलें तें १४ एप्रील हो जल्मदीस घेवन. मागीर हो दीस मनोवपाक ताका शीममेर उरली ना.

पोरूं वर्सा हरिशान इश्टमित्रां सयत वनभो आनी पांयभोवंडी करून हो दीस मनयल्ल पूण अंदुची तराच वेगळी. सगळीं आधुनिकत विसरून एक दीस सैमाच्या सान्निध्यात सैम तरेन जगप हें उद्दीश्ट मुखार दवरून आयो केल्लें. सदचे धांवपळींतल्यान भायर सरून मु श्वास घेवप. जी संस्कृताय आनी परंपरा आ विसरत चल्ल्यांत तिचो उगडास करप. ए दीस मिक्सर, कुकर, गॅस, लायट वापरप न सगल्यांनी आपलें व्हडपण कुशीक दवरू चुलीकडेन वावरप. आदल्या काळांतलो ए दीस जगप. ही कल्पना आयकतकच ह नाविन्यपूर्ण उपक्रमात सहभागी जावपाच हरिशाच्या आमंत्रणाक हांवें हयकार दिलो.

१४ एप्रील २०१४. सकाळीं ९.३० वरां हरिशाच्या आंगणांत चाळीसांवयर मानेस घरचेच जावन वावुराले. कोणूच सोयरो कस बसून रावंक ना. सगलेजाण भेंडाक तुवाल गुठलावन रांदनीकडेन काम करपाक उबे रावले हरिशान घराच्या चारूय वटेन माटोव घाल्ले घरा मुखावयल्या माटवांत भुरगीं खेळटालीं. घ कुशीक बायलो शिंदूंक, कातूंक आनी वाटूं बशिल्ल्यो. फाटले वटेन दोन व्हडल्यो चुल

धगधगताल्यो. आदले दिसा हरिशान व्हडले तोप गोबरान भायल्यान सारोवन दवरिल्ले. पयलींचे लोक चुलीर तोप काळो जावचो न्हय म्हूण गोबरान सारयताले.

सकाळींफुडें चुलीर केल्ली हुनहुनीत च्या आनी रुपाली प्रभू मिस्कीन हाणें मक्याचे दाणे घालून केल्ले बटाट फोव रूच्चीक लागले. शिक्षिका मधुरा गांवकार साळुंखे हाणीं 'वायन' आपल्या ताब्यांत घेतिल्लें. खतखतें, मणगणें, उडदामेथी, सोलकडी सगल्यांचें वाटप तिणें आनी रेणूका देसायान केलें. रेणूका देसाय ही साखळेची फामाद समाजसेविका आनी हरिशाच्या इश्कोलांतली शिक्षिका. मधुरा आनी रेणूका हरिशाच्या उतराक मान दिवन खास साखळेच्यान हांगा आयिल्लीं.

कवयित्री एजमिराल्डा डायस, हरिशाची भयण तेजस्वी कामत, ॲडव्होकेट निधी वेरेंकार, हरिशाची मेवणी अंकीता कामत आनी साडू अभय कामत, तरूण भारतचे पत्रकार हरिशाचे इश्ट औदुंबर शिंदे, तांची घरकान्न निलांगी शिंदे, शिक्षिका निलीमा सावंत, सागर कुंदे आनी हांव. आमी रांदपाचो वावर केलो. नूतन आनी यशांक साखरदांडेनूय हातूंत वांटो घेतलो. खतखत्यांत वट्ट बावीस नग घाल्ले. मको, कोयतें वाल, सुरींग, शेगूल, आळवाच्यो मुंडल्यो, मुळो, पपायो , दुदी, नाब, गाजर, कोकण दुदी, केळीं, बटाट, कणगां, निरपणस, वायंगीं, तमाट, घोसाळीं शिंदपाचें काम आमी केलें. चुली वयल्या खतखत्याचो घमघम घराभोंवतणी पातळिल्लो. खतखतें सामकें रुच्चीक जाल्लें.

मागीर मणगणें, उड्डामेथी, सोलकडी, शीत, खळांतल्यो आंबल्यो, लोणचें, पापड आनी नुस्त्याबगर जगूंक शकनात तांकां खास चुलींत भाजिल्लो खारो बांगडो. अशे तरेकवार जिनस पन्नास लोकां खातीर दोन वरां भितर आमी रांदले.

आमी रांदप करता म्हणसर भायल्या माटवांत भुरग्यां खातीर चित्रकला आनी हेर सर्ती जाल्यो. निलीमा सावंत आनी सागर कुंदेन ह्या सर्तींचें

आयोजन केलें. निलांगी शिंदेचे चलयेन भुरग्यांक प्रार्थना आनी देशभक्ती गीतां शिकयलीं.

सत्यवान जांगळे हो हरिशाचो इश्ट खास सांग्या वयल्यान हे कार्यावळी खातीर थिवी आयिल्लो. भायल्या माटवांतलें आयोजन ताणें पळयलें. रांदून जाल्या उपरांत आमी सगलीं आंबेडकर जयंती मनोवपाक भायल्या माटवांत आयलीं. सगल्यांनी आंगणांत मांडी घालून भारतीय बसका घेतली. सिन्नी फर्नांडीस आनी अश्विनी नायकान हे कार्यावळीचें सूत्रसंचालन केलें. मेजार डॉ. बाबासाहेब आंबेडकराचो फोटू दवरिल्लो. कार्यावळीचे मुखेल सोयरे शिक्षक किशोर गोवेकर आशिल्ले. ताणीं बाबासायबाचें भुरगेंपण, तांचो ध्येयवाद, ताणीं सोशिल्ले कश्ट तशेंच संविधानाचो शिल्पकार जाय मेरेनचो तांचो खडतर प्रवास आपल्या सोप्या सरळ उतरांनी सगल्यांच्या काळजां मेरेन पावयलो. निलांगी शिंदेन हे कार्यावळी बद्दल आपलें मनोगत व्यक्त केलें. 'गांवांतलो एकचार, भावपण शारांत ना. अशे तरेचो एक दीस तरी जगपाक मेळप हें आमचें भाग्य' अशें ताणीं म्हटलें.

विंगड विंगड सर्तींच्या जैतिवंतांक माजी रणजी क्रिकेट खेळगडो बाळकृष्ण प्रभू मिस्कीन आनी वेट लिफ्टींग, पावर लिफ्टींग कोच वासुदेव गारुडी हांचे हस्तुकी इनामां भेटयलीं. उपरांत भुरग्यांची सांस्कृतिक कार्यावळ जाली. ताणीं प्रार्थना, देशभक्ती गीतां आनी वाडदिसाचीं गीतां सादर केलीं. श्रीया कामतीन संस्कृत श्लोकांचें सादरीकरण केलें. भगवान म्हामलान उपकाराचें उलोवप केलें.

मागीर माटवांत जेवणावळीचो बोवाळ. एकेवळीन पत्रावळी मांडल्यो, दोणे दवरले, पारंपारीक पध्दतीन वाडप जालें. जेवणाच्या सुरबूस वासान भूक चाळवल्ली. श्रीयान 'वदनी कवळ घेता'... म्हणलें आनी सगलीं जेवणाचेर तुटून पडलीं. सकाळच्यान मदीं मदीं आंब्याच्यो शिरो, फळां, सरबतां चालूच आशिल्लीं. तरीकय सगल्यांक चुलीवयल्या जेवणाच्या घमघमीत वासान चड भूक लागिल्ली.

हरिशाच्या ह्या माटवांत सगलो भेदभाव विसरून स्वताच्या हातांनीं रांदिल्लें जेवण सगलीं जाणां एकठांय येवन जेवतालीं. कसलीच औपचारीकता नाशिल्ली. सगळीं स्वताच्या घरचें कार्य कशें वावुरिल्लीं. खऱ्या अर्थान सर्वधर्म समभाव हांगा पळोवपाक मेळ्ळो. जेवणा उपरांत विश्रांती घेतना विचारांचें आदान-प्रदान सुरू आशिल्लें. ३.३० वरांचेर जॉन फर्नांडीस हाणीं सर्प प्रदर्शनाचें आयोजन केल्लें.

घोणस, दिवड, नाग, माळूण, ल्हेवाळें अशे तरेकवार सोरोप ताणें व्हडल्या बॅरलांत घालून हाडिल्ले. जायत्या विखारी आनी बिन विखारी सर्पाविशीं ताणें उपस्थितांक म्हायती दिली. भुरग्यां सावन जाणट्यांमेरेन सगल्यांनी सोरोप हातांत घेवन ताचेविशींचो मनांतलो भंय काडून उडयलो. सोरपाकडेन इश्टागतीचें एक नवें नातें निर्माण केलें. भुरग्यांक तर हो स्नेक शो खूब आवडलो.

फुडले वर्सा आनीक वेगळे तरेन 'आंबेडकर जयंती' मनोवपाचें उतर दिवन हरिशान सगल्यांचे उपकार मानले. आयज लेगीत चुलीवेल्या खतखत्याची आनी मणगण्याची रूच जिबेर घोळटा आनी खाऱ्याचो वास आयलो काय हरिशाचो स्नेहमेळावो याद जाता. शिवराक जेवणाक खाऱ्याचो वास दिवन नीज गोंयकारपण सिध्द करपी हरिश खरो गोंयकार.

■

– अपर्णा गारुडी
शिवोले – गोंय, मो. : ८८०६३०८०९३

दुबावी नदर

- कुसुम अग्रवाल

कामाच्या निमतान आज अस्तुरेक एकटोच प्रवास करचो पडटा. कामा निमतान दादल्या बरोबर भोंवचें पडटा. इतलें आसून लेगीत ती आपलें चारित्र्य सांबाळून, आपल्या घोवाच्या आनी घरांतल्या मनशाच्या विश्वासाच्या म्हालवजाचेर कितलेंय व्हड काम आंगार घेवपाची तिची तयारी आसता.

प्रत्येक गजालीकडे पळोवपाची प्रत्येक मनशाची नदर वेगवेगळी आसता. सगलेच कितें सकारात्मक नदरेन पळयनात. कांय जाण दर गजालींत कितें ना कितें उणीव सोदपाचो यत्न करतात. घडये तो तांचो सभाव आसत आनी तातूंतच तांकां समाधान मेळटा जावये.

दनपारचो दोन वरांचो वेळ आसलो. पंदरा मिनटांची वाट चलून आयिल्ल्यान आंगांतल्यान घामाच्यो पावळ्यो देंवताल्यो. कोंकणी काणयांचे सर्तीत वांटो घेवपाक, एका विद्यार्थ्याक घेवन शिवोलेच्यान म्हापशां वतालें. बसीची वाट पळयत रस्त्याचे कुशीक आशिल्ल्या बसस्टॉपार उबें रावलें. इतल्यांत एक धव्या रंगाची सेंट्रो गाडी पासार जाली. मुखार वचून तिणें वेग कमी केलो आनी फाटीं येवपाक लागली. म्हज्या फुड्यांत थांबली. ''मीस म्हापशां वता? यो.'' आवाज वळखिचो. म्हजोच माजी विद्यार्थी. शाळेंतलो बारीकसो, सावळो, शिडशिडीत लांब भुरगो. आज जुवान जाल्लो. तोंडार तेज आशिल्लें. राजबिंडो तरनाटो गाडयेचें स्टेरींग हातांत घेवन म्हाका हांसतालो. फेर्राद कपडे. खीणभर हांव ताका वळखुपाकूच विसरलें.

पुलीस इन्स्पेक्टर जाल्ल्या त्या तरनाट्यान मुखावयलें दार उगडलें आनी हांव मुखावयल्या सिटार बसलें. म्हजो विद्यार्थी फाटल्या सिटार बसलो. ताचे आवयची वासपूस केली. आवयचो उगडास करनाफुडें ताणें म्हाका म्हणलें, ''म्हजे शाळेंतले जिणेंतली एक गजाल हांव कसोच विसरपाक शकना. त्या दिसा निकालाचो दीस आशिल्लो. म्हजी आवय म्हज्या अभ्यासाचे प्रगतीचेर खूश नाशिल्ली. प्रगती पुस्तकाचेर नापास जाल्ल्या विशयां मुखार तांबड्यो वळी पळोवन [illegible] तकली भिभिरली. तिणें म्हाका मारपाक [illegible] उबारलो. तुवें तें पळयलें आनी म्हाका [illegible] ओडलो. म्हजे आवयक अशें चार-चौगांत [illegible] नाका म्हूण समजायलें. मीस, घडये तूं विसर[illegible] आसत. पूण हांव केन्नाच विसरचोंना. च[illegible] चौगांत जातले लजेपासून तुवें म्हाका वाचयि[illegible] ते दिसा सावन तुजे बद्दल आशिल्लो अ[illegible] म्हज्या मनांत आनीक वाडलो.''

म्हज्या ह्या वागण्याचेर खूब शिक्षक आ[illegible] घेताले. हांव भुरग्यांचे चड लाड करतां, तांचे खूब जवळीक दवरतां. अशें केल्ल्यान भु[illegible] धाकांत उरनात. दुसऱ्या शिक्षकांक मान दि[illegible] अशें तांचें म्हणणें आसलें. तांकां ते भुरग्य[illegible] फाजील लाड दिसताले. भुरग्यांच्या खांदार [illegible] दवरप, तांचेकडेन उलोवप हाचे पसून शिक्षि[illegible] पयस रावपाक जाय हें तांचें सांगणें. मायेन तां[illegible] आंगार दवरिल्लो हात भुरगीं रोखडींच पारखि[illegible] हें कळपाक तशीच नदर आसची पडटा.

खांद्याक खांदे लावन काम करतले बायलें वा दादल्याक समाजांत एकामेकांचो आदार घे[illegible] बगर पर्याय ना. समाजांत वावुरतले जाल्[illegible] उदकांत रावन काश्टी सुकी दवरप शक्य जाय[illegible] काम करतले बायलेक बस चुकली जाल्[illegible] लिफ्ट घेवन कामार वचचें पडटा. ते बाय[illegible] बद्दल आमी वायट विचार तकलेंत हाडपाकू[illegible] शकनात वा ती बायल खंयच्यातरी दादल्या[illegible] स्कुटरीर बसून गेल्या म्हूण नांवां दवरपा[illegible] शकनात.

आमी मडगांवां, बाणावले रावतालीं तेन्ना[illegible] गजाल. म्हज्या मावशेभावाक एकूच चल[illegible] हांवूंय ताचेच वांगडचें. ताका भोंवपाक व्हरत[illegible]

मावसभाव म्हाकाय व्हरतालो. आयस्क्रिमाच्या पार्लरांत आयस्क्रीम खावपाक बसयतालो आनी मागीर आमकां व्हरपाक येतालो. खूबदां आमी मेट्रोपोल थेटरांत दोगांयनी पिक्चरां पळयल्यांत. एक दीस आमी पिक्चर पळोवपाक गेल्लीं. बाणावले रावतल्या शेजाऱ्यान आमकां पळयलें आनी घरा वचून भावजयेकडें म्हजी कागाळ केली. भावजय गालांतल्या गालांत हांसली. त्या पवित्र नात्याक ताणें दुसरेंच नांव दिल्लें. दोग तरनाटीं एकठांय आयलीं की आमी तांकां मोगी वा मोगिका ह्याच नात्यान पळयतात. ताचे परस वेगळें नातें आसपाक शकता हें मानपाक मन तयार जायना.

समाजांत वावुरतना एकामेकाकडें वळखी वाडटात. वळखी वाडल्यो की उलोवणें जाता. एकामेका बद्दल आदर निर्माण जाता. गर्देंतल्यान लेगीत पयस आशिल्ल्यांक हांसून मेळिल्ल्याची खोस परगटायतात. केन्नाय फाटल्यान कोणतरी खांद्याक हात लावन, मायेमोगान विचारपूस करतात. कोण आपल्या परस धाकट्या आशिल्ल्यांक तांच्या साहित्यांतल्या येशाखातीर फाट थापटून शाबासकी दितात. अशा वेळार ती व्यक्ती, बाय-दादलो ही संकूचीत वृत्ती दवरना. ते व्यक्तीची अपुरबाय करप, ताणीं मेळयिल्ल्या यशाचें कवतूक करप हो तांचो शुध्द हेतू आसता.

अशा वेळार सगल्याच बायलांक एके तागडेंत जोखप समा न्हय. दुसऱ्या दादल्यांकडें उलयल्यार, ताचेकडें हस्तांदोलन केल्यार तिच्या चारित्र्याचेर बोट दवरप आयच्या काळाचे आधुनीक बायल मनशेक मात लेगीत सोबना. बायलेचें चरित्र जर बरें आसत आनी ती जर तटस्थपणान रावत जाल्यार खंयच्याच दादल्याक बोट वा हात लावपाची वा तिचेकडें जवळीक सादपाची केन्नाच छाती जावचिना.

खंयचेय अस्तुरेक आपल्या स्वत्वाचो अभिमान आसता. आपल्या मनांत कांयच वायट नासतना, आपलें चारित्र्य निवळ आसतना, आपल्या चारित्र्याचेर बोट दवरिल्लें सोंसना. प्रत्येकाक दुसऱ्यांच्या वागण्याचो आपल्याक जाय तसो अर्थ घेवपाचो, ताचेकडें पळोवपाचो

अधिकार आसा. पूण अशें करतना ते अस्तुरेच्या मनाचेर आपल्या वागण्याचो घाय जावचोना हाचो विचार करप हें ते व्यक्तीचें कर्तव्य आसता.

कामाच्या निमतान आज अस्तुरेक एकटोच प्रवास करचो पडटा. कामा निमतान दादल्या बरोबर भोंवचें पडटा. इतलें आसून लेगीत ती आपलें चारित्र्य सांबाळून, आपल्या घोवाच्या आनी घरांतल्या मनशाच्या विश्वासाच्या म्हालवजाचेर कितलेंय व्हड काम आंगार घेवपाची तिची तयारी आसता. बरे संस्कार जाल्ली अस्तुरी आपलें पावल घालतना, आपलें पावल खंय चुकचें ना न्ही? हाचो धा फावटी विचार करता.

आज कितल्याशाच आस्थापनांत, सरकारी कार्यालयांत, संस्थेंत बायलो तशेंच दादले हांसत-खेळत काम करतात. एकेच सुवातेर खूब वर्सां काम केल्ल्यान तांचेमदीं भावनीक नातें निर्माण जाता. तें नातें इश्टागतीचें आसता. खेळीमेळीचें आसता. एकवेळ संकश्टांच्या वेळार आमचे सोयरे-धायरे आदार दिवपाक पावनात. अशा वेळार हो इश्टागतीचो घराबो धांवत आमकां आदार दिवपाक उबो आसता. आमचीं सूख-दुखां, आमच्या काळजांतले उमाळे इतलेंच न्हय तर आमचे बँक बॅलन्स लेगीत आमी तांचेकडें लिपयनात.

कितलीशींच वर्सां घराचे चार वण्टींत बंद आशिल्ली अस्तुरी आपल्या पाखांट्यांच्या बळाचेर उंच-उंच उडपाचो यत्न करता. आतांच ती आपलें मन घट्ट करून समाजान घातिल्ल्यो बेडयो तोडपाचो यत्न करता. अशे वेळार तिचे बद्दल नाका आशिल्लें उलोवन, तिचेकडें दुबावी नदरेन पळोवन, तिचे पांखाटे जखमी करपाचो यत्न करपाक जायना. आतां तरी ते अस्तुरेकडें पळोवपाची नदर आमकां बदलची पडटली आनी तिच्यो बकच्छायो करपाचें टाळचें पडटलें.

■

- कुसुम अग्रवाल,
शिवोले - गोंय.मो. : ९८६०२०७९७६

अपघात हे सांगून येनात
अपघात हे अपघात आसतात
तरी लेगीत शादूर रावप
हें मनशाचें काम आसता
जीवन हें एकदांच मेळटा

तें रस्त्यार सोपोंव नाकात
मोटर सायकल फास्ट चलोवं नाकात
चलयतना मोबायल वापरूं नाकात
सदांच हॅल्मेटाचो वापर करात
आमच्या कानार वायट खबर घालूं नाकात
आमच्यांनी आतां सोसूंक जायना

बिम्ब परिवार

इंद्रधोणू

स-सात म्हयने म्हजे कुडींत वाडपी तो जीव, म्हज्या रक्ताचेर पोसपी तो जीव म्हाका एक फावट तरी दाखोवचो अशें कोणाकच सुचलें ना रे? तूं बापूय म्हणून तुवें ताका पळयलें. पप्पा-मम्मीन, आई-बाबान आजी-आजो म्हणून खुभो केल्यो. हांव... हांव कोणूच न्ही रे त्या गर्भाचें?

- आशा शानभ

तर कोण हांव? कोऽहंऽऽ?

नभान दोळे उक्ते केले तेन्ना ताका आपलो हात पोशेवपी घोव, हर्षद दिसलो. जडशीळ जाल्ली मान दुसरेवटेन वळयल्यार दुसरो हात धरून बशिल्ली मम्मी, ताची मांय दिसली. फाटलेवटेन उबो आशिल्लो पप्पा आनी आईबाबाय ताका दिसलीं. सगल्यांच्या तोंडार मातशी... हय न्हयशी खोशी ताका दिसली. नभाक मात बरोच वेळ आपूण खंय आसां हेंच कळ्ळें ना. चोयवटेन नदर फिरयतगीर ताचे मतींत आयलें की हें हॉस्पिटल. पांचवे पड्डे आनी म्हज्यांत आशिल्लो सलायनाचो स्टँड पळोवन ताका समजलें की तें सोरांचेर आसा. उलोवपाचो यत्न केल्यार जीब खूबच जड जाल्लेवरी दिसली. तरी सगल्यांच्या तोंडावेलो हांसो पळोवन कांयच वायट घडुंना जातलें अशें ताणें चिंतलें. उलोवंक शक्तच ना जाल्ल्यान चितपा बगर कांयच ताच्या हातांत नाशिल्लें. ताणें दोळे धांपून घेतले.

दुसरेवटेन घरच्यांची परिस्थिती कठीणच जाल्ली. नभा सावशीद जालें, शाबुद्देर आयलें म्हणून खोशी मानची काय...? तांची अवस्था शिव आयलो आनी गड गेलो अशी जाल्ली. बेसुध्द जाल्ल्या नभाक हॉस्पिटलांत हाडी मेरेन सगलेंच सोंपिल्लें. एक कळी फुलचे पयलींच, ह्या संवसारांत येवचे पयलींच सासणाची सोंपिल्ली. धांपल्या दोळ्यां आडच्या नभाच्या मनांत सट्कन जाणविकाय आयली की आपूण बेडरुमांतल्यान सकयल देंवतना इस्कादिवयल्यान गडगडलें... बस्स... उपरांत... भयानक विचारान ताका शेळो घाम फुटलो आनी ताणें धडपडत उठपाचो यत्न केलो. शादूर आशिल्ल्या हर्षदान आनी मम्मीन ताका पर्थून हांतरुणार घालें. नभा आपलो सगलो फोर्स गेल्लेवरी दोळे धांपून पडलें. हे धडपडींतल्यान ताका जाणवलें आपलें रिकामें पोट. मना-पोटांतल्यान ताणें किळांच मारली... आवाज भायर फुटलोच ना. तें मात पर्थून बेसूद्द जावन पडलें.

दोतोरान हर्षदाक भायर आपोवन व्हेलो. "हर्षद, नभान आनी तुवें तुमचें भुरगें वगडायलां हें आमी ताका सांगचे परस तुवें सांगप बेस जातलें. आतांच नाका सांगूंक. तें विचारतलेंच. म्हणून तूं तयारेंत राव." हर्षदाचेर आकांत आयलो. चली गेलें हें दुख्ख मानू, नभा वांचलें हें सूख मानू काय करूं किदें? नभाक खंयच्या तोंडान आनी कशें सांगूं? पयलें भुरगें संवसारांत येतलें म्हणून कितलीं सपनां रंगयल्लीं दोगांयनी. सगलीं सपनां कागदाच्या उफेवपी कुडक्या भशेन उडून गेलीं.

न्हिदेच्या इंजेसांवाची धुंदी मात्शी मात्शी देंवत गेली तशी नभा मदीं उलोवपाची शक्त आयली. "हर्षद... आमचें भुरगें खंय रे?" अचकीत शाबुद्देर आयिल्ल्या नभान प्रस्न केलो.

"नभा.. तूं विसव घे. मागीर उलोवया आमी." हर्षदान ताका थोपटायत सांगलें.

मम्मीचे भरून आयिल्ले दोळे, पप्पा आनी बाबान फिरयल्ली फाट आनी आईचो तोंडांत पदर कोंबपी हात पळोवन नभाचें काळीज फुटलें. आपलो मोगाचो कोंब झडलो हें जाणवून सामकेंच रिकामें जाल्लें नभा काळजांतल्यान मोडून गेलें.

"हर्षद सांग रे म्हाका, किदें जालें रे आमच भुरग्याक?"

हर्षद तकली सकयल घालून ताका पो रावलो. पप्पान हर्षदाच्या खांदार हात दवर ताका भायर येवपाची कुरू केली.

"हर्षद... नभा मोडून गेलां. तुजींय सप तुटल्यांत हें खरें तरी ताचे आईबाबा वो आ हांचे परस तूं नभाक सामको लागींचो. आ धीर करून तुवेंच सत ताचे कानार घालपा जाय."

"पप्पा... कशें आनी कितें सांगू ह ताका? म्हजेंच काळीज रडटा तें हांव क थोपोवूं?"

"पळय.. तूं काळजांतल्यान दुखला पू विसरूं नाका नभा मानसीक आनी शारिरी दुखापत भोगता. पयलीं इस्कादिवेल्यान पडिल्ल मार, मागीर बेसुदपणांतच केल्लो फोर्साचो बाळें प्लस आपलें भुरगें वगडावपाची मानसी दुखापत. तुजी परिस्थिती सांबाळून ताचो विच कर." नभाची आई-बाबाय तांचे म्हज्यां आयलीं.

"हर्षद... आमचें नभा धडपडेंच खरें. पू ताका आपल्या धडपडण्यान आपूण निसरल आनी पडलें... ताका लागून तुमचें भुरगें गेलें

कशेंच सहन जावचें ना. उपकार करून ताका सांबाळून घे.''

आनी नभाची आई हर्षदाच्या पांयार पडली. पप्पा-मम्मीन तिका सांबाळ्ळी.

''हें पळय, नभा तुजें चली तशें आमचेंय चलीच मानतात ताका. ताणें आपूण जावन हें करूना. वेळच ती. यो म्हळ्यार येना आनी आयली की राव म्हळी की रावना. हर्षद, आमी भायर आसात. तूं सांबाळ सगळी परिस्थिती. गरजेक आमी चौगांय आसात.''

हर्षदान रुमांत येवन दार बंद केलें.

''हर्षद... चूक म्हजीच रे. म्हजे एके चुकिचे चांटयेन आमच्या मोगाची कुरू हांवेंच नानपश्चात केली. तूं रागार जाला मरे म्हजेर?'' दोळे भरून व्हांवपी नभा हर्षदाक वेंग मारून रडपाक लागलें.

''नभा.. जें घडपाचें तें घडून गेलेंच. आतां चूक कितें, बरोबर कितें हाचे परस हे परिस्थितीक तोंड दिवन उबें रावप म्हत्वाचें. तो जीव आमच्या रिणांत नाशिल्लो देखून आमचे कडसून अर्थ-अपुरबाय करून घेवचे पयलींच सोंपलो. तूं साल्वार जालें... तुका कांयच जावंक ना हें म्हजें... आमचें सगल्यांचें नशीब. तूं रडूं नाका. बेगीन बरें जा. पप्पा-मम्मी आनी आई-बाबाक आमी सांबाळपाचें. तांचेर आज आमकां सांबाळपाची वेळ आयल्या.''

हुंदकुट्यांनी हर्षदाचे घट्ट वेंगेंत रडपी नभा हळुहळू स्वताक सांबाळपाची तयारी करपाक लागलें. स्वताचें रितेंपण स्वताच्या मनांत लिपोवपाची तयारी करपाक लागलें. दारार टकटक जातकीर हर्षदान ताका हांथरूणार न्हिदयलें. पांच मिन्टांभितर दोतोर रावंडाक येता म्हणून रकाद आयिल्ल्यान पप्पान दारार आवाज केल्लो.

दुसरे दिसा सावन नभान स्वताच्या ओंठांक आपल्या भुरग्याविशीं कुलूप घालें म्हळ्यार जाता. हो एक विशय सोडून हेरांचेर तें उलोवंक लागलें. दोतोरालो त्रातामेंत, घरचें जेवण-खाण.. नभा सात-आठ दिसांभितर उबें जालें. ताची आई बाबा ताका आपणांगेर व्हरपाक सोदतालीं. पूण हर्षदान फोर्सान ताका थंय न धाडटां घराच व्हेलें. दनपरां रूमांत वतकीर नभान पांच-स दीस धापिल्लें तोंड उगडलें.

''हर्षद खरें सांग रे म्हाका. आमचें भुरगें हांव पडटांच गेलें काय जल्माक येतगीर?''

स्वताक इतले दीस सांबाळिल्लो हर्षद आतां एकांतांत पुराय कोसळ्ळो.

''नभा.. तूं जे रितीन पडलें तें पळयल्यार दोतोर अजाप की कांयच मोडतोड न जातां तूं वाचलेंच कशें? नभा... आमकां चली जाल्लें गो. आपलो जीव दिवन म्हज्या सोनीन तुका वाचयलें गो.''

आनी दोगांय एकामेकांचे वेंगेंत घुस्पून ढग फुटिल्लेवरी रडपाक लागलीं. रडून-रडून दोगांयचीं काळजां ल्हव जाल्लीं आतां.

''हर्षद... आमचें बाय कोणावरी दिसतालें रे?''

''कळळेंच ना गो कांय... स-सात म्हयन्यांचो गर्भ तो. कितें कळटलें? आनी पळोवंक तरी जायत आसलें गो?''

हर्षद आपल्या हड्डयार तकली दवरून पडिल्ल्या नभाच्या माथ्यार हात फिरयतालो.

''मागीर रे.. फुडें किदें केलें ताचें?''

हर्षदान ताका वेंगेंत घेतलें. ताचीं दुकां पुसलीं.

''नभा मन घट्ट कर. पप्पान आनी बाबान फुलांची इल्लीऽऽशी परडी घेवन ताका तातूंत दवरलें. मम्मी आनी आईन ताच्या ओंठार साखरेची चिमटी दवरली आनी मसुंडेंत व्हरून हांवें म्हज्या हातांनी ताचेर माती घाली.''

आनी धरण फुटिल्लेवरी हर्षद रडपाक लागलो.

''पुरो रे आनीक उलोवं नाका आतां.''

''उलोवपाचें आनी उरलां कितें? हांवें माती घाली, फातोर दवरलो आनी म्हजें काळीज पुरून घरां पावलों.''

घुसमटून रडपी नभा अचकीत थांबलें.

''हर्षद... पूण तुमकां कोणाकच म्हजी याद आयलीच ना रे? स-सात म्हयने म्हजे कुडींत वाडपी तो जीव, म्हज्या रक्ताचेर पोसपी तो जीव म्हाका एक फावट तरी दाखोवचो अशें कोणाकच सुचलें ना रे? तूं बापूय म्हणून तुवें ताका पळयलें. पप्पा-मम्मीन, आई-बाबान आजी-आजो म्हणून खुमो केल्यो. हांव... हांव कोणूच न्ही रे त्या गर्भाचें?''

नभा काळीज फुटिल्लेवरी रडटालें. हर्षदाक आपली चूक कळटाली... कळळी. पूण तरी ते चुकिचें समर्थन करप ताका जमनाशिल्लें. भायर झाडार कोगूळ रडटाली... कुऽऽहुऽऽऽ कुऽऽहुऽऽऽ... घुसमटून रडपी नभाक आवाज येतालो कोऽऽहं....? कोऽऽहंऽऽ?

■

– आशा शानभाग
सादोळशें - काणकोण, मो. ९४०४१४५३३७

रुचीक आनी पथीक
नोवा काजुबियो
गोंयांत सगळ्याक मेळटात
CASHEW NUTS
निर्मुपी :
रामकृष्णा कॅश्यू वर्कस्
साखळी - गोंय.

आंकरी

- ब्र. जॉन आल्फोन

'कुटूंब - समाजाचो म्हत्वाचो घटक' असल्या आनी कुटुंबाक लागू जातल्या साबार विशयांचेर जायत्या जाणांनीं उजवाड घातिल्लो आमी वाचला आसतलो. कुटूंब म्हणटकूच आमच्या कुटुंबांत आशिल्ल्या संबंदांची आमकां याद येता. आमचें कुटूंब मजबूत जाल्लें आमकां सगळ्यांकूच जाय. पूण, अंतरव्यक्तीगत संबंद वाडटलो जाल्यार, कुटुंबांतले सगळे वांगडी गरजेचे अशें दिसून येता. कुटुंबांतलें वातावरण आनी साबार घटक तितलेच गरजेचे. आमचे भितर आशिल्ल्या संबंदांक लागू जाल्ल्या 'मानसीक ताण' ह्या प्रस्नाचेर उजवाड घालपाचो यत्न करतां.

मनशाची वाड जावंक, ताच्या सांगाताक जियेवपी कुटूंब खूब म्हत्वाचें. जल्म ते मरण मेरेन मनीस एकामेकाच्या सहकारान जियेतात. पुराय वाडी वांगडा, भावनीक वाड जावप फायद्याचें अशें दिसता. भावनीक वाडीक साबार आडखळ आयज आमच्या थोड्या कुटुंबांनीं पळोवंक मेळटा. असल्या आडखळींक लागून मनशांची फावो ते परीन वाड जायना. आमी चडसो वेळ, खेरीत भाशेन ल्हान आसतना, आमच्या कुटुंबांत सारतात. कुटुंबांत आसलेलीं मुल्यां आमी आपणावन आमचीं फुडलीं पावलां मारतात. आमची वाड जावंक कुटुंबूच आमकां आधाराचें जाता. पूण हें भाग्य सगळ्यांकूच फावऽ जायना, हें सांगतना दुख्ख भोगता. 'कुटूंब आमकां सतायतले पिडेचें कारणूय जावं येता' अशें जाणकार म्हणटात. जायते फावटी कुटुंबांतल्या वांगड्यांनी आपणायल्ली हुकुमशायेची पद्दत, निराशेवादीची वृत्ती, चडशें टिकात्मक वातावरण आनी हेर चुकीच्यो वृत्ती दुसऱ्या वांगड्यांचे भावनीक वाडीचे आड दुरीग बांदतात. असलीं दुरगां मोडून एकमेकाच्या जिवितांत भितर सरून एक खुशाल जीण जियेवपाची मेकळीक आसल्यार बरी.

एक समुदाय कसो जियेतना एका-मेकाक समजून घेवपाची चड गरज. आपसुवार्थीपणान वागल्यार आपलीच वाड जावंक खूब कठीण जावं येता. आमच्यांनीं कुटूंबीक वातावरण खुशालकायेचें करूं येता. एक सादें, सगळ्यांक मानता तसलें जिवीत जियेवंक जाता. हें करतना आपली तांक, आपणाकडेन आशिल्ल्यो वस्तू आनी संदी हांचो फायदो काडचो. नाशिल्ल्या वस्तूंक शिणून, फायदो जावचो ना. खंयचीय सुखा-दुख्खाची घडणूक घडटा तेन्ना खुशालकायेंत तशेंच दुखांतूय दर एका वांगड्यान वांटो घेतल्यार बरें. कुटुंबांतल्या वांगड्यांनीं दुख्खा वेळार आपली वृत्ती बदलूंक फावना. कसलेय त्रास येवं, आमी बरोबर सोंसतलीं असलें मन दर एका वांगड्याक आसल्यार वांगड्याचे भावनीक वाडीक खूब आधार जातलो.

कुटुंबांत एकामेका सवें मोग-मोयपास नाजाल्यार कुटूंब फुटपाचे वाटेर पावूं येता. कुटुंबांत शीस्त हाडूंक जायते फावटीं नाका तसलीं पावलां मारलेलीं दिशटी पडटात. शीस्त हाडूंक खर उपाय घेवपाक जाय, अशें न्हय. कुटुंबांत जर प तसलें वातावरण निर्माण केल्लें जाल्यार, आ आप कुटुंबांत शीस्त वसतली. 'भुरगीं आम गिरेस्तकाय' हें आमी मानून घेतात जाल भुरग्यांक फावो तसल्या वातावरणांत वाडोवप तांक आवय-बापायक आसल्यार खूब फा जावपाचो. फावो तसले वागणुकेंत वा नाशिल्लीं भुरगीं जायते फावटीं 'त्रास' सोंसत पूण बरे वागणुकेंत वाडिल्लीं भुरगीं जायते फा खुशाल. ल्हान सावन भुरग्यांक फावो तस मुल्यां दिल्लीं वो आवय-बापायचे देखींतल्य दिसून आयिल्लीं जाल्यार भुरग्यांची बरी व जातली म्हणूंक हरकत ना. बरें वातावरण कुटुंब नासत जाल्यार वांगड्यांची भावनीक वाड जा कमी पडटा.

खंयचेंय कुटूंब मजबूत जातलें जाल्य सगळ्या वांगड्यांक विश्वासांत घेवन वावुरपा चड गरज. दर एका वांगड्याक आपूण आपल कुटुंबांतलो वांगडी कसो दिसूंक जाय. आपल कुटुंबांत आपल्याक सुवात आसा, अशें दिसपा गरज. हाचे वरवीं मनशाची मुळावी गरज पुर जाली म्हणूं येता. असली परिस्थिती जर आमच कुटुंबांनी ना जाल्यार हाचेर नियाळ करून पाव मारपाची गरज आसा. आयज कुटुंबांनीं एकठ बसून उपजतल्या प्रस्नांचेर भासाभास करू एक सुखी कुटूंब कशें जियेल्यार आमकां फायदो जावपाचो.

तर, आमी आमच्या कुटुंबांत जियेतन एका-मेकाक समजून घेवन, बरोबरच्यांक त आसात तशींच मानून घेवन, तांचे भावनी वाडीक आधार दिवन, मानसीक ताण उ करूंक वावुरुया. आमच्या कुटुंबांनीं नवसरणेच ल्हारां मारूं दी.

- जॉन एम्. आल्फोन्सो कार्मेलीत
म्हापशें-गोंय. मो. ९०९६६४७३४

मनसंवेदना

गँगरेप

निलबा अ. खांडेकार

सामुहीक बलात्कार खंय, केन्ना
आनी तो कोणे कोणाचेर करचो हाची नियमावली
वा वेळापत्रक
केन्नाच कोणें जाहीर केल्लें येवजना
तो खंयीय करूं येता, खंयच्याय एँगलांतल्यान
घरांत, वा फॅक्टरींत, शाळेंत-कॉलेजींत-संडासांत लेगीत
काळखांत, उजवाडांत
थांबिल्ले बसींत वा धांवते बसींत
शेतांत-रानांत, ऑफिसांत, लिफ्टींत
देवळांत वा चर्चींत
जाण्ट्यांचेर, नेण्ट्यांचेर, तरनाट्यांचेर मेळटा तांचेर
ना जात-कात ना धर्माची आडखळ
एक वेळ दोन थानां ना जाल्यार कोता येता पूण एक योनी जायच
आनी रानटी जनावरांक लेगीत लजोवपी, जितलो पाशवी
तितली सामाजीक इभ्रत वाडोवपी
समस्त पुरूषार्थाचें झेंडावंदन मिरोवपी
एक राष्ट्रीय उत्सव
जशी एन्जॉय करची टी-२०ची वर्ल्ड कप फायनल
फास्ट अँड फ्युरीयस्
एक बॉल आनी बावीस खेळगडे
धाडयत रावपाचे, चौके आनी सके शीमे भायर
आवाजांतल्या आवाजाक चेंपून धरून
नाका-तोंडांत वेसण घालून
सगळो फोर्स एका धावेर लेगीत लावपाचो आसता
आनी मागीर हात वैर करून हुररेऽऽ करपाचें आसता,
विजयी मुद्रेन
धर्म रक्षणाचें सत्कार्य केल्ल्याची भावना
सगळ्या खेळगड्यांच्या मनांत उप्रासची म्हणोनूच तर
सामुहीक बलात्कार घडत आसतात
अपंगूळ जाल्लीं सपनां रक्ताच्या कोणांत विरगळत आसतात
तर सामकार दिमी मारून
हातां मरणान भरिल्लें स्टेनगन घेवन आसता
निर्दयी काळोख, एके नदरेंत
आनी मागीर सुरू जाता
सिवील कोर्टांतली अगम्य स्वरांतली
तीच काणी तीच घटना त्योच नरक वेदना परत-परत
आरतून-परतून, जशे एका खीणाचे पांच वाटे
एका खिणाक रडप जाल्लें
आतां पांच फावट, घडये आनीकूय
घाव्यार चोळिल्ल्या मिठाचे
उरिल्ल्या-सुरिल्ल्या लजेचे बारा ब्रेस्तार आनी तेरा सुक्रारा सैत

तरीय वगडायल्ली लज मेळत काय?
आनी कसलो न्याय, कोणा खातीर?
पुराय जावपाचें सपन तर आदीम काळखांत
सतत व्हांवत आसा, काळाच्या गटारांत
आनी तेच अर्थशुन्यतेंत
पिवपाचें आसता तापिल्ल्या शिशांचो घोळघोळ
भितरले भितर खिणा खिणाक
वैचारीक बलात्काराची दहशत शिपडयत
फारोवपाच्या तयारींतलो
आपलेच कपडे पचपचीत करून खूश जावपी
धा तकल्यांचो रावण अंतहीन 'आरगूमेन्ट' करीत रावता
उबी करपाक काणी सामुहीक बलात्काराची
समृतीच्या पड्ड्या आड जायसर
अंतहीन काळखाची
कालची, आयची आनी घडये फायचीय
बलेंतल्या अबलेंतली
साठा अपूर्ण उत्तरांची
सफळ संपूर्ण

मनसंवेदना

अच्छे दिन...

हालीं म्हज्या पानार एकूच नग
तांच्या ताटानी भरिल्ल्यो वाटयो
दुसऱ्यांच्या ताटांत पळोवचें न्हय, ही म्हणटाली
हांव म्हजे कपडे फातरेर धुतां
तांचे कपडे मशिनांत वॉश जाता
दाग ढूंढते रह जाओगे
ही म्हजे कपडे सुकत घालत म्हणटाली
हिच्या आवाजांत पसायदान, मनाक थाकाय मेळटाली
आतां वक्लूय ना म्हण ज्ञानेश्वरीय ना
दोळे धांपपाचे जाले आतां वक्लां कित्याक?
घरांत कोणें म्हणलें, आतां याद जायना
प्रेसांवाच्यो गुळयो ना, काळीज कलकलता
तें कलकलता म्हण जितो आसां, हें गणीत बरें जमलां
तांचो फॉर्म हाडलो?
भितर उलोवणीं चल्ल्यां, हांव कान लायतां
फॉर्म कित्याक डिपोजीट भरलें, आतां मोऽरया
भितर सात मजली हांसो
गुळयो घेवन लेगीन काळीज कलकलता
इतल्यान पांच वर्सांचो म्हजो नातू
म्हज्या गळ्यांत हात घालून म्हणटा
आज्या, अच्छे दिन आनेवाले हैं

– कृ. म. सुखठणकार
रायबंदर – गोंय.
मो. : ९८५०५३०७५६

रूप सैमाचें

सैम मनपीशें
सैम ओडलायणें
सैम जिवाक सुखदिणें
सैम बाळकशें
सैम अवखळ भुरगें कशें
सैम तरनाटें
सैम म्हालगडें
सैम एक अस्तुरी सोबीत
सैम शिरंगारान नटिल्लें
सैम वताच्या धगान थकिल्लें
सैम मातयेन भरिल्लें
सैम थीर उबें कशें
सैम मिर्गाक आंवडेल्लें
सैम पावसाच्या सरिनी भिजिल्लें
सैम एक अप्रूप
सैम मनशाचो हुरूप
सैम देवाचें रूप
सैम सदांच उरूं सुखरूप!!

– शैला (तरूलता) शरद धुमटकार
पणजी – गोंय

पावसांतलो नवस

घोग्यान पावस रकतना
मनाक हुंवार येता
भितर हुंवार भायर हुंवार
रंगेल पावस अणभवता

चिप्प भिजिल्ली धर्तरी
पुराय भिजिल्लें मन
सजयल्ल्या सुखालागीं
दोळ्यांत सपनांचें पिशेंपण

पिशीं पिशीं झाडां
रान सगळें पिशें
जोगलां नाचता चकचकून
तांका धरपाचें कशें?

आड्डयत माड्डयत
पानापानांत वाऱ्याचो बोवाळ
सडसडीत व्हांवता उदक
सूर पाव्याचो मोगाळ

आलतडीं पलतडीं
दाटून आयले घन
हुंवाराच्या मदीं कशें?
आडोवपाचें मन

पावस पावस शाणो
म्हज्या हुंबऱ्यार येवन न्हिदल
पावसाक पळयत
पुराय रात जागलों

हांव पावस ती पावस
पावसांत एक फिटलो नवस

– इंद्रजीत गणपत घुले
मंगळवेढा,
सोलापूर.

मनसंवेदना

राग मल्हार

सूर्यान दाट्ट काळीं कुपां पांगुरलीं
आनी- दिसा उजवाडे रात जाली

आशी-कुशीचीं चिटपाखरां गेलीं गोंदळून
घोटेरांनी शिरकलीं आलाशिरो सोदूंक

तांची चिवचिव, कुलकुल थंड वारो कापीत गेलो
जमनीवयलो पानांचुरो भोंवरो जावन घुवूंक लागलो

वाटेवयलो दरएक जीव वाट सोदीत आडोशाक गेलो
पावसाक थैमान घालूंक सगलो वाठार ओस पडलो

ढगांच्या गडगडाटांत, विजेच्या झगमगाटांत
सूं सूं वाऱ्याच्या पार्श्वसंगीतान

पर्जन्यराजान भूंयेर घालून घेतलें
भिजिल्ले धर्तरेचो गंध खिणांतूच निथळूंक लागलो

बारा मासांचो विरह पैसावलो
पाचवो सैम न्हावन धुवून धोलूंक लागलो

पाऊलवाटांनी तांबडें उदक मोडत मोडत चलूंक लागलें
पावळ्यांच्यो चकचकीत तारो झीणीझीणी वाजूंक लागल्यो

चौकेच्या कोनशांनी घोग्यांनी धरलो ताल
दर एकाच्या काळजांत वाजूंक लागलो राग मल्हार

– स्मिता तिंबले
मडगांव – गोंय

सोशल नेटवर्क

सोशल नेटवर्कांत
'सोशल' म्हणोवपी
अनवळखीशे मुखार पळोवन
अनवळखी जावन वचपी
आसात कितलेशेच चेहरे गर्देत
जांचे लागीं वळख ना
भेट सदांच फेसबुकार
face चीच वळख घडली
नेटवर्क आसाच हें अशें
वर्क सदांच करीत आसता
नेटांत हाच्या फसून
मनीस घुस्पत रावता
आतां ना वेळ चिमटीभरूय
भेटूंक खासा वचूंक पावना
ऑनलायन चॅटींगूच करूंक पावतले
लागीं जाला संवसार सगळो
पयस पयस मनीस जावन गेला
सोशल नेटवर्काची वाट धरून
समाजांत शेणून गेला
आतां तर भावनांनीय बी
पाखां ई-मेलाचीं लायल्यांत
एसएमएसचे संवयेन मजबूर आमी
मोबायल नंबर सगळ्यांचे मेळ्ळ्यात
टेलिफोनाचो काळ तर सरला
टेलीग्राम पोरणी गजाल थारल्या
सोशल मिडियाचे कृपेन
Friend's युगाचो आरंभ जाला
आतां sociology च्या पुस्तकांत
एक नवो अध्याय जोडटलो
सोशल नेटवर्काची परिभाशा
फायचो विद्यार्थी शिकतलो
हे facebook! तुजी महिमा मोठी आगळी
नेटवर्काचेरूच आमी अंदू मनयली दिवाळी

– स्मिता दारशेतकर
बिएसएनएल गोवा

तूं तुजें काळीज खतखतय

तूं तुजें काळीज खतखतय
दोळ्यांतल्यान इंगळे
आनी मेंदवांतल्यान
लाव्हा ओत
पुराय जळय तुजी कूड
कर गोबोर
त्या चिरंतन अर्धसत्याचो...
जा हलको आनी मेकळो
वच खंयतरी पयस पयस...

कालांतरान –
एक आत्मो
परमात्मो जावन
कोमात गेला
आनी ताच्या भक्तांनी
सर्गार घुरी घाल्या...

– आर रामनाथ
कुर्टी – फोंडें.
मो. ९८५०४५८७६३

सिंहासन बत्तीसी
सतरावी काणी

दुसऱ्या दिसा विक्रमान दरबारांत वचून सतरावे मुर्तीक हात लायलो. सुलभा नांवाची परी प्रगट जाली. तिणें भोजराजाक म्हळें, ''राजा तुका विक्रमावरी कसलोच लोभ ना? आनी तूं भाग्यवान जावन आसा? हाचेर तुका विक्रमराजाची एक काणी सांगतां –

विक्रमराजा एक फावट शिकार करपाक रानांत गेल्लो. ताणें एक वाग पळयलो. ताणें ताचेर बाण मारले. वाग जखमी जालो आनी तसो एके घोलींत गेलो. विक्रमय ताच्या फाटल्यान घोलींत गेलो. बरोच भितर गेलो तरी ताका वाग दिसलो ना. विक्रम तसोच मुखार वचत रावलो. तो रस्तो खोल खोल वचूंक लागलो. धिरान विक्रम मुखार मुखार वचत रावलो. तो पाताळांत पावलो.

मुखार वतकर ताका बळीचो म्हाल मेळ्ळो. बळी राजाक विष्णून वामन अवतारांत पाताळांत धाडिल्लो आनी खासा तो द्वारपाळ जाल्लो. विक्रमाक थंय विष्णूचें दर्शन जालें. ताणें विष्णूक नमस्कार केलो. ताचो आशिर्वाद घेवन तो बळीराजाक मेळपाक गेलो. बळीराजान ताका येवकार दिलो. राज्य कशें करचें हे विशीं ताणें विक्रमाक उपदेश केलो. निमणें बळीन म्हळें, ''म्हज्या राज्यांतलें तुका कितें जाय?''

विक्रमान नमळायेन म्हळें, ''तुमचें दर्शन जालें, श्री विष्णूचेंय दर्शन जालें. तुमी म्हाका उपदेशय केलो आनी आनी हांव कितें मागूं?''

तरीय बळीन ताका खूब आग्रो केलो आनी म्हळें, ''म्हजी याद म्हणून आनी इश्टाचो मोग म्हणून हांव तुका एक मोलादीक मणी दितां आनी एक गजाल आयक, बऱ्या इश्टाच्या मोगाचीं स लक्षणां आसात. इश्ट आपले कडल्यो वस्तू इश्टाक दिता आनी ताणें दिल्यार घेता. आपलीं गुटां ताका सांगता, इश्टाची गुपीत गजाल आयकून घेता. तागेर जेवंक वता आनी ताका जेवंक आपयता!

इतलें सांगून बळीन सोरपाच्या माथ्यावयलो मणी विक्रमाक दिलो. गेल्ले वटेन विक्रम परत रानांत आयलो. अवंतीचे

भुरग्यांचें आंगण

विक्रमाची उदारताय

वटेन तो येवंक लागलो. वाटेर ताका एक ब्राह्मण मेळ्ळो. ता विक्रमाकडेन भीक मागली. विक्रमान ताका तो मणी दिलें खोशये ब्राह्मणान विक्रमाक आशिर्वाद दिलो आनी आप वाटेन गेलो.

कांयच घडूंक नाशिल्लेवरी विक्रमराजा अवंती नगरो परतलो.''

इतलें सांगून सुलभा परीन भोजराजाक म्हळें, ''राज अशे सहजतायेन तुका केन्ना विष्णूचें दर्शन जावंक शकता तूं इतलो निर्लोभी आसा? बळीन दिल्लो दिव्य मणी दा करतलो आसलो?''

राजा कांयच उलयलो ना. ती सुलभा परी परत वचू शिंवासनाक चिकटली. राजा आपल्या म्हालांत गेलो.

– माया अनिल खरंग
दवर्ली, नावेली – गों

काणयो महाभारतांतल्यो....?

भुरग्यांनो तुमी आपणाल्या आजी-आज्याकडल्यान, आवय बापायकडल्यान जावं घरांतल्या जाण्टेल्यांकडल्यान महाभारतांतल्यो काणयो आयकल्या आसतल्यो. ना जाल्यार दूरदर्शनावेलें (टी.व्ही.) 'महाभारत' तरी पळेलांच आसतलें. महाभारत आनी रामायण हीं आमचे संस्कृतायेंतलीं दोन व्हडलीं कवनां. महाकाव्य म्हणटात तांकां. आखड्या संवसारांत फामाद! महाभारतांत जें ना तें आनीक खंयच ना अशें म्हणटात. म्हणचेच ह्या संवसारांत जें जें आसा तें तें सगळें ह्या महाभारतांत आसा.

महाभारत म्हळें की पयलीं दोळ्यांमुखार येतात ते कौरव, पांडव आनी कृष्ण. कौरव-पांडवांमदलीं झगडीं, कृष्णान अर्जुनाक सांगिल्ली गीता - म्हणजेच ताका केल्लो उपदेश जो आजतागायत सगळ्या मनशांक लागू जाता. सत्याचो म्हणजेच खऱ्याचो फटींगपणावेलो विजय, धर्मान अधर्माचेर जोडिल्लें जैत! पूण हें सगळें आध्यात्म समजूंक तुमी अजून खूब सान आसात. तुमकां फकत काणयो आयकूंक, वाचूंक आवडटात, खरें काय ना? तरीपूण मनांत हजार प्रस्न येतातच न्हय - हे कौरव कोण आशिल्ले, पांडव कोण आशिल्ले, हें महाभारत बरोवपी व्यासमुनी कोण? ह्या सगळ्यांचे म्हालगडे कोण? खरें सांगचें जाल्यार हो एक खूब खूब पोरणो आनी व्हडलो काळ जावन आसा. उमजूंक खूबच कठीण - ह्या सगळ्या वंशावळींतल्या राजा-राणयांचीं नांवां लेगीत याद उरप सोंपें ना. म्हाका सुद्दां कुस्तार. ह्या महाभारताचीं अठरा पर्वां म्हणचे भाग आसात आनी वयर सांगलां तें सगळें हांतल्या आदिपर्वांत आयलां. तें सामकें थोडेभितर समजून घेवया. आयकुपाचें, सोडून दिवपाचें तरी समजून घेतलें जाल्यार फुडलें 'महाभारत' सारकें कळटलें म्हणून सामकें थोडेभितर हें अदिपर्व पळोवया.

लोमहर्शण नांवाचो एक पुराणीक आसलो. सामको फामाद. ताचो भुरगो उग्रसवा तोय बी बापायभशेनच नामनेचो पुराणीक आसलो. नैमिष नांवाच्या रानांत शौनक ऋषीन वर्सांसनाची बसका आपयली आनी त्यापसत सगळ्या ऋषीं मुनींक आवतण धाडलें. थंय हो उग्रसवा गेलो. सगळ्यांनी ताका आग्रो केलो म्हणून ताणें ही काणी सांगूंक सुरू केली-

वेदव्यासान महाभारत बरोवन घेवचे खातीर ब्रह्मदेवाचे सांगणेवेल्यान गणपतीची - ॐ नमोजी आद्या - करीत आराधना केली. गणपती ताचेर प्रसन्न जालो. व्यासमुनीन गणपतीक आपूण सांगतां तशें महाभारत बरोवन घे म्हणून विनयलें. गणपतीन ताका हयकार दिलो. पूण एक अट घाली. आपूण बरयतां तेन्ना मदीं थांबूंक जायना. अखंड उलयत रावंक जाय. व्यास मुनीय मोठो हुशार आसलो. ताणें तें मानून घेतलें आनी अशेतरेन महाभारत बरोवन जालें.

हो व्यासमुनी कोण, तर पराशर ऋषी आनी सत्यवती हांचो पूत. सत्यवती ही एका नुस्तेकाराची - एका व्हडेकाराची धूव. एकदम सोबीत-सुंदर. पूण तिच्या आंगाक मात नुस्त्याच्यो हिंवसाणी-घाणी मारताल्यो म्हणून तिका 'मत्स्यगंधा' म्हणून लोक वळखताले. बापायचे सांगणेन न्हंयचेर व्हडें चलोवप-लोकांक आलतडीन पलतडीन पावोवप. एक खेपे पराशर ऋषी तिचे व्हडयेंतल्यान पलतडीन वचूंक गेल्लेकडेन तिचे सोबितकायेचेर भाळ्ळो आनी मागीर तांगेर हो पूत म्हणचेच व्यास जल्माक आयलो. तिका एका मनभुलवण्या परमळाचो वर दिवन पराशर ऋषी तप करूंक हिमालयांत गेलो. तांचो हो पूत व्यास दिसूंक सोबीत नासलो. काळोच पूण बुद्दीन एकदम हुशार-भलो, सभावान शांत बरो, वेदविद्येंत खांपो जाणकार. महाभारत हें ताणें बरयिल्लें महाकवित!

तर चंद्रवंशांत पुरुरवा जल्मलो. ताचो भुरगो आयु. आयुचो भुरगो नहुष, ताचो पूत ययाती. ह्या ययाती राजाक दोन बायलो – एक राक्षसांचो गुरू शुक्राचार्य हाची चली देवयानी आनी दुसरी असुरपर्वाची धूव शर्मिष्ठा. देवयानीचो पूत यदू तर शर्मिष्ठाचो पूत पुरू. यदूचे वंशावळींत यादव हे राजे जाले तर पुरू राजाली वंशावळ पौरव ह्या नांवान नामनेक पावली. पौरव वंश वाडत गेलो. त्या वंशांतलो दुष्यंत राजा हो महा पराक्रमी – शूर वीर न्यायी म्हणून फामाद – कुरू वंशाचो आद्यप्रवर्तक मानतात ताका. ताची ही काणी – दुष्यंत–शकुंतलाची काणी.

दुष्यंत राजा मोठो न्यायी, आपणाले प्रजेचेर खूब मोग करपी, सगळ्या लोकांच्या सुखा खातीर वावुरपी. बरेतरेन राज्य करतालो. पूण एक फावटी ताचेकडल्यान मोठोच अन्याय घडलो. ताचें अशें जालें – एक खेपो तो एकटोच रानांत शिकारेक गेलो. भोंव भोंव भोंवलो. वाटच चुकलो. तानेन तानेलो, भुकेन भुकेलो. भोंवत भोंवत विसव घेवंक जागो सोदत सोदत न्हंयचे देगेर आशिल्ल्या कण्व ऋषीच्या आश्रमांत पावलो. थंय एक सोबीत चली आपले इश्टीणींसयत हांसत खेळत झाडां शिंपताली ताणें पळेली. ताणीं एक अतिथी म्हणचे सोयरो म्हणून ताचो बरो परामर्श केलो. ताका खावंक, पियेवंक दिलें. ताची बरी उठ–बस केली. दुष्यंतान आपूण थंयचो राजा म्हणून सांगतगीच तर सगळे खोशी जाले. राजान ते सोबीत चलयेची वासपूस केली. तेन्ना तिचे मैत्रिणींनी ती शकुंतला – कण्व ऋशीची मानसकन्या म्हणचेच मानिल्ली धूव म्हणून तिची वळख करून दिली. तिचे सोबीतकायेन आनी वागण्या करण्यान राजाक ती भोवच मानवली. शकुंतलेकय राजा सामको भावलो. राजान तिचेकडेन ल्हिपचोरयां थंयच लग्न केलें. ताका 'गांधर्व विवाह' म्हणटात. कांय दीस तिचेबरोबर हांसून खेळून रावन राज्यकारभाराच्या हुस्क्यान दुष्यंत राजा जिवार येवन म्हणटा तसो आपल्या राज्यांत वचूंक गेलो. रोखडेंच परतो येवन मोट्या थाटान वाजत गाजत तुका राणी करून आपलेकडेन व्हरतां अशें तिका वतना उतर दिलें. शकुंतला बाबडी राजा आज येतलो, फाल्यां येतलो करून आशेन वाट पळेत रावली. दीस गेले, म्हयने वासपूस ना. ताचे यादिनी घुस्पल्ल्या मनान खायना, जावन सुकून काटो जाली. इश्टिणी तिची जतनाय घेताल एकटीच आशिल्लेकडेन राजाच्या चिंतनांत गूंग आसतना दीस 'शीघ्रकोपी' दुर्वास ऋषी दारांत उबो रावलो. आपल्याक पळेलें ना, आपलो फावो तो मान राखलो म्हणून रागान ताणें तिका शाप दिलो, 'जाच्या चिंतनांत तूं म्हाका उठून पायांसुद्दा पडूंक ना तो तुका विसरतलो' इतल्य थंय आयिल्ल्या तिच्या इश्टिणींनी दुर्वास ऋषीच्या हाताप पडून ताची विनवणी केली. तिका भोगसूंक सांगलें. ति सगळी खबर कळटगीर दुर्वासान तिका उ:शाप दिलो – 'राज वळखिची कितेंय कुरू दाखयतगीच ताका सगळें याद जातल आनी तो वचूंक गेलो.

हेवटेन कण्व ऋषी आश्रमांत परतलो. ताका दुष्यंत शकुंतलाची सगळी खबर कळ्ळी. आपली मानिल्ली ध राजघराण्यांत पडटा म्हणून तो खोशी जालो. राजा येव चलयेक घेवन वचपाची वाट पळेत रावलो. पूण राजापस तिका दीस गेल्यात हें कळटगीच मात मागीर ताणें वेळ केल

ना. एक बरो दीस पळोवन बऱ्या म्हूर्तार आपल्या आश्रमांतल्या विश्वासू शिश्यांबरोबर घोवा घरा तिची रवानगी केली.

शिश्यांनी तिका राजाच्या दरबारांत व्हरून उबी केली. पूण दुर्वासाच्या शापान राजा खरेलीच तिची वळख साप्प विसरिल्लो. तिणें तरातरांनी ताणें आपले बरोबर घालयिल्ल्या त्या दिसांची ताका याद करून दिवपाचो यत्न केलो. पूण फुकट. ताणें तिचेकडेन पुरावो मागलो. लग्न जाल्लो तेन्ना राजान आपली मुदी तिच्या बोटांत घाल्ली. ती दाखोवंक म्हणून तिणें हात फुडें केलो. पूण वाटेर येतना लागिल्ले न्हंयत तिच्या बोटाक सदळ जाल्ली ती मुदी हात धुतना केन्ना पडली तें तिचें तिकाच कळूंक नासलें. राजा तर फाटलें सगळेंच विसरिल्लो. ताका तिचें तोंड लेगीत वळखिचें दिसनासलें. ती आपल्याचेर फटीचो आळ घेता अशें म्हणून ताणें त्या सगळ्यांक दरबारांतल्यान धांवडावन घाले. नानातरांनीं समजावनय राजा आयकना हें पळोवन दुखेस्त अंतस्करणान तीं दरबारांतल्यान भायर सरलीं. बरोबरचीं सगळीं तिका परत आश्रमांत या म्हणून आग्रो करतालीं. पूण ते मानी चलयेन तांचें उतर मानलें ना. वाटेरच एक चमत्कार जालो. रस्त्यान चलतना मेनका नांवाची अप्सरा तिका उबारून आपले बरोबर घेवन गेली.

खरें तर ती शकुंतला ते मेनकेचीच धूव आसली. विश्वामित्र ऋषी रानांत खर तप करतालो. देवांचो राजा इंद्र ताच्या तपान आपलें सिंहासन हालतलें ह्या भंयान ताणें विश्वामित्राचें तप भंग करपा खातीर आपले सगळ्यांत सोबीत अशे अप्सरेक थंय धाडली. आनी तिचे सोबितकायेक भुलून विश्वामित्र ऋषी तिच्या मोहांत आडकलो. ताचें तप मोडलें. ताचे पसून मेनकेक ही चली जाली. पूण मात्सो साबुद्दीर येतगीच विश्वामित्र त्या दोगांकय सोडून परत तप करूंक हिमालयांत गेलो. मेनकेकय देवांचे आज्ञे पसत चलयेक थंयच उडोवन सर्गांत वचचें पडलें. थंय रानांतल्या शेवण्या सुकण्यांनी ते कुकुले चलयेची राखण केली आनी कण्व ऋषीन तिका थंय पळोवन, तिची काकूट दिसून आपल्या आश्रमांत व्हरून तिचें बरे तरेन संगोपन केलें. शेवण्यांमदीं मेळिल्ली म्हणून तिचें नांव शकुंतला अशें दवरिल्लें.

तर आपले धुवेचेर आयिल्लो वायट प्रसंग पळोवन मेनकेन तिका आपले बरोबर व्हेली. दीस भरतगीच शकुंतला बाळंत जावन तिका एक सोबीत गुटगुटीत चलो जालो. हेकडेन दुष्यंताच्या राज्यांत कितें घडलें तें पळयात. एका नुस्तेकाराक एक व्हडलें नुस्तें मेळ्ळें. ताणें तें राजाक साग्वाद म्हणून दिलें. थंय रांदप्याक तें निवळ उजरायतना ताच्या पोटांत एक मुदी मेळ्ळी. ती राजमुद्रा म्हणून ताणें राजाक व्हरून दिली आनी ती पळेतांखिणीं दुर्वास ऋषीच्या उ:शापान दुष्यंत राजाक सगळी सगळी फाटली घडिल्ली घडणूक याद जाली. ताका भयंकर पश्चाताप जालो. शकुंतलेचे यादीन तो सामको पिसावलो. शकुंतला, शकुंतला करीत तिजो सोद घेत रानावनांनी भोवंक लागलो. ताच्या बऱ्या नशिबान जंय शकुंतला रावताली त्या वाठारांत तो पावलो. थंय पळेत जाल्यार एक ल्हान भुरगो शिंवाक आड घालून ताचेकडेन खेळटा. तें पळोवन ताका मोठें अजप जालें. शिंवाच्या तोंडांत हात घालून तो भुरगो ताचे दांत मेजतालो. राजान ताका आवय बापायचें नांव विचारलें. भुरग्यान आवयचें नांव शकुंतला आनी बापायचें नांव दुष्यंत म्हणून सांगनाफुडें राजाची खात्री पटली की हो आपलोच पूत म्हणून. थंय दुष्यंत शकुंतलेची पर्थून भेट जाली. आपल्या त्या शूर-वीर पुताक पळोवन ताका मोठी खोस भोगली. ताणें उमेदीन ताचें नांव भरत अशें दवरलें आनी मोठ्या थाटान वाजत गाजत तो दोगांकय घेवन राजधानींत आयलो.

खूब तेप बरे तरेन राज्य करून मागीर ताणें भरताक राज्यार बसयलो. ह्या भरत राजाच्या नांवांवेल्यानच आमच्या देशाक भारत अशें नांव पडलें अशें म्हणटात. भरत हो मोटो शूरवीर राजा आसलो. ताणें आपल्या राज्यकारबारान, कर्तव्यनिश्टेन आनी न्यायी वागण्यान प्रजेक भारी सूख दिलें आनी बरेतरेन आपल्या राज्याचो विस्तार करून तो एक व्हड चक्रवर्ती राजा म्हणून फामाद जालो.

(चलता...)

– जयमाला दणायत
मुंबय. मो. : ०९७५७११९३१७

झाडाचें दुख्ख

बाबुराव नांवाचो भाजीकार आशिल्लो. ताचो भाजयो विकपाचो वेपार आशिल्लो. सगळे गांवचे आनी गांवां भायले लोक ताची भाजी घेताले. अशें करून करून ताची भाजी खूब खपपाक लागली आनी ताका खूब पयशे मेळपाक लागले. ताका पयशांची आस जावंक लागली. आपणाल्या ह्या भाजये दुकानार कितेंय दवरल्यार खपता अशें ताका दिसपाक लागलें आनी तो आपल्या भाजये दुकानार हाडून कितेंय दवरपाक लागलो.

जर शेजारच्या माडार नाल्ल लागिल्ले आसत जाल्यार तो रातीकडें ते नाल्ल चोरून, सकाळ फुडें आपल्या दुकानार हाडून चड पयशांनी विकतालो. इतलेंच न्हय तर कोणागेर जरी अणसां जाल्यांत, पूण तीं अणसां पिकूंक नात तरीय तो रातचीं तीं चोरून आपल्या दुकानार हाडून विकतालो. इतली आस त्या बाबुराव नांवाच्या पसरकाराक जाल्ली. तो सगळ्या गांवच्या लोकांक फटोवन आपलो वेपार करतालो.

बाबुरावालें एक धाकटें घर आशिल्लें आनी ताच्या घराच्या दुर्गाक तेंकून एक आंब्याचें झाड आशिल्लें. त्या झाडाक भरपूर आंबे लागताले. केन्नाच त्या आंब्याक कीड मात लागनाशिल्ली. जर त्या झाडार एकतरी आंबो पिकत जाल्यार ताचो वास सगळ्या वाठाराक येतालो. इतलो तो आंबो साम बरो आनी गोड आशिल्लो. त्या आंब्याच्या वासान सगव वाठाराच्या भुरग्यांक आनी जाण्ट्यांक तोंडाक उदक सुट्टा

बाबुरावाच्या शेजराक हेमंत नांवाचो तरणाटो भु रावतालो. हेमंत सकाळचो शाळेक वतालो आनी दनपार शाळेंतल्यान घरा येतालो. घरा येतासतना ताका वा बाबुरावाल्या दुर्गा देगेक आशिल्लो आंबो मेळटालो. प हेमंत मात केन्नाच फातर मारून आंबे पाडिनासलो. तो फव पडिल्ले आंबे खातालो. फातर मारतकच जे आंबे सकय पडून त्या आंब्याच्या झाडांतल्यान दीक पडटालो तें हेमंत पळोवंक जायनाशिल्लें. ते खातीर तो सकयल पडिल्ले अ खातालो.

अशें हें खूब दीस चलत आशिल्लें. एक दिसाची गज – हेमंत शाळेंतल्यान घरा येतासतना तो सदचे भशें बाबुरावाल्या आंब्याकडेन पावलो. थंय पळय जाल्यार किते जमनीर एकय आंबो ना. हेमंतान झाडार पळयल्यार किते झाडारय एकय आंबो ना. हेमंतान झाडाचे कुशींत पळय तेन्ना आंब्याचीं कितलींच पडिल्लीं पानां आनी बारीक तो ताका दिश्टी पडलीं. ताणें पळयलें की आंब्याच्या झाडांतल्य भरपूर दीक व्हांवता.

हेमंताक हें पळोवन खूब दुख्ख जालें आनी तो खूब रडपा लागलो. दुसरे दीस शाळेंतल्यान घरा येतना ताणें पळयलें व बाबुरावाले भाजये दुकानार आंब्यांची रास आसा आनी बाबुराव सामकीं बारीक, पिकूंक नाशिल्लीं तोरां आपले दुकानार हाडू विकपाक दवरल्यांत. ताका त्या सगळ्या आंब्यांक पळोव खूब वायट दिसलें.

ताणें आनी फाटीं रावनासतना तो सरळ बाबुरावाच्य म्हऱ्यांत गेलो आनी ताणें बाबुरावाच्या हाताक एक मोठ चिमटो काडलो. जसो चिमटो काडनाका बाबुरावान मारल बोवाळ. बोवाळान सगळे गांवचे लोक थंय जमले आन सगळे लोक हेमंताक प्रस्न करपाक लागले. 'तुवें बाबुरावा

चिमटो कित्याक काडलो?' हेमंतान तांकां रोखडीच जाप दिली आनी सांगलें की 'हे सगळे बाबुरावान आंबे हांगा विकूंक दवरल्यात ते आंबे अजून पिकूंक ना आनी ताणें आपल्याक पयशे मेळटले म्हणून झाडाचे तोडून हाडून हांगा विकपाक दवरल्यात. ताणें पयलें चितूंक जाय आशिल्लें, आपूण जेन्ना ते तन्ने आंबे काडटलों तेन्ना त्या आंब्याक कितलें दुख्ख जातलें तें! आतां हांवें ताका चिमटो काडलो तेन्ना ताका दुखलें. जेन्ना ताणें आंबे काडले तेन्ना त्या आंब्याक कितलें दुखलां काय?' असो हेमंतान त्या सगळ्या लोकांक प्रस्न केलो.

'धवें खरें पूण तें झाडाचें रगत. जेन्ना आमी ताका धपको मारतात तेन्ना ताका लागता. झाडाची जरी भास आमकां समजना आनी झाड कितें उलयता तें आमकां कळना तरी ताका भावना आसतात.' हेमंतान सांगलें.

'फकत आंब्याचें झाड न्हय तुवें हाचे पयलीं हांगा पिकूंक नाशिल्लीं अणसां दवरिल्लीं. जेन्ना त्या पिकनाशिल्ल्या अणसांक झाडापासून तोडलें तेन्ना त्या अणसाच्या झाडाक कितलें दुख्ख जालां आसतलें हें तूं जाणां?' हेमंतान बाबुरावाक पर्थून प्रस्न केलो.

बाबुरावाकडें हेमंताच्या प्रस्नाची एकय जाप नाशिल्ली. सगळ्या गांवच्या लोकां मुखार बाबुरावाक सामकी लज जाली आनी ताका आपूण खंय चुकतां तें कळपाक लागलें.

तो हेमंताकडेन चूक मागपाक लागलो. तेन्ना हेमंतान ताका सांगलें, 'तूं चूक म्हजे कडेन मागनाका. तूं चूक त्या झाडाकडेन माग.'

बाबुराव त्या आंब्याच्या झाडाकडेन वचून चूक मागूंक लागलो आनी ताणें सोपूत घेवन सांगलें की 'आपूण आयच्यान खंयच्याच झाडाक दुखोवंचो ना आनी कोणा कडेन फटींगपणां करचो ना.'

■

– श्रीपाद (मंथन) अजित प्रभू देसाय
तिळामळ, केपें-गोंय.
मो. : ९६०४४२५२८४



फुला फुला तूं

फुला फुला तूं
खंयच्यान येता?
देवाचें आंगलें
कोण तुका दिता?

मातयेंतल्यान हांव
ताळयेर जल्मतां
ताळयेर पर्मळून
मातयेंत न्हिदतां

घोड्यार बसून बाबू

घोड्यार बसून बाबू
गेलो पणजे
उदकांत थंय रातचे
देखले कारंजे

मांडवीच्या उदकांत
हुबते केसिनो
बाबू नेटान लागलो
वाजोवंक कोरनो

– प्रकाश पाडगांवकार
पर्वरी – गोंय. मो. : ९४२३०६०३८४

रेड क्रॉस

एक मानवहीत वादी, सेवाभावी आनी स्वयं सेवी अशी आंतरराष्ट्रीय वैजकी संस्था. सुरवेक झुजांत जखमी जाल्ल्या वा पिडेस्त सैनिकांचीच सेवा करप हो हे संस्थेचो मूळ उद्देश आशिल्लो. उपरांत मानवी हाल अपेश्टा, कश्ट, त्रास टाळप वा ते उणे करपाचो यत्न करप, तेचपरी सैमीक वा मानव निर्मीत अरिश्टां पयस करप, पिडेस्तांक आदार दिवप, तांची सेवा करप हीं कामां संस्था करूंक लागली.

झां आंरी द्युना (१८२८-१९१०) हाका रेडक्रॉस चळवळिचो जनक मानतात. पूण ते आदीं १५८६ वर्सा रोमाच्या सेंट पिटर्स इगर्जेंतल्या कांय धर्मगुरूंनीं, जखमी जाल्ल्यांची सेवा करपा खातीर एक संस्था स्थापन केल्ली. त्याच सुमाराक फ्रांसाचो सत्ताधीश, चवथो लुई आनी फ्लॉरेन्स नाइटिंगेल (१८२०-१९१०) हाणीं झुजांतल्या जखमी सैनिकांची सेवा करपाचे असंघटीत यत्न केल्ले.

१८६३ वर्सा जखमी सैनिकांच्या आदारा खातीर भौशीक कल्याणकारी संस्थेचे पांच स्वीस नागरीक द्युनां, ल्वी, आपप्या, ग्युस्ताव्ह मोइन्ये आनी तेओ दॉर मून्ये हांची जिनीव्हांत आंतरराष्ट्रीय समितीची बसका भरली. हाकाच १८८०त रेड क्रॉसाची आंतरराष्ट्रीय समिती हें नांव दिलें.

हे समितीन २६ ते २९ ऑक्टोबर दिसा जिनीव्हांत बसका घेतली. हातूंत चवदा देश आनी जायत्यो धर्मादाय संस्था हांचे प्रतिनिधी हजर आशिल्ले. हे बसकेंत रेड क्रॉसाचीं मूलभूत तत्वां आनी बोधचिन्न निश्चीत केलें. ८ ते २२ ऑगस्ट १८६४ मदीं जिनीव्हांत एके राजकी परिशदेंत जिनीव्हा झूज संकेत निश्चीत केले.

ते प्रमाण जिनीव्हा कबलातीचेर निशाणी करपी देशांचेर झुजांत जखमी जाल्ल्या दोनूय वटांतल्या सैनिकांची जतनाय तटस्थपणान करपाची जबाबदारी घाली. हे कबलातीक *मदर कन्व्हेंशन* म्हणटात.

फुडें त्या त्या वेळार ह्या संकेतांत सुदारणा करून तातूं फेरमांडणी केली. अशे तरेन १९०७ वर्सा दर्या झुजांतल्य सैनिकांचो, १९२९ वर्सा जखमी झुजबंद्यांक आनी १२ ऑगस्ट १९४९ दिसा बिगर लश्करी वा असैनिकी नागरिकांचो आसपा केलो.

संस्थेचीं मूलभूत तत्वां :- मानवतेच्या तत्वांक स्मरून मानसीक दुख्ख उणें करप आनी एकामेकां मदीं सहकाराची भावना चालीक लावप.

निपक्षपातीपण :- देश, वंश, धर्म, श्रध्दा वर्ग, लिंग जात वा राजकी मतप्रणाली हातूंत भेदभाव करप ना.

तटस्थताय :- खंयच्याय राजकी, वांशिक, धर्मीक वादांत पडप ना.

स्वातंत्र्य :- स्वायत्तताय अबादीत दवरप जाका लागून त्या त्या देशांतल्या कायद्याचे शिमेंत रावन रेड क्रॉसाच्या तत्वांचेर काम करप शक्य जाता.

एकताय :- एका देशांत एकूच रेड क्रॉस संस्था.

सर्वव्यापी स्वरूप :- ही संवसारव्यापी संघटणा आसून तिचे भितर सगळ्या समाजाक समान दर्जो आसता.

बोधचिन्न :- धवेफुल्ल फाटभुयेंचेर अदीक चिन्नावरी तांबडी फुली हें हे संघटणेचें बोधचिन्न आसून ताचेवयल्यान संघटणेक रेड क्रॉस हें नांव पडलें. द्युना हो स्वित्झर्लंडाचो नागरीक आशिल्ल्यान, त्या देशाच्या मानाक तांबडे फाटभुंये वयली धवी फुली आशिल्ल्या राष्ट्रध्वजा वयल्या रंगाची अदला बदल करून हें चिन्न तयार केलां. इस्लामी राष्ट्रांनी तांबडे फुली जाग्यार धवे फाटभुंयेचेर चंद्रकोर (रेड क्रॉसँट), इराणांत तांबडो सूर्य आनी शींव आनी इज्राएलांत तांबडें डेव्हिडाचें नखेत्र असो ह्या बोधचिन्नांत बदल केल्लो आसा.

(चलता...)

– रजनी भेंब्रे
मुरेल, कुडचडें – गोंय.

मदर्स डे

हॅपी मदर्स डे मम्मा
आज तुजी मजाच मजा
आज तुवें रांदप ना
घरांतलीं कामां करप ना
टिव्ही पळयत भितर बस
ना जाल्यार वाचीत बस
बटाटाची भाजी हुनहुनीत पुरी
हाडून दितलों तुजेसरीं
जाय जाल्यार नुडल्स करतां
नाका जाल्यार पास्ता आसा
फोन केल्यार पिझा येतलो
एक्स्ट्रा चीज घालून दितलो
आज तुका सुटी दितां
सगळीं कामां हांवूच करतां

– हर्षा शेटये
कृष्णप्रेम, अंबाजी, फातोड्डें.
मो. : ९८५०५३०१५२



उतरांची सर्कस

'त' तोपयो घालीत
काडीत सुटिल्लो
'उ' उडक्यो मारीत
हांगा थंय धांवतालो

'श'चो शींव गुरगुरतालो
पिंजऱ्यांतलो भायर सरलो
'र' चो रींगमास्टर
ताका धरून मारतालो

'च' चिक्र पिरी
एकार एक दाळटालो
'क' चें कुलेर उडोवन
लोकांक अजाप करतालो

'च'चो जोकरवालो
हांसत खेळत नाचतालो
भुरगीं बाळां खोशी जावन
म्हणऽ सर्कस जाय सर्कस जाय

– भिकाजी घाणेकार
लिडिया गार्डन, सांत इनेज,
फोन : २९०४२६२

- विन्सी क्वाद्रुस

पोदेर

पास्कालान सायकलीचीं पेदालां मारलीं आनी एके व्हड ताळणेंतल्या भायर सरलो. आज ताका दुदशिरी सोरो लेगीत नाका जालो. आज पयले फावट एके अस्तुरेक तो इतलो तेंकून गेल्लो. एक अस्तुरेन आपलीं भोव मोव हड्डीं ताच्या हाताक घाशिल्लीं. २७-२८ वर्सांचे पिरायेर पासून ताणें अस्तुरेक केन्ना भोगाची वस्त करुंक नासली. पात्रांवाल्या येघा व्हडल्या चेडवाक तो सदांच भयणी भशेन पळेतालो, सभ्यपणान वागतालो.

खोर्नाचो पात्रांव पिंटोन दाळाक मारिल्ल्या साकां वयलो पिठाचो एक साक ओडलो आनी 'घस्स' करून सकल उडयलो. पिठाचो धुल्ल कसो जालो. पिंटोची घरकान्न क्लाराकडेन तो सोसूंक जालो ना.

''सदांच सांगलां साक मात्शे सवका देंवय म्हण. पूण म्हजें कोण आयकता? पिठाची नाशाडी जाताच, ताचे बराबर घरभर तें पीठ पातळटा. हें उडयतल्याक समजल्यार न्ही?'' तिणें आपलें ओरासांव गायलें. ती पीठ मळपाच्या मशीनाचो बॅल्ट नितळ करताली.

''काम करता ताका कळटा. भेंडाक तुवालो बांदून उलोवंक कितें जालां?'' पिंटोय ओगी रावलो ना. ''मानांय सांजेच्या पाट्याक गेल्यात. कोण करतलो? ते येतले आनी जेवणाक उबे जातले. सकाळीं म्हाकाच पडटलें न्हय तें? म्हण आतांच मांडावळ करून दवरतां.'' साक सोडयत तो बडबडलो.

अशे तरेन घोव-बायले मदीं जायते फावटी वाद जाताले पूण ते, मानांय नांत तेन्नाच. मानांय आसतना कोणाचें चुकलें जाल्यार लेगीत तीं बडबडनासलीं. एक भशेन आपलो गूट आपणा कडेन. खरें म्हणल्यार तशेंच आसूंक जाय न्हय तें? रातीकडेन कितें एकामेकांक फाट करून न्हिदतलीं? असल्या विचारांनी ताणीं एक भशेन आपणाकूच समजावन दवरिल्लीं.

''पात्रांव'' पाट्याची सायकल वण्टीक तेंकयत पास्कालान भायरूच रावून उलो मारलो.

''आज बरोच उशीर केलो मरे येवंक पिंटोन सहज विचारलें.

''खंय रे, आठ जातात थंय आसात पास्कालान सांगलें.

हरशीं तो सातां पयलीं खोर्नांत पावताले

''बरें आज रिपोर्ट कितलो जाला?''

''एक हजार सातशीं सत्तर रुपया आयल्य बॉल्सांत. तुजें सदांच्या गिरायकाचे ६००-७ तरी जातले. आनीक थोडे पांव उरल्य पाट्यांत.'' भितर सरतना पास्कालान बॉल्सांत पयशे मेजून, ते पिंटोच्या हातांत घाले. ता तातुंतले दोनशीं रुपया पास्कालाक दिले.

''खुशाल मरे?'' पिंटोन विचारलें. जोडी सुमार १०% तांकां दिवप हें थारिल्लेंच आसतें त्या शिवाय म्हयन्याचो पगार.

''पात्रांव, एक सांगूं?'' कडेक आशिल्ल कदेलार बसत पास्काल उलयलो. ''सांगपा धीर जायना पूण सांगल्या शिवाय म्हाका सुशे ना.''

''कितें जालें पास्काल? असो तूं केन्ना उमाण्यांनी उलयनासलो'' पिंटोन म्हणलें.

''पात्रांव...'' पास्कालान एक नद क्लाराचेर घाली आनी परत मदींच थांबलो.

''म्हाका पळेवन उलोवपाचो कित्याक बं जालो रे? आज तूं चड सोरो पियेवन आयल कितें रे पास्काल?'' क्लारान ताची अवस्थ वळखून विचारलें.

''हय आंटी कितले दीस जाले तुमकां सांगूं सोदतालों. देखून आज इल्लें चडूच मारू आयलां हांव.''

''मागीर सांग मरे कितें जालां तें.'' पिंटो मात्सो बेजार जालो.

"पात्रांव. तूं तुज्या चेडवाक हे वटेन खोर्नांत हाडी नाका." पास्कालान सरळ सांगलें. पिंटो आनी क्लारा ताकाच पळेवंक उरलीं.

"हें तूं कितें उलयता पास्काल? म्हज्या धंद्याच्या लुगारार म्हजी धूव भितर सरची ना? पिसो जाला रे?" पिंटोन तिडक उगतायली.

"पळे पात्रांव, हांव हांगा कामाक आसल्यार धा वर्सां तरी जालीं. हांव आयल्लों तेन्ना तें इल्लेंशें बारकेलें पील कशें आसलें. आतां तें वाडलां. पळेवंकूय बरें दिसता..." पास्काल उलयतां उलयतां पर्थून थांबलो आनी असो तसो पळेवंक लागलो.

"पास्काल, तूं हाता भायर वता. म्हजे धुवेचेर वांकडी नदर दवरून आसा कितें रे?" क्लारान ताचे फुड्यांत येवन विचारलें.

"पांव भाजतात तसो खोर्नांत घालून भाजतलों पास्काल तुंवें अशें तशें कितेंय पावल मारलें जाल्यार." पिंटोन दोळे मोटे करून सांगलें.

"पात्रांव, हांव गोंयचो न्हय, जाल्यार कितें जालें? पूण हांवूय क्रिस्तांव. म्हाका सगळी दोतोर्न कळटा. देवाचे सोमुर्तीचो णव्वो उपदेस सांगता, 'आवंड्यांनीं आनी चिंतनांनी निर्मळपण सांबाळचें!' हें जाणा आसतना तुज्या चेडवाचेर म्हज्यान वांकडी नदर कशी घालूंक जाता? तें म्हजी भयण कशी. म्हण सांगतां, ताका ह्या मुखार खोर्नांत हाडिनाका. हांगाचे सगळे मनीस सारके नांत." पास्कालान शिटकावणी दिली.

"तूं उमाण्यांनी कित्याक उलयता?" पिंटोन विचारलें.

"बरें, आतां सारकें इस्कुटावन सांगतां. तुजो तो मानाय लक्ष्मण बरो न्ही. पयर आनीक... तें हे वटेन बटर व्हरपाक आयलें तेन्ना, बेशटोच ताच्या फाटल्यान घुंवपाक लागलो. आपूण म्हण हें काडटा, तें काडटा, ताच्या हाताकूच धरलें. हें म्हाका सारकेंच बरें लागूंक ना." पास्कालान नापसंती उगतायली.

"ओह! तूं लक्ष्मणाची गजाल सांगता? जालें तुजें सांगून?"

"हय. तुमकां आयकुपाक नाका जाल्यार हांव कितें करूं?" पास्काल उठलो आनी गेलो.

रातीकडें पास्कालाक कशीच न्हीद पडना जाली. दोन गजालीं खातीर तो अस्त-व्यस्त जाल्लो. पयलीं ताणें आपल्या सहकाऱ्यांविशीं पात्रांवाकडेन कागाळ केल्ली आनी ते कागाळिची पात्रांवान दखल लेगीत घेतली ना. आनी दुसरी, पात्रांवाचें चेडूं वयार येता हाची जाणीव ताणेंच करून दिल्ली. खूब दीस जाले हेंच सांगूंक ताच्या मनांत घोळटालें पूण पात्रांवान ताची विटंबना केल्ली. शाबासकी दिवपा बदला कमीपण दिल्लें.

मन जड आसलें तरी तो पात्रांवाची बेल आयकून जागो जालो आनी आपल्या सदांच्या कामाक लागलो. हेरूय मानाय आपापलें काम करताले. काल कितें जालें हें कोणाक खबर आसली जाल्यार पास्कालाक खबर नासली. पूण सगळे मोन्यांनी काम करताले. दोन फावटी पिंटो येवन गरज त्यो वस्तू दिवन गेल्लो.

पांव भाजून तयार जावपाक लागले. पास्कालान आपल्या वाट्याचे पांव घेतले आनी सायकलीवेल्या पाट्यांत घाले. पावसाचे दीस देखून पांट्याचेर घाल्ली कापोत एक फावट सारकी आसा जाल्यार तपासली.

"येतां आंटी." म्हणीत पास्काल सकाळच्या पांट्याक गेलो. तेन्ना म्हणल्यार फांत्यापार सुरू जाल्लो. ताका दुसऱ्या वाड्यार पांव विकूंक वचपाचें आसलें.

'पाँक, पाँक, पाँक' करीत पास्काल सायकलीचीं पेदालां मारीत वचूंक लागलो.

कोण 'पोदेर...' कोण 'राव रे...' म्हणून पांव व्हरूंक येताले. जाल्यार थोडे आदींच रस्त्यार येवन रावताले. ते वटेन फक्त पास्काल सकाळ-फुडें पांव घेवन वतालो. ताचे फाटल्यान पोदेर येतालो तो सात वरांचेर. देखून बेगीन कामाक वचूंक जाय वा हेर कामां करूंक जाय जाल्यार पास्काल बऱ्याक पडटालो. ताच्या पांवांविशीं कोणाचीच कागाळ नासताली. कित्याक ते पांव आधुनीक खोर्नांतल्यान तयार जावन येताले. पास्काल जुस्त जाणां आसलो आपलें गिरायक खंय खंय आसा तें.

'पाँक, पाँक' करीत पास्काल वळणाचेर पावलो. तेन्ना म्हणल्यार स वरां जाल्लीं. पूण आजून उजवाडूंक नासलें.

सदांपरीं तेरेज पास्कालाची वाट पळयत रस्त्यार आसलें. ताका पळेवन पास्काल थांबलो. सायकलीचें वजन आपल्या आंगार घेत कापोत उगडली. पांट्यातले चार पांव काडले आनी तेरेझाच्या हातांत घाले. दुसऱ्या हातान तेरेझीन्यान पयशे दिले आनी तें वळटांच एका फातराचेर निसटलें आनी लवंडलें.

पास्कालान बेगी-बेगीन सायकल स्टॅण्डार काडली आनी तेरेझाक आदार दिलो. तें आपलो पांय कुंटीत घराचे वाटेक लागलें.

"चड मार लागला गो?" पास्कालान सायकलीचेर ताबो घेयत विचारलें. तेरेझान जाप दिली ना. तें मोन्यांनीं वचत रावलें.

'पाँक, पाँक' करीत पास्काल मुखावयलें गिरायक करीत गेलो.

सुमार तीन हजार रुपयांचे लांब पांव, कात्र्यां पांव, पोळयो, सदांचे पांव खपोवन परततना पास्काल सांतू आंटीच्या तावेर्नांत भितर सरलो. साडे-धा वरां जाल्लीं.

"घाल गो पावभर दुदशिरी" ताणें सांतू आंटीक सांगलें.

"आज लेट जालो सो?" पावभर घालतना सांतू आंटीन ताका विचारलें. हरशीं तो धा जावचे पयलीं पावतालो. केन्नाय ताचे आदीं. असल्या गिरायकांक लागून सांतू आपलें तावेर्न बेगीनूच उगतें करून बसताली. पोदेर, नुस्तेकार, बेकार आसात ते बेगीनूच कोपाक येताले.

कांय खिणांमदीं सोडा घाल्लो पावभर दुदशिरी पास्कालान काबार केलो आनी पयशे दिवन भायर सरलो. हेरां भशेन चकाटां मारीत बसपाची ताका संवय नासली.

खोर्नांत पावता म्हणल्यार एकलोय मानांय थंय नासलो. "कितें जालां काय?" ताणें स्वताकूच प्रस्न केलो.

"पास्काल, आज वेळ कित्याक जालो? आज आमच्या बायेचो बर्थडे म्हण तुका खबर ना? चल बेगीन, सगळे हॉलांत गेल्यात. तूंय वच, कितेंय हात-बोट घालूंक उपकारतलो. हांव येतां रोकडेंच." क्लारान ताका सांगलें.

इतलो वेळ पास्कालाच्या लक्षांतूच नासलें. तो आपल्या कामाचे धुंदींतूच आसलो. ताणें बेगी-बेगीन आपलो रिपोर्ट दिलो आनी दुसरे कपडे घालून भायर सरलो. ताणें सायकलीचें पांटें सोडयलें आनी गेलो.

गांवचें हॉल पास्कालाच्या पांट्याच्या वाटेरूच आसलें. तेरेझाच्या घराकडें पावतांच ताचो सांगाती मानाय तेरेझाच्या घरा कडल्यान वयर सरता तो ताणें पळेलो. ''हो आनीक हे वाटेन खंय तर?'' ताणें मनांतूच म्हणलें आनी मुखार गेलो. ''हांगाय बी भानगड ना मरे हाची?'' पास्कालाक वोगीच प्रश्न पडलो.

बर्थडे तसो खास नासलो. पावसाच्या दिसांनीं घराकडेन भायर भितर सरूंक जागो पावना म्हण बर्थडे हॉलांत केल्लो. घरचीं आनी थोडो गांवचो लोक आसलो. बर्थडे जावन लोक वचपाक लागड पासून पास्काल कांयच पियेलो ना. हेर मानाय एकठांय बसून पियेताले.

''कांय घेवंक ना मरे तुवें पास्काल?'' पिंटोनूच ताका विचारलें.

''पास्काल, म्हजे बर्थडेच्या नांवान एक ग्लास मारूच तूं.''

सोबीत-सुंदर बावलें कशें न्हेशिल्ल्या बर्थडे-गर्लान ताका फोर्सान बियराचो ग्लास पियेवंक लायलो.

''चड मारशी, सांजेर पांट्याक वचूंक जाय. मागीर रातीकडे जेवताना बरेंच मारूया आज.'' पिंटोन ताका आश्वासन दिलें आनी गेलो. पास्कालान आनीक दोन ग्लास मारले आनी जेवपाक बसलो. कोणाचें कितें आसल्यारूच तो बीयर मारतालो. ना जाल्यार ताचें सदांचें, पावटीक एक सोडा घालून पावभर दुदशिरी मारून वाटेक लागतालो.

ताची नदर लक्ष्मणाक सोदताली. लोक वचून काबार जायत आयले तरी तो आयलोच ना.

रातीं सगल्यांनी बसून बरेंच शेकयलें. देखून पांट्याक वचूंक आळसाण येवंक लागली. पिंटोन पयलींच सांगिल्लें, ''सकाळीं पांट्याक वचूंक त्रास जातलो इतलें पियेनाकात म्हण.'' दुसरें म्हणल्यार इतलो सगलो लोक तांच्या भरवंशार रावता, तांकां उपाशीं उडोवपाचे?

'पाँक, पाँक, पाँक' करीत पास्काल पांटें बांदून सायकल घेवन भायर सरलो. पावस शिरशिरूंक लागिल्लो. ताणें रेनकोट घालो.

पांट्याची कापोत सारकी केली आनी वचूंक लागलो.

तेरेझा पांवांक रावतालें.

''आमच्या खोनांतलो लक्ष्मण तुमगेर आयिल्लो कितें गो?'' सदांवरीं पांट्यांतल्यान चार पांव काडटना पास्कालान सहज विचारलें. पावस थांबिल्लो.

''तुका कित्याक जाय तें?'' तेरेझा गडबडलें. कितें तरी आसा म्हण पास्कालाक खात्री जाली.

''तो रत्नागिरीचो. हांव ताका सारको वळखतां. तो काजारी आनी ताका दोग जाण भुरगीं आसात. सांबाळून तेरेज. त्रासांत पडशी आनी मागीर रडशी.'' पास्कालान ताका सल्लो दिलो. पूण तो सल्लो खूब उसरां जाल्लो. त्या आदींच सगळें जावन गेल्लें. तेरेझान आपलें सगलें लक्ष्मणाक दिल्लें आनी तें ताचे पासून गुरवार आसलें.

पास्कालान आपलें पांटें धांपलें आनी वचूंक करी, इतल्यान तेरेझान सवकास सांगलें.

''हें म्हाका आदीं खबर नासलें. पूण काल जेन्ना हांवें ताका म्हजेकडें काजार जा म्हण सांगलें, तेन्ना तो तयार ना जालो आनी कितें कितें उलोवंक लागलो. आतां हांव ताचे पासून गुरवार आसां, कितें करूं?'' तेरेझान आपली व्यथा सांगली. पास्कालान कपालार हात मारलो.

''तेरेझ, तुका एकूच सांगतां. तरनाटें भुरगें तूं. ही खबर गांवार कळत जाल्यार खुबूच वायट जातलें आनी लक्ष्मण तुज्या हाताक कसोच मेळचो ना. घडये आजच्यान तुका तो वळखुचोच ना. देखून ताचेकडें हुज्जत घालचे परस 'ॲबोर्श केल्यार चड बरें. कित्याक तो धा बांयचें उद पियेल्लो मनीस. तो कोणाक आयकना. तु रेस्पेत सांबाळूंक होच उपाय.'' पास्कालान ए शाण्या मनशाचो ताका उपाय सांगलो.

तेरेझ रडत आपल्या घरा गेलें.

'पाँक पाँक पाँक' करीत पास्काल पां विकीत गेलो. पूण सगळो वेळ ताचे नदरे मुख तेरेझ आसलें. लायटी उजवाडाच्या मंद उजवाडा तें ताचेकडें उलयतालें खरें पूण ताच्यो भावन ताका जाणवताल्यो. ताचें मन ताका समजता आनी निमाणें वतना ताणें दिल्लो हुंदको ताच्य काळजाक पीळ घालून गेल्लो.

धा-एक मानांय पिंटोच्या खोनांत का करताले. रातचें सगळ्यांक बराबर जेवण तया आसतालें. पूण एक बराबर कोण जेविनासले आपणाक जाय तेन्ना जेवप आनी जाय तेन्न न्हिदप हें सदांचेंच आसलें. सकाळीं उठप मा वेळार आसलें. चार वरांचेर क्लारा बेल मारतालें साडेचार म्हणल्यार सगळ्यांनी आपल्यो गरजे करून खोनांत येवंक जाय आसलें. प्रत्येकाक काम वांटून दिल्लें. कमान क्लाराकडेन आसली. मुळावी सुरवात ती करताली. थोडें काम रातींच करून दवरिल्लें आसतालें. पांव भाजप सारकें यांत्रीकी पद्धतीचेर. हात लावन कोणाक काम करचें पडनासलें. पीठ मळपाक मशिनांत घालें म्हण्टच तें आपोआप खोनांत वतालें आनी पन्नास ग्रामाचे पांव भाजून येताले. देखून पांव तयार

जातात तशे पांटें घेवन वचूंक सगळ्यांक वेळ थारावन दवरिल्लो. हेर पांव दुसऱ्या मशीनांत भाजताले. जो मनीस पयस वता ताचें पांटें पयलें भरतालें, मागीर हेर. पास्काल मदीं सो पडटालो. लक्ष्मण कामाकडे एकदम हुशार आसलो. देखून पात्रांव ताका चड कितें म्हणूंक वचनासलो. आनीक पास्काल कॉप मास्तर.

सकाळच्या पांट्याक वचून येतना सांतूच्या तावेर्नांत पावभर मारल्या उपरांत जेवणा वेळार शेजराकूच आशिल्ल्या तावेर्नांत तो अर्दो पाव मारून जेवणाक बसतालो. वर-दोन वरां न्हिदून जातच सांजेच्या पांट्याची तयारी आनी मागीर रातीकडें गरजे पुरतें.

तिसऱ्या दिसाक तेरेझ पास्कालाक दिसलें.

''नांच मुगो दोन दीस?'' पास्कालान पाव दीत ताचीं फकांडां केलीं.

''तुवें सांगिल्लो तोच उपाय केलो हांवें.'' तेरेझान मान पोंदाक घालून जाप दिली.

''बरें केलें. आतां पर्थून असल्या पातकांत पडूं नाका.''

''तुका चड आनी चड देव बरें करूं.'' तेरेझान ताचे उपकार मानले.

फिवणी घालीत पास्काल मुखावेलें गिरायक करूंक गेलो. आज ताका समाधान जाल्लें. तेरेझ जर आंकवारपणी एका भुरग्याची आवय जाल्लें जाल्यार ताका कोण लागीं करतलो आसलो? ताची आवय भायल्या देसांत पयशे करता आनी बापूय हांगा सोरो पियेता. सांतूल्या तावेर्नांत तांची केन्नाय भेट जाता. तावेर्नांत येवपी बेबदे ताचीं फकाणां मारताले. धुवेक आपणा लागीं काजार करता काय म्हण! पूण ताका आपले धुवेविशीं व्हड अपेक्षा आसल्यो. जर तर ही खबर ताका कळिल्ली जाल्यार ताचें कितें जातलें आसलें? देवानूच निवारलें म्हणपाचें हें सगळें. दुसरे फावटी तो मेळटा तेन्ना तेरेझाच्या काजाराविशीं विचारतलोंच म्हण ताणें थारायलें.

हे गजालीक सात-आठ दीस जाल्ले.

''राव रे पास्काल.'' धांवत येत तेरेझान म्हणलें. ताका आज पांव घेवंक येवंक उशीर जाल्लो. ''आज कितें गो तेरेझ, नायटीच घालून आयलां अशें. आतांच उटलां कितें गो?'' पास्कालान तेरेझाचेर वयर सकल नदर मारीत विचारलें.

''हय. रातीं न्हिदूच पडूंक ना.''

''तशेंच जाता तें, तुमी आतांचीं चेडवां सारकीं पिडयार जाल्यांत.'' पांट्यांतले पांव काडीत पास्कालान म्हणलें.

तेरेझ हरशीं सदांच सायकलीचे दुसरे वटेन रावून पांव घेतालें. तें आज सायकलीचे हे वटेन म्हणल्यार पास्काला वटेन पांव घेवंक आयलें. म्हण पास्कालाक वळचो पडलो. ताणें पांव दिवंक हात मुखार केलो. तेरेझान पांवां सयत ताच्या हाताक धरलो आनी ताचो हात आपल्या हड्ड्या कडें व्हेलो. जिळमिळोच उजवाड, फुडयांत कोण ना. तेरेझाचीं मोंव मोंव हड्ड्यांनी पास्कालाक शॉक दिलो.

''पांव विकून जातच आमगेर यो रे पास्काल. पाय आसचो ना घराकडेन.'' तेरेझान सांगलें.

पास्कालान व्हवूच आपलो हात फाटीं काडलो. तेरेझ कितें सांगूंक सोदता तें ताका समजलें.

''तेरेझ, देवान मनशाक जिवीत दिलां आनी तें जिवीत खुशाल मुखार व्हरूंक शिकवणूय दिल्या.''

''पूण हांव कितें करूं? म्हजें काळीज रडटा आनी मोगाक आशेता. त्या नश्ट्यान म्हाका मोगाच्या पातकांत घालें आनी आतां... म्हजें मन सांवरना..''

''धीर घे आनी ताळणी येता तेन्ना देवाचें नांव घे.''

पास्कालान सायकलीचीं पेदालां मारलीं आनी एके व्हड ताळणेंतल्यान भायर सरलो. आज ताका दुदशिरी सोरो लेगीत नाका जालो. आज पयलेच फावट एके अस्तुरेक तो इतलो तेंकून गेल्लो. एक अस्तुरेन आपलीं मोव-मोव हड्डीं ताच्या हाताक घाशिल्लीं. २७-२८ वर्सांचे पिरायेर पावून ताणें अस्तुरेक केन्ना भोगाची वस्त करूंक नासली. पात्रांवाल्या येद्या व्हडल्या चेडवाक तो सदांच भयणी भशेन पळेतालो, सभ्यपणान वागतालो. आज तेरेझान ताच्या अंतरमनाक पीळ घाल्लो. जिवाक बरें दिसना म्हण आज पांट्याक लेगीत गेलो ना.

''आज कितें रे पास्काल, कॉप चड जालें?'' रातीकडें लक्ष्मणान ताका विचारलें. ताणें ताचेर तिरस्कारी नदर घाली. ह्याच खिणाक ताचेर वाजोवं कशें जालें.

तेन्नाच पात्रावालें चेडूं कितें तरी व्हरूंक खोर्नांत आयलें.

''हें केन्ना तरी म्हाका मेळूंक जाय.'' लक्ष्मणान ताका पळेवन म्हणलें. आतां जाल्यार पास्कालाचें माथें फिरलें.

''दळिद्रया! त्या तेरेझाक गुरवार केलें. आनीक कितल्या जाणांक फटयल्यांत? बायल-भुरगीं आसतना असलीं कर्मां करता पाड पडिल्ल्या? आतां पात्रांवाल्या चेडवाक बळी करूंक सोदता? गांवभर तुजी खबर सांगतां हांव.'' पास्कल फाटलो फुडलो विचार करिनासतना तोंडाक येता तें उलयत रावलो.

''हें!'' लक्ष्मणान ताच्या गळ्याक धरलो. ''हांगाच कातरून उडयतलों.''

बोवाळ आयकून क्लारा आनी पिंटो थंय आयलीं. सगळे मानांय एक वटेन रावून हें सगळें पळेताले. पास्कालान कडेक आशिल्लो दांडो काडलो आनी लक्ष्मणाचे फाटीर घालो.

''पात्रांव, तुका हांवें हाचेविशीं कितलें फावट सांगिल्लें, तुवें ताका मातोवन दवरलो. कोण जाणां गांवच्या कितल्या बायलांक ताणें इबाडल्यांत. आतां तो तुज्याच चेडवाक इबाडूंक सोदता. घे आनी राव ताका. हांव चल्लों म्हज्या गांवांत.''

पास्काल भायर वचूंक लागलो. क्लारान ताका आडायलो.

''तूं कित्याक वतलो? जाका वचूंक जाय तोच वतलो.'' क्लारान सांगलें आनी मोबायला वेल्यान १०० आंकडो मारून पुलिसांक आपयलें. लक्ष्मण धावूंक करी, सगळ्या मानायांनी ताका आडावन धरलो. थोडया वेळान पुलीस आयले आनी लक्ष्मणाक घेवन गेले.

पिंटोन पास्कालाक आपले वेंगेंत घेतलो आनी ताच्या कपालाचो उमो घेतलो.

■

– विन्सी क्वाद्रस
आर्लेम राय, सालसेत-गोंय.
मो. : ९८२२५८७४९८

तेफळां

सुंदर अशें नाटक बरयिल्ले स्वातीर कृमबाबांची तोस्वणाय करत तितली थोडीच, तरीपसून साईशबाब देशपांडे हांणीं सादरिकरणाची बाजू उत्कृष्टरित्या सांबाळिल्ल्यान नाटकाचें मोल दुपेटीन वाडलां हातूंत दुबाव ना. ह्या नाटकांत वांटो घेवपी नामनेचे नट रघुनाथबाब साकोड्डेकार, रश्मीबाय नायक, गुरुनाथबाब बोरकार, विंदाबाय सरदेसाय आनी मंजुषाबाय सुखठणकार ह्या सगळ्यांनी आपापली भुमिका बरी ताकदीन जिती जिवी तटतीत केल्या.

- रुपा कोसं

'शुभमंगल' एक आस्वाद

'एक तारकेर म्हादय चॅनलाचेर हांवें बरयिल्लें नभोनाट्य सकाळचें धांक प्रसारीत जातलें, मुजरत आयकुपाचें? कृमबाबांची एसएमएस आयली. कृमबाब म्हळ्यार. कृ. म. सुखठणकार. गेल्लीं दोन-अडेच वर्सां सेगीत सुनापरान्त दिसाळ्याचेर 'चिमटे-धुमके' हें विनोदी सदर बरोवपी. आपल्या विनोदी बरपाचे एके आगळेच शैलीक लागून ताणीं आपलो स्वताचो एक असो वाचकवर्ग निर्माण करून तांचेर मोनेळ घाल्लो. तांच्या ह्या सदराची इतली म्हण सवंय जाल्ली की आतां चार-पांच म्हयने जाले हें तांचें सदर बंद जाल्ल्यान 'आयतार' उगडतगीर कितें तरी चुकिल्लेभशेन दिसता.

एसएमएस मेळटगीर पयलें काम केलें तें म्हळ्यार रेडिओ सोदून काडपाचें. आतां दूरदर्शनच्या जमान्यांत रेडिओकडेन दुर्लक्ष जावं, पूण पयलीं रेडिओ आयकप होच एक अवर्णनीय आनंद आसतालो. भूले-बिसरे गीत, बीनाका गीतमाला, आपली आवड सारकिल्ले कार्यक्रम न चुकतां आयकल्ल्यान बरीं बरीं पदां कानार सादतालीं. तशेंच व्हनीबायली वासरी, फोडणी-फोव, खळार-मळार, पडवेर हे रेडिओ वयले कार्यक्रम म्हळ्यार एक पर्वणीच आसताली. सगळीं भुरगीं आनी जाण्टीं रेडिओ मदीं दवरून जतनायेन आयकुपाक बसतालीं. कार्यक्रम चालू आसतना भुरग्यांनी मदीं बोवाळ बी घालो जाल्यार जाण्टेलीं दोळे मोटे करून पळयतालीं. कार्यक्रम सोंपलो म्हणटगीर ताचेर सुरबूस चर्चा आनी मागीर दुसऱ्या आयताराची प्रतिक्षा. काळाच्या ओघांत रेडिओ आयकप कमी कमी जायतच गेलें. ही नभोनाट्याची एसएमएस वाचून पयलींच्यो यादी जाग्यो जाल्यो आनी एक तारकेर पयलींचे वरींच आमी घरांतल्या सगळ्यांनी एकठांय येवन रेडिओ मदीं दवरून 'शुभमंगल' ह्या नभोनाट्याचो आस्वाद घेतलो.

नभोनाट्याचो विशय म्हळ्यार जगदीशबाब आनी आतीबाय हें वयस्क जोडपें कोणाच्या तरी लग्नाक वचून घरा येतात आनी त्या लग्नाच्या घडणुकांविशीं चर्चा करतात आनी आपल्याय लग्नाच्यो सुखदिण्यो (?) यादी ताज्यो करतात. हातूंत सगळीं मेळून पांच पात्रां, जगदीशबाब-आतीबाय, तांची वाडिल्ली लग्नाची धूव आनी शेजारी काशिनाथबाब आनी ताची घरकान्न पायणिकान्न. त्या लग्नाच्यो गजाली करतां करतां घोव-बायलेन एकामेकांचेर घेतिल्लें तोंडसूख, एकामेकांचीं काडिल्लीं कालाकिलां आनी समाजाची एकंदरीत मानसिकताय हाचो लेखकान आप मिश्कील शैलीन बरो परामर्स घेतला.

आतां लग्नांक वचप तें कित्याक न्हवऱ्या-व्हंकलेक परबीं भेटोवच्यो, तांकां तांच फुडल्या संवसारा खातीर आशिर्वाद दिवचे, तांच आनंदांत आपुणय वांटेकारी जावंचे हे खाती पूण एकेकदां हो उद्देश्य फाटीं पडटा आनी थ वचून हाचीं-ताचीं उणी-दुणी काड, कोणाच खबरी कर, कोणाचेर त्रोसां मार ह्या गजालींचे कांय जाणांचें लक्ष चड केंद्रीत जाल्लें दिसत ह्या वयल्या-वयल्यान बारीक-सारीक दिसप गजालींचेर लेखकान नकसूदपणान बोट दवरल

पयलींच्या तेंपार ल्हान आसतनाच भुरग्यांच लग्नां जातालीं. म्हणटगीर लग्नावेळा इल्ल्याशा व्हंकलाक बी व्हंकलेचो मामा हा घालचे वेळार सव्यार उबारून हाडटालो. आत चल्लां तें पळयल्यार? सगळोच पोरखेळ कसो न्हवऱ्याक आनी व्हंकलेक दोनुयवटेनचे चार-चार लोक हार घालतना जाता-नजो करू उखलून धरतात आनी दिस्त हार गळ्यांत पडचे वेळार वयर-सकयल करतात. तेवटेन मागी म्हूर्त पुसून टळल्यार जाता. 'ल्हान आसतन भुरगें रडटा जाल्यार कोण हात लायना, व्हंकल जातकच सगळे उबारूंक धांवतात' हें वाक्य आतीबायच्या तोंडांत घालून लेखकान बरो हांसत हांसत चिमटो काडला.

एकेक चित्रपटाचें अंधानुकरण करून न्हवऱ्याचे बूट लिपोवप, मागीर ताचेकडच्यान पयशे उखलप, तेवय थोडे न्ही तर धा हजार, पंचवीस हजार बी तशे. न्हवऱ्या-व्हंकलेक परबीं दिवपाक लोकांची लायन लागिल्ली आसतना साडी बदलपाच्या नांवाखाला व्हंकलेन लोकांचीं वरांचीं वरां पिड्ड्यार करप, लोकांचे कान फुटसर पिक्चरांतलीं पदां बेंडार वाजोवप हाचेरय लेखकान बेस बरी बडी मारल्या.

जेवणावळीचेंय तशेंच. लग्नांकारणांक आयिल्ल्या लोकां खातीर पंगती पडटाल्यो. अन्न हें पूर्णब्रह्म मानून श्लोकांनी जेवणावळीची सुरवात जाताली. आग्रो करकरून लोकांक वाडटाले. यजमान तशेंच आयिल्ले लोकूय तृप्त जाताले. आतांचे बुफे पध्दतीचेर त्रोसां मारतना लेखक जगदिशबाबाच्या लग्नावेळार ताणें 'वदनी कवळ घेता' ह्या श्लोकावाट्याचो 'या बालांनो यारे या, लवकर भरभर सारे या' ही भा. रा. तांबेंची कविता म्हणिल्ली. ताचो उगडास करून दिवन आयकतल्यांच्या पोटांत हांसून हांसून मुड्डो हाडटा. लग्नाक वचून बरें जेवून बिवून येवप आनी घरा येवन सद्दां उठून तेंच तेंच जेवण म्हूण जेवणाच्यो भगल्यो मारप हें सदचेंच. नाटकांतली आतीबाय ह्या लोकांची प्रतिनिधी. लग्नांतल्या सगळ्या जिनसां परस तिका फ्रिजांत आशिल्ल्या आपल्या शेळ्या दाळी रोसाची आनी भेंड्या भाजयेची व्हडवीक.

'घोव-बायलेचें इशें आनी मदीं उलयतलें पिशें' अशें जरी म्हणलें तरी बायलेन आपल्या कुळाराची तुस्त करप आनी घोवान कितेंय जालें म्हणटगीर मावोडेच्या लोकांचो आनी मावोड्याचो उध्दार करप हातूंत व्हडलेंशें नवें ना. तीस आनी चाळीस वर्सांपसून एकामेकांबरोबर सांगातान रावन लेगीत एक-दुसऱ्याचेर कुरघोडी करपाचें घोव-बायल कशेंच सोडना हें त्रिकालबाधीत सत्य. नाटकांतली आतीबाय लग्नादीस जगदीशबाबान बश्शेन घालपाक हाडिल्ल्यो शंकरपाळयो खंवटेल्यो आनी फुलां बी लावन सजोवन आयिल्ल्या न्हवऱ्याचे गाडयेचे पयशे आपणेंच दिल्ले म्हूण लग्नाक तीस वर्सां जालीं तरी घोवाक थोमणायता आनी जगदीशबाब लग्नाक व्हंकलकारांनी केल्ल्या मानकुराद आंब्याच्या आमरसाक पिकिल्ल्या घोटांचो रोस म्हणून तिका किंकोंत करता. कोत्राद केल्ले प्रमाण लग्नाचो अर्दो खर्च न्हवरेकारांनी दिलोना तो दिलोना वयल्यान आपल्याक गोत्रांक काडटासर डबयांनी पॅक करून आमरस घरा व्हेलो म्हूण आतीबाय पिरंगता. पळोवपाक गेल्यार सगळ्यांच्याच घरांत चड-थोड्या फरकान घडपी ह्या घडणुकांचेर लेखकान बऱ्या फिशालकायेन उजवाड घाला.

दो. मनोहरराय सरदेसाय हांणीं आपले कवितेंत म्हणलां तशें, 'देवा! कसली तुजी करणी! केंस जाले धवे! नदर अजून तरणी' हे जातकुळींतले जगदीशबाब. आतीबाय तांकां 'बायलांचो पदेर, चेडवांचो पदेर' म्हूण येतना वतना हिणसायता. तांकां लग्नांत फकत बायलांचो हुस्को. खंयचें रमा नाडकर्णी येव ना, सीमा शिरवयकार दिसलें ना. शिल्पा सबनीसाक तर डायबिटीस आसा म्हूण म्हऱ्यांत आशिल्ले स्वताचे बायलेची दखल घेनासतना तिसऱ्याच्याच लग्नाचें जेवण जेवपाक ते आग्रो करून करून मेजावयलें केळें काडून फिर्याद जोडिल्लेवरी करतात. व्हंकलेन उंच खोटांचें जोतें घाल्लें पूण साडी वयर न्हेशिल्ली हाचेरय तांचें बारीक लक्ष. पयसुल्ल्यान शेजान्न येतां येतां तिच्या गावनाचे पसून बारीक-सारीक वर्णन करपी जगदिशबाबांचें चित्रण एकदम जानोत.

पायणीकान्न धवणूक ती जालीच, ते भायर 'लोकां सांगे ब्रह्मज्ञान' हे म्हणीन तंतोतंत लागू पडपी. लग्न जावपा खातीर नीताक ती रांदपाक शिकपाक सांगता आनी आपूण मात घोवाक घराच रांदपा बरोबरच बाकिचींय कामां करपाक दवरून भोंवती भागरथपणा करता. तिचे मुखार काशीनाथबाबाची परिस्थिती म्हळ्यार 'हात पांय रोवले, काय करूं बायले?' वयल्यान आनंदी दिसलो तरी भितरल्यान तो दुखावला हें दिस्त कळटा.

शणैमामाक सांगलें खंय, पाड्ड्यां वचून यो. शणैमाम पाड्ड्यां वचून आयलो. आमची गत शणैमामावरी. खंय गेलो खंय ना, कितें हाडलां कांय ना. नाटकांत वावुरपी पात्रां आमकांय खंय नाजाल्यार खंय दिश्टी पडटात, मेळटात. पूण आमी तांकां रोखडींच विसरून वतात. पूण लेखकाचें तशें ना. तांचे विनोदी शैलीक पूरक अशी खर निरीक्षणशक्त आनी तें शब्दबध्द करपाची कळाशी तांच्या नसानसांत भरल्या आनी म्हणूनच नाटक आयकतना पुसून बेरकी जगदीशबाब, बाबडो काशीनाथबाब, तिखट आतीबाय, अरवळ नीता, चोमडी पायणीकान्न दोळ्यांमुखार जश्याच्या तशीं उबीं रावतात.

लेखकांचो विनोद बाष्कळ स्वरुपाचो निखालस न्हय. ते विनोदाची उपहासगर्भ शैली केळयतात. थोड्या आनी मोजक्याच शब्दांभितर ते आपल्याक जाय तो संदेश लोकांमेरेन पावयतात. देखीक तांची नाटकांतलीं कांय वाक्यां... 'नाका त्यो यादी दनपारच्या कडार'.

... 'ह्या पेपरान तूं वारें घेतली? तें गोव्याचे अग्रेसर दैनिक मगे.'

... 'लग्नाचो दीस हांव ह्या जल्मान विसरतलों सो दिसता तुका?'

... 'ट्रेजेडींतूय जोक आसता.'

नाटक श्राव्य माध्यमांतल्यान आसा खरें. पूण ५०-५५ मिनटां, नाटक सोंपतासर आयकुप्याच्या चेऱ्याचेर हांशें खेळत दवरता ताचें कारण लेखकांची अनोखी मिश्कील शैली. 'काडलें बानयान आनी जानवें घाशीत बसलें थंय.' 'आगे आत्तां जीव बतालो न्ही गे तुजो? हा फोर्स कुठून आला?' 'हांवें हांगा हाडूं ना जाल्यार मडकय शेण काडीत उरतली आशिल्ली' 'बापायची लज गेल्ली आनी तुका तातूंत इन्ट्रेस्ट आयलो?' ह्या सारकिल्या एकेक संवादान नाटकाक तशें आयकुप्यांकय एक प्रकारची ताजबाण कशी येता.

हें नाटक रेडिओ खातीर बरयिल्लें आसलें तरी 'दृक-श्राव्य' माध्यमांतल्यान सादर केल्यार पुसून बेस बरें जातलें तें जालेंच उलट चड परिणामकारक थारतलें. कारण नाटकांत आशिल्ल्या सादरा फॅन सुरू करपाच्या दृश्याचो प्रसंग, लग्नाक येतल्या बायलांची हजेरी, एकेक पदांचेर नीताचें गावप आनी नाचप ह्या सारकिल्यो घडणुको नाटक आयकतां आयकतां दोळ्यांमुखार नाचपाक लागतात.

सुंदर अशें नाटक बरयिल्ले खातीर कृमबाबांची तोखणाय करत तितली थोडीच, तरीपसून साईशबाब देशपांडे हांणीं सादरीकरणाची बाजू उत्कृश्टरित्या सांबाळिल्ल्यान नाटकाचें मोल दुपेटीन वाडलां हातूंत दुबाव ना. ह्या नाटकांत वांटो घेवपी नामनेचे नट रघुनाथबाब साकोड्डेकार, रश्मीबाय नायक, गुरूनाथबाब बोरकार, बिंदाबाय सरदेसाय आनी मंजुषाबाय सुखठणकार ह्या सगळ्यांनी आपापली भुमिका बरी ताकदीन जिती जिवी तटतटीत केल्या. प्रत्येक कलाकारान आपले भुमिकेक न्याय दिवपा खातीर घेतिल्ली तकालस अर्थातच जाणवता आनी म्हणूनच आकाशवाणीचेर सादर केल्लें हें 'शुभमंगल' नभोनाट्य म्हळ्यार सगळेवटेन जुळून आयिल्ल्या 'दुग्ध-शर्करा' योगावरी दिसता.

आकाशवाणीन हें नभोनाट्य दिल्ले खातीर आकाशवाणीचे उपकार मानपाकूच जाय. हाचे फुडेंय अशींच बरीं-बरीं नाटकुलीं आयकुवपाक दिवचीं आनी आमचें रेडिओ प्रेम नव्यान जागें करचें अशें आकाशवाणीकडेन नमळायेचें मागणें.

■

– रुपा कोसंबे
व्हडलें भाट, ताळगांव. मो. ९४०४९१४४३७

प्रत्येकाच्या घरांत जाय अशीं बिम्ब
प्रकाशनाचीं
तीन नवीं पुस्तकां

गजानन जोग
हांच्या १२ कथांचो संग्रह.
एकूण पाना : १४२
मोल : १८० रुपया

दिलीप बोरकार
हांची अत्यंत संवेदनशील
आनी
काव्यमय कादंबरी
एकूण पाना : ३२४
मोल : १९९ रुपया

एड्वीन जे. एफ. डिसोजा
हांचो २२ कथांचो संग्रह
एकूण पाना : १९२
मोल : १२० रुपया

गोंयची पत्रकारिता सडेतोड, धारदार जातली व्हय?

आतां गोंयांतल्या दिसाळ्यांचेर नदर मारुया. म्हाका दिसता त्या प्रमाण 'लोकमत' हें मराठी दिसाळें ज्वलंत, वादग्रस्त, समाजप्रबोधनपर विशयांचेर चड लेख उजवाडाक हाडता. स्वता गोंय आवृत्तीचे संपादक राजू नायक नेमान साबार विशयांचेर बरयतात. ते तरेचें धाडशी लिखाण गोंयांतल्या एकाय दिसाळ्यांत वाचपाक मेळना. गोंयांक उपेगी अशें हे लिखाण आसता. सरकाराचेरुय टिका आसता.



गोंयांत मराठी, इंग्लिश आनी कोंकणी भाशांतलीं दिसाळीं उजवाडाक येतात. सगळ्यांत चड खप इंग्लिश आनी मराठी दिसाळ्यांचो आसा. तशेंच कन्नड, गुजराती, हिंदी, मल्याळम भाशांतलींय भायलीं दिसाळीं येतात. तांचोय खप लक्षणीय म्हणचो पडटलो. गोंयांत पुर्तुगेजाच्या तेंपार पुर्तुगेज आनी मराठी भाशेंतलीं नेमाळीं आशिल्लीं. तसो तांचो खप चड नाशिल्लो. कारण दिसाळें वा नेमाळें विकत घेवन वाचप्यांचो आंकडो खूब उणो आशिल्लो. तरीय भारत, ऊ हेराल्ड आनी महाराष्ट्रांतल्यान येवपी कांय दिसाळीं, नेमाळीं गोंयांत खपतालीं.

पुर्तुगेजांच्या वेळार गोंयकारांक बोध दिवपाचें, तांकां मुक्तीलढ्या खातीर तयार करपाचें काम पत्रकारितेन केलां. उपरांतच्या काळांतूय जालां. गोंयचें महाराष्ट्रांत विलीनीकरण करपाक सोदपी गुलामगिरी मानसिकतायेच्या गोंयकारांचें मन वळोवपाचे यत्नूय पत्रकारितेन केला. गोंयचेर साबार सैमीक संकशटां आयलीं तेन्ना गोंयकारांक अर्थीक मजत करपाचें लाखमोलाचें कामूय पत्रकारितेन केलां. आयज गोंयांत साबार भाशांतलीं दिसाळीं खपतात. मात खरेंच तीं समाजाक जाय आशिल्ली पत्रकारिता करतात व्हय? कांय आडवाद सोडले जाल्यार चडशीं दिसाळीं खपाचेर आनी जायरातींचेर दोळो दवरून पत्रकारिता करतात. ताका लागून गोंयांतल्या सरकाराचे पांय तांकां लेंवचें पडटात. तें दुखावचें ना हें पळोवचें पडटा. चडशे पत्रकार सरकाराची तळी उखलून ती नाचयतना स्पश्ट जाणवता. आतां मोदी सरकार सत्तेर आयलां. ताची नमो नमाः म्हणत पुजा करतना कांय पत्रकार दिसतात. पुरोगामी, निधर्मी (वा सर्वधर्मसमभाव), विज्ञानीक, समाजसुधारणावादी दिश्टीकोनाची पत्रकारिता चुकूनच दिश्टी पडटा. आपल्या विरोधांत आशिल्ल्या सरकाराचेर टिका करप आनी आवडिचें सरकार आयलें काय ताचे दर एके कृती भोंवतणी आरती ओंवाळप हें कांय पत्रकारांचें काम जालां. ताचें तांकां व्यसनूच लागलां. बारीकसाणेन गोंयच्या दिसाळ्यांतल्यो खबरो, अग्रलेख, संपादकीय लेख वाचल्यार हें जाणवतलें.

भाशीक दिसाळीं हीं समांतर चलपी जाल्यांत. मराठी दिसाळ्यांनी जें कितें येता तें इंग्लिश दिसाळ्यांनी येना. तातूंत कितें येता ताचे वाटेक मराठी दिसाळीं बचनात. कोंकणीच्या मळार साबार कार्यावळी जातात, ताच्यो खबरो मराठी दिसाळ्यांनी चुकूनच दिश्टी पडटात. आयल्योच जाल्यार ल्हान, खंयतरी कोनशाक! मराठी- कोंकणी साहित्यीक कार्यावळींक इंग्लिश दिसाळीं स्थान दितलींच हाची खात्री नासता. समाजांत फूट घालपाची शक्यताय आशिल्ल्या संघटनांच्या खबरांक व्हडली प्रसिद्धी मेळटा. कारण खप वा संबंदीत विचारसरणेचो पत्रकार पुरोगामी विचारांच्या बातम्यांक, समाजाक मार्गदर्शन करपी खबरांक दिसाळ्याचो कोनसो दाखयता. अभ्यास करून, म्हायती घेवन तयार केल्ल्यो खबरो जाल्यार साप्प उण्यो जाल्यात. कांय दिसाळीं जाल्यार फकत पणजेंतल्यो, मडगांवांतल्यो पत्रकार परिशदो, कार्यावळी सोडल्यार हेर तरांच्यो खबरोच दिनात. हो पत्रकारांचो आळस. मात गोंयचीं सगळीं दिसाळीं कोणूच दुखावचोना, कोणाचोच तापोवणेचो फोन येवचोना हाची जतनाय घेवन खबरो, लेख आनी अग्रलेख उजवाडायतात असो म्हजो आरोप. हो आरोप खरो वा फटीचो तें वाचकांनीच थारावचें.

वाचप्यांक दुखयनासतना चिमटो काडपी, तांकां न्हिदेंतल्यान जागो करपी, तांकां विचार करपाक लावपी लिखाण दिसाळ्यांनी येवपाक जाय. तेच वांगडा वैचारीक, बौद्धीक खाणरुपी लिखाण, अग्रलेख, पत्रां दिसाळ्यांनी

सप्तकांतल्यान चार दीस तरी येवपाक जाय. पूण पळोवपाक कितें मेळटा? गुळगुळीत, मिळमिळीत, तुस्त करपी लिखाण. दिसाळ्यांत लेख वा अग्रलेख आयलो काय ताचेर प्रतिक्रिया उक्तावपी पत्रां, प्रतीलेख येवपाक जाय. गोंयच्या कितल्या दिसाळ्यांनी तीं येतात? मुंबयच्या 'लोकसत्ता' सारक्या दिसाळ्यांत एक लेख आवडलो काय अर्द अर्द पान भरतलें इतलीं वाचकांचीं पत्रां येतात. मुजरत पत्रांचो स्तंभ पळोवचो वा पुरवण्यो पळोवच्यो. इंटरनॅटार पसून हें पळोवपाक मेळटलें. आमच्या गोंयांत मागयले बगर इतलीं पत्रां येनात. फाटीं 'गोमन्तक' दिसाळें एक विशय दिवन पत्रां मागयतालें. मात उपरांत तें बंद जालें. घडये वाचप्यांचो प्रतिसाद मेळूंक ना आसतलो!

म्हज्या मतान गोंयच्या दिसाळ्यांनी गोंयच्या लेखकांक प्राधान्य दिवपाक जाय. टोपणनांवान बरयिल्लीं पत्रांय उजवाडाक हाडूंक जाय. मात तशें जायना. खुद्द म्हाका हो अणभव आयला. 'तुमचें हें टोपणनांव. मूळ नांवान बरयात, फोन नंबर सांगात' अशें ई मेलाचेर कळोवन म्हजे जायते लेख भायर उडोवपाचे प्रकार गोंयच्या दिसाळ्यांनी केल्यात. आवयबापायन दवरिल्लें नांव हांव बदलूंक शकना. फाटलीं दोन वर्सां हांव गोंयांत रावता. पयलीं कांय वर्सां गोंयांत आशिल्लों. हांव नेमान इंटरनॅटाचेर मेळपी गोंयचीं दिसाळीं वाचतां. कांय दिसाळ्यांनी गोंयां भायल्या मराठी लेखकांचे लेख छापतात. पुरवणेच्या पुरवण्यो भायल्या लेखकांनी भरिल्ल्यो आसतात. तशे गोंयकार लेखक उणे आसात ही गजाल खरी. म्हाका स्वताक सीताराम टेंगसे, दादू मांद्रेंकार, उदय भेंब्रे, राजू नायक, राजेंद्र केरकार, कॅजिटन परेरा, मोहनदास लोलयेंकार, संदेश प्रभुदेसाय, जवाहर बर्वे, दिलीप बोरकार, नमन धावस्कार, डॉ. ऑस्कर रिबेलो, प्रभाकर तिंबलो, गुरुनाथ केळेकार, देवेंद्र कांदोळकार, सचिन परब, डॉ. राजीव कामत, क्लियोफात आल्मेदा, यज्ञेश्वर निगळ्ये, माधव बस्तोडकार, संगम भौंसुले, विजय प्रभू पार्सेकार, अ. ज. परब, महेश दिवेकार, विष्णू वाघ, प्रशांती तळपणकार, दामोदर घाणेकार, ग. ना. कापडी, प्रतिभा बापट, र. वि. जोगळेकार, सुभाष वेलिंगकार, अनंत साळकार हांचें वा ते बरयतात तसल्या विशयां वयले लेख, पत्रां आवडटात.ह्न ह्या लेखकांचें लिखाण ज्या विशयांचेर आसता ते विशय ज्वलंत, समाजाक जागो करपी, कांय प्रमाणांत वाद करपी आसतात. गुळगुळीत, मिळमिळीत अशें तें नासता. मात हें सगळेच सातत्यान बरयतात अशें ना. हातूंतल्या कांय लेखकांनी लिखाण बंद केलां. कित्याक तें हांव नकळो. ह्या लेखकां मदल्या शक्य तितल्या लेखकांचें लिखाण गोंयच्या सगळ्या दिसाळ्यांनी मागून घेवन उजवाडाक हाडपाक जाय अशें म्हाका दिसता.

आतां गोंयांतल्या दिसाळ्यांचेर नदर मारुया. म्हाका दिसता त्या प्रमाण 'लोकमत' हें मराठी दिसाळें ज्वलंत, वादग्रस्त, समाजप्रबोधनपर विशयांचेर चड लेख उजवाडाक हाडटा. स्वता गोंय आवृत्तीचे संपादक राजू नायक नेमान साबार विशयांचेर बरयतात. ते तरेचें धाडशी लिखाण गोंयांतल्या एकाय दिसाळ्यांत वाचपाक मेळना. गोंयांक उपेगी अशें हे लिखाण आसता. सरकाराचेरुय टिका आसता. भाजपा वांगडाच तांणी कॉंग्रेसीचे उणाव दाखोवपी खर लिखाण करचें. तांच्यो पुरवण्यो सोबीत आसतात. मात आयताराची मंथन पुरवणी तितलीशी वाचनीय आसना. ताचे परस हॅलो गोवा पुरवणी (राजूचो लेख आसता ती) सगळ्यांनी वाचऽ सारकी आसता. तातूंतल्यो जायराती उण्यो करून नवोदितांचे लेख छापपाक बरें.

सुनापरान्तांत वादग्रस्त विशयां वयले लेख, खबरो सहसा येनात. आडवाद उदय भेंब्रेचे लेख. माधव बस्तोडकार, जवाहर बर्वे, महेश दिवेकाराचेय लेख वायटशे नासतात. कोंकणींतले हेर म्हालगडे लेख कित्याक बरयनात तें कळना. ह्या दिसाळ्यांत नेमान प्रासंगीक लिखाणूय आयल्यार तें वाचप्यांक आवडटलें.

नवप्रभांत खंयच्याच दिसाळ्यांत येनात इतलीं पत्रां येतात. मात तातूंतल्यान नेमान वाद जायनात. पयलीं एकाच विशयाचेर म्हयनोभर वादसंवाद जातालो. आयतार पुरवणी बरी आसता. संपादकान समाजांत फूट घालपाक सोदपी जातीय, धर्मीक शक्तीं आड लेख छापपाक जाय. गोंयच्या साबार नव्या लेखकांक घडोवपाचें काम नवप्र केलां. तें तांणी मुखार अशेंच चालू दवरचें

तरुणभारत बातम्यांचे बाबतींत नंबर आसा. मात तातूंत सरकाराचेर टिका क बातम्यो उण्योच आसतात. पुरवणी अ संपादकीय पानाचेर सहसा गोंयकार लेखक स्थान मेळना. आयतार पुरवणेचीं पानां वाडोव

गोमन्तकांतूय सरकाराचेर टिका क लिखाण तशें वाचपाक मेळना. पुरवण्यो ब आसतात. काळजाक भिडपी आनी वादग्र लिखाण खूब उणें. भाशावादा वयले ले कोंकणी भास आनी सारस्वतांचेर प्रत्यक्ष अप्रत्यक्ष टिका करपी आसतात. तें टाळप जाय. कारण चार बोडकां सोडल्यार आ भाशावाद उरूंक ना. तरणाटे जाल्यार इंग्लिशी भकीक पडल्यात.

गोवा दुतांत सरकाराची तुस्त करपी लिखाण आसता. सरकाराच्यो चुको दाखोव लिखाण तातूंत केन्ना येतलें? भाशेचे बाबती समन्वय घेवपी संपादक मेळिल्ल्यान आतां गो दुताक कोंकणी साहित्यीक आनी वाचकां मोग मेळपाक लागला. तांची आयताराची पुरव बरी आसता.

दैनिक हेराल्डांत वैचारीक लेख नासताच साहित्यीक नदरेन ह्या दिसाळ्याची पुरवणी ब आसता. सद्दां अर्दे पान फोन क्रमांक छापता थंय गोंयच्या लेखकांचे ज्वलंत, प्रासंगीक विशय वयले सडेतोड लेख छापल्यार ह्या दिसाळ्याच खप वाडटलो. त्या मानान इंग्लिश हेराल्ड ब येता. गांवगिऱ्या, तळागाळांतल्या क्रिस्तां भावांच्या काळजांत तो रिगला. लेखूय वादग्रस्त सडेतोड आसतात.

नवहिंद टायम्स पयलीं गोंयच्या बातम्यां स्थान दिनाशिल्लो. मात आतां तातूंत भाशीक दिसाळ्यां परस चड गोंयच्यो खबरो येतात पुरवण्यो सोबीत आसतात. हेर दिसाळ्यांनी येनात त्यो खबरो हातूंत आसतात. अग्रलेख मात केन्न केन्ना कसल्याय विशयांचेर आसतात. नवे पत्रकार घडोवपाचें काम हें दिसाळें करता ही बरी गजाल. पुरवण्यांनी येवपी लेख व्हडले व्हडले फोटे घालून भरिल्ले भशेन दिसतात. खास

करून क्युरियोसिटी पुरवणेचो लेआवट बदलपाक जाय.

टायम्स ऑफ इंडियांतले भायल्यान येवपी लेख वाचनीय आसतात. खास गोंयच्या साहित्यीकां खातीर ह्या दिसाळ्यान वेगळी पुरवणी काडल्यार ती बरी खपतली. राजतिलक नायकाचे फोटे क्लास.

पुढारी दिसाळें भाशीक वादाचेर तिगून आसा काय असो दुबाव आयले बगर रावना. कारण तातूंतले भाशीक लेख वा बातम्यो कोंकणीचेर टिका करपी आसतात. मराठीचेर टिका करपी लेख गोंयच्या दिसाळ्यांनी येनात. मागीर तांणी कोंकणीचेर टिका करपी लेख कित्याक छापप?

गोमन्तक टायम्स सोबीत येता. खास करून तातूंतले फोटे, लेआवट दोळे दिपकावपी आसता. मात तो कित्याक खपना तें कळना. तांचो आयताराचो व्हिकएंडरुय दर्जेदार आसता.

गोंयांत लोकसत्ता आनी महाराष्ट्र टायम्सूय येता. तातूंतले तातूंत साहित्यीक नदरेन लोकसत्ता उजवो आसा. मात गोंयांत इतलो खपूनय ते गोंयकारांचे लेख सोडाच, पूण पत्रां पसून छापनात. गोंयच्यो बातम्योय उण्यो आसतात.

गोंयच्या दिसाळ्यांनी 'गोमन्तक' सोडल्यार ऑफ बीट बातम्यो सहसा येनात. आयल्यार तांचो लेआवट दोळ्यांत भरऽसारको आसना. नवप्रभांतूय केन्ना केन्ना गांवगिऱ्या वार्ताहरांच्यो ऑफ बीट बातम्यो येतात. साहित्य, कला, पर्यावरणाचेर नेमान बातम्यो दिवपी एकूय दिसाळें ना. बातम्यो म्हणल्यार अभ्यासपूर्ण बातम्यो अशें म्हाका म्हणपाचें आसा. ते खातीर पत्रकारांक अभ्यास करचो पडटा. इंटरनॅटा सारकें साधन, पणजेंत काम करपी सरकारी अधिकारी, मंत्री हांची वळख आसून लेगीत बरेच पत्रकार मेहनत घेवन खबरो करीनात हें दुर्दैव. पद्मावती प्रभू, धनुष्का गामा, आरती दास आनी नवहिंद टायम्साच्यो हेर चलयो तशेंच गोमन्तकाचें योजना पाटील जे तरेच्यो बातम्यो दितात (नवहिंदाचेर चडशे अभ्यासपुर्ण लेख आसतात), तसल्यो बातम्यो सगळ्या दिसाळ्यांनी येवपाक जाय. त्योय बी पयल्या पानाचेर.

इंटरनेटाचेर गोंयचीं दिसाळीं वाचपाक मेळटात. मात चडश्यो बातम्यो छापून आयिल्ल्यो. लायव्ह, ताज्यो बातम्यो दिवपी वॅबसायट हांवें अजून तरी पळोवंक ना. कांय आसात, पूण ताचेर एक वा दोन खबरो येतात. टायम्स ऑफ इंडिया, इंडियन एक्स्प्रेस, सकाळ, लोकसत्ता, महाराष्ट्र टायम्स सारक्यो सायटी ताज्यो बातम्यो रोखड्योच दितात. आयच्या गोंयच्या दिसाळ्यांक वा खबरां चॅनलांक हें शक्य ना?

आमच्या देशांत साबार इंग्लिश, मराठी, कोंकणी पुस्तकां उजवाडाक येतात. मात तांचें समिक्षण वाचपाक मेळना. मेळटा तें महाराष्ट्रांतल्या लेखकांचें. कांय गोंयकार लेखकांच्या पुस्तकांचेंय मेळटा. मात तातूंत टिका आसचना.

गोंयच्या दिसाळ्यांनी सगळ्या तरेचें लिखाण उजवाडाक हाडचें. पूण समाजप्रबोधन करपी, अंधश्रद्धा विरोधी, सरकाराचेर टिका करपी लिखाणाक प्राधान्य दिवचें. तरणाट्यांक मार्गदर्शन करपीय लेख छापचे. धारदार, सडेतोड, अभ्यासपूर्ण, म्हायतीपर अग्रलेख गोंयच्या दिसाळ्यांनी येवचे अशें दिसता. 'गुळगुळीत कागदावरचा बुळबुळीत मजकूर' अशी टिका कोण करचो ना असल्या फडफडीत, काळजाक भिडपी लिखाणाची हांव वाट पळयतां.

■

– आयुष सर्वेश्वर आवडे,
केपें.

GBBN

GOA BROADBAND NETWORK

An initiative of DOIT, Government of Goa

GWave™

www.gwave.in

HIGH SPEED INTERNET ON END-TO-END FIBER

9922910966 / 9922910977

also offers CCNA level High Quality Networking Courses with Hands-On Practicles at GBBN Training Centre. more info on 9922910972

Powered By United Telecoms Limited

GBBN is an initiative of DOIT, Government of Goa in association with United Telecoms Ltd.

कथिका

सत्याचो जय

रखमा हांडीर घागर घेवन ताकतिकेन भितर सरली. तिचें मुखामळ सामकें हांसकुरें, प्रसन्न दिसतालें. आपल्या घरकाराकडें पळोवन ती सोबीत हांसली. हांडिवेली घागर सकल दवरून तिणें तोंड, हातपांय पुसून घेतले आनी ती घरकारा म्हऱ्यांत येवन बसली.

''आयज हांवें एक खबर आयकल्या.''

''कसली ती?'' घरकारान विचारलें.

''आमचो गांव सोपता थंय भितर रानांत खंय एक साधू येवन रावला. दर पूनवेक खंय तो गांवच्या मनशांक मदत करता. जो कोण ताचेकडेन वता ताची इत्सा तो पुराय करता. सामकी खरी खबर खंय!''

''हें कोणें सांगलें तुका?'' दुबावीतपणान तिचेकडेन पळयत रामून म्हळें. ताचे कपलार आठयो पडल्यो.

''पळय. हांव कितें सांगतां ताचेर अविश्वास दाखय नाकात. अशी अजापाचीच खबर ही. पूण सामकी खरी. जायत्या जाणांनी अणभव घेतला खंय! फाल्यां पुनव. आतां मात्शें कांयच आढेवेढे घेनासतना पुराय भावार्थान वचात तांचेकडेन. सकाळीं बेग्गीन वचात. आमचें हें दळदिरें जिवीत मात्शें सुदारतलें.'' रखमा आपल्या भुरग्यांकडेन कळवळ्यान पळयत घरकाराक सांगताली.

तिचीं उतरां आनी दोळ्यांतलीं दुकां पळोवन रामू कळवळ्ळो. ताका लेगीत भुरग्यांचे त्रास पळोवन वायट दिसतालें. आपले परीन तो खूब कश्ट करतालो. पूण मना सारको पयसो मेळनासलो. थोडो वेळ तो विचारांत बुडूनच उरलो.

''कितें येवजितात तुमी?'' चड विचार करूं नाकात. एकदां वचून अणभव तरी घेवन पळयात. कितें करता? वतात न्ही फाल्यां?

रामून तकली हालयली. ''वचून पळोवया.''

रातीं जेवणां बेगीनूच उलगयलीं रखमान. बेगीनच न्हिदलीं सगळीं.

फात्या पारार रखमाक जाग आयली. तशी ती उठली. रामूय उठलो. ताणें वचपाची तयारी केली.

स वरांवेलो वेळ. सुर्य निकतोच वयर सरतालो. रामू झपाझप पावलां मारीत वाट चलतालो. तो आपलेच तनरेंत चलतालो.

''आरे खंय चल्लो? इतले गडबडीन सो? इतल्या सकाळीं खंय?'' समोर गोपी उबो आसलो. उतरां बरोबरच ताच्या तोंडावेलें प्रस्नचिन्ह ठळकपणान जाणवलें रामूक. ''साधूक मेळपाक तर वतां. फट कशें उलोवचें?'' खीणभर ताच्या मनांत प्रस्न उबो रावलो.

मागीर ताणें गोपीक सगळी खबर सांगली. गोपी तसो खावन जेवन सुखी शेतकार. घरांत गोरवां, इल्लो जमनी कुडको. सगळें आशिल्लो मनीस. पूण धूर्त आनी कावेबाज. ही आयतीच मेळिल्ली संद वगडायत कसो?

''चल हांवूय येतां. म्हाकाय घडटलें साधूचें दर्शन.'' गोपी ताचे वांगडा चलपाक लागलो. दोगूय खबरी करत करत पावले साधू म्हऱ्यांत.

साधू न्हावन-धुवन कोण येता काय वा पळयतच बशिल्लो.

दोगांयनी साधूक नमस्कार केलो.

''कित्या खातीर आयल्यात?'' साधू हांसत विचारलें. गोपी फुडें सरलो आनी घडोवन घडोवन आपली दुर्दशा, घरची गरिबी सगळें सगळें साधूक सांगपाक लागलो. रामूक तर आयकून सामकें अजाप जालें.

''बस हांगा. आतां तूं सांग.'' साधून म्हळें.

रामून थोडे भितर घरची परिस्थिती सांगून बायलेन सांगिल्ली खबरय सांगली. ''त्या निमतान तुमचें दर्शन घडटलें ह्या हावेसान हांव चड करून आयलां महाराज.'' नमळायेन रामू उलयलो. साधू हांसलो.

''चल या.'' साधून म्हळें आनी साधू चलपाक लागलो. ताचे फाटोफाट हे दोगूय वचपाक लागले. लागसारच आशिल्ल्या एका झाडाकडेन साधू तांकां घेवन गेलो. तें झाड सामकें फळांनीं भरिल्लें. वयर झाडाक लागिल्लीं तशींच फळां सकयलय पडिल्लीं. कांय सामकीं तांबडीं गुंज तर कांय पांचवीचार. सामको खच फळांचो.

झाडाचे सकयले फांदयेक कितल्योशोच पिशव्यो बांदिल्ल्यो. साधून दोन पिशव्यो काडून दोगांयच्या हातांत दिल्यो.

''तुमी हे पिशवेंत एक तांबडें फळ आनी एक पांचवें फळ घालपाचें. हांव पिशवेंत हात घालून एक फळ काडटलों. तांबडें फळ जर म्हज्या हातांत आयलें तर तुमचो फुडार बरो परजळीत जातलोच. चलात घालात हातूंत फळां. फुटिल्लें फळ मात घालूं नाकात आं. बारीकसाणेन काम करात.''

बरिंशीं फळां सोदीत गोपी मात्सो भोंवलो. ताच्या मनांत आयलें आपणें दोनूय फळां तांबडीच घालचीं. म्हणटगीर खंयचेंय फळ उबारल्यार जाता.

रामून लागसारच आशिल्लीं तांतलीं दोन फळां, एक तांबडें आनी एक पांचवें घालें. दोगूय पिशव्यो घेवन साधू मुखार उबे रावले. साधून गोपीकडली पिशवी पयलीं घेतली आनी उगडून तो एक फळ काडपाक लागलो. ताचे दोळे धांपिल्ले आसले. पिशवेंतलें फळ भायर काडटनाच सट करून तें फळ सकल पडलें. ''आरेच्चा!'' साधून म्हळें, ''कांय हरकत ना. भितर जें फळ उरलां ताचेवेल्यान कळटलें खंयचें फळ सकल पडलें तें.''

साधून भितर हात घालून तांबडें फळ काडलें. तें फळ पळोवन साधू चुरचुरलो. ''हांव कांयच करपाक शकना. तूं तुज्या नशिबाचो धनी'' साधून रामूची पिशवी घेतली. रामूचे पिशवेंतलें फळ दोळे धांपून साधून काडलें. तें फळ तांबडें आसलें. साधू समाधानान हांसलो.

''पिशवेंतलें दुसरेंय फळ तांबडेंच आसतलें साधू महाराज.'' गोपी व्हडल्यान आड्डलो. साधून पिशवी गोपी कडेन दिली. पळय जाल्यार भितर पांचवें फळ. गोपी सामको बेजारलो.

''आतां तुजें काम सोंपलें. घरची वाट धरल्यार बरी. सत्याचो सदांच जय जाता.'' साधून म्हळें.

मुकाट्यान गोपीन घरची वाट धरली.

मागीर साधून रामूच्या कानांत एक मंत्र दिलो. दोगूय चलत साधूच्या मूळ स्थानार आयले. हाताक धरून रामूक साधून आपल्या म्हऱ्यांत बसोवन घेतलें. ''दिसा फाटल्यान रात आनी राती फाटल्यान दीस हो निसर्गाचो क्रम. त्याच प्रमाणे मनशाचे जिणेंतय चड उतार, श्रीमंती-गरिबी अशे तरेच्यो स्थिती येतातच. जो प्रामाणीकपणान, कश्टान धन मेळयता ताका केन्ना कसलोच भंय नासता. चल हांव आतां ध्यानाक बसतां. म्हजो तुका सदांच आशिर्वाद आसतलोच. फकत बऱ्या मार्गान फुडें सर.'' साधू ध्यानाक बसपाक गेलो.

समाधानी मनान रामू घरा परतलो. आपली आर्थिक स्थिती सुदारतली ही सकारात्मक जाणीव घेवन.

■

– उषा ज. कामत,
हरिमंदिरा लागीं,मडगांव – गोंय.

बिम्बांत सदरां बरोवप्यांक बिम्बाच्या वर्गणीदारांक

चत्राय

बिम्ब मासिकांत फाटलीं साबार वर्सां
सातत्यान सदरां बरोवन सहकार्य
दिल्ल्या बद्दल धन्यवाद

तुमचें नेमान येवपी सदर
'ऑगस्ट'च्या अंका मेरेन धाडचें.
सप्टेंबर अंक हो 'चवथ' अंक
ते खातीर चवथआनी पर्यावरण
ह्या संबंदांत लेख, कविता धाडूं येता

ऑक्टोबर नोव्हेंबर हो दिवाळी अंक
दिवाळी अंकाखातीर २० सप्टेंबर मेरेन
आयिल्लें साहित्य स्वीकारतले.

डिसेंबर अंकांत कोणाचीं सदरां आसचीं
खंयच्या विशयाचेर आसचीं
हाचो निर्णय संपादन सल्लागार मंडळ घेतलें.

फाटल्या वर्सांचें मानधन आर्थिक अडचणींक
लागून दिवंक ना तें दिवाळी अंका वांगडा मेळटलें.

वर्गणीदारांनी वर्गणी भरूंक ना ताणीं
आनी नवे कर्गणीदारांनी
डिसेंबर २०१६ मेरेनचीच वर्गण भरची.

२०१६ उप्रांत 'बिम्ब' चलोवचें काय ना हाचेर
निर्णय जातकच फुडली वर्गणी थारायतले.

– वेवस्थापक

- गजानन जोग

आमच्या गोंयांत म्हाका दिसता, रस्त्यार मनीस मजतीक तळमळटा आसतना आडनदर करून वचपी थोडेच आसतले. कांय ना जाल्यार गा थांबोवन कितें जालां तें तरी पळेतले- पूण म्हाका दुबाव आसा, तातूंतले सामके थोडेच त्या खिणाचें म्हत्व जाणून प्रसंगाक जागून, फाव ती, ब-यातली बरी कृती वेगोंवेग करुंक शकतले!

देवाक काळजी?

नवी मोटार घेतले उपरांत तिचेर देवाचें ना जाल्यार घरच्यां भितल्ल्या कोणाचें जावं सगल्याच भुरग्यांचीं बी नावां घालपाची एक पद्धत जाल्या. पयर म्हज्या इश्टाचो भुरगो किरीट नवीताल्ल स्कॉर्पियो जीप घेवन आयिल्लो. म्हणपाक लागलो, 'काका, नवी गाडी घेतल्या,भायर यो पळोवपाक.' भायर वचून गाडी पळेली. काळोकिट्ट कोर. ताणे दिल्लो दुदफेणो इल्लो खालो, इल्लो ताकाच परतो दिलो. एक म्हटल्यार म्हाका गोडे मुताचें आसा आनी दूदफेण्याक इल्लो वास मारतालो, ताकाय कळूं दी! गाडी भोंवतणी भोंवून पळेली. तो वोल्ताक वचूया म्हण्टालो, हांवें म्हळें नाका. गाडयेर फाटल्यान बरोवन घेतिल्लें -देवाक काळजी.

'हय रे किरीट, गाडयेर हें कसलें नांव? देवाक काळजी? आनी तुका काळजी ना तर?' आयची प्रस्न विचारपाची पोन्नी संवय तिका पाळो दियत हांवें पच्च करून विचारलेंच. भुरग्यान जाप केली ना. हांवेंच फुडें म्हळें, 'देवाक काळजी अशीं उतरां बरोवंक हरकत ना पूण देवार भरिभार दवरून बिनधास्त रावप समा न्हय. काळजी आपणेंच घेवपाची आसता, हय मरे किरीट?'

किरीट हांसलो आनी वग्गी रावलो, मात्शा वेळान 'बाय काका बाय काकी' म्हणत गाडी दोफरायत गेलो.

हांव विचार करपाक लागलों, हालींसराक खरेच देवाक काळजी अशें म्हणत आमी काळजी करपाचें सोडून दिलां काय कितें? चड करून तरनाट्यांचें बिनधास्त वागप इल्लें चडूच जालां शें दिसना?

पांच दीस भरपूर काम करप आनी शेनवार आयतार मजाच मजा करप ही अमेरिकेंतल्यान आयिल्ली सर्वसादारण जगपाची पद्धत आमचेय कडेन बरीच भितर मेरेन रिगल्या. जांकां स दीस काम करचें पडटा ते उपाय ना जावन दोन दिसांची मजा एकाच दिसा आयतारा भोगपाची सर्कस करतात. मजा करपाचीय म्हूण एक पद्धत जावन पडल्या. मजा म्हळ्यार साग्रसंगीत पार्टी करप - पिवप, मागीर खावप,गावप नाचप, रात जागवप हें जालें तांचें इव्हनिंग प्रकरण. आनीक एक प्रकरण आसता. सुट्ये दिसा सकाळी(तू जागो जाता तेन्ना तुजी सकाळ जाता) मोटर सायकली जावं गाडयो घेवन तरनाट्यांनी सकाळीं भायर सरप अ खंयच्या ना खंयच्या पिकनिक स्पॉटार वच

खंयच्याय पूण फामाद स्पॉटार वच दर्यावेळ, तळी, झरो, बांद, धरण. ना जाल्ल दूदसागर घांटांत, चोर्ला घांटांत, आंबोली घांट नाच जाल्यार मागीर कुळागरांत तळये सरकारी बंधाऱ्याचे धडेर वचप. खावप पि न्हावप परतें पिवप, परतें न्हावप अशीं आवर करप. जिवाची पिकनिक करप. आपशींच माग आशिकुशीक तरतरांचो कचरो तयार जात आमच्या जलाशयांचो वाठार अशा अ कचऱ्यान भरिल्लो आसता. इको टुरिझम ख फुडें जावपाचें आसा, पूण सद्यातरी हें हांगा थ (कचरा) फेको टुरिझमूच दिस्टी पडटा.

अशा आउटिंगाक फकत चल्यांचे ग आसतात तेच भशेन चले चलयो एकठांय अशे गट आसतात. मजेची वसूली करपाक ते भाय सरतात. ज्या जाग्यार उदकांत देंवतात, ती सुवा कोणाची? थंय न्हावपाक,पेंवपाक मेळटा का ना? थंय जिवाक कसली भिरांत ना मूं? असल कसलोच विचार करप ना. मागीर अपघा घडटात, तरणाटे जिवेशीं वतात. गोंयां दुदसागराक, दर्यावेळांचेर, न्हयांभितर दरवस बुडून मरपी तरनाट्यांचो आंकडो शेंकड्यान आसा. कित्याक? तकली काडून दवरून, देवा भरिभार दवरून जावं, आंगांतल्या जुवा रगताच्या फोर्सार नाका तितली जोखीम घेव बिनधास्तपणान -मन:पूतम् समाचरेत- मनाव मारता तशे तरेन वागणूक दवरतात, ताकाच लागून.

मागीर केन्ना केन्ना अशा सुवातांचेर अपघा घडटात. दरवर्सा तरनाटीं भुरगीं मरतात. तातूं प्यूअर ॲक्सिडेंट म्हण्टात ते चडूच जाल्या



शेंकड्याक पांच बी आसत.बाकी सगलीं मरणां सादूर रावनासतना, धंगपा सोडून कशायकशी वागणूक जाल्ल्यान.

हालींच आंध्रांतल्या एका अभियांत्रिकी म्हाविद्यालयांतले २४ तरनाटे टूरार गेल्ले तेन्ना, हिमाचलांत मंडी वाठारांत, फोटू काडपाक लागून न्हयेंच्या पात्रांत देविल्लेकडेन धरणाचें उदक अकस्मात सोडिल्ल्यान बुडून मेले. हें कशें जालें? अकस्मात उदक कित्याक सोडलें? भोंगो कित्याक वाजलो ना? वाजोवंक ना जाल्यार कित्याक वाजोवंक ना? वाडिल्ले कॉलेजीचे भुरगे, त्या जाग्यार देंवतना कोणाकूच मात्तूय दुबाव कित्याक आयलो ना? जांचेर ह्या भुरग्यांची जापसालकी आसली त्या म्हालगड्या प्रोफेसरांनी फावता ती काळजी कित्याक घेतली ना? थंय देंवचे आदी, तेंय बी फोटू काडपाक, त्या जाग्यार वचपाक कोणाची परवानगी घेतली? हजार प्रस्न उबे रावले. पूण ते सगले वायट घडणूक घडल्या उपरांत. आमच्या देशांत अशेंच घडटा. आमच्या गोंयांत कितें वेगळें घडटा?

पयर, काल, आयज, फाल्यां बसी पोंदा चिड्डून शाळेंत वचपी कंवळ्या भुरग्यांक मरण, पिकनिकेक गेल्ले कडेन बुडून मरण. हिसपा भायर गतीन धांवपी बसी, ट्रक. तांचे भितरल्यान वाट काडीत मोटर सायकली कशायकशो चलयतना, आयचे आजून मिश्यो फुटूंक नात असले पिरायेचे भुरगे दिसपट्टे जीव वगडायतात. तरतरांचो म्हाल विकपी कंपन्यो जायरात तंत्राचो जबरदस्त वापर करतात. मानसशास्त्राचो वापर करून, खंयचे पिरायेच्या गिरायकार खंयच्या हांयसार फारावप हें काम हजारांनी कोटी रुपया वर्सावळीचो अर्थिक कारभार आशिल्ल्यो जायरात कंपन्यो बेसबरें करतात. आक्रमक जायरातींक भुल्लुसून वचून पन्नास-साठ हजार जावं लाखभर रुपया रीण काडून बायक घेतात, (धा रुपया तुजे कडेन आसल्यार बँक तुका पोटाक खावपाक शंबर रुपया लोन दिना. पूण धा हजार आसल्यार लाखभर रुपयांची बायक घेवपाक सोंपेपणान रीण दिता.)

एकलो करता तेंच दुसरो करता, तिसरो करता. अशें हें पिशेपण पातळत वता. कसलेंच सामान वांगडा व्हरपाक मेळना, साद्यासुद्या मनशाक सीटार बसपाक लेगीत जायना अशे तरेच्यो व्हडल्यो व्हडल्यो मोटर सायकली वाल कशे किरपीण भुरगे सर्कस करीत रस्त्यार तुमचे उजवे वटेन, दावे वटेन हॉर्न मारीत येतात तेन्ना देवा पाव रे सायबा म्हणचें पडटा. तांचे भितल्ले एक दोग खबरांपत्रां खातीर बातमी जातात. फोटो सकयल नांव पिराय १७-१८-१९-२०. भुरग्याचें मरण हें घराक, शेजाऱ्यांक, सोयऱ्याधायऱ्यांक सासणाचो धपको दिवन वता. भुरग्याचो आवय-बापूय भाव भयण हीं आदलीं उरनात. तांच्या मनाकाळजार त्या मरणाचो पुसून पुसना असो दाग घट्ट बसता.

रस्त्यार जखमी जावन फडफडपी मनशाक पळोवन कानपान हालय नासतना वचपीच मनीस चड आसतात.

दिल्लींत हें प्रमाण शेंकड्याक ९६ जाल्यार मुंबय खंय ९५ आसा. इंदूर सारक्या मद्यम शारांत तें खंय ५१ आसा.

आमच्या गोंयांत म्हाका दिसता, रस्त्यार मनीस मजतीक तळमळटा आसतना आडनदर करून वचपी थोडेच आसतले. कांय ना जाल्यार गाडी थांबोवन कितें जालां तें तरी पळेतले- पूण म्हाका दुबाव आसा, तातूंतले सामके थोडेच त्या खिणाचें म्हत्व जाणून प्रसंगाक जागून, फाव ती, बऱ्यातली बरी कृती वेगोंवेग करूंक शकतले! तांची प्रामाणिक इत्सा आसून लेगीत प्रथमोपचार करप,अपघाताक लागून व्हांवपी रगत थांबोवप, फ्रॅक्चर जाल्ले कुडीचे अवयव हाताळप हीं आनी असले तरेचीं वेगोवेग करपाचीं कामां करूंक शकचेनात. अपघातकालीन आपातकाल स्थिती हाताळपाची आमकां कोणाकूच संवय ना. हॅझार्ड मॅनेजमेंट म्हण्टात तें आमकां सामकें नवें.

आमचेकडेन खंय आसा हॅझार्ड मॅनेजमेंट? आमचो सगलो भरिभार १०८ नंबर करून भोंवत्या रुग्णमजत वाहनाक आपोवपाचेर, उजो पालोवपी दळाचेर आनीक कांयच जमना तेन्ना पुलिस स्टेशनाचेर. नागरीक ह्या नात्यान आमी सामके बाबत. कोणे तरी करपाक जाय हें आमचें पालुपद. चुकता तें आमका कळटा पूण वळना म्हण्टात तशें जाता आमचें.

हालींच एका दिसाळ्यांत फोंडें वाठारांतल्या एका बगल रस्त्याच्या तिस्कावेली नांव आनी कि.मी. दाखोवपी पाटी पुरायपणान पावसाक लागून रुजिल्ल्या वालींक लागून धांपून गेल्या हें दाखोवपी फोटू छापिल्लो. आनी सदचे प्रमाण संबंदीत अधिकाऱ्यांनी हातूंत लक्ष घालचें अशे तरेची मागणी

केल्ली. तशें पळोवंक गेल्यार कसलेंच आवत घेनासतनाय त्यो वाली कोणाय मनशाच्यान हातानीं वोडून कुशीक करून ती पाटी उक्ती करूं येताली. फोटू काडून, पत्र बरोवन तें छापपाक जितलो वेळ आनी पयसो खर्च जालो तो वाटांव येतालो. आमच्या दारांत लायटीच्या खांब्यार, खांब्याक आदार दिवपाक पुरिल्ले सरयेर वाडपाक लागिल्ली वाल आमी कुशीक काडून वडयतात काय ना?

फाटीं जपानांक त्सुनामीचो व्हड फटको बसलो. स्थावर जंगम म्हालाची नासाडी हिसपा भायर जाली पूण प्राणहानी? सामकी उणी. सैमीक आपत्तीक फुडो करपाची जपानी लोकांची जे तरेची तयारी आसता, तातूंतल्यान आमी कितलेंशेंच शिकून घेवपा सारकें आसा. समाजांतलो एक नागरीक ह्या नात्यान आमच्यो कितल्योशोच जापसालक्यो आसात, पूण आमकां फकत आमचे हक्कूच दिसतात.

आमच्या देशांत जावं आमच्या गोंयांत हॅझार्ड मॅनेजमेंट म्हणटात तें लागीं लागीं शून्य म्हळ्यार जाता.

आमच्या देशांत कुंभमेळ्या वेळार लाखांनी लोक एका जाग्यार थरलेल्या दिसा जमतात, म्हूर्त सादोवन व्हरतात ही अख्ख्या जगा खातीर एक अजाप करपा सारकी गजाल जावन आसा. पूण ज्युस्त अशाच थळांचेर ह्या ना त्या कारणाक लागून कितलेशेच भावीक लोक प्राण वगडायतात. पोन्न्या, कावलाक आयिल्ल्या सांकवार एकाच वेळार शेंकड्यांनी लोकांचो पेज पडून सांकव कोसळटा, पांच पन्नास लोक मरतात. रेल्वे स्थानकार नाका तितली खेंट करून ना जाल्यार असलेंच कितेंतरी, हुतहुतेपणाचें वर्तन केल्ल्या कारणान लोक प्राण वगडायतात.

उर्जेंत चवकशी सयित्यांची थापणूक करप,लाखांची मजत जाहीर करप (मनीस मेला? अमके लाख, मरूंक ना? पूण भलायकी गंभीर? पन्नास हजार. सादारण धाडावला बी? घे पांच हजार, मार फोल्ग!) खंयच्या पक्षाचें राज्य आसा? उलोवपी खंयच्या पक्षाचो सद्या मेंबर आसा ते प्रमाण मागीर दूरदर्शनाचेर फेरेंफेरें जावं घुळघुळपंचांग कशें उलोवप. च्यानलार वतना प्रसंगाक फाव त्या कोराचो सदरो जाकिट बीन मारप! कोणूय एकाद्रो बाबडो आंतकड्यांक पिवळ पडटा देखून दोळ्यांत दुकां येता आसतना काळजाथावन उलोवपाक लागता तेन्नाच एँकर नावाचें सोलगें 'अब हम लेते हैं एक छोटासा ब्रेक, देखते रहिये कल-आज-फाल्फांतक' अशें कितें भटपणशें, फाव तितलो दांताफेणो दाखो समर्पयामि म्हणिल्ले भशेन म्हणत अंतध पावता. भायर एक भितर एक अशें सग आयचें वागप आनी राजकारण जाल्यार सर्वस्प जावन पडलां.

दुसरे देश तांचेर आपत्ती येता तेन्ना कशी हाताळटात? जपानाचेंच उदाहरण घेवय सैमाच्या सगले तरेच्या आडमेळ्यांक धीर आनी पूर्वतयारेन तो फुडो करता. आपी वेवस्थापन म्हणटात तें कितें तें जपान्यांकडल्य शिकचें. (तशें जपान्यांकडल्यान शिकपा सार जायतें आसा.)

आमची बस उदकांत पडटा, आमचे लो मरतात भायले पेंवून भायर सरतात, आमच्या एकदोगांक वाटायतात. प्रसंगाक तयारेन फुड करपाचें कसब तांचेकडेन आसा. आमचे कडेन देवाक काळजी म्हणपाचें?

■

– गजानन जो

ताळगांव- गोंय. मो. : ९४२१२४६६५

BROADWAY
BOOK CENTRE
KNOWLDGE IS POWER

Goa's Biggest Book Stores

15% discount for **Bimb** Readers, bring this ad, and avail of discount

PANJIM: Ashirwad, 1st Floor, Nr. Caculo Island, 18th June Road, Panaji, Goa.
Tel. 6647037/ 6647038. **Mob:** 98224988564/9860030339.
Email: bbcbooks@rediffmail.com, fahimbbc@gmail.com

CANDOLIM: Landscape Holiday Unit, Ground flr, near Dr. Dukles Hospital & Research Centre, Aguada Fort road, Candolim, Goa. **Tel.** 9860030339

MARGAO: Paulinoes Building, Ground flr, near Popular High School, Comba, Margao Goa.
Tel. 9860030339

- कृ. म. सुखठणकार

हें आनी नवें कितें? टोपी म्हणजेच गांधी न्हय? म्हणूनूच ताका गांधी टोपी म्हणतात. आमचो बाबा पंदरा ऑगस्टाक प्रभात फेरयेक घालतालो ती, बाकी वर्सभर आई तिर्णे आयदना पुरतालो.

हालींचीच गजाल, फोंडेच्यान रायबंदरा येतालों. पोन्ने गोंयां पावतकच गांधीचो पुतळो पळोवन एकदम म्हाका गांधीवादी जायन दिसलें. तो दीस दोन ऑक्टोबर नासल्या कारणान पुतळ्यार खूब कावळे बशिल्ले आनी पुतळ्या म्हन्यांत जितो मूस नाशिल्लो. पुतळ्याक तेंकून हार घालपा खातीर निसणूय नाशिल्ली, आसूं.

गांधीवादी जायन दिसलें खरें पूण गांधीवादी जावप म्हळ्यार एक्जॅक्टली कितें करप हें कळ्ळेंना. व्हडल्या व्हडल्या मनशांच्या नांवा फाटल्यान गांधीवादी अशें बिरुद आसता हें हांव वाचून जाणा आशिल्लों. म्हाका तर गांधीवादी जावपाचोच आशिल्लो खंयचेय परिस्थितींत. जेन्ना मनीस तळमळटा तेन्ना ताका देव लेगीत मेळटा, अशें कोणे तरी म्हळां हें म्हाका याद जाली पूण तें कोणें म्हळां तें चितपाक टायम नाशिल्लो. बस दिवाडे फेरीचे पॅसेंजर घेवपाक उबी राविल्ली. म्हजी नदर परत परत गांधीजीच्या पुतळ्याचेर आनी ताचेर बशिल्ल्या कावळ्याचेर वचपाक लागली. कावळो आतां आपली चोंच गांधीजीचे तकलेचेर घांसून तिका धार काडपाक लागलो तशी म्हजे तळमळीकूय धार येवपाक लागली. म्हजें अशेंच जाता, एकदां म्हजे तकलेंत कितेंय आयलें मागीर तें साध्य जाय सर म्हाका ओगी बसप जायना. म्हजी रास मकर. हें वर्स मकर राशीक बरें आयलां खंय! 'तुमच्या मनोकामना पूर्ण होतील. संतती नसल्याना मनात आणल्यास संतती प्राप्त होईल' अशें राशी भविश्यांत आयलां हें म्हाका ज्यूस्त याद जालें आनी हांव एकदम पॉजिटीव जालों.

इतल्यान बसींत स्टिरियोर 'तूने मारी एन्ट्री और दिल में बजी घंटी' हें पद लागलें. हें पद लागपाक दिवाडे फेरींतल्यान आयिल्ल्या एका सुंदर पॅसेंजरान एन्ट्री घेतली. खीणभर म्हाका दिसलें हें पद तिकाच लागून लागलां. कारण म्हज्या काळजांत घंटी वाजिल्ली. दुसऱ्याच खिणाक हांव गांधीवादी जावंक सोदतां हें सांगपी अलार्म जालो. हांव चवताळ्लों.

''कसलीं पदां लायल्यां रे? तुमचे कडेन 'साबरमती के संत तूने कर दिया कमाल' पद ना? 'सुनले बापू ये पैगाम ना?' गांधी पुतळ्या लागीं बस उबी आसा आनी तुमी 'तूने मारी एन्ट्री' लायतात?''

अशें हांवें म्हळ्ळें आनी आत्तां एन्ट्री मारिल्ल्या कडेन नदर मारली. तें पर्शींतल्यान मोडचे पयशे काडपांत गुंग आशिल्लें. हांवें फाटल्यान पळेलें, सगले म्हाका विचित्र नदरेन पळेताले. इतले भरिल्ले बसींत एकटोय गांधीवादी नाशिल्लो.

''तुका तसलीं पदां जाय जाल्यार आप की फरमाईशींत तुजी फरमाईश दी मरे विविध भारतीचेर लागता'' - एकलो.

''ना जाल्यार मनचाहे गीत'' - दुसरो.

म्हाका अख्खी बस गोडसेनी भरिल्ल्यावरी दिसली.

''गांधीजीन ह्या देशांत एन्ट्री मारली म्हूण हो देश स्वतंत्र जालो हें लक्षांत दवरात. तो साऊथ आफ्रिकेंत राविल्लो जाल्यार आमी अशेच उरपाचे.'' हांवें फाटीं वळून गोडसेक पळोवन म्हळें.

''तशें जाल्यार सुनले बापू ये पैगाम आनी साबरमती के संत हीं पदांय नासपाचीं.'' गोडसेन म्हळें आनी सगली बस हांसली.

''आनी नोटीर गांधीजीचो फोटोय आसचो नाशिल्लो. मागीर तुमीं कितें करतले आशिल्ले?'' - तूने मारी एन्ट्री (दिवाडे फेरी).

गांधीवादी

''व्वा! तुमकां तरी गांधीजीचें म्हत्व कळ्ळें!'' म्हाका हांव गांधीजीचो कैवारी जाल्ल्याचे पयशे भरले अशें दिसलें.

''कळ्ळें म्हणचे? हांवें एटनबरोचो गांधी तिनदां पळेला.'' - दिवाडे फेरीबोट.

''व्वा! तुमी गांधीवादी?''

''आव्वयस, बरी याद जाली.''

''गांधी बद्दल?''

''तुमीं वादी म्हणटकच.. आमगेर न्ही उषा शिलाई मशीन आसा, ओल्ड मोडेल. कट कट आवाज जाता पूण शिलाय बारीक आं. ताची वादी तुटल्या. खंय मेळटली व्हो?''

''M.G. रोडार सोदा.''

''M.G. म्हळ्यार? हांव सदांच विचारतलें म्हणटां. D.B. रोड म्हळ्यार खबर आसा, दयानंद बांदोडकर रोड. M.G. म्हळ्यार कितें? सगले जाण म्हणटात M.G. M.G. आमकां बाये M.G. म्हळ्यार महाराष्ट्रवादी गोमन्तक म्हूण खबर आसा.''

''तुमी एटनबरोचो गांधी तीन वेळां ओगीच पळेलो.''

''ओगीच कसो तर? पयले खेप पळोवंक जाय म्हूण पळेलो. लोक विचारतात, गांधी पळेलो? ना म्हणपाक लज शी. दुसरे खेप पळेलो कारण पयले खेप इंग्लिश बरी कळ्ळी ना, लज शी. तिसरे खेप पळेलो कारण कोणे तरी सांगलें सब टायटल्स आयल्यां म्हूण. तें बरें आसा, M.G. म्हळ्यार कितें? कोणेंय विचारल्यार, खबर ना म्हणपाक लज शी.''

''M.G. म्हळ्यार महात्मा गांधी.''

''आंवंय आंवंय हांगां आसा उबो आनी सोदता सगलो वाडो, लज शी !'' ताणें गांधी पुतळ्याक पळोवन म्हळें.

''पूण पिशेपणां न्हय, M.G. रोड नांव दवरप म्हळ्यार?'' तूने मारी एन्ट्रीन दोळे मोट्टे करुन म्हाका विचारलें.

''पिशेपणां कशीं?'' म्हज्यांतलो गांधीवादी न्हिदिल्लो तो परत जागो जालो.

''गोंयां गांधी खंय आयला? राम मनोहर लोहिया रोड बी नांव दवरल्यार चलतालें, तो हांगां येवन तरी गेला.''

''तशें जाल्यार हांगां गांधीजीचो पुतळो कित्याक?'' हांव आतां ताका फेस टू फेस करुन बसलों. ताणें स्लिवलेस घाल्लो, म्हज्या मात्शें लेट लक्षांत आयलें.

''हांगां पुतळो बांदलो म्हूण सर्कलशें जालें ना? कोणाचोय जावं मागीर. हेवटेंतल्यो गाडयो हेवटेन वता. तेवटेंतल्यो गाडयो तेवटेन.'' ताणें गांधीजीच्या पुतळ्याचें समर्थन केलें.

''गांधीजीच्या पुतळ्याचो इतलोच वालोर? म्हाका दिशिल्लें हे अख्खे बसींत तूंच गांधीवादी म्हूण.''

''आव्वयस! हांव परत विसरलें पळय, आतां हांव बरोवनूच दवरतां उषा मशिनाची वादी.''

''ओ कोंग्रेस पार्टी, पांय मात्शे भितर घे. पॅसेंजरांक उबे रावनी थंय'' कंडक्टर आड्डलो.

''तुजी स्टॅण्डींग कॅपेसिटी कितली रे आनी तुंवें भरल्या कितले रे?'' म्हाका गांधीजीचो साऊथ आफ्रिकेंतलो रेल्वे स्टेशनावेलो प्रसंग याद जालो आनी म्हज्या आंगार कांटो फुल्लो.

''पांय भितर घेवपाक जायना जाल्यार तुका सकल देंवोवचो पडटलो.''

'YES YOU MAY, I REFUSE TO GET OUT VOLUNTARILY '. गांधीजीन पीटर मैरिट्सबर्ग रेल्वे स्टेशनाचेर हेंच वाक्य म्हणिल्लें म्हाका ज्यूस्त याद जाली.

''ताका धुकलून उडया न्ही, गांधीजीक तसोच उडयल्लो. हांवें गांधी तीन वेळां पळेलां, तांचें मना सारकें जांवदी.'' तूने मारी एन्ट्रीन आतां एटनबरोचो रोल घेतिल्लो. म्हाका कसो धुकलून उडोवपाचो तें ताणें दारा कडेन येवन डायरेक्ट केलें. म्हाका कंडक्टरान देंवयलो. हांवें गांधीजीच्या पुतळ्या कडेन पळेलें. कावळ्यान म्हाका पळोवन कांव कांव केलें. म्हाका तें 'तेथे कर माझे जुळती' म्हणिल्ले भशेन दिसलें.

गांधीजीक ट्रेनींतल्यान भायर उडयतकच तो वेटिंग रुमांत बशिल्लो. हांव पोन्ने गोंय तें रायबंदर, घरा चलून गेलों. म्हाका म्हजोच अभिमान दिसलो. हांव घामाघूम जावन घरा पावलों, गांधीजीन ती रात कुडकुडून काडिल्ली. कांय नजो, तें म्हज्या हातांत नाशिल्लें. हवामान, हवामान खात्य हातांत लेगीत नासता.

'हांव गांधीवादी जातां, पोन्न्या गोंयां म्ह हाका लागून बसींतल्यान भायर उडयलो.' घरा जाहीर केलें.

''आवयस म्हजे! देवतेन म्हजो कु राखलो गे बाये! कसोय जावं, आपलो म कोणाक नाका जाला!'' ही देवतेच्या फो कडेन धांवली.

''तुका तुज्या कुकमाचें पडलां? गांधी आयुश्य दिलें देशा खातीर.''

''जावं! तें म्हका खबर ना. कस्तु भरिल्ल्या माथ्यान सवायशीण गेली हें ख आसा मूं तुमकां? स्वताक गांधीवादी म्ह जाल्यार हो इतिहास खबर आसपाक जाय.'

''म्हाका सगलें खबर आसा.''

''तशें जाल्यार, गांधीवादी जावप म्हळ कितें जावप? म्हाका तरी कळुंदी. महिला मंड फाल्यां बॉम्ब उडयतां. मिसेस पोरोब मा कितें करता पळोवया. देशांत एकूच महा गांधी आसून बरें जालें, तो तुमी बूक केल आतां मिसेस पोरोब घोवाक कितें जा म्हणटा पळोवया, तिका सांगतां कॉल करुन.''

''आगे कितें जालां बाबाक?'' - व्हड (उगतें मळब फेम)

''आगो कांय जांवना, ते गांधीवा जाल्यात.''

''आवयस! खरें रे बाबा? आत WOMEN'S EMPOWERMEN करतलो?''

''तो न्हय, व्हडलो गांधी.'' ही ताका बाटल हालयत.

''राजीव गांधी?''

''गांधी घराणे सोडून आनीक गांधी ना?' हांव पोन्ने गोयांसून रायबंदर चलून आयिल्लों ताळ्यार उदकाचो थेंबो ना. हांवें सगलो रा व्हडल्याचेर काडलो.

''आगो, नोटीवेलो गांधी.'' ही ताकाचे लोणी काडपाक लागली.

''दांडी यात्रा ऑर्गनायज केल्लो तो मगे?'

''आतां हांव कनफ्यूज जालें पळे, दांडी यात्रेचो ताचो फोटू सदांच सायडीन आसता, नोटीवेलो म्हळ्यार पुरो जायना? तोच तो. आगे बाये, दांडी यात्रा म्हळ्यार बरी याद जाली, हांवें साराक मीठ घालूना.'' ही रांदचेकुडींत धांवली.

''आगो, गांधीवादी म्हळ्यार एक्जॅक्टली कितें तें गूगलार सर्च कर.'' हांवें व्हडल्याक सांगलें आनी हांव पंख्या खाला बसलों.

''बाबा, गांधीवादी म्हळ्यार कांय दाखयना.. लगे रहो मुन्नाभाई....संजय दत्त... संजय दत्त रिलिज्ड ऑन पॅरोल फॉर थर्टी डेज फ्रॉम एरावडा जेल....अशें येता.''

''पिसांट खंयचें.'' हांव दोळे धांपून रावलों. म्हज्यांतलो गांधीवादी वचत म्हूण म्हाका भंय दिसपाक लागलो. कारण म्हजो फाटलो अणभव तितलो बरोऽ नाशिल्लो. फाटीं हांवें बॉर्डर सिनेमा पळेल्लो आनी म्हाका हांवें सैन्यांत भरती जावंचेंशें दिशिल्लें. त्याच दिसा, सुदैवान, बेळगांवां कॅम्पांत सैन्यांत भरती चल्ल्या म्हूण दिसाळ्यांत जायरात आयिल्ली. हांवें सोमतीं म्हजीं कागदपत्रां घेतलीं आनी बेळगांव गाठलें. तांकां म्हजो गोंयांसून थंय येवपाचो उद्देश सांगलो. भरती करपी मेजरान म्हाका वयल्यान सकल पळेलो आनी म्हळें –

'भारतीय सेना के इतने बूरे दिन भी नहीं आये. जब आयेंगे तब आपको जरुर बुलायेंगे।'

हांवें 'जय हिंद' म्हळें आनी दनपारच्या जेवणाक 'आदीनारायणां'त गेलों. नुस्त्याचें बरें जेवलों आनी घरा आयलों. घरा पावलों तेन्ना म्हज्यांतलो सैनीक न्हिदिल्लो. तशेंच आतां जायत म्हूण म्हाका भंय दिसलो. हांवें सावळ्याक फोन लायलो,

''सावळ्या, आसा तसो हांगां यो. हांव गांधीवादी जावंक सोदतां.''

''गांधीवादी जावप म्हळ्यार कितें तें गूगलाचेर सर्च मारल्या?''

''संजय दत्ताक पॅरोलार सोडला म्हूण येता.''

''कांय भिंव नाका. तुका गांधीवादी करुयाच, हांव येतां.'' सावळो रोखडो आयलो.

''गांधीवादी म्हळ्यार GANDHISM रे, IT IS BODY OF IDEAS AND PRINCIPLES THAT DESCRIBE THE INSPIRATION, VISION AND THE LIFE WORK OF MAHATMA GANDHI.'' सावळ्यान भितर येत म्हळें.

हें आयकून म्हजो ताळो सुकलो.

''ताचे परस GANDHIAN सोपें पडटा जाल्यार पळे गो.'' हांवें व्हडल्याक म्हळें.

'OF OR RELATING TO MAHATMA GANDHI OR HIS TEACHING'

''शे, सेम टू सेम मरे! गांधी टोपी घालून गांधीवादी जाताले मरे सगले.'' हांव पिरंगलों.

''आतां टोपी बी घालशी, घाण करतलो.''

''हें आनी नवें कितें? टोपी म्हणजेच गांधी न्हय? म्हणुनूच ताका गांधी टोपी म्हणटात. आमचो बाबा पंदरा ऑगस्टाक प्रभात फेरयेक घालतालो ती, बाकी वर्सभर आई तिणें आयदना पुसताली.''

ही आमकां च्या घेवन आयली.

''च्या? ताका विख दिता?'' सावळो तापलो.

''तांची फास्टींग साकर एकशें धा जाल्या, च्या घेतल्यार जाता. दोतोर रायकारान सांगलां.'' हिणें कप दवरत म्हळें.

''तो आतां GANDHIAN जाला म्हळ्यार OF OR RELATING TO MAHATMA GANDHI OR HIS TEACHING. ताका बकरेचेंच दूद दिवचें पडटलें.''

''जालें तर, हो जालो आनी म्हजें दूद आटलें. आतां हाका जाय म्हणटकच सगल्या बकऱ्यांचेंय दूद आट्टलें.'' आई देवाकुडींतल्यान भायर आयली.

''आव्वयस! म्हजो मात वेगळोच अणभव आं !'' अशें म्हणून ही लजून तांबडी जावन रांदचेकुडींत धांवली.

'गांधीवादी जाता सर म्हज्या नशिबांत हांवें कसलीं कसलीं पिशेपणां पळोवपाचीं आसा देव जाणा!' हांव म्हजेच कडेन उलोवपाक लागलों. म्हाका भ्रम जाल्ल्या सारको जावपाक लागलो.

''बाबा मेळ्ळें रे. GANDHI USUALLY UNDERTOOK LONG FASTS FOLLOWED BY UNUSUAL DIET OF GROUNDNUT PASTE AND ONE BANANA'' व्हडल्यान नेटार पळोवन सोद लायलो.

''बापायच्या जिवार उठलां गो?'' हांव तापलों.

''बाबा HOLD ON! ANGER AND INTOLERANCE ARE THE ENEMIES OF CORRECT UNDERSTANDING तुमच्या गांधीनूच म्हळां.''

''तुमचो गांधी म्हळ्यार कितें गो? गांधीजी सगळ्यांचे बापू होते, मराठी तिसरेक शिकूंक ना तूं?'' हांव तापलों.

''तिसरेक शिकून कितलींऽ वर्सां जालीं पयली गजाल आनी दुसरी म्हळ्यार गांधीवाद हांवें आपणावना तुमी आपणायला. SO BE LIKE HIM.'' व्हडलें म्हाका शिकोवपाक लागलें.

इतल्यान आई देवा कुडींतल्यान पाटलो भर कापूस घेवन आयली आनी तो पाटलो म्हज्या सामकार दवरलो.

''हें कितें गे? गांधीवादी जालो म्हूण हांव कितेंय खपोवन घेतलों? गांधीवाद आनी कापसाचो कितें संबंद?'' म्हजें पासियेंस पिड्डेर जाता अशें म्हाका ओगीच दिसलें.

''हांव गांधीवादी न्हय पूण हांवें ताचीं चित्रां पळेल्यांत. चरखो कोण चलयतालो? गांधीच मरे सावळ्या काय म्हजें चुकलें? आमी चरखो काय हांगां हाडूंक शकऽना तेन्ना ह्यो वाती कर. गांधीजीन चरखो चलोवन देश सेवा केली, तूं वाती करुन देवाची सेवा कर. वातीय सोंपत आयिल्ल्यो. तूं टायमार गांधीवादी जालो पापया!''

इतल्यान ही वालो घेवन आयली.

''तुजें आनी कितें बाकी उरलां?'' हांवें भियेत विचारलें.

''भिकणाची पेस्ट बाटून दवरल्या, केळें रेडी आसा आनी हो वालो.''

''वालो घेवन कितें करुं?''

''वाल्या बगर गांधीवादी जावं येता? नाका जाल्लेंच! वालो न्हेसा आनी मेकळे जाया.''

''तूं पिसावल्या बी?''

''हांव पिसावल्यां? तुमी गांधीवादी जाल्यात. वालो न्हेसून गांधी महात्मा जालो हें सगल्या जगाक खबर आसा तुमकां सोडून.''



''हांवें कापूस हांगां दवरला रे, करपाक लाग तूं वाती.'' आई भितर गेली. ही भितरल्यान शेंदरी घेवन आयली.

''आतां शेंदरेर न्हिदपाचें तितलें उरलां.'' हांवें बेजारुन म्हळें.

''तुमी गांधीवादी जाले म्हणटकच म्हाका कस्तुरबाचो रोल करचो पडलो ना? SHE WAS VERY COOPERATIVE. I AM TOLD. आतां तुमीं सालांत न्हिदपाचें. READ CHAPTER ON BRAHMACHARYA FROM 'MY EXPERIMENTS WITH TRUTH' BY MAHADEV DESAI.''

''BY MAHADEV DESAI न्ही तें TRANSLATION BY MAHADEV DESAI तें. गांधीजीचें आत्मचरित्र तें.''

''जावं, तुमकां चड खबर आसपाचें तें, तुमीं गांधीवादी जावंक सोदता न्हय? गांधीवादी जातकच सांगा आं म्हाका फुडली तयारी करपाक जाय.''

आतां फुडली तयारी कसली काय ती विचारपाची कापास्दाद म्हाका जाली ना.

"MY FATHER HAS BECOME GANDHIVADI YAAR... YES, I AM ALSO FEELING SORRY FOR HIM... ALL A SUDDEN HE HAS TAKEN TH DECISION. WE HAD NO CHANCE OUR FATE HANGS IN BALANCE.

व्हडलें कोणाक तरी फोनार सांगतालें.

''दत्ता, सांजचो येतना नारुल्या गाड्ड ०२चेर बीस रुपया लाय... ना.. बाबा ब घेंवचो ना तो गांधीवादी जाला... म्हाका आ कळ्ळें. कितें करुया? आमचें नशीब... तागे आसां.. गांधी म्हळ्यार ०२ न्हय? म्हणून ल म्हळां तुका.... ना, वालो न्हेसुना भाभीन हा दिला ताका... पेपरान दिवपाचें? कितें?. वाल्याचा वाल्मिकी झाला?...मटका एजंट गांधीवादी - एक प्रवास?... दिवया दिवय वाडदिसाक...'' सावळो दत्ता लागीं मोबायल उलयतालो.

हांव फॅना खाला बसून वाती वळटालों.

■

- कृ.म.सुखठणकार
रायबंदर - गोंय. मो. : ९८५०५३०७५

वसंतोत्सव

- शर्मिला वि. प्रभू

सांजवेळचें वत मात्शें मोव जातकची पोरसांत झाडांक उदक शिपूंक म्हण गेलें. थंड शितळ वाऱ्यान जिवाक मात्शी थाकाय गावली. ह्या उबाळाच्या दिसांनीं घरांत फॅना सकयल रावचे बदला सांजवेळची पोरसांत पासय मारप चड बरें दिसता. सदचे वरी झाडांक उदक शिपतां-शिपतां हांव प्रत्येक झाड नियाळूंक लागलें. तशें म्हजें मन खोशयेन मुमुरखेंच हांसूंक लागलें. ताका कारणय तशेंच आसलें. प्रत्येक झाड आपलेपणाची खासियत जागयत नाजूक कळयो आंगा-खांदार खेळयत आनंदोत्सव साजरो करतालें. पुराय ल्हान-व्हड गुलाबाचीं रोपुलां तर गुलाबी, धव्या, तांबड्या गुलाबांनी भरिल्लीं. दसणी झाडांचें तर गुणगान गायता तितलें कमीच. तें तर बाराय म्हयने फुलपी झाड. पूण ह्या दिसांनी मात तें भरगच्च फुलांनी भरिल्लें. अनंत तर धव्याच बारीक-मोठ्या फुलांनी पोरसाची सोब वाडयतालो. नाजूक-शिडशिडीत आंगाचो रामुलो तर नाजूक धव्या-गुलाबी फुलांनी भरगच्च भरिल्लो. मोगरे कळयांचो परमळ पुराय पोरसूंभर फांकिल्लो.

इतल्यान म्हजी नदर पेल्या दिकेन आशिल्ल्या त्या गुलमोहराचेर गेली. फुलझाडां भितर सगळ्यांत उंच झाड म्हळ्यार हो गुलमोहर. माथ्याक तांबडीच तोपी घाल्लेवरी दिसलो तो म्हाका! कंपाउन्डाच्या आदाराचेर सगळ्यांत पयस असो आपलो आरभाट पसरावपाक सोदपी ती पानवेल. नव्या आकऱ्यांनी गजबजिल्ली. म्हातारेचे कापूस उडत येवन थंयच विसव घेताले. सावरी बोणांतले ते इल्ले-इल्लेशे उडपी कापूस पळोवन म्हाका आमचे कॉलेजींतल्या थळी सरांची याद जाली. 'पानवेलीच्या उकत्या मोगाक सावरी बोणां हांसलीं.' शेजान्नील्या पोरसांतलो पणस तर साबार गुटगुटीत पोरांक आंगा खांद्यार खेळयत आनंदोत्सव मनयतालो. जांबांचें झाडय पानां-पानांनीं गुलाबी कोराचीं फुलां मिरयत आपसूक सळसळत हांसतालें. करमलीचें झाड तर भांगरा कोराचीं करमलां मिरयत सुकण्या-सवण्यांची वाटच पळयतालें. हें सगळें पळयतां-पळयतां गरमेचे धगसाणीचो म्हाका पुरायपणान विसर पडलो. हो सगळो तर जादूच आसलो. सैमाचें मुखामळ सगळ्या दिकांनी पुरायपणान बदलपी त्या वसंतऋतू नांवाच्या जादूगाराचो! सगळ्या सजीव जिवांक आपल्या अप्रुप सैमीक सोबितकायेच्या देण्यान पिशें लावपी. शिशीरांतली पानगळ सोंपता आनी पांचवे पालयेची शुभशकुनां घेवन वसंत येता. नव्या वर्साची चैत्र पाडव्याची नवी सुरवातय ह्याच ऋतूंत जाता. मागीर पुराय झाडां-पेडां, वाली-झोपां फुलां पानांनी सोबीत नटतात. आंबो-पणस, काजू, भिरंड, जांब-अणस तर फळांनी भरतात. रानमेव्यांचें वर्सूकी देणेंय ह्याच दिसांनीं गावता. चारां-चुन्ना, काण्णां ह्या सगळ्यांत कणेरांचीय भरस गावता.

आयज मेरेन जायत्या कवीनी ह्या वसंतऋतूचेर जायत्यो कविता बरयल्यात आसूये! जायत्या गवय्यांनी वसंताची महती सांगपी गीतांय गायल्यांत आसूये! कुहू कुहू गोड गळ्यान, गोड सुरांनीं वसंताक येवकार दिवपी तो कोगूळ, ताचे सूर आयकले काय वसंत आयला म्हणपाची गवाय मनांक आपसूक हळुवारपणान आपडून वता. मागीर मन आनी काळीज आपसूक वसंतमय जाता. ह्या फुलावेल्यान त्या फुलार उडपी फुलपाखरावरी नाचूंक लागता. अमुरपिक्या आंब्यांची चव घेवपी चानयेपिलांक आंब्या रुखार सोदूंक लागता. पिकून तक्क जाल्ल्या हळदुव्याच काजू फोगांचो हळुवार चोचीन थेंब्याथेंब्यान रोस चाखपी सवण्या पिलांक लक्तुबायेन नियाळूंक लागता. खरेंच वसंतऋतूचें आगमन म्हळ्यार मनीस जिणेंतलेंय नवचैतन्य. एकेवटेन वाडटी गिमाची गरमेची धगसाण जिवाक सोसूं नजो जाता. तर दुसरे वटेन वसंताचें आगमन मन उल्हासीत करता.

चैत्र शुध्द नवमिक रामनवमिचो उत्सव ह्याच ऋतूंत येता. सवसारांत सगळ्या आदर्शाचें उदाहरण स्वताचे करणेंतल्यान जनां सामकारा दवरपी अशा प्रभू रामचंद्राचो हो जल्मदीस. शिवाय चैत्र पुनवेक येवपी हनुमान जयंती उत्सव. बळीश्ट आनी शुरवीर अशा रामभक्त हनुमानाचो हो जल्मदीस. तशेंच पिंडीकोत्सव, वसंतपूजा, चैत्रपोर्णिमोत्सव अशे जायते उत्सवय ह्या ऋतूंत देवळांनी मनयतात. जायत्या देवळांनी ह्या निमित्तान जात्रोय जातात.

मोगरीं, सुरंगां, चाफीं, वोवळांचो परमळ वांगडा घेवन येवपी हो वसंतऋतू सदांच असोच उरचो अशें सगळ्यांकच दिसता. सुकण्या-सवण्यांचे मधूर आवाज, कोगळांचें गीत आयकत रावचें देखून हो वसंतऋतू असोच उरचो अशेंच सगळ्यांक दिसता. पूण गरमेची धगसाण वाडत वता. झाडां-पेडां उदकाक सामकीं आशेतात. रानांतलीं जनावरां, सुकणीं सवणीं तानेवंक लागतात. रानांतलीं उदकाचीं स्त्रोतां आटूंक लागतात. गांवांतल्यो न्हंयो-बांयों सुकूंक लागतात. माय तापूंक लागता. धर्तरीमांय जीव दोळ्यांत घेवन मागीर तानेल्ल्या मना काळजांत पावसाची वाट पळोवंक लागता. वसंतांतल्या मनमोहक वातावरणाक थंडसाण दिवपाक पावसाची एक घसघशीत दडक जाय शी दिसता. माय सोंपता तशीं सगळीं जाणां मिर्गा कडेन नदर लावन बसतात. रानां-वनांत शिळोणी घालपी शितळ वारोय नेटान धावंक लागता. नेटान गडगड मळब धाडावंक लागता. आतां घडये पावस पडत हाची सुलूस संवसाराक लागता. ■

- शर्मिला प्रभू,
आगाळी - फातोर्डा. फोन :2740640

उमाळे

तीन तीनसांजो

- सुमेधा कामत-देसा

म्हाका व्हडले भावंड नाशिल्ल्यान संवसारांत सदांच धाकले भयणीचो रोल करूंक खूब आवडटा. (म्हज्यो दोन धाकल्यो भयणी जल्माक आयिल्ल्या पसूनच म्हज्यो व्हडल्यो भयणी जाल्यात. तांची भुरगींबाळां बी आशिल्ल्यान तीं म्हाका अणभवान सिनियर जाल्यांत.) हांव जाल्लें तेन्ना ल्हान आसलें, आतांय बी पंच्चावन वर्सां नंतर ल्हानूच उरलां.

एक मराठी कवयित्री म्हणटा: आई, तुंवें म्हाका लग्नांत जो शालू दिल्लो ताच्या पालवार मोर कित्याक भरलो गे? आतां तोच मोर म्हाका पांखां फुलोवन उडण घे म्हण सांगता.....

ते कवयित्री भशेनूच म्हजे प्रिय आवयनूय म्हज्या शालवाच्या पालवाचेर पांखां उबारून नाचपी, म्हाका मळबांत मुक्त उडण करपाक प्रेरणा दिवपी जितो जिवो, तट्तटीत, सप्तरंगी मोर भरलो ते आईक म्हजें सगळें कितें हांव ओंपतां.....

आनी एक याद येता.....

तिसेक वर्सां तरी जावन गेल्यां आसतलीं ते खबरेक. पणजेंत आयल्यारूच म्हाका अठ्ठावीस वर्सां जावन गेलीं. ताचे पयलीं हांव मडगावां दै.राष्ट्रमतांत उपसंपादक म्हण काम करतालें. दर वर्सा मानेस्त (स.) केणीबाब पत्रकारितेचो एक कोर्स आयोजीत करताले. तातूंतल्यान कांय होतकरू तरुण-तरुणी पत्रकारितेचें शिकप घेताले. शिकप जातकीर कोण थंयच रावताले जाल्यार कांय जाण (अर्थात चडशे) थंयच्यान भायर सरून वताले. ते पद्धतीन हांव थंय १९७९ च्या जून म्हयन्यां पासून बद्द १९८६ च्या जून मेरेन दसून उरलें. एक पावट ह्या कोर्साक वैजयंती प्रभू गांवकार आयिल्लें. तेन्ना तें प्रायमरी शाळेंत नोकरी करतालें आनी सांज वेळार राष्ट्रमतांत पत्रकारितेचो कोर्स करताले फुडें ताणें एम.ए. केलें आनी मागीर काणकोणा हायर सेकेंडरींत शिकोवंं लागलें. वैजयंती खूब हुशार, धाडशी अश चली-मनीस. ताका खूब गजाली खब आसताल्यो. तें प्रेमळ, दुसऱ्यांक मज करपी, ते भायर तें बरें बरोवपी. तें तेन्न खूब सुंदर कविता बरयतालें. अशे हे हरहुन्न वैजयंती कडेन म्हजी रोकडीच इश्टाग जमली. वैजयंती जेन्ना आक्यां सांतूज गरैज मुखार एका ल्हानश्या बिराडांत रावतालें हावें तागेर त्या बिराडांत एके रातीचो राबित लेगीत केला. तें वयच तें! खूब खबरे मारप आनी रातभर हांसत रावप. एक पावट हांव वैजयंती वांगडा ताच्या घरा पैंगिणे



पावलें. कुळागरांत तांचें खूब सुंदर घर आसलें. ताचे घराकडेन ताचेच भशेन प्रेमळ आवय आसली. आयिल्ल्या गेल्ल्याचें स्वागत करताली. हांव वैजयंती वांगडा तांच्या घरा फाटले दोंगुल्लेर गेल्लें. थंय आमी हळदुव्या रंगाचे मोठे, रसाळ काजू खाल्ले. (म्हणजे हांवें खाले). तसले गोड काजू हांवें आयुश्यांत दुसरे पावट उश्टावंक नात!

आमी कामत पाड्डेंचे जरी आसले तरी आमचें मूळ स्थान पैंगीण, कुकुमगाळ ह्या वाड्चावेलें. म्हज्या आज्याच्या आत्मचरित्रांत म्हाका तसो उल्लेख मेळटा. वैजयंती हांव ताचे फाटीक लागलें म्हूण म्हाका दोंगराच्या देंगणांत आशिल्ल्या कुकुमगाळ ह्या निर्जन, निर्मनुश्य वाठारांत घेवन गेलें. कित्याखातीर म्हज्या पूर्वजांनी आनी तांच्या वांगडच्यानी हो जागो सोडला आसतलो काय? हो प्रस्न हांवें प्रजलाक विचारलो. ताणें सांगलें, 'एखाद्रो ग्रूप एखाद्ग्रा विशिश्ट जाग्यावेल्यान स्थलांतर करता तेन्ना ते गजालीक अनेक कारणां आसूंक शकतात. वैजयंतीन सांगलें, 'गांवचे लोक सांगतात, हांगाचें उदक अचकीत सोंपलें तेन्ना लोकांक दिसलें, तें देवाचें रागणें म्हूण! आनी मागीर लोकांनी जागो सोडलो.'(आधुनीक शास्त्रानुसार भुगर्भांत अकस्मात जाल्ल्या घडामोडींक वा बदलांक लागून उदकाचो प्रवाह भायर येवपाचो बंद जावंक शकता वा तो दुसरेकडेन व्हावंक शकता.) म्हजो पूर्वज जाल्यार पाड्ड्यां नात्यांतले एके, एका दोळ्यान सारकें दिसनाशिल्ले चलयेकडेन लग्न जावन नागेश देव आशिल्ल्या नायक कुटुंबाचो घरजांवय म्हूण रावंक आयलो. फुडल्या पिळग्यांत पाड्डें आगडींत उदर-निर्वाहा खातीर कामत घराण्यान पसरो घालो. आमचे कामत घराण्यांतले लोक खूब कमी आसात. आमी नागेश देवाचे म्हाजन. म्हजे कॉलेजींतलो बोर्जीस नांवाचो प्रोफेसर म्हाका सदां सांगी. कामत गिरडोले आसले. तोय पयलींचो गिरडोलेचो कामत खंय! गिरडोली साश्टींत पडटा. बाटाबाटीच्या काळांत कुशावती न्हय हुपून पळून वचून ते पाड्डें वचून रावल्या आसूं शकतात. पूण म्हाका ताची ही कल्पना पटना. कारण कुलदैवतांवेल्यान आमकां खूबश्या समश्यांचो उलगडो जावं येता!

म्हज्या पूर्वजांची मूळ वस्ती आशिल्लो हो कुकुमगाळ वाडो पळोवन म्हजें मन उदास जालें. आतां तीस वर्सांनी परत एकदां म्हाका म्हजे 'रुट्स' सोदपाक थंय वचूंक जाय. तो जागो अजून तसोच आसा काय, काय तातूंत कितें बदल जाला? म्हाका त्या वेळार थंय जुन्या वसतीचे अवशेश पसून दिशिल्ले. पावसाच्या अविरत माऱ्यान हालून गेल्ल्या आनी जमनी भरवण जाल्ल्या चिऱ्यांच्यो वणटी तातूंतल्यान हजार वेळां जल्म घेतिल्ल्या आनी हजार वेळां सुकून हळदुवें जाल्ल्या करडान घाल्ली चादर, आकूळपिकूळ करपी ती सांजवेळ आनी भावनांनी भरून गेल्लें म्हजें मन.....

पूण रातीकडेन वैजयंतीच्या त्या कुळागरांतल्या थंड आनी शांत घरांत म्हज्या मनाक खूब थाकाय मेळ्ळी. म्हाका ते राती ताणीं वाडिल्लें जेवण पसून याद जाता. हुनहुनीत शीत, रुचीक सार आनी शाक. खूब वेळ हांव जेवीत बसलें. शीत आनी सार, शीत आनी सार. पोटभर जेवपाक पसून आयुश्यांत कांय योग येंवचे पडटात.

मागीर फांतोडेर उठून हांव आनी वैजयंती कारवार गेलीं. हांवें ते पयलीं कारवार केन्नाच पळोवंक नासलें. गोंय मुक्तीच्या पयलीं आवयचे हांडीर बसून मुंबय बी गेल्लें. तेन्ना हे वटेनच्यानूच गेलां आसतलें! म्हजें मडगांवकारांचें उडप म्हळ्यार त्या वेळार फकत स्वाम्याच्या मठा मेरेन. फुडें ना. त्या वेळार काळी न्हंयेवेलो पुलय जावंक नासलो. सदाशिवगड तें नंदनगद्दा अशी व्हडल्या व्हड्यांतल्यान वाहतूक चलताली. हांवें मांद्ग्रां भाऊमामागेर वतना शिवोले तें चोपडें असो धाकल्या व्हड्यांतल्यान प्रवास केल्लो. पूण अश्या ह्या खूब व्हडल्या व्हड्यांतल्यान पयलेच पावट वतालें. त्या व्हड्यांच्या तोंडाक घोड्यांचीं, हांयसांचीं मोवाळीं लायिल्लीं. जण काय खऱ्यांनीच एक व्हडलें हांयस त्या उदकाच्या विशाल साठ्यांतल्यान सरासरा पेंवत वता अशें तें दृश्य दिसतालें. काळी न्हंयेच्या उदकाच्या प्रवाहाचो खूब व्हडलो आंवाठ, ती प्रसन्न सकाळ, मनांत उत्साह, शरिरांत तारुण्याचो जोम आनी रगताची हुनसाण... कितें वेगळेच दीस आशिल्ले ते जीवनांतले! ते दीस जण एकल्याच्या जीवनांत येतातूच. त्या वेळार जर मन आनी बुध्दी हाचेर कार्यसंस्कृतीचे संस्कार घडयले जाल्यार जीवनांत यश मेळोंव येता.

राष्ट्रमतांतलीं सात वर्सां हांवें जन्मठेपेच्या कैद्याभशेन काम केलें.दिसभर लेखन, भाशांतर आनी घरा येवन पुस्तकांचें वाचन. दिसाचो राष्ट्रमत आनी रातचें वाचन. त्या सात वर्सांनी म्हज्या आयुश्याचेर कायमचो प्रभाव घाल्लो. लेखक मानाय आसूंक जाय, हें म्हाका थंयच्यान भायर सरतकीर कळ्ळें. चार लेख पेपरांत छापून आयले काय आयचे तरनाटे पुस्तकां काडूंक धांवतात. पुस्तक काडपा खातीर कितलें तप करचें पडटा हाची तांकां जाणीव ना. हांव म्हज्या तरनाट्या लेखक मित्रांक खूब शुभेच्छा दितां, पूण ताचे पयलीं मरसर वावर करपाची गरज आसा, हाची याद करून दितां.

आतां म्हज्या मनांत उत्साह आसा, पूण शरिरांत तो तीस वर्सां पयलींचो जोश ना.(पूण सपनांत म्हाका दिसता, हांव धा-बारा वर्सांचेंच आसां म्हण- आनी मागीर



हांव उडक्यो मारीत, एकाचें धपान तीन तीन सोंपणां चडत-देंवत वतां. खूबश्या चळवळ्या लोकांक असलींच म्हजे भशेन सपनां पडटा आसतलीं. आपूण ल्हान वो तरुण जाल्ल्याचीं.)

मनांतल्यो प्रखर इत्सा सपनांत मूर्त रुप धारण करून येता आसतल्यो.....

आमचें व्हडें नंदनगद्दाचे तडीक लागलें. आमी एका कुळागरांतल्यान वाट काडीत वैजयंतीच्या इश्टांगेर पावलीं. तांचें थंय जुन्या पध्दतीचें, सादेंशेंच घर आसलें. वैजयंतीचे वचत थंय इश्ट. कांय मनशां दुसऱ्यांक सदैव आदार करपाक, प्रेम करपाकूच जल्माक येतात. वैजयंती तातूंतलें एक! वैजयंती म्हाका म्हजी व्हडली भयणूच कशी दिसताली. म्हाका व्हडली भयण/ भाव ना. म्हण म्हज्या जीवनांतलो तो एक कोनसो रितो उरलो. पूण म्हज्या परस वयान व्हड, खूब व्हड आशिल्ल्या मनशांकडेन म्हजी रोकडीच इश्टागत जाता आनी म्हजेपरस वयान व्हड आशिल्ल्या (आनी म्हजें बरें मागपी घोवाच्या वटेनचे कांय वयान व्हडले आशिल्ले लोक त्या नात्याचो फायदो घेवन म्हजो मानसीक छळ करतात, तांका मात हांव कुस्कुटाचो मान दिना.) लोकांक मानतां, तांचें आयकतां. हांव म्हजे वावराडेचें पसून आयकतां. तिका पांच भुरगीं. ते भायर तिणें आतां जांवय हाडल्यात, नातरां जाल्यांत. वय पंचेचाळीस. पूण अणभव तिका चड. 'ताई हे असं करा हो, तसं करा हो' म्हणटकीर हांव ओग्गी रावन तिचें आयकतां. पूण म्हज्या व्हाजांतल्या फुलांचे देंठे मोडून ती नवी पुष्परचना करता तें मात म्हाका निखालूस आवडना. पूण हांव ताचेर पसून कांय उलयना. सोडून बी गेलें जाल्यार! फुलां चार दिसांचीं. वावराडेक पंद्रा वर्सां जालीं. हांव फकत बॉसाक आनी वावराडेक भितां आनीक कोणाकूच ना. घोवाक पसून ना. आसूं !(संवसारांत खंय शेणा थाप्याक पसून भिवचें पडटा अशी एक म्हणणी आसा. शेणा थाप्यान पांय भरलो जाल्यार प्रॉब्लेमूच! थाप्यांतलो पांय उखलून, तो चारीक पुसून मागीर घरा वचून धुवून येयसर तुजें काम उलगता, हो हे म्हणिचो अर्थ!)

म्हाका व्हडले भावंड नाशिल्ल्यान संवसारांत सदांच धाकले भयणीचो रोल करूंक खूब आवडटा. (म्हज्यो दोन धाकल्यो भयणी जल्माक आयिल्ल्या पसूनच म्हज्यो व्हडल्यो भयणी जाल्यात. तांचीं भुरगींबाळां आशिल्ल्यान तीं म्हाका अणभवान सिनि जाल्यांत.) हांव जाल्लें तेन्ना ल्हान आसलें आतांय बी पंच्चावन वर्सां नंतर ल्हानू उरलां. फाटीं सुमन मावशेगेर मडकय गेल्लें थंय म्हाका कोणें चुकून (तीं म्हाका सदां भुरग्यांचे पंगतीक वाडटालीं) म्हाक भुरग्यांचे पंगतीकूच वाडलें. कांय फरक पडना. जेवणूय वाडलें. पेज आनी कातल कुडको! साखर बी वाडिल्ली जाल्या प्रॉब्लेम!

पूण एक, हांव जेन्ना कॉलेजांत व समाजांत वावुरतां, तेन्ना म्हाका व्हडल भयणीचो रोल करपाक येना आसलो कित्याक म्हाका जाणट्यांचें प्रेम सद सर्वकाळ मेळ्ळें.(हांव तांचें आयकतालें मान दितालें,कामां करतालें.) पूण ही नवी पिळगी तो मान आमकां दिवपाक तयार ना. तांकां दिसता आमी तांचें आयकुपाचें आनी तांचीं कामां करपाचीं. एक जाण्टो मनीस सांगतालो, तो खंय भुरगेपणांत आवय बापायचें, आज्या आजयेचें हांतरूण घालतालो. आतां खंय ताका पुताचें आनी

नातरांचें (पुता-सुनेक वेळ ना म्हूण) हांतरूण घालचें पडटा म्हण. मागीर म्हजे पिळगेचें हांतरूण कोणें घालप? आमचे आमीच? ते भायर म्हाका भुरगीं नांत. ताका लागून निदान सुनेचें हांतरूण घालपाची पाळी तरी म्हजेर येवची ना. तितलेंच भाग्य म्हणपाचें !

नवे पिळगेक समजून घेवपाक म्हजी मानसीक तांक उणी पडटा आसतली! म्हजे म्हाकाच काऊन्सिलींगाक वचूंक जाय!

एक टीप-भयणी तोकांसांव मारतात, ताई, तुंवें फाटल्या तिगांय भांवडांचेर प्रेम करूंक ना. पूण आमच्या भुरग्यांचेर मात तूं आतां खूब खूब प्रेम करता, हें कशें तर... कोणांक खबर, कितें भानगड ती! म्हाका मनान वाडपाक खूब वर्सां लागल्यां आसतलीं! हत्ती भशेन.

नंदनगद्दाच्या त्या अम्मान आमकां विचारलें, तुमी पेज जेवतलीं काय म्हूण. म्हाका अजाप! आमी मडगांवकारां. शारांत जल्मल्लीं, शारांत वाडिल्लीं. सकाळीं पेज जेवपाची पध्दत आमचे मुस्तींत नासली. हांव त्या वेळार शाळेंत, पेज आनी केन्ना जेवतलें? धा वरांचेर लोक सद्दां पेज जेवतात हें म्हाका खबर पसून नासलें. तशे खेडेगांवांत कामकरी, शेतकरी वर्गांतले लोक सकाळचे नाश्तो म्हणून पेज जेवतात हें इनडायरेक्ट खबर आसलें. रमेशाच्या जेवणावेल्या एका सुंदर आनी सुरबूस लेखांत कुंडल्यांत शिजयल्ली पेज आनी खुब्यांच्या तोंडाकाचें वर्णन येता. मागीर नंदनगद्दा वचून, पेज जेवन, व्हड्यांत बसून आमी सदाशिवगडार परत येतात.

वैजयंती तेन्ना शिवाजी विद्यापीठाचें एम.ए. करतालें. तेन्ना एक पावट हांव ताचे बरोबर कोल्हापूर फिरूंक पसून गेल्लें. तिसेक वर्सां पयलींची गजाल. एक दीस वैजयंतीन म्हाका सांगलें, आपल्या कुळागरांत एक भेकरूं (माऊस डियर)

मेळ्ळां. तूं ताका पळोवंक येता जाल्यार यो. हांव आनी रावतां? उडकी मारून वैजयंतीगेर पावलें. बोकडेच्या पिला येदें भेकरूं. इल्लेंशें सानुलें. काळश्या तांबश्या रंगाचें. चकचकीत उदकाळ दोळ्यांचें. टुण टुण करून कुडींत उडक्यो मारतालें. हांव ताच्या आनी वैजयंतीच्या फाटीकूच लागलें. वैजयंतीच्या पायां पडलें, तें पील म्हाका दी म्हणून. वैजयंतीन पील म्हाका दिलें. हांव ताका गाडयेंत घालून नावेले घेवन आयलें. ताका वाडयलें. ताच्यो सगळ्यो लिला लागिच्यान पळयल्यो. निमाणकडेन ताचो अकाली दुःखद अंत जालो. खरें म्हळ्यार शाण्या मनशान रानवटी जनावरां आपले घरा हाडपूच न्हय. तांचे खूब वेगळे प्रस्न, समस्या आसतात. कांय पावटी जनावरांचीं पिलां वाट चुकतात. घरांत, भाटांत येतात. तांका आमी तांच्या अधिवासांत त्याच अरण्यांत परत सोडलें जाल्यार थंय जायत्या वाटांनी तांचे शत्रू तांका गिळूंक उबे राविल्ले आसतात. वागटां, यीवलां, कोले, कोलसुणे आदी. आवय वो कळप चुकलो म्हणचे तांचें मरणूच! महाराष्ट्र, कर्नाटकांत जायते पावटी बोकड्यांच्या कळपा वांगडा जायते पावटी चुकून अशीं हरणाचीं पिलां येतात.

हांवें एकदां तामिळनाडूंत फॉरेस्ट ऑफिसरा मुखार रातचीं खूब हरणां जमिल्लीं पळयलीं. फॉरेस्टाच्या मनशांनी सांगलें, हरणां दिसभर वयल्या रानांत चरतात. मागीर रात जातकीच सकयल फॉरेस्टाचे कॉलनींत येवन विसव घेतात. रानांत वागाचो भंय दिसता म्हूण! आतां कोणाचें खरें आनी कोणाचें फट? पील रानांत परत सोडून दिलें जाल्यार कितें जावपाचें? आतां तरी आमी तें बोंडला वा महावीर अभयारण्यांत धाडून दिवंक शकतलीं आसलीं! पार्शां आमच्या घरावेल्या दोंगरार वा घरा सकयल्या भाटांत असंख्य मोर येतात. झाडांझोंपांचेर कुचकुचीत बशिल्ले पळोवंक मेळटात. हें आमचें भाग्य! तांका आमी आडावन धरूंक ना. ते मोर विश्वमानव! जाय थंय ते सकाळीं उडून वतात. तरीकूय म्हज्या आवारांत म्हाका स्वताचे मोर पाळपाची खूब उमेद आसा. पूण रिटायर्ड जाल्या शिवाय तें सपन पूर्ण जावंचेंना.

मोर पयसुल्ल्यानूच बरो दिसता. पोसले जाल्यार तांची भयंकर पिडापीड आसतली! आमच्यो पोशिल्ल्यो चानयो डायनींग टेबला वयले डबे सकयल धुकलून दिताल्यो आनी दुदाच्या तोपाच्यो वेळण्यो काडून उडयताल्यो. हांव पेपर वाचतां म्हणून म्हज्या हातांतलो पेपर तोंडांत धरून काडून व्हरतालीं.

हो मोर पोसलो जाल्यार म्हज्या हांतरुणार येवन न्हिदतलो.(हांवें कन्याकुमारी विवेकानंद केंन्द्रांतले पांच सुबेज-आपसुलाद मोर पळयल्यात लायब्ररींत बसून पुस्तकांचेर न्हिदपी.) आनी फ्रिज उगडून जेवण जेवतले. जनावरां पयस आसतात, आमकां भितात तेंच बरें .....

(चलता...)

■

- सुमेधा कामत देसाय
तोंका - करंझाळें. फोन : २४६१३११२

अथ्रेकणी

हांवें तिच्या दोळ्यांतलीं दुकां म्हज्या पदरान पुसलीं आनी तिची बरोच वेळ विचारपूस केली. ती म्हजेकडेन कांयच उलयली ना. फक्त हावभाव करून मोन्यानी खूबशें कितें सांगून गेली.

सुबाक्का

- रेखा रामनाथ नाय

हांव आनी म्हजी इश्टीण वाटेवयल्यान चलतना उलयतां उलयतां सुबाक्काच्या वाड्यार केन्ना पावलीं तेंच कळ्ळेंना. वाडो बरोच सुदारिल्लो. पूण सुबाक्काचें घर तशेंच आशिल्लें. फुडल्यान आंगण, दारांत तुळस, बल्कांवार तांबडेच दोन सोपे. गडगंज फुडलें दार. नदर वयर केल्यार दाराक कुलूप दिसलें. दारावयर बालाजीचें पायंजेल आसतालें. तेंय दिसलेंना. खिणभर आमी थंयच घुटमळ्ळीं. इतल्यान पयशिल्ल्यान कानार उतरां पडलीं, 'सुबाक्का माता की जय', 'सुबाक्का माता की जय.' आवाज येता ते दिकेन आमी चलत रावलीं. मुखार आमकां लोकांची गर्दी दिसली. ती पळोवन म्हजी उमळशीक वाडली. हळूच ते गर्देत आमी भितर सरलीं. पळोवंक वचत जाल्यार सुबाक्का बरीच जाण्टी जाल्या आनी लोक तिका पांयां पडून आशिर्वाद घेतात. सुबाक्का कांयच उलयनासतना लोकांक आपलो हात वयर काडून आशिर्वाद दिता.

बऱ्याच तेंपान सुबाक्काक मेळूंक हांव आयिल्लें. म्हज्या प्रशिक्षणाच्या काळार म्हैसुराक आसतना एक फावट उटीक वतना अचकीत म्हजी आनी सुबाक्काची गांठ पडली. थोड्याच वेळाची वळख पूण याद उरडसारकी. स्वभाव एकद मायेस्त. कोणाकूय आवय मेळिल्ल्याची खोशी जातली. आदाराक पावपी, बरें मार्गदर्शन करपी, निस्वार्थी, उदार मनाची. दोन दीस म्हाका तिचो सहवास मेळिल्लो. त्या दोन दिसांक म्हज्या सांगाताक ती आसतना तिणें विसेक लोकांक आदार दिल्लो हांवें पळेलो. थोड्या वेळाक गांवच्या भलायकी केंद्रान वचून रोग्यांची तिणें खबर घेतली. कांय जाणांची सेवा केली. दोन ल्हान भुरगीं वखद घेनाशिल्लीं, तांकां मजेशीर काणयो सांगीत तिणें वखद पिवयलें. कांय जाणांक आपले कपडे दिले. थंयच्यान भायर सरतनाच एक जाण्टी बायल पांयांक जखम जाल्या म्हुण जोतें घाली नासतना हायहूय करीत चलताली तें पळोवन सुबाक्कान तिका आपलें जोतें घालूंक दिलें. आपल्या बॅगांतलो ट्यूब काडून तिचे जखमेक मलम लायलें. खावपाक तिका दोन केळीं दिलीं. अशे तरेन वचत थंय तिचो सेवाधर्म पळोवन म्हजो दीस कसो सोंपलो तेंच म्हाका कळ्ळेंना. परत दुसऱ्या दिसा, सरकारी कार्यालयांत वचून तिणें जायत्या लोकांक मजत केली. कोणाचे कसलेतरी अर्ज भरून दिले. कोणाक कितें कळनाशिल्लें म्हुण योग्य मार्गदर्शन केलें. अशें करीत करीत दनपार जाली. थंयच्यान भायर सरतना सात आठ बायलो तिच्या म्हऱ्यांत आयल्यो. तांकां घेवन ती आमचे बराबर देवळाच्या वाठारांत आयली. थंय तिणें दिसपट्टें शंबरेक लोकांक जेवण दवरिल्लें. देवळांतल्यो आरती जाल्यो आनी रोखडेंच जेवण वाडपाक सुरवात केली. रांदपाक थंय तीन बायलो आसात. त बरोबर सुबाक्का आपुणूय तांकां मदत करताल आपल्या हातांनीं सुबाक्कान आमकांय वाड आनी आपुणूय आमचे बराबर जेवली.

म्हाका दिसता फुडें फुडें तिणें बरीच उदरग केली आसतली आनी तेच खातीर घडये लो तिच्या कश्टांचें मोल जाणून तिका देवी मानता आनी आशिर्वाद घेवंक तिच्या म्हऱ्यांत धां घेतात. हें सगळें येवजितां येवजितां हांव केन ते गर्देतल्यान धुकलत धुकलत सुबाक्का म्हऱ्यां पावलें तें म्हाका कळ्ळेंच ना. 'अग, पोचली तू माताच्या पायाशी. पटकन घे आशिर्वाद' ह उतरां आयकून म्हाका जाग आयली. तरी हांव सुबाक्काक खिणभर पळेतूच उरलें. मात्स कळाव जाला तो पळोवन सुबाक्कान तकल वयर काडली आनी कितें अजाप. सुबाक्का उठून म्हाका वेंग मारली. एकूय उत उलयनासतना सुबाक्काच्या दोळ्यांतलीं दुक म्हजे फाटीर पडलीं. कितल्याशाच तेंपान आवय धूव मेळिल्ल्याची आनी धुवेक आवय मेळिल्ल्याची खोस जाल्ले भशेन दिसलें.

सुबाक्का आतां खुबूच जाण्टी जाल्ली लोकांक सूख दीत ती आयिल्ली. पूण तिची स्वताची व्यथा वेगळीच आशिल्ली. तिणें लोकांचें बरें केल्लें पूण तिच्याच घरच्यांनी तिका खुबूच दूख दिल्लें. ती करता त्या परोपकाराची मात लेगीत कदर करिनासतना तिचोच घोव तिचेकडेन आयिल्ल्या दिसा वादावाद करतालो आनी तिचो पूत सुनेचे शिकवणूकेन आवयपसून पयस जाल्लो. निमाणेकडेन सुबाक्कान उबगून घर सोडलें आनी देवळाचे अगरसाळींत ती रावूंक लागली. येत्या वत्याचें ती बरें करीत रावली. तातूंत तिच्या मनाक समाधानूय मेळ्ळें. आज ती जाण्टी

जाल्या पूण अजुनूय बशिल्लेकडेन लोक तिचेकडेन देवीमाता मानून आशिर्वाद घेवंक येतात. तातूंत तिका सूख मेळटा तें तिच्या दोळ्यांतल्यान हांवें पारखिलें.

हांवें तिच्या दोळ्यांतलीं दुकां म्हज्या पदरान पुसलीं आनी तिची बरोच वेळ विचारपूस केली. ती म्हजेकडेन कांयच उलयली ना. फक्त हावभाव करून मोन्यानी खूबशें कितें सांगून गेली. त्या दिसा तिणें म्हाका कशेंच सोडलेंना आनी म्हजेंय मन तिका सोडून वचूंक शकलेंना. हांवें आनी म्हजे इश्टीणीन ती रात तिजेच बरोबर काडली. हांव थंय राविल्ल्याची तिका खूबूच खोस जाली. दुसऱ्या दिसा थंयच्यान भायर सरतना परत दोळे भरून आयले. पावलां सामकींच जड जालीं. कुळारच्यान पावल भायर काडिल्ले भशेन म्हजी अवतीकाय जाली. सुबाक्काच्या तर दोळ्यांची झरूच व्हावूंक लागली. निमाणें कशेय तरेन मनाचेर ताबो दवरचोच पडलो. दुकां सावरलीं आनी सुबाक्काक थोडोसो धीर दिलो आनी थंयच्यान हांव आनी म्हजी इश्टीण भायर सरलीं.

आतां बरोच तेंप जालो. सुबाक्काची कांयच खबर ना. याद येतकच मन अस्वस्थ जाता. परत एक फावट पळोवन येवचें शें दिसता. पूण संदच मेळना. बशिल्लेकडेन याद जातकच दिसता, सुबाक्कान खूबशें कितें सगळ्यांक दिलें. लोकांची सेवा करप आनी तीय आपल्या पयशांनीं. आयच्या काळार असो कोण इतलो उदार आसत अशें म्हाका दिसना. पूण सुबाक्काचो आदर्श दोळ्यां मुखार दवरतकच म्हजोय थोडोसो सेवाधर्म जागृत जाता आनी कोणाक मजत जाय तांकां हांव आदार करपाक धांवतां. ही सेवा करतना मनाक समाधान जाता आनी सुबाक्काची म्हाका याद येता.

■

– रेखा रामनाथ नायक
मार्रा-पिळर्ण, बार्देस गोंय.

Difficulty Vanishes Here

NOW ON THE STANDS

RAJHAUNS
LANGUAGE
FORMATION SERIES

LET US KNOW OUR
KONKANI & MARATHI FORMATION

1. Let us know **Our Alphabet**
2. The Build-Up: **Step One**
3. The Build-Up: **Step Two**
4. The Build-Up: **Step Three**
5. The Build-Up: **Step Four**
6. Numbers **1-20**
7. Numbers **1-50**
8. Numbers **1-100**

- Alphabet for practice.
- Single to four lettered words.
- Conjuncts in two to five lettered words.
- Short sentences for drill.
- Reading and writing made easy.
- Numbers to write and read aloud.

राजहंस
RAJHAUNS VITARAN
1-Meenakshi Bldg., Dr. Wolfango da Silva Marg,
Panaji 403 001 Ph. : 2220320 / 2232177
E-mail: rajhaunsvitaran@dataone.in | www.rajhauns.com
www.facebook.com/rajhauns

फुडार

- रतिकांत मांद्रेका

वेळेचें नियमन परजळीव फुडारापासत

दरेक मनशाचो फुडार यशस्वी जातलो जाल्यार दरेकान 'वेळेचें नियमन' करप भोव गरजेचें.

जेन्ना 'वेळेचें नियमन' अशें कोणाच्याय कानार पडटा तेन्ना ते गोंदळटात आनी हो कितें प्रकार काय असो तांकां प्रस्न पडटा. वेळेचें नियमन म्हळ्यार आमचे कडेन जो वेळ आसा तो आमी आमची मोख साध्य करूंक कशे तरेन वापरतले? कित्या खातीर प्राधान्य दितले? त्या वेळांत कितें करप चड गरजेचें आनी कितें गरजेचें न्हय हें थारावप. कितें म्हत्वाचें, ताकतिकेचें खंयचें, कोणाक कसलें काम दिवप, तुमी सारिल्ल्या वेळेची विस्कटावणी आनी नियाळ करप आनी मोखीकडेन पावपाक स्वताक प्रवृत्त करपाक उर्बा दिवप. सोप्या उतरांनी सागपाचें जाल्यार तुमची मोख निटायेर घालप वो कितें करपाचें आनी केन्ना करपाचें तें थारावप.

वेळ म्हळ्यार सातत्य आनी तो मुखार सरत आसता. तो फाटीं येना. जेन्ना तुमी वेळेचें नियोजन म्हणटात तेन्ना ताचो अर्थ असो की तुमी तुमचे कडल्या वेळेचो बऱ्यांत बरो वापर करूंक सोदतात आनी देखून कोणेंच वेळ वगडावंक फावना.

तुमच्या वेळेचें नियोजन करप म्हळ्यार तुमच्या दिसपट्टें जिवीताचें वेवस्थापन करप आनी तुमचो दीस सुरू करपाची सगळ्यांत बरी रीत म्हळ्यार तुमचो दीस तुमी वेवस्तीत आखूंक जाय. हांवें हें तंत्र वापरूंक आरंब केलो तो १९९९ वर्सा जेन्ना हांवें मास्टर्स प्रोग्रामांत प्रवेश घेतलो. हे धर्तरेवेल्या दरेक मनशाक दिसाक फकत २४वरां दिल्लीं आसात. एक खीण उणो वो एक खीण चड न्हय. जेन्ना हांव अबू धाबीक एके मल्टीनॅशनल कंपनीचो मुखेली आशिल्लों तेन्ना दिसाक म्हाका १२ ते १६ वरां काम करचें पडऽ आनी म्हज्या अभ्यासाक वेळ सोदचो पडऽ! हाका एकूच उपाय आशिल्लो तो म्हळ्यार म्हज्या वेळेचें नियोजन. हांवें म्हजो दीस आनी खंयच्या वावराक प्राधान्य दिवप हाचें नियोजन करूंक आरंब केलो. न्हिदूंक वचचे आदीं दुसरे दिसा 'करपाच्यो गजाली'चें लिस्ट करून खंयचीं कामां प्राधान्य तत्वाचेर पुराय करपाचीं ताचें नियोजन केलें. दुसरे दिसा म्हाका हांवें कितें करूंक जाय हें खबर आसतालें. तुमी हीं दोन तंत्रां 'कितें करपाचें लिस्ट' आनी 'प्राधान्य लिस्ट' आपणायलीं जाल्यार हांव तुमकां खात्रीन सांगतां तुमी तुमच्या जिविताचो दर्जो उंचायतले. तुमकां जाय त्या गजालींक चड वेळ मेळटलो, ताण उणो जातलो आनी मनाक खूब शांतताय लाबतली.

तुमच्या दिसाचें नियोजन - करपाचें लिस्ट

तुमी जेन्ना हें लिस्ट तयार करता तेन्ना तुमकां करपाक जाय आशिल्ल सगलीं कामां नोंद करून घेतल्यांत का ना हाची खात्री करात. कोणाक फो करपाचे, बसकेक अपॉयन्टमेंट बी सगळे तुमी तुमच्या व्यक्तीगत कामाचेंय लिस्ट तयार करचें, जशें तुमच्या भुरग्यांचे शाळेंतल्या पालक शिक्षक बसकेक हाजी रावप, घरकान्नीक मॉलांत व्हरप, आवय-बापायक मेळपाक वचप वो कुटुंबीक सुवाळ्यांक हाजीर रावप बी. तेच वांगड अश्यो कांय अनियोजीत घडणुकोय आसतात ज्यो घडूं येतात, तरी तुमक तुमच्या दिसाचेर नियंत्रण दवरपाची तुमचेकडेन तांक आसता. तुमच्या वेळेचे सशक्त नियोजन करूंक शिस्तीची गरज आसता. शिस्त जाय पडटा ती, तुमकां जी गजाल करपाची इत्सा नासली तरी ती करपाची गरज आसा देखून, मेतरावप टाळात. तुमच्या दिसाचें नियोजन तुमकां दुपेटीन वो तिपेटीन फळ दिता.



कामाक प्राधान्य

एकदां तुमी तुमचें 'करपाच्या कामांचे लिस्ट' तयार केलें म्हणटकच तांतल्या आदीं करपाच्या कामाचें लिस्ट करपाचें. जशें अती ताकतिकेचें, अती म्हत्वाचें, अती कठीण, सोपें, ल्हान, अती व्हड.

हातूंत कांय कामां ताकतिकेचीं आनी अती म्हत्वाचीं आसतात. थोडीं म्हत्वाचीं तरी ताकतिकेचीं नासतात आनी थोडीं अती ताकतिकेचीं आसतात पूण म्हत्वाचीं नासतात. तुमी तांकां प्रा-१, प्रा-२, प्रा-३, प्रा-४ अशी पध्दत वापरूं येता. हे पध्दतीविशीं थोडें जाणून घेवया -

प्रा-१ : हें तुमचें ताकतिकेचें आनी म्हत्वाचें काम जशें तुमचो गॅस सिलींडर आज हाडूंकच जाय. नातर घरकान्न जेवण करूंक शकचिना.

प्रा-२ : हें तुमचें ताकतिकेचें काम पूण प्रा-१ कामां सारकें म्हत्वाचें न्हय- उदा. लंचाक वचप.

प्रा-३ : ताकतिकेचें न्हय पूण प्रा-२ प्रमाण म्हत्वाचें उदा. इंटरनेटाचें बील फारीक करप.

प्रा-४ : ताकतिकेचें न्हय आनी म्हत्वाचेंय न्हय. तुमची घरकान्न वो सहकारी करूंक शकता. उदा. दुकानावेली खरेदी.

सदांच प्रा-२ काम करचे आदीं प्रा-१ कामाक हात घालचो. तशेंच तुमच्या लिस्टाचो दिसाचो नियाळ घेवंचो. प्रा-२ काम प्रा-१ जाता तेन्ना वेळ आसता.

तुमच्या दिसाची आखणी वो मांडावळ करपा खातीर तुमी एक सादें पॅड वो प्लॅनराचो आदार घेवं येता. सद्याचे दीस हे इलेक्ट्रॉनीक साधनाचे. आयज तुमच्या मोबायलाचेर वो आयपॅडाचेर कितलीं तरी सॉफ्टवेअर उपलब्ध आसात. हीं साधनां फुकटांत डावनलोड करूं येतात. म्हजे मता प्रमाण एखादो कादेन वो पॅड वापरप चड सवाय आनी सोयिस्कर थारता. ताचेर तुमी नोंदी करूंक शकतात आनी कामाची अतिरीक्त म्हायतीय बरोवंक शकतात.

तुमी जर आमच्या समाजांतल्या अती यशस्वी लोकांकडेन नदर मारली जाल्यार तुमच्या लक्षांत येतलें तें म्हळ्यार ताणीं तांच्या वेळेचें परिणामकारी नियोजन केल्लें. ताणीं तांचो दीस क्रिकेट वा फुटबॉल मॅची पळोवंक वो रिअलीटी शो पळोवंक वगडावंक ना.

ताणीं आपलो वेळ प्रभावीपणान वापरून आपल्या आयुश्याची घडी बसयिल्ली आसता. जेन्ना हांव १९९९ वर्सा अमेरिकेक गेल्लों तेन्ना म्हज्या हाताक 'द सेवन हॅबीट्स ऑफ मोस्ट इफेक्टीव पिपल' हें डॉ. स्टीफन कॉवे हाचें पुस्तक लागलें. त्या पुस्तकान म्हजें पुराय आयुश्य बदलून उडयलें. हांवें दुसरे खेप त्या पुस्तकाचो अभ्यास केलो आनी मोख थारावणी आनी वेळ नियोजन पध्दत आपणावपाक आरंभ केलो. म्हाका हांवें शिस्त लायली. हांवें म्हजे वेळेचें नियोजन केल्ल्यानूच थारायल्ल्या वेळा भितर हांव म्हाका जाय तें यश जोडूंक पावलों. जांकां कोणाक वेळेचें नियोजन करप अशक्य दिसता ताणीं वयर सांगिल्लें पुस्तक वाचचें अशें म्हाका सुचयन दिसता. तुमचे भितर शिस्त लावंक, तुमच्यो मोखी परिणामकारक थारावंक आनी वेळेचें नियोजन कशें करप हे विशीं हांव तुमकां मार्गदर्शन करूंक शकतां. तुमी जर tech savvy आसत जाल्यार तुमकां इंटरनेटाचेर वेळ नियोजनाचेर जायती म्हायती मेळूंक शकता. ह्या विशयाचेर बरयल्लीं कितलीं तरी पुस्तकां आसात, जातूंत वेळेच्या नियोजनाचेर मार्गदर्शन आनी टिपो आसात.

जर तुमकां तुमच्या जीवनांत यशस्वी जावपाचें आसा, वेवसायांत, धंद्यांत वयर सरपाचें आसा जाल्यार तुमच्या वेळेचें प्रभावी नियोजन करूंक जाय. तुमच्या जिवितांतली मोख पुराय करूंक वेळेचें नियोजन भोव गरजेचें. तुमकां व्हड लेखक जावपाचें आसा, परिक्षेक सगळ्या विशयांत ए ग्रेड मेळोवपाची आसा, यशस्वी ॲथलेट्स, म्हान पालक, यशस्वी उद्योजक वो तुमच्या सपनांतलो धंदो सत्यांत हाडपाचो आसा जाल्यार ताची चावी एकूच वेळेचें नियोजन. ■

- रतिकांत मांद्रेकार
मो. : ८००७५४२१६८

भलायकी

म्हाका आनी डायबिटीझ?

- राज वै

म्हजी पिराय तेन्ना ४० वर्सांची. हांव इन्सुरन्स पॉलिसी करूंक गेल्लों. ताणीं सांगलें पुराय चेक अप करूंक जाय. ब्लड टेस्ट करूंक जाय. ४० वर्सां पुराय जाल्यांच न्ही? हांवें म्हळें करून घेवया त्याच निमतान. केली टेस्ट उपाशीं पोटार. रिपोर्ट आयलो. चडशें सगळें बरें वेवस्तीत आसलें. पूण डायबिटीझ मात २०६ मेळ्ळी. म्हजो हाचेर विस्वासूच बसना जालो.

पॅथोलॉजिस्टान म्हळें, ''कळाव लाव नाका. जाता तितले बेगीन दोतोराक मेळ.''

हांवें म्हळें, 'पळयतां' आनी नीट्ट घरा आयलों. रातीं जेवतना मात्सो चिंतीत उरलों. हुसको सो जालो. तो रिपोर्ट सारको काय? म्हजी खरेंच साकर वाडल्या काय? म्हाका तर कसलेच त्रास नात. कसलींच लक्षणा नात. आवयक रोखडो दुभाव आयलो.''सूर्या, ओगी सो रे कितें जालां?''

''हेऽ, कांय नागे!'' पूण ती खंय सोडटा! कितलीय जाल्यार आवय. सामकी फाटीकूच लागली. ''ना कितें? कितें तरी बिनसलां. खरें तें सांग.''

''ऑफिसांतल्या कलिगाचे बायलेक कॅन्सर सापडला. तो सामको शॉकान आसा.'' हांवें बंडल मारलें आनी तें पचलेंय बी. उप्रांत हांवें हे गजालीचेर व्हडलेंशें लक्ष दिलें ना. फकत गोड खावप कमी केलें. घरच्यांक दुभाव येवंक फावना म्हूण केन्ना केक, आयस्क्रीम बी घेतालों. केन्ना नाका म्हणटालों. चायेंत साकर आसता म्हणून ती मात तशीच घेवची पडटाली.

दोन तीन म्हयन्या उपरांत जांगेर व्हडलो फोड आयलो. गरम उदकाच्या शेकान वचना जालो. गेलों दोतोराकडेन. डॉ. प्रसाद - म्हजो लंगोटी यारूच. 'कांय ना' म्हळें ताणें, 'ह्यो ॲन्टीबायोटीक घे - दिसाक दोन फावटी, पांच दिसांचो कोर्स कर - जातलो गायब.' पाचवो दीस आयलो तरी पेकना. दूक वाडत गेली. करंदाय मारूंक लागलों. दोतोराक फोन केलो.''आरे पयलीं कित्याक सांगूंक ना? दुसऱ्यो अँटीबायोटीक ट्राय करूया. राव, घरा वतना येतां हांव तुमगेर.''

आयलो तो. म्हणूंक लागलो, ''रगतूय चेक करून घेतल्यार बरें. बाय चान्स डायबिटीझ बी ना न्हय? हें रूल आवट करूया!'' हें आयकून म्हाका फुटलो घाम... दूक उरली कुशिकूच! 'हिका आतां कळटलें!!'

दुसऱ्यो अँटीबायोटीक्स सुरू केल्योच. दुसरे दीस भाव म्हाका घेवन ब्लड टेस्ट करपाक घेवन गेलो. सांजे रिपोर्ट आयलो... ब्लड शुगर २३८! भाव म्हाका घेवन सोमतो डॉ. प्रसादाकडेन गेलो.

दोतोरान घेतली मेडिकल हिस्ट्री - ''चड मुतूंक जाता? वजन देवलां? चड भूक लागता? चड तान लागता?''

''तशें व्हडलें कांय लक्षांत आयलें ना रे!'' डॉ. प्रसाद आता मात्सो सिरियस जालो.

''हें पळय सूर्या, हांव तुका इतलीं वर्सां सांगून थकलों. तरीपूण परत एकदां सांगतां. तुजें वजन चडूच आसा. तें ८० वयल्यान हळुहळू नक्कीच ६०चेर तरी हाडूंक जाय. तुजी फिजिकल ॲक्टीविटी खूब कमी. त्या भा तूं ऑफिसांत बसून आसता. अर्दवर डेली चलप सामकें गरजेचें. सामको सिरियस विशय आसा. जेवणाचेर बरोच कंट्रोल हाडपाक जा पयलीं म्हणजे गोड सामकें बंद. ॲब्स्युल्युटली नो स्वीट! आनीक ए गजाल, ही डायबिटीझ तुजे भितर खूब दिसां पासून नातर म्हयन्या पास हळुहळू वाडत गेल्ली आसतली. ती अकस्मात जावंक ना. निमणी केन केल्ले तुवें शुगर टेस्ट?''

''दोन-तीन म्हयन्यां पयलीं.''

''कितली आशिल्ली?'' डॉ. प्रसाद.

''आसली दोनेकशे सुमार.'' हांवें लायटली म्हळें.

''कितें केलें मागीर तुंवें?''

''कांय ना. म्हजो विस्वासूच नासलो त्या रिपोर्टाचेर.'' डॉ. प्रसा कांय वेळ तोंड उक्तें करूनच उरलो.

मागीर म्हजेर ताणें जो फोग पळय काडलो पंदरा मिनटां! शी! नाक जालें म्हाका. निमणें ताणें तिडकून आनी उबगून म्हणलें, ''तुमच्य सारक्या मित्रांचोच जर आमचेर विस्वास ना जाल्यार आमी दोतोर आसू उपेग कितें?'' म्हज्या भावान दोतोराची समजूत घालूंक प्रयत्न केलो.

''दोतोर, तशें म्हणूं नाका. दोतोर ताकाच मजत करूंक शकता, ज ती घेवपाक तयार आसता! आमगेले हे बंधू विचित्रूच. घरच्यांक पासू सांगूंक ना ताणें, आपली शुगर दोनशांचेर पावल्या म्हूण!''

दोतोरान म्हाका मागीर निमणें सांगलें, 'सूर्या, पायां पडटां, आतां तरी आमी सांगतां तें आयक आनी कर-पयलीं म्हळ्यार तुगेलो फूल चेक अप करून घेवया. डायबिटीझ कितलो तेप जाल्यार खबर ना. दोळ्यांचेर किडणीचेर बी मार बसूंक ना जाल्यार पयलीं पळोवया. देवा कृपेन कांय जावंक ना जाल्यार परो. दुसरें म्हणजे ट्रीटमेंट -व्यायाम, योग्य आहार आनी नियमीत वखदां घेवप! दोतोर फक्त सांगूंक शकता - तें तंतोतंत पाळप रूग्णाची जबाबदारी.

म्हजे छातयेंत धडधड भरली. म्हजें मन घराकडेन पावलें. आतां म्हजी आवय घर माथ्यार घेतली आनी आठ दीस म्हाका तेंच आयकुचें पडटलें...

''डायबिटीझ ही लिपोवपा सारकी गजाल न्हय. ती 'ॲक्सेप्ट' करून फुडलें आयुश्य तिच्या सांगातान कशें बरेतरेन सारपाचें, जियेवपाचें हें जाणप खूब म्हत्वाचें.''म्हाका क्लिनिकाच्या दाराकडेन पावोवंक आयिल्ल्या डॉ. प्रसादान म्हाका आपलेपणाचो, मोलाचो मंत्र दिलो.

■

इंडियन फार्मास्युटिकल असोसिएशन,पणजे - गोंय,
मो. : ९४२२०६२२८६, ई-मेल : ipacpd@gmail.com

मुक्त बाजार न्हय, बाजार-मुक्ती गरजेची

रवीन्द्र-विचार

म्हारगायेक शीम आनी मेर उरूंक ना. गंव म्हारग जाला, तांदूळ जाला, साकर, कड्डण, तेल, तूप, चा सगळेंच म्हारग जालां.

पयर जें धा रूपयांत मेळटालें तें घेवपाक आयज शंबर रुपये दिवचे पडटात.

खासा सरकारूच जेन्ना रेल्वे भाडें, टेलिफोनाचें भाडें, विजेची दर वाडयता तेन्ना बाकिचें कित्याक म्हारग जावचें ना? सगळेंच म्हारग जातलें. सगळेंच हाता भायर वतलें. ताका उपाय ना.

हाका अंत ना? आसा. आयचें अर्थतंत्रूच कोसळून पडूंक जाय. ते बगर म्हारगाय थांबपाची ना.

तांतले तातूंत एक गजाल बरी जाल्या. म्हारगाय वाडत वता तशें तशें पयशांचें मोल उणें जायत वता. हें अशेंच चलत रावलें जाल्यार 'सेवींग' करपांत कांय अर्थ ना अशें जण एकल्याक दिसूंक लागतलें आनी तो जोडिल्लो पयसो खर्चून मेकळो जातलो.

जेन्ना पयसो करपांत अर्थ ना अशें दिसपाक लागतलें, तेन्नाच खरेलें अर्थशास्त्र वयर सरतलें.

पयर रगत तपासलें. साकर वाडल्या काय कितें तें पळोवपाचें आशिल्लें. साकरूय वाडिल्ली, कॉलेस्टॉरॉलूय वाडिल्लें. कॉलेस्टॉरॉलाक कितें करचें म्हूण विचारलें तेन्ना! 'नाल्लाचें सगळें खाण सोडून दी' म्हूण दोतोरान सांगलें.

नाल्ल सोडून दिलो.

नाल्ल कसो मेळटा, खबर नाशिल्लो. घरांत वासपूस केली 'सद्या नाल्ल कसो मेळटा?'

'खबर ना.' जाप मेळ्ळी. 'घरा भोंवतणी धा वीस माड आसात. ते आमकां जाय तितले नाल्ल दितात. नाल्ल आमकां विकतो घेवचो पडना. नाल्ल आमी विकय नात.'

सट्ट जालें. म्हळें, लक्ष घाल्लें आनी थोडोसो यत्न केल्लो जाल्यार आमकां फळां भाजीपालो आनी तांदूळ नाशणोय असोच मेळटलो आशिल्लो. एकड दोन एकड भूंय घरा भोंवतणी पुरो आशिल्ली. जें जें कितें गरजेचें तें तें थोड्याशा श्रमान मेळटलें आशिल्लें. ताचे खातीर पयसो खर्चुचो पडचो नाशिल्लो. हे दिकेन केन्ना येवजिलें ना. देखून यत्नूय केन्ना केलो ना.

आनी हांवें मनांत म्हळें, तो म्हातारो सांगतालो तें फट न्हय. देशाची अर्थवेवस्ता सुदारपाचो खरो उपाय मुक्त बाजार करप हो न्हय, तर मनशाक बाजारमुक्त करप होच आसूं येता.

बाजार म्हळ्यार फटिंगपणाचो एक वेव्हार. कितेंय विकूंक गेलो तरूय मनीस फटवता, विकतें घेवंक गेलो तरूय फटवता. दोशीं वटेन फटोवन कित्याक घेवंक जाय? मनशान जाता तोवेर आत्मनिर्भर जावचें. तशें गांवांनीं जाता तोंवेर आत्मनिर्भर जावचें आनी आत्म निर्भर गांवांचें एक व्यापक संघटन उबें करीत वचचें. आयच्या सट्ट्याच्या अर्थतंत्रापसून देश मेकळो जातलो.

गांव आत्मनिर्भर जावचे नात? जातले. गांवांतल्या गांवांत अन्न पिकोवं येता, भाजीपालो, फळफळावळ काडूं येता. तेल तूप काडूं येता आनी थोडोसो यत्न करीत जाल्यार कापूस रोवन लुगटूय गांवांतल्या गांवांत तयार करूं येता. भायल्यान कितेंच हाडपाची गरज उरची ना.

गांव जाता तोवेर आत्मनिर्भर जायत रावले जाल्यार देशूय आत्मनिर्भर जावं येता. आनी ताका आंतर-राष्ट्रीय मुद्राकोशाचे आनी वर्ल्ड बँकेचे पांगेतल्यान बरोचसो सोडोवं येता.

अजाप जाता आमच्या अर्थतज्ज्ञांक हें अर्थशास्त्र कशें येवजना?

येवजलां आनी जें ताणीं चलणुकेंत हाडलां तें अर्थशास्त्र देशाक आत्मनिर्भर करपी निखालूस न्हय. श्रमाचें मोल वाडोवन लक्ष्मी निर्माण करपी अर्थशास्त्र न्हय. हें अर्थशास्त्रूच न्हय. सट्टो हो एक तरेचो. जुगार खेळपी आनी खेळूंक लावपी. कसलेच श्रम करी नासतना फक्त फटींगपणा करून हर्षद मेहता निर्माण करपी. सरकारी सबसिडी खावंक शिकोवपी आनी बँकांक लुबाडपी. खिणांत अब्जाधीश जावपाचीं सपनां पळोवपी शेख महंमद निर्माण करपी. हें अर्थशास्त्र पर्यटकांक पाचारण करीत. तांचे खातीर फाइव स्टार हॉटेलां उबीं करीत. भौराष्ट्रीय कंपन्यांक आपोवन टी. वी., रेडियो, स्कुटरी, ट्रॅक्टर, शेम्पू, शाबू, पोलिस्टर बी चैनिच्यो वस्तू तयार करीत आनी हें सगळें निर्यात करून डॉलर आनी पाऊंड जोडीत. सरसमान लोकांच्यो गरजो भागोवपी अर्थशास्त्र न्हय हें. देशाचो खंयचोच प्रस्न तें सोडोवंक पावपाचें ना.

वाडोवन वाडोवन हें अर्थशास्त्र फकत शारांच वाडयतलें.

आनी गांवांतल्या लोकांक शारांत व्हरून तांकां झोंपडपट्टीच्या नरकांत धुकलून दितलें. वाटूच चुकल्या ताची.

म्हारगाय वाडल्या म्हूण हांवूय शिणटालों. आतां म्हाका दिसपाक लागलें, म्हारगाय अशीच वाडत वचची. इतली वाडत वचची की पयशांची किंमत शून्य जावंची. तेन्नाच आयची अर्थवेवस्ता कोसळून पडटली आनी तेन्नाच-

तो म्हातारो सांगतालो ताचे कडेन लोकांचें लक्ष वतलें.

मुक्त बाजार न्हय, तर जाता तोवेर बाजार मुक्ती ही एकूच वाट देशाक अर्थीक नदरेन वयर काडपाची.

■

(जाग – फेब्रुवारी १९९५)

प्रियदर्शन

प्रिय रमेशबाब,

तुजो एसएमएस पावलो.

रायबरेलींतल्यान आयिल्लीं दोन उतरां लेगीत कायबरेलीं आसतात हाचो अणभव घेतलो.

'विचार, चिंता आणि गॅस, अग्रलेख, प्रिय दर्शन वाचलें, बरें आसा.'

इतलेंच?

अशे कशे रे तुमी? 'बरें आसा' इतल्यारूच सोंपयतात. आतां एसएमएसची मर्यादा तितलीच म्हणा! आमी पयलींच कोणाची तुस्त तोखणाय करपाक काटूक! हांव तुजें म्हणना. तुका कोणाचेंय कितेंय आवडलें काय तूं भरभरून तोखणाय करता. तांच्या साहित्याचेर पानांचीं पानां बरयता. हांव आमच्या सरसकट हेर वाचप्यांचें म्हणटां. कोणाचें कितेंय आवडलें जाल्यार, तें कित्याक आवडलें, आवडलें ना जाल्यार कित्याक आवडलें ना हें दोन ओळी बरोवन कळोवपाची दानतूच ना. मागीर प्रस्न पडटा हे दुसऱ्यांचें वाचतात काय कितें म्हूण!

एकएकदां अशेंय दिसता, कोण कोणाची तोखणाय करिना हेंय बरेंच म्हणून! आमचे कवी, लेखक अशे मात्शी कितें अर्थ अपुर्बाय केल्यार पुरो, तांचीं हड्डीं आपसूक मुखार येतात. प्रस्तावनेंत लेगीत तोखणायेचीं दोन उतरां बरयत जाल्यार भुल्लूसून वचून, प्रस्तावना बरोवप्या परसूय आपूण व्हडलो अशें कितें तरी मत करून बसतात आनी थेट दोळे लायतात साहित्य अकादेमीच्या पुरस्काराकडेन. आनी मागीर तांची वाडूच जायना. म्हाका अणभव आयला तो!

पूण हांव तसो न्हय आं! हांव कितें बरयतां, तें खंय मेरेन आसा हाची पुराय जाण हांव दवरतां. दरेक बरोवप्यान ती दवरची. म्हणटकच कोणेंय कितलेंय फुलयलें जाल्यार तो फुलूंक पावना आनी अधिकाराचो वापर करून कोणेंय कितलोय चेपलो तरी ताचें अस्तित्व नानपयत जायना. तरी लेगीत तुजे सारके साहित्याचे, कलेचे, काव्याचे दर्दी जेन्ना, एका शब्दान काय जायना 'बरें जालां' म्हणटात तेन्ना नाय म्हळ्यार उफेवप जाताच. 'दिल माँगे मोर'ची भावना उदेता. तरी आयचें तंत्रगिन्यान जें कितें दिता तातूंत समाधान मानून घेवचें पडटा.

आयज पुराय संवसार 'नॅनो' जायत वता. चडांत चड नॅनो जावप म्हळ्यार जिवितांतली

क्रांती अशें समिकरण जावन गेलां. हें 'नॅनो' प्रकरण म्हणटात ती तुमची कवींचीच देण. आमी गद्य बरोवपी कितेंय सांगपाक जाय जाल्यार पाल्हाळ लायतात. विस्तारान सांगतात. तेंच तुमी कवी उण्यांत उण्या उतरांनी रसिकां मुखार दवरतात. कवी आपले कवितेंत जितलीं उणीं उतरां वापरून चडांत चड आशय सांगता ताका उत्कृश्ट कवी बी म्हणटात हें हांव जाणां. म्हणटकच हो 'नॅनो' प्रकारूच न्हय? हीच ल्हानशी कविता घेवन उप्रांत ताचेर व्हडले व्हडले प्रबंध बरोवप जातात!

हांव आतां तुका बरोवंक बसलां तेन्ना म्हजे मुखार कितें आसा अशें तुका दिसता? म्हजे मुखार दिसा उजवाडाक काळोखूच काळोख दाटला. ज्येष्ठांतले सरते दीस हे. आषाढ दोन-चार दिसांचेर पावला. आतां आषाढी एकादशीचेरूय वाद निर्माण जाला. ती आठ जुलयाक काय ९ जुलयाक हाचेर चर्वण चल्लां. पूण म्हजे खातीर मळबांत कुपां दाटलीं आनी पावस घसघसूंक लागलो काय ती आषाढाचीच नांदी. फाटले कांय दीस घसघश्यांनी पावस रकला. मळबांत कुपांनी गर्दी केल्या. हें असलें वातावरण जालें काय हांव भितरले भितर फुगार जातां, भुल्लुसतां. कितें पळोवं आनी कितें नाका अशें जाता. म्हाका तशे सगळेच ऋतू वेगवेगळ्या आंगांनी आवडटात. पूण पावसाळो विशेश. ताचें कारण सोदतना म्हजे तकलेंत केन्ना केन्नाय 'फनी' कल्पना येतात!

म्हजो जल्म मायांतलो. हांव पूर्ण णव म्हयने भरले उप्रांत सैमीक रूपान जल्मलों. आयचे वरी सिजरीयन करून भायर काडिल्लो वो अल्प मुदतीचो म्हळ्यार प्रीमॅच्युअर बेबी न्हय हांव! म्हणटकच णव म्हयने फाटीं वचत जाल्यार ऑगस्ट जुलाय! अठ्ठावन वर्सां आदलो काळ घे. जुल म्हयन्यांतलो म्हळ्यार आषाढांतलो पावस त त्याच पावसांत म्हज्या अस्तित्वाचें बीं रूजव आयलां आसतलें! देखुनूच म्हाका ही पावसा हिसपा भायली ओड लागल्या आसूं येता! ते पासत म्हाका भितरल्यान कोण तरी फुसलायत हांव पावसाचें देणें लागता म्हूण! म्हणटकच ह तें फारीक करूंक नाका?

म्हाका पावसाचेर खूब कितें कितें बरय दिसता. हांवें देश-विदेशांतलो वेगवेगळ्या रूपांत पावस पळयला. भारतांत चेरापूंजींत संवसारांत सगळ्यांत चड पावस पडटा तोय पळयला आ जंयसून मोसमी पावसाक आरंभ जाता त केरळाचोय पावस पळयला. काश्मिर, हिमाच हांगचोय पळयला. पूण गोंयच्या पावसाचीं ज रूपां हांवें अणभवल्यांत तीं अप्रूपच. ताची स संवसारांतल्या खंयच्याच पावसाक येवचीना मागीर असल्या पावसाचेर कोणेंतरी म्हाकाव्य बरो नाका?

संवसारांतल्या भोवतेक गिरेस्त भासांनी म्हाकाव्य आसा म्हूण तें कोंकणींतूय आसूं जाय अशें हांव म्हणना. बाकीबाबान महात्मायान बरोवपाक आरंब केल्लो. तें पूर्णत्वाक पावलें ना ताचीं कारणां कितें ताची उस्तवारी आमी हांग करूंया नाका. जर बाकीबाबान तें पुराय केल्ले जाल्यार जावन पडपाचें. आतां कोण ह्या साहित्य प्रकाराक हात घालतलो अशें दिसना. बाकीबाब उप्रांत ते तांकीचो दुसरो कवी ना. हांव हें म्हा-काव्याच्या संदर्भांत म्हणटां. कवी म्हूण व्हड तांकीचे शब्दप्रभू आमचे कोंकणीत चार लोक आसात. पूण तांची कालेत म्हाकाव्य बरोवपाची न्हय. तुज्यांत ती तांक आसा आनी अशें कितेंय निर्माण जालें जाल्यार तुज्याच हातांतल्यान!

म्हजे नदरेन गोंयचो पावस हो म्हाकाव्याचो विशय जावं येता. पूण आमचे कवी पावसाळ्याची वाट पळयत रावतात आनी पावस रकपाक लागलो काय कविता व्हियेतात. कांय प्राणी अमुकच काळांत पिलां काडटात तशे हे आमचे कवी कविता व्हियेतात. म्हाका तांचो दोळे फुटून राग येता. पावस लागलो म्हणटकच पावसाचेर कविता करूंकच जाय अशें ना. पावसाळी वातावरण हें सृजनतायेक पुरक हातूंत दुबाव ना. पूण कवी हो असो सर्जक जाच्या मनांत तिनूय त्रिकाळ वेगवेगळ्या रुपांनी पावस झडत आसता.

म्हणटकच ताका कविते खातीर पावसाळ्याची वाट पळोवंक पडची फावना. हे अशें करतात ते वायंगणे कवी! तांचेर चड न उलयल्लेंच बरें.

तूं जाणां, हांव हालींच आख्खो राजस्थान भोंवून आयलां. दिवाळी अंका खातीर प्रवासवर्णन बरोवचें अशें मनांत आशिल्लें. वीर भूंय, मरू भूंय लोक संगीताची, गिरेस्त फाटभूंय आशिल्ली ही प्रेममय भूंय वेगळे नदरेन हांवें अणभवल्या. पूण बिम्ब दिवाळी अंकांत सगळ्यांचींच प्रवास वर्णनां जावंक लागल्यांत. वेगवेगळे प्रकारचे आसले तरी फोवूच खावन कंटाळो येता हें म्हाका होलमता. सुमेधा कामत अमेरिकेचेर बरयता, हर्षा शेटये ऑस्ट्रेलियाक वचून आयलां. आतां सगळींच भोंवपाक लागल्यांत तेन्ना हांवें भुरगेपणासावन अणभवल्ल्या, भोगिल्ल्या पावसाचेर विस्तारान बरोवंचें अशें चिंतलां.

आतांय तुका ही चीट बरोवंक बसलां तेन्ना तोच विशय तकलेंत घोळटा. दोळ्यां मुखावेल्या मळबांत अयस पयस फाफसल्ल्या कुपांकडेन पळयतना तेच म्हाका वेगवेगळ्या कुरवांनी खुणायतात काय दिसता. कालिदासाक मेघदूत स्फुरलें तेच हे मेघ. कितलोऽ काळ सरलो तरी हे मेघ अजून तस्से आसात. भरून भरून येतात दर वर्सा आनी घसघसश्यान रकतात. फुडले वर्सा पर्थून आषाढ लागलो म्हणटकच कालिदासाची याद कुपांच करून दितात.

तरी लेगीत मनांत एक प्रस्न येताच! कालिदासाचेंच नांव घेत आमी कितलो काळ सारतले? कालिदासा उप्रांत अजून दुसरो कालिदास कसो कित्याक येना? नो डाऊट! कालिदास आपले प्रतिभेन अजरंवर जाला. ताचें मेघदूत हें निखळ उत्कृश्ट काव्य हें जालेंच. तें एक सुंदर प्रवासवर्णन हेय नदरेन हांव ताचेकडेन पळयतां. कालिदासाचो रकाद घेवन वचपी तो 'मेघ' रामगिरी पर्वतावेल्यान कैलास पर्वत हुपून अलकापुरी मेरेन पावता म्हणसर केल्लें सैम वर्णन, वाटे वयली लोकजीण, संस्कृताय, समाजजीण हांची वळख ही एका बऱ्या प्रवासवर्णनाची देख. म्हाका दिसता ऋतुसंहारम, शाकुंतल बी बरोवपी होच कालिदास जावंये! कितेंय आसूं, आमच्या लेखक-कवीनी हातुंतल्यान एक गजाल मतींत घेवपाची गरज आसा ती म्हळ्यार सरस्वतीची उपासना हीच सर्वश्रेश्ठ बाब. जो कोण सरस्वतीक, कालीक प्रसन्न करून घेता कालिदास जाता तोच कितेंय भव्यदिव्य करूंक शकता.

कालिदासाचो इतिहास कितें? एक मूर्ख यक्ष. आपली जबाबदारी टाळून कामसुखाक वसवसलेलो. त्या मुर्खाक दोग विद्वान, राजकुंवरीन केल्ल्या अपमानाचो सूड घेवंक ताका विद्वान म्हूण व्हरतात आनी ताका फकत कुरवो करूंक लावन त्या कुरवांचो अर्थ हे विद्वान सांगतात. त्या मूर्खाची विद्वत्ता पळोवन ती राजकुंवर ताचेकडेन लग्न जाता. पूण पयलेच राती विद्वत्ता सोड ताका संस्कृत भास लेगीत सारकी येना हें कळटकच राजकुंवर अपमानीत जाता आनी ताका धांवडावन घालता. मागीर तो यक्ष कालीची म्हळ्यार सरस्वतीची उपासना करता. ती ताका प्रसन्न जाता. आषाढ म्हयन्यांतली ती सृश्टींतली सैम सुंदराय, ताचो एकांतालो विरह आनी पावसांत न्हावन धुवन उबी आशिल्ली उज्जैन नगरी! जो सरस्वतीचो खरो उपासक आसता, सरस्वतीची अंतर्मनांतल्यान सेवा करता ताचेच कडल्यान उच्च प्रतिचें अक्षरसाहित्य निर्माण जाता होच खरो संदेश म्हाका कालिदासा बाबतीचे हे दंतकथेंत सापडटा. आमच्या लेखकांनीं ही गजाल जाणून घेवपाक जाय अशें तुका दिसना?

आनीक एक गजाल म्हाका खटकता, पावस लागलो काय खूबशे समिक्षक, लेखक वृत्तपत्रीय रकाने भरतात. आषाढ एकादसीक तर मेघदूत, कालिदास हो विशय घेवन जाण्टेले आनी नेण्टेलेय आपली विद्वत्ता पाजळटात. थोडे जाण अदींमदीं दुर्गा भागवतच्या ऋतूचक्राचो आदार घेतात. त्या उप्रांत सगळें सोंपलें अशें दिसता. गोंयच्या मराठी वाद्यांक कोंकणीचो दुस्वास हें समजूं येता. ते कोंकणींत जें साहित्य निर्माण जाता ताची दखल केन्ना घेवंचे नांत. ते जेन्ना ह्या साहित्या कडेन कोंकणी साहित्य म्हूण पळोवपाचें सोडून, हे मातयेंतलें साहित्य म्हूण जेन्ना पळयतले तेन्नाच हें शक्य जातलें. पूण प्रस्न येता आमी कितें करतात?

आतां तूं म्हणटलो. आषाढ लागीं पावलो तशी तुका कालिदास, ताचें मेघदूत, ऋतुसंहारम् हाची याद कित्याक जाली? तेंय एक निमित्त, म्हाका कालिदासाची याद जावंक ना. भायर दाटिल्ल्या कुपांक पळोवन म्हाका याद जाली तुजी. इतलो सुंदर पावस, इतलीं सुंदर कुपां आनी तूं मात थंय रायबरेलीक! तुका ही सैमसुंदराय चुकली म्हूण म्हाका चिटमिटे पडले आनी म्हाका जें भावता तें तुका कळोवंचें अशें दिसलें. कालिदासाकूय उण्या चड फरकान तशेंच दिशिल्लें जावंक जाय. देखुनूच ताणें कुपाक आपल्यो गजाली कथन करून आपले मोगिकेक त्यो कळोवंक सांगल्यो. जें भव्य दिव्य कितें नदरेक पडटा तें, जाका तें समजतलें अशें दिसता ताकाच सांगचें पडटा. तेच पासत म्हाका दिसलें, रमेशबाबा सारक्या लोकांनी पावसांत तरी गोंय सोडचें न्हय!

पूण हें दिसप हें दिसपापुरतेंच! जेन्ना पत्र बरोवन जालें आनी अंकाची छापणावळ प्रत नदरेखाल घालतालों तेन्ना म्हजे म्हाकाच प्रस्न पडलो, पावस खंय आसा? दोन दीस पावसान 'आपूण आयलों, आपूण आयलों' अशें म्हणत नाची केली आनी तोंड घेवन गेलो. असल्या बीन भरवंश्याच्या पावसाचेर पातयेवन तुका पावसांत गोंय सोडूं नाका म्हणपाचें? देखून हो ता. क. बरोवंचो पडलो. पावसाक 'एल निनो' काय कितें तें बादलें खंय! बादपाचेंच! हीं सगळीं आमचींच कर्मां. कुऱ्हाडीचा दांडा गोतास काळ, तशे आमी सैमाचो काळ थारल्यात. पन्नास वर्सां आदीं आमच्या भुरगेपणार जो कितें आमी पावस पळयलो, अणभवलो, भोगलो तोच खरो पावस अशें कितें तरी दिसूंक लागलां. आयचो पावस हो पावस न्हय. ही मनशाक पडिल्ली उदकाची गरज. उदका बगर जीवन ना आनी आपलेकडेन कृत्रिम पावस वा उदक तयार करपाची शक्त ना हें मनशाक कळिल्ल्यान तो आयज गरज म्हूण पावसाकडेन पळयता, पावस म्हूण न्हय! ताचे पासत तें उदक फक्त उदक! H^2O नथींग एल्स!

बरें, खूब बरयलें. वाचून कंटाळटलो. तुज्या *भूतकाळांतले बिदींतल्यान* सदराविशीं खूब फोन येतात. हे लोक बरोवन कित्याक धाडिना काय म्हणटां हांव!

बरें, मेळुया...

■

इश्टागतीन तुजोच,

दिलीप...

आकर्शण

किरण म्हांब्रे हांच्या 'सैमांगणांत' पुस्तकाचें प्रकाशन करतना ज्येश्ठ साहित्यीक मीना काकोडकार, कुशीक सुधा खरंगटे, नयना आडारकार, कोंकणी भाशा मंडळाचे अध्यक्ष चेतन आचार्य, किरण म्हांब्रे आनी दीपा खोलकार.



सरकारी कर्मचाऱ्यांक राजभास येवजणे खाला राजभाशेचें प्रशिक्षण दिवपा खातीर खासा कोंकणी अभ्यासक्रम सरकारान तयार केला. त्या अभ्यासक्रमाचें विमोचन करतना मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकार, राजभास सचीव मॅथ्यू सॅम्युएल, राजभास संचालक डॉ. प्रकाश वजरीकार, प्रशिक्षण कार्यावळीचे समन्वयक अनिल सामंत आनी सीताराम नायक

आकर्शण

दिवचले कोंकणीचे म्हापुरूश शणै गोंयबाब हांचे जयंती कार्यावळीचें दिवली पेटोवन उक्तावण करतना
ॲड. उदय भेंब्रे, कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष पुंडलीक नायक, सागर शेटये, विनायक गोवेकार, नारायण बेतकेकार,
कोंकणी भाशा मंडळाचे अध्यक्ष चेतन आचार्य आनी हेर मानेस्त.

मीना काकोडकाराचे 'वास्तू' कादंबरीचें प्रकाशन मडगांवच्या रवीन्द्र भवनांतल्या ब्लॅक बॉक्सांत रवीन्द्र भवन, मडगांव आनी
दुर्गा प्रकाशन, मडगांव हांच्या जोडपालवान जालें. कादंबरीचें विमोचन करतना प्रा. माधव कामत, तांचे वांगडा दावे
वटेंतल्यान अन्वेषा सिंगबाळ, मीना काकोडकार, माधव बोरकार,
मडगांव रवीन्द्र भवनाचे अध्यक्ष दामू नायक आनी सुरेश काकोडकार.

उतरकुवाडें

– संतोष शिवराम हळर्णकार
बांदिवडे-बंदर,
फोंडा-गोवा ४०३ ४०१



आडवे

१. भारताचे प्रधानमंत्री. ४. झगडीं. केस्तांवां. मार-पेट. ६. गायन. गाणें. ७. बगलांट. किंचांट. ८. वकीलकी. वकिलाचो धंदो. ९. सगलें. संपूर्ण. १०. कुंतीचो पूत, कान. १२. फळांतलो मगज. १३. नरेंद्र मोदी ह्या राज्याचे मुख्यमंत्री आशिल्ले. १६. बादा. आडखळ. अडचण. १७. चडांत चड. १८. मुसलमान साधू न्हेसतात तो झगो. १९. अमिर खान आनी माधुरी दिक्षीत हांचो एक फामाद सिनेमा. २०. समज घालप. पटवप. २३. वाळेस. पारपोळ. वादयांव. २४. कसलेय वस्तुचो बारिकांत बारीक कुडको. २५. आदळून-आपटून वा दामून आयदनाचो भितर गेल्लो भाग. २७. उफेवप. संकश्टांतल्यान सुटप. वांचप. २८. फटीचें. जें खरें न्हय. २९. भिरें. जमो.

उबे

१. फाटल्यान दवरिनासतना. मुळसावन. सामकें. २. मोगान भरिल्लें. मोग आशिल्लें. ३. गरीब. दुर्बळ. नम्र. ४. धनीपण. हक. ५. वाडप. मस्त जावप. मद मारप. ७. आंबे पिकून काडिल्लो रोस. ८. रंग. १०. मनांतली इत्सा सांगप. पराथप. ११. सवी रास वा धूव. चली. १४. उदक (हिंदी). १५. कश्ट. स्रम. खटपट. १६. जेवण खाणाचो त्याग. १७. थंडेक लागून हड्ड्यात सांठिल्लो चिकट पदार्थ. १८. फातराचो वा तळपाचो कडकडलो कुडको. १९. लता मंगेशकरांच्या बापायचें नांव. २१. धावी रास. २२. खबर आसप. जाणां जावप. २६. फावट वा एक तरेचो जुगार

जून १४ उतरकुवाड्याची जाप

दु	रु	प	यो	ग		द	र	व	टो
स्मा		त्र		द	बं	ग		ळ	
न	र	का	सू	र		द		ख	त
		र	न		सं	ग	म		रा
ना	ठल			सा	क			क	
ग		स	ला	व	ट		मां	ड	
पं	च	म		था		थ	ड	क	न
च		ल	वा	न			व	डी	ळ
म		दा	द		गौ	री		त	
	स	र	ळ	प	ण		सी		डे

Get upto 90% REIMBURSEMENT ON SALES TAX!

Plus a 25% subsidy on power and water bills annually.
Use local raw materials and avail of these benefits!

- For Micro, Small and Medium enterprises

Incentives to Encourage Consumption of Local Raw Material Scheme

For application forms and more information: **www.goaditc.gov.in**
OR Contact: Mrs. Bertha Gracias, Mr. Satish Gaonkar OR
Mr. Tushar Sawant AT 0832 2222241
The Facilitation Counter, First Floor, Udyog Bhavan, Panaji, Goa.

सत्यमेव जयते

GOVERNMENT OF GOA

Directorate of Industries, Trade & Commerce

PARTNERING INDUSTRIAL GROWTH

DON'T READ
A N Y F U R T H E R

But if you insist, let it be known that at Magsons, we'd rather show it than say it. So, if you've been drooling over our riot of offerings on display, you can now step into any of our stores spread across Goa to discover much more.

Indeed, our creative offerings and product innovation won us the prestigious FIFI Coca Cola Golden Spoon Award, besides a handful of other honours. It impressed leading national and global brands like BPCL, HPCL and Cocoa Tree enough to want to tie up with us. It drew us into the media glare like no other retail name in Goa, featuring the Magsons brand at national and international levels. One could go on and on...

To be honest, nothing has given us as much delight as serving 'delight' to our customers. No honour has been as regal as the honour and respect we receive from our king – our customer.

So, what more can we say in return, other than:

'SIMPLY RELISH'

Magsons®
Hopping Off Shopping On

Corporate Office: 'Magsons', Miramar-Panaji. Goa. 403 001. India.
Tel: 2463700 Email: supercentre@magsons.in

PANJIM | MIRAMAR | CACULO MALL (ST.INEZ) | CARANZALEM
DONA PAULA | ZUARI | VASCO | VARCA | VERNA | PORVORIM

/magsonsgroup /MagsonsRetail magsons.in

URBA

Luxury Service Apartments

Each of our one BHK units at Urba luxury service apartments, Porvorim Goa is of premium quality. All are stylishly furnished and centrally located to provide a comfortable stay to all our guests.

They boast a 'home away from home' comfort that is warm and welcoming rarely found in a hotel. All our guests are special to us, no matter how long their stay – be it days or weeks. Our complimentary services including free Wi-Fi, breakfast, toiletries, and housekeeping help to ensure your stay is as pleasant as possible.

When you stay with us in one of our luxury serviced apartments, you have the greater privacy and more relaxing ambience that they offer compared to a hotel, at the same time you have approximate saving of 20-30% compared to a hotel room of the same standard and area.

Professionals choose Urba Luxury Service Apartments for our efficiency and flexibility – we don't have binding minimum term contracts with long notice periods. We offer a professional service with very competitive corporate rates of up to 20% discount. For an annual contracts we even offer 30% discount. Please call us for further information.

Website. Http://www.urbaluxury.com
Email : info@urbaluxury.com
Tel 0091 8322415168 mob 0091 8007542168

POSTTAL LICENCE NO. G-2/RNP.Goa/01/2011-12

RNI Regd. No. GOA KON/2008/304

24 HOURS ACCIDENT
TRAUMA & CRITICAL CARE

DEPARTMENTS

- NEUROLOGY
- JOINT REPLACEMENT
- PAIN CLINIC
- NEPHROLOGY & DIALYSIS
- GASTROENTEROLOGY
- GLAUCOMA
- CHEST MEDICINE
- COSMETIC SURGERY
- VEINE CLINIC &
- VASCULAR SURGERY
- FETAL MEDICINE
- SQUINT
- ORTHOPEDICS
- HEALTH CHECK-UP
- PEDIATRICS
- PEDIATRICS SURGERY
- LAPROSCOPIC SURGERY
- CATARACT SURGERY
- GENERAL MEDICINE
- ARTHROSCOPY
- CORNEA
- RETINAL SURGERY
- RADIOLOGY
- GYNECOLOGY
- PEDIATRIC
- OPHTHALMOLOGY
- SKIN
- ICU
- LASIK
- UROLOGY
- PHARMACY
- PATHOLOGY
- ENT

VISION
MULTISPECIALITY HOSPITAL
Restoring the joy of health

Duler Mapusa, Goa. Ph. 0832-2266788, 2266188

Published & Printed by Dilip Borkar Owner of Bimb Monthly, 'Dharm-Laxmi', St. Lourence, Agasaim - Goa & Printed at Impressions, Belgaum. Editor : Dilip Borkar, Ph.: 2438355, E-mail: bimbkonkani@yahoo.co.in